चैत्रपुनव

पद्मनाभ नायक

Complimentary Copy
To -
World Konkani Centre
- [illegible]

चैत्रपुनव

पद्मनाभ नायक

संजना
पब्लिकेशन्स

चैत्रपुनव
(कथासंग्रह)

पद्मनाभ नायक
फोन : (0251) 2421401
मोबायल : 919969267656

प्रकाशक :
संजना पब्लिकेशन्स
39, दत्तवाडी, सांगें,
गोंय. 403704
sanjanapublications2@gmail.com

© पद्मनाभ नायक
बी–201 मंजुनाथ को.ऑ.हा.
सोसायटी लि.,
संत नामदेव पथ, टिळक नगर,
डोंबीवली पुर्व 421201

पयली उजवाडावणी : 2021

अक्षरजुळणी :
अतुल र. पंडित
मोबायल : 9623269013

छापणावळ :
श्री अत्री प्रिंटर्स
कोल्हापूर

मोल : ₹ 200/–

Library Edition

CHAITRAPUNAV
(Collection of Stories)

Padmanabh Nayak
Phone : (0251) 2421401
Mobil : 919969267656

Publisher :
Sanjana Publications
39, Dattawadi, Sanguem,
Goa. 403704

© Padmanabh Nayak
B-201 Manjunath Co-Op. Hsg.
Society Ltd.
Santa Namdev Path, Tilak Nagar,
Dombivali - E. 421201

First Edition : 2021

Typesetting :
Atul R. Pandit
Mob. : 9623269013

Printing :
Shree Attri Printers
Kolhapur

Price : ₹ 200/-

अर्पण

मेगेल माध्यमीक शिक्षण पूर्ण जायनापडेन मुकावेले शिक्षण आर्थिक अनानुकूलतेन असाध्य जाव्न दिसच्याक लागले..तस्सलें कठीण परिस्थितींत साधनेन अनेक गोष्टी साध्य कोरच्या जातां म्हळिलें **पुष्पाताईन** समजायलें मनोबल वाडयलें. संबंधदूरचो जालो ती कि शिक्षणाक सर्वतरेन मदत केल्ली.

वाचतान वैचारिक संपन्नताय वाढता म्होणु किशोरावस्थेंतु आसिल माक्का उत्तमोत्तम पुस्तक वाचुच्याक मार्गदर्शन केलें.

साहित्यांतुल शब्द आनी अर्थ करसीं नागेश-महालक्ष्मीवरी जोडून उर्तांती म्हळिलें तीणे सोडोव्नु सांगलें.

हे प्रकार मेगेल आंगांतु साहित्याभिरुचीचे बीजारोपण केलिल

पुष्पाताईक

लेखक आनी शैली रुपांतर

पद्मनाभ नायक हो लेखक उत्तर कन्नड जिल्ह्यांतले कोंकणी शैलींत आपणालें बरप करता. ताच्या 12 कथांचें गोंयचे कोंकणी शैलींत केल्लें रुपांतर 'मधुमालती' ह्या पयल्या कथा झेल्याच्या रुपान 2012 वर्सा गोंयकार वाचकांच्या हातांत पावलें. आतां ताचो त्याच स्वरूपांतलो 'चैत्रपुनव' हो दुसरो कथां झेलो गोंयकार वाचकांक भेटयतना रुपांतरकार ह्या नात्यान म्हाका खूब खोस भोगता.

पद्मनाभ हो एक कवीय बी. ताचें चारोळी प्रकारांतलें काव्य आज काल घोळटुकेंत आशिल्ल्या ई-माध्यमांतल्यान लोकांक वाचपाक मेळटा. कांय गोंयकार वाचकांनी ताच्या ह्या काव्याक बरो प्रतिसाद दिला आनी ताचे कडल्यान तें अभ्यासपाचे नदरेन मागोवनूय घेतलां.

ताका इतिहासीक आनी सैम सोबायेन नटिल्ल्या थळांनी भोंवडी करपाची खूब उमेद. ती उमेद भागोवपाक तो हेर सांगात्यांच्या जम्यांत वांटेकार जावन भोंवडी करता. आज पिरायेच्या पाऊणशांक लागीं पाविल्ले पिरायेंतूय पांयभोंवडी करपाक तो फाटीं रावना. महाराष्ट्रांतले चडशे नामनेचे कोट

प्रत्यक्ष भोंवून पळोवन ताणें तांचो इतिहास अभ्यासला. असले भोंवडे विशीं कोंकणी आनी कन्नडांत ताणें बरप केलां. थोड्याच वर्सां आदीं बिम्बांत ह्या प्रकारांतलें ताचें बरप उजवाडा आयलां. तशेंच ललीत लेखन सुनापरान्ताचे आयतार पुरवणेंत छापून आयलां. कन्नड लिपींत बरयल्लीं ताचीं ह्या विशया वयलीं ल्हान ल्हान पुस्तकां आसात. सुनापरान्ताच्या साठींतलो सांठो कॉलमांतूय भौ. बाबली नायक संपादक आसतना ताणें आपणालें योगदान दिलां. भोंवडी करपाच्या शौका विशीं एक खाशेली गजाल सांगपा सारकी आसा. 2020 वर्साचे सुरवेक गोंय हे आपणाल्या पुर्वजांचे भुंये विशींची ओड आनी अभिमान व्यक्त करपाचे उर्मेन अस्वस्थ जावन सात आठ मध्यम पिरायेंतल्या दादल्यांच्या पंगडान भटकळ ते गोंय मेरेन पांयभोंवडी केल्ली. त्या पंगडांतलो एक गडो आशिल्लो पद्मनाभ.

पुर्तुगेज शासकांनी गोंय हातासून सतराव्या शेंकड्याच्या मदल्या काळांत जो धर्मछळ केलो तेन्ना तांच्या दबाडग्याच्या आनी धर्मांतराच्या भंयान जात आनी धर्म वाटावपाच्या हेतान आपणालीं घरांदारां आनी आस्पत फाटीं सोडून हजारांनी गोंयकार कर्नाटकांतल्या करावळी भागांनी वचून रावले. थंयच तांणी आपणाली वस्ती आनी रोजी रोटी मेळोवपाचीं साधनां निर्माण केलीं.

कांय लेखकांनी कन्नड आनी कोंकणींतल्यान ह्या विशयाचेर बरयल्ल्यो कथा कादंबऱ्यो वाचून आपणाले पूर्वज चलून आयिल्ले वाटेन आपणें चलून गोंयां वच्चें असो एक उमेदीचो आंकूर ह्या तरणाट्यांच्या मनांत फुटलो. तो उत्साह घेवन ते चलत भटकळच्यान गोंयां पावले आनी गोंयांतल्या आपापणाल्या कुळदेवांची भेट घेवन परत गेले.

आदल्या 'मधुमालती' कथाझेल्यांत ताच्यो बारा कथा आसात. तेच तरेन ह्या नव्या 'चैत्रपुनव' झेल्यांतूय तितल्योच बारा कथा आसात. हातूंतली पतीत पावन ही एक दीर्घ कथा म्हणुंयेत अशी आसा. हांवें हातूंतल्या दोन कथांनी लेखकाचे मूळ उत्तर कन्नड शैलींतले संवाद तशेच राखून दवरल्यात

लेखक आनी शैली रुपांतर

आनी उरिल्ल्या धा कथांतले संवाद गोंयचे शैलींत रुपांतरीत केल्यात.

पद्मनाभाच्यो कथा वाचून ताच्या ह्या झेल्याक विचारपूर्वक प्रस्तावना बरोवपी साहित्य अकादेमी पुरस्कारान सन्मानीत कवी बाब निलबा खांडेकार हांचे पद्मनाभ आनी हांव उपकार मानतात.

हातूंतल्यो चार कथा आदीं उजवाडा आयल्यात. क्रमांक 5 कथा सुनापरान्त चवथ 2012 अंकांत आनी क्रमांक 6, 7 आनी 8 ह्या कथांचो बिम्बाच्या 2012, 2014 आनी 2015 च्या दिवाळी अंकांनी आसपाव जाला. ह्या दोगांय संपादकांक धन्यवाद.

ह्या झेल्याचे उजवाडावपी संजना पब्लिकेशन्स हांचे आमी उपकारी. तशेंच कथांचें संगणकीय टंकलेखन करपी अतुल पंडित, रिया ग्राफिक्स आनी सोबीत मुखचित्र काडपी बाय सिया पंडित हांकांय खूब खूब धन्यवाद.

बरें मागून,

– रमेश लाड

लेखक आनी शैली रुपांतर

प्राक्कथन

अणकार हो दोन भाशां मदलो पूल म्हटल्यार अतिताय जावची न्हय. अणकार भाशा आनी साहित्य समृद्ध करता कित्याक तर ह्या पुला वरवीं साहित्याचें आदान-प्रदान घडटा. ते ते भाशेंतल्या बरोवप्यांचें आनी वाचप्यांचें एकामेकां कडेन मेळप जाता, जोडप जाता म्हण अनुवादक हो दोन भाशां मदलो विचार, संस्कृतीचें दिवप-घेवपाचे प्रक्रियेंतलो म्हत्वाचो दुवो. म्हण जाणकारांचें अशेंय मत आसा की अणकार म्हळ्यार नवनिर्मितीच. जिवितांत खूब परिचीत तश्योच अकल्पीत गजालीय घडत आसतात. तरेकवार घुस्पागोंदळाचे अणभव आसतात. तांकां फक्त शब्दबद्ध करूनूच काम जायना. तें वाचनीय जावपाक जाय. उमळशीक वाडोवपी जावपाक जाय. वाचकाचे कल्पनाशक्तीचेरूय ताण येवपाक जाय. असल्या गजालीं कडेन बरोवप्याक जागरूकता दवरची पडटा आनी हेंच अनुवादाचें आव्हान आनी हें आव्हान सतत जिवें दवरतना अणकार कलात्मक जायत वयता आनी तें भौ. रमेश लाड हांकां बरे तरेन जमलां. एके भाशेंतलें साहित्य दुसरे भाशेंत हाडप तशें खूब कठीण काम. खूबदां अर्थाचो अनर्थ जावं येता. म्हणून अनुवादकाक

ह्या दोनूय भासांचें बरें गिन्यान वा प्रभुत्व आसप गरजेचें. निमाणी तिवूय एक कलाच. पूण सगल्याच अनुवादांक कला म्हणप शक्य नासता. फक्त सृजनात्मक लेखनाचो अणकारूच कला जावंक शकता म्हणुनूच तर साहित्य अकादेमी सारकी संस्था लेगीत दर वर्सा अणकाराचे पुरस्कार भेटयता. तशें, कोंकणी लेखकानूय अणकाराचीं जायतीं पुस्तकां उजवाडा हाडल्यांत. पूण कोंकणींतल्यान दुसरे भाशेंत अणकार जाल्लीं पुस्तकां खूब कमी आसात. कोंकणीचें अणकार करपा सारकें साहित्य आमचे कडेन ना काय? अशें खंतीन म्हणचें पडटा.

भौ. रमेश लाड हांणी आयज मेरेन सुमार इकरा पुस्तकांचे अणकार केल्यात. जातूंत मास्ती व्यंकटेश अय्यंगार, जयंत कायकिणी, विवेक शानभाग, गोपाळ मयेकर, कस्तुरी मोहन पै, बस्ती पुंडलीक व्यंकटेश, यू आर अनंतमुर्ती, महाश्वेता देवी आनी पद्मनाभ नायक हांच्या मधुमालती ह्या कथा झेल्याचें शैली रुपांतर हांचो आसपाव आसा. तांचे चडशे अणकार कन्नड ते कोंकणींत आसात. तरीय तांच्या योगदानाची दखल जितली घेवपाक जाय तितली घेतिल्ली दिसना.

हो कथासंग्रह अनुवाद म्हणपूय चुकीचें दिसता. कित्याक तर भौ. पद्मनाभ नायक हांच्यो ज्यो मूळ कथा आसात त्यो कोंकणींतल्यानूच. हांगा जर कितें जालां तर ते शैलीचें रुपांतरण. पद्मनाभबाबाली बरोवपाची जी भाशाशैली ती उत्तर कन्नड वाठारांतली. तिचेर कन्नड भाशेचो धाक आसा, प्रभाव आसा आनी रमेशबाबान ती गोंयचे कोंकणी शैलींत हाडपाचे प्रामाणीक यत्न केल्यात. जिचेर मराठीचो प्रभाव भासता. हाचें कारण लेखक फाटलीं पन्नाशेक वर्सां मुंबयंत रावता हेंच आसुये. मूळ कथांनी कांय कन्नड उतरां आसात तीं रुपांतरकारान बदलूंक नात.

खूबदां कितें जाता, गोंयचे वाचक उत्तर कन्नड कोंकणी शैलींतलें साहित्य वाचतां वाचतां थोडे अशे शब्द मेळटात की झप्प करून कळनात, समजनात.

ते गोंयच्या साहित्यकारांक आनी वाचकांक परिचीत नासतात आनी म्हणून वाचप्यांच्या वाचनांत थोडी भोव आडखळ येता. तांचो विरस जाता आनी मागीर वाचक तें साहित्य अर्ध्यारूच दवरतात. अशें खूब फावटी घडटा आनी घडये हाकाच लागून पद्मनाभबाबान आपलें साहित्य कोंकणी शैलींत हाडपाचें काम रमेशबाबाचेर सोंपयलां. आपलें साहित्य गोंयच्या साहित्यकारां मेरेन आनी वाचकां मेरेन पावचें, आपल्या साहित्याचो विस्तार जावचो आनी आपली वळख गोंयच्या साहित्यकारांक जावची होच हेतू मनांत बाळगून तांणी हो वावर केला आसुये असो अदमास काडुंयेता. तांचो मधुमालती हो कथासंग्रह रमेशबाबान गोंयचे शैलींत हाडला आनी ताका गोंयच्या वाचकांचो भरपूर प्रतिसाद लाबला.

अणकार वा शैली रुपांतर म्हणल्यार फक्त शब्दानुशब्द नासताच तर कथेंतली लय, शब्द सामर्थ्य, कथेंत प्रतिबिंबीत जाल्ली संस्कृती, परंपरा, अणभव हाचोय अणकार अनुवादक करता. रमेशबाबानूय तेंच केलां आनी कथा वाचतना वाचकाची लय तुटची ना, वाचकांचो रसभंग जावचो ना हाची जतनाय घेतल्या, हाचें भान दवरलां म्हणपाचें रमेशबाबालें शैली रुपांतरण वाचतकच जाणवले बगर रावना.

पद्मनाभबाबाल्या कथांनी समाजीक आनी घरगुती आशय आसात आनी कथांचें बीज तांणी थंयच्यानूच घेतलां अशें दिसता. आनी हाकाच लागून त्यो अडेच्यो कशो दिसनात. पूण कांय कथांनी अन्याया आड वा अत्याचारा आड विद्रोह दाखोवंक मेळटालो पूण लेखकान तो टाळ्ळा. देखीक पतीत पावन ही कथा. हे कथेंत मंजुळाचेर अन्याय जाता, चंद्रशेखर अमेरिके सावन तिका धमकी दिता, तो मी नव्हेच म्हणटा. ताचो आवयबापुयूय मंजुळाक वायट चालीचें म्हण हिणसायतात. दुसरे वटेन आश्रमाचो मुखेली फादर फिलीप आनी समाजसेविका माधुरी हीं लेगीत तिचेर जाल्ल्या अन्याया आड आवाज काडिनात, वयल्यान तिका अन्याय सोंसूंक सांगतात. हांगा विद्रोहाक वाव

आशिल्लो. हांगा लेखकाक एक विद्रोही वा अन्यायाक वाचा फोडपी चित्रण दाखोवं येतालें. पूण तें दाखोवंक ना. अशें आनिकूय एके कथेंत जालां. कथेंतल्यान जीण दाखयल्या ती जिणेच्या संघर्शांतल्यान, नीती खातीर, तत्वां खातीर, स्वत्वा खातीर. न्याया खातीर झगडपी मनीस, बायल जावं दादलो, न्हिदला अशें दिसता आनी हांगाच तें जिणें परास्त कशें दिसूंक लागता आनी ना म्हळ्यार लेगीत ताचो प्रभाव फुडाराक लेगीत जिणभर उरता आनी तें जीण पोखरता. वास्तव आनी कल्पना ह्यो दोन भिन्न गजाली. कल्पनेंतले घावे घडये विसरूंक जायत पूण वास्तव विसरूंक नज अशें म्हजें मत.

वर्ण, जात, धर्म, पंथ, लिंग अश्या वेगवेगळ्या कारणांच्या आदारान मनशांनीच मनशाचें शोशण केलां. ते खातीर सांस्कृतीक वेवस्था निर्माण केली. जिवीत मुल्यांची मांडणी केली. देव, धर्म, पाप-पुण्य, पूर्वजल्म-पुनर्जल्म, नियती असल्या कितल्याश्याच फालतू गजालींचें अनुकरण करून शोशणाक धर्म वेवस्थेचो आदार मेळोवन दिलो. खरें म्हळ्यार मनशाक जगपाक खंयच्याच धर्माची गरज ना. पूण भारतीय समाज धर्म कुशीक काडून जगपाकूच शकना ही वस्तुस्थिती. धर्माचो आदार घेवन ताकदवान मनीस दुबळ्या मनशांचेर अन्याय करता, तांचें शोशण करता. हाचो चड धग बसता तो भारतीय बायलमनशेक. कदीम काळा सावन बायलांचेर अन्याय जायत आसा आनी हाचे पडसाद ह्या कथासंग्रहांत दिश्टी पडटात.

ज्या साहित्यांत समाजभानाचें पडबिंब पडना त्या साहित्याची मोलावणी जावंक शकना अशें कार्ल मार्क्स हांणी म्हळां आनी पद्मनाभाबाबाच्यो कथा समाजभानाचेरूच आदारिल्ल्यो आसात. आधुनीक म्हायती तंत्रज्ञानाचे वेवस्थेंत फुगार जावपी संवेदनशील मनशाच्यो निशब्द किळच्यो ह्या कथा संग्रहांत आयकूंक येतात. आधुनीक जगाच्या कलकलाटांत रंग उडिल्ले इंद्रधणू मिरोवपी दांभिक मनशांचें प्रत्ययकारी चित्रण ह्या कथांनी आयलां. आमचे आशीकुशीक, आमच्या नात्यांत, आमच्या गांवांत अश्यो गजाली

सर्रास घडटात देखून त्यो आमकां आपल्यो कश्यो दिसतात. पद्मनाभबाबान अश्या गजालींक शब्दरुपाचो आवाज दिला.

दुसरी गजाल जी ह्या संग्रहांत दिसता ती मोगाची. मोग ही संवसारांतली सर्वश्रेश्ठ भावना जी काळजाच्या दरेका स्वासांत रिगिल्ली आसता. होच मोग त्या मनाक जोडून दवरता. दोन मनांक लग्नाच्या बंदनांत बांदता. मोग सपनां पळोवंक शिकयता जाल्यार लग्न वास्तविकतायेची जाणविकाय करून दिता. ज्या काळजांत मनीस–मोग आसता थंय मनीस–जाती वयलो विस्वास दृढ आनी अखंड आसता. थंयच्यान आपशींच उजवाड फांकता.

ह्या संग्रहांतली पयली कथा चैत्रपुनव पयल्या मोगाचे अखंडताये विशीं सांगता. ही श्रीनिवास आनी कुसूम हांच्या मोगाची काणी. मनां जुळिल्लीं आसत जाल्यार लक्ष्य पयस उरना हेंच सांगपी ही कथा. तसो मोग हो सगल्या कथांनी आसा आनी तो बेस बरे तरेन चित्रीत केला. मोग हेंच संवसाराचें पसायदान जावपाक जाय अशें खूब फावटी दिसता. हे विश्वची माझे घर ही संकल्पना मनांत रुजोवन प्रत्यक्षांत हाडटलो जाल्यार मोगा बगर पर्याय ना. तो मोग मागीर कोणाचोय आसूं, शोशण आनी फटींगपणाचो बुरखो पिंजून आमकां मनीस म्हणून मनशां भाशेन जगपाक जाय.

बरोवपी आपल्या अणभवांतल्यान कल्पनेचो आदार घेवन साहित्यकृती वा कथा बरयता. वाचप्याक ती कथा वाचतना ताचो प्रत्यय येता. अणभवा कडेन प्रामाणीक आसप आनी अणभवांच्या पुनरप्रत्ययाचो आनंद मेळोवप हे दोनूय गूण लेखका कडेन आसूंक जाय तेन्नाच हे गूण कथेंत वा कादंबरेंत एकामेकांच्या हातांत हात घालून मुखार वचूंक शकतात. जिणेंत आयिल्ले अणभव लेखकान कथेंत प्रामाणिकपणान मांडले जाल्यारूच ती कथा उत्कृश्ठ जावंक पावता. तंत्रां परस जिवनाभुतीचो मंत्र साहित्यांत श्रेश्ठ थारता. कथेंत जितली जितीजिवी जिवनाभुती वा अणभव लेखक मांडटा तितली ती कथा उठावदार आनी वाचनीय जाता. कथा म्हळ्यार बरोवप्याच्या मनाच्या

हारशांतल्यान पळेल्लो संवसाराचो कोनसो अशें गोंयचे नामनेचे कवी मनोहरबाब सरदेसाय हांणी म्हळां तें ओगीच न्हय.

ह्या कथा संग्रहांतल्या कथांनी संवाद, निवेदन, चित्रण, वातावरण, ह्या सगल्यांच्या आदारान कोंकणी कथेक एक वेगळीच उंचाय जोडून दिल्या. कथा संग्रहाच्या हेर घटकां वांगडाच भाशा शैलीचे नदरेन विचार केलो जाल्यार रमेशबाबान मूळ लेखकाची उत्तर कन्नड शैली आनी थंयच्या लोकांचे संवाद तशेच दवरल्यात म्हणपाचें जाणवता. ही एक बरी गजाल.

भौ. रमेशबाबान भौ. पद्मनाभबाबालो हो कथा संग्रह गोंयचे कोंकणी शैलींत हाडून कोंकणी साहित्यांत नवें वातायन (वेंटीलेटर) दिलां अशें म्हळ्यार ती अतिताय जावची ना. दादलो-बायल हांचें समीकरण शैलीच्या माध्यमांतल्यान कोंकणींत हाडिल्ल्यान कोंकणी शैलीक नवी दृश्टी आनी सृश्टी मेळ्ळ्या. ह्यो कथा फक्त कथानकांतल्या घडणुकांचेरूच उलयनात जाल्यार त्या कथानकांतल्या पात्रांच्या मनांचेर आनी वागण्याचेर उजवाड घालतात आनी म्हणूनच ह्यो कथा वाचतना वाचप्यांक उत्कृश्ठ कथा वाचिल्ल्याची अनुभुती मेळटा.

मानवी वेव्हारांत व्यक्ती-व्यक्तीची एकामेकांक वा परिस्थितीक अनुलक्षून जी भावनात्मक प्रतिक्रिया जाल्या वा जाता तिचें लेखकाक जें दर्शन वा आकलन जालां वा जाता ताचें वाचकांक दर्शन घडोवचें हीच मोख घेवन पद्मनाभबाबान ह्या कथांचें लेखन केलां आसुये अशें म्हणुंयेता.

भौ. पद्मनाभ नायक हांच्यो कथा समाजीक विचार घेवन येतात पूण विचारांचें सौंदर्य हाडपांत मात त्यो कमी पडल्यात अशें खंतीन म्हणचें पडटा.

निमाणें सोंपोवचे पयलीं एकूच सांगन दिसता, मनशाचीं सूख-दुख्खां, व्यथा-वेदना, खोस, उमेद ह्या आशयांक घेवन वा ऐहीक भावनांक चित्रीत करपी साहित्यूच म्हत्वाचें न्हय जाल्यार मनशाचे आत्मिक तांकीची वृद्धी करपी साहित्य निर्माण करप हेंच लेखकाचें ध्येय आसूंक जाय. जिवीत मूल्ल्यांची

पुनर्स्थापना हेंच साहित्याचें उद्दिदश्ठ आसूंक जाय. हेर भासांतल्या कथा साहित्या कडेन गुणवत्तेचे नदरेन पळयत जाल्यार कोंकणी कथा बऱ्योचश्यो समांतर चल्ल्यात. तरीय कोंकणी कथेन आपले पांवडे हुपीत वयर वचूंक जाय. नवे नवे विशय, नवे नवे लोक, नव्यो जाणिवो, जिवितांचे समज कथांनी येवपाक जाय. कथा साहित्यांनी चैतन्य झळकुपाक जाय.

लेखक येस जोडपा खातिरूच बरयना. ताका ताचे भितरली उर्मी ओगी बसूंक दिना. तीच ताका बरोवपाक लायता, ते भायर ताका दुसरो पर्याय नासता. आशय संपन्नतेचो आनी अनितीचो प्रत्यय दिवपी हो प्रगल्भ कथां झेलो वाचतल्यांच्या मनांत विचारांचीं वादळां निश्चितूच निर्माण करतलो अशी आस्त धरूं येता.

– निलबा खांडेकार

कृतज्ञता

हांव मूलतः कर्नाटकांतुल उत्तर कन्नड जिल्लेच रहवासी. जाल्यार हांवे बरैल कथा, कविता गोंयांतु छापून येत्ताली. कारण कर्नाटकांतुल कोंकणी लेखकांल कष्ट सांगून सर्नाती. हांगा अभिरूची आस्सिल कोंकणी वाचक, साहित्याच जाण आस्सिल समीक्षक कमीं आस्साती.

अस्सीं जाव्नु मेगेले पयलो कथा संग्रह 'मधुमालती' इ. स. 2012 तु गोयांतु प्रकाशित जाल्लो. आत्तां दुसरो कथा संग्रह 'चैत्र पौर्णिमा' बी गोयांतु प्रकाशित जाय्त आस्सा.

नजरे आड चिगुरिलें फुलझाडाक व्यवस्थित निक्कोळ्नु फुलबागेंतु हाणु रोयल्यावरी, मडगांवचो मेगेल हितैषी श्री. रमेश लाडान माक्का गोंयचे कोंकणी साहित्य क्षेत्रांतु परिचय कोर्नु दिल्लो.

'बिम्ब' प्रकाशनाचे श्री. दिलीप बोरकारान, 'सुनापरान्त' दिनपत्रिकेचे श्री. बाबली नायकान हावें बरैली कथा, कविता, प्रवास वर्णन छापून वाचकांक मेगेल परिचय कोर्नु दिल्लो. आनि आत्तां हो कथा संग्रह संजना पब्लिकेशन्साचो श्री. दिनेश मणेरकार छापच्याक मुकार आय्लो. हांकां

सर्वांक हांवु मेगेली कृतज्ञता व्यक्त कर्ता.

वास्तुशास्त्रांतु आश्रम बांदूचें, घर-बंगला बांदूचें, होडोड इमारत बांदूचें.... इत्यादी अनेक प्रकार आस्सती. त्याच प्रमाणे साहित्यांतुयी कथा, कादंबरी, महाकाव्य... इत्यादी अनेक प्रकार आस्साती. हांवे बरोची शैली आश्रम बांदील्यावरी निसर्गप्रेमी जाव्नास्सिले माक्का आश्रम आवडता. मेगेले लेखनांतु कल्पने किंवा सत्य जाव्नास्सिले विषय जास्ती वाच्चुच्याक मेळता. पण ते सर्व पूर्ण सत्य न्हयीं. पूर्ण असत्ययी न्हयीं.

लेखकाली बरवणिगेची शैली म्हळ्यारी ताणे ऽ तयार केलिली रेसिपी. मेगेली ही उत्तर कन्नड जिल्लेची रेसिपी तुमकां आवडतली म्हळिल खात्री माक्का आस्सा.

ताज्जो स्वाद तुम्मीं घेवका. तुमगेल प्रोत्साहनेन ह्यो कथा बरोच प्रेरणा माक्का मेळता. तस्सीं जाव्नु तुमकां बी कृतज्ञता व्यक्त करत ह्या मनोगताक पूर्ण विराम दित्तां.

– पद्मनाभ नायक

भटकळ

मो : 9969267656

ता. 10.10. 2020

मांडावळ

1. चैत्रपुनव / 19
2. दुर्गय नायकाली दुर्गती / 44
3. पतीत पावन / 66
4. सुधा आत्या / 141
5. परोपकाराचें प्रतिफळ / 158
6. हुंवार / 165
7. विस्वासघात / 188
8. चामटो शिन्नमाम / 200
9. घर / 208
10. प्रवासांत पळयल्लें एक सपन / 225
11. भंगिल्लें सपन / 232
12. जीवन सांगाती / 260

01.

चैत्र पुनव

चैत्र पुनव हो श्रीनिवासाचे जिणेंतलो खूब म्हत्वाचो दीस. कठोर तपश्चर्या केल्ल्या मनशा सामकार देव प्रसन्न जाल्ले वरी विरहान निरशेल्ल्या श्रीनिवासाक चैत्र पुनवे दिसा कुसूम प्रत्यक्ष तोंडा मुखारूच दिसलें. तीं जेन्ना एकामेकांच्या मोगांत शिरकलीं तेन्ना श्रीनिवासाची पिराय आशिल्ली चोवीस वर्सां. तेन्नाची ती घडणूक आनी ते घडणुकेंतले अणभव कोरांतून दवरिल्ल्या शिलालेखांवरी तागेल्या स्मृती पटलाचेर पुसुनूय वच्चे नात अशे तरेन तिगून उरल्यात.

हळदीपूर अर्बन बँकेंत तो कामाक लागलो. ताचें मुळावें आनी माध्यमीक शिक्षण होन्नावरांत जाल्लें. थंयच्यान बारा मैल पयस आशिल्ल्या कुमठा शारांत ताचें कॉलेज शिक्षण जाल्लें. तेन्ना होन्नावरांत कॉलेज नाशिल्ली. ऊंच पदां वयल्या मनशां कडेन आशिल्ल्या वळखीच्या बळार ताका बँकेंत नोकरी लागली. अशें जाल्ल्यान तो गांव सोडून खंयच केन्ना फिरपाक गेलो ना. आपणालो गांव सोडून हेर कडेन खंयूय फिरपाक वचपाची वयवाटूच तांच्या घरांत नाशिल्ली अशें म्हणल्यार चड समा जातलें. गांव सोडून आशिकुशीक पन्नास मैल पयस लेगीत केन्ना वचुंनाशिल्ले हजारांनी लोक गांवांत आशिल्ले. अशें घडपाचें मुख्य कारण म्हणल्यार आजोळ, मावोडे आनी हेर सोयऱ्यां संबंदी मनशांचीं घरां लागींचे भोंवतणेंतूच आसतालीं. तें जालेंच, ते भायर नव्यो सोयरिकोय बी थंयचे थंयच लागीं लागींच सोदताले.

आजकाल शिक्षणाचो प्रसार वाडत गेल्ल्यान सुक्षिक्षीत तरणी पिळगी कामधंदो सोदीत पयस पयस वचपाक लागल्यात. श्रीनिवासाल्या नशिबांत तेंवूय बी ना जालें.

मनीस चार कडेन भोंवलो, चार चौगां कडेन परिचय करून घेतलो जाल्यार ताचे बुद्‌दीचो विकास जाता. संकुचीत मनोवृत्ती पयस जाता. नव्या विचारांनी उदरगतीचो वेग वाडटा हो विचार मनार घेवन ताणें पंदरा दिसांची रजा घेवन खंय तरी भोंवून येवया म्हण थारायलें.

आज मेरेन तो खंय वचून नकळो आशिल्लो. पूण आतां ताणें वचपाचो विचार पक्को केल्लो. तरी वच्चें खंय? गेलो जाल्यार रावचें खंय? अशे प्रस्न ताच्या मनांत उबे जाले. ते प्रस्न ताका सतावपाक लागले आनी तांणी ताची फाट घेतली. ताका लागून ताची उमेदूच मरता काय कितें अशी ताची गत जाल्ली.

ही खबर उणीच पन्नास पंचावन्न वर्सां आदली. आतां श्रीनिवासाली पिराय पंचात्तर वर्सांक तेंकल्या. तीर्थयात्रेक वचून चार गांव भोंवून आयिल्ले दोन जाणटेले होन्नावरांत आशिल्ले. तांच्या तोंडांतल्यान प्रवासाचें वर्णन आयकून कोणूय प्रवासाक वचपाचे विचार करपाकूच भियेताले. तांचे मदलो एकटो आशिल्लो श्रीनिवासाचो मामा.

एक फावट तो बोटीर भटकळच्यान मुंबय गेल्लो. भटकळांत बोट धक्याक लागना. पयस दर्यांत उबी रावता. बोटीर चडपी प्रवासी आसतात तांकां पडावांतल्यान बोटीर पावयतात. तो पडाव खूब धोलता. तितलोच प्रवास करतना मामाक आयली घुंवळ. तो लागलो ओंकूक आनी बरोबरच्या प्रवाशांचेय कपडे बुरशे केले. ओंकारे काडीत ताणें सांगिल्ली ती खबर श्रीनिवासान जायते फावटी आयकल्ली.

मुंबय बांद्रांत तो कोणा एका सोयऱ्यागेर राविल्लो. त्या घरांतल्या कोणाकूच हागेल्या मामाक घेवन भोंवपाक फुरसत नाशिल्ली आनी स्वता एकटो भोंवपाक कळनाशिल्लें. पूण इतलो पयस भोंवपा खातीर येवन घरांत

बसून कितें रावतलो? तो आपलो आपूण भोंवपाक भायर सरलो. चर्चगेट वचपाची ट्रेन तिकेट काडली. चुकून बोरीवली वचपी ट्रेन धरली आनी आपूण चुकलों म्हूण कळ्ळें तेन्ना अंधेरी स्टेशनार देंवलो. मामाली स्थिती रानांत पावस पडिल्लेवरी जाली!

पाडपडूं तो ट्रेन प्रवास! बसीन भोंवल्यार बरें अशें म्हणटलो जाल्यार बसींच्या नंबराचो गोंदळ. कितल्या नंबराची बस धरप, खंयच्या स्टॉपार देंवप हें सगळें सारकें कळटलें जाल्यार त्या शारांत एक वर्स तरी रावपाक जाय अशें तो सांगतालो.

सात माळयांचे बिल्डिंगेंत तो कोणाक तरी मेळपाक गेलो. त्या वेळार घडिल्ली गजाल ताच्या तोंडांतल्यान आयकल्यार हांसू हांसून पोटांत दुखपाक लागता. लिफ्टांत लिफ्टमॅन नाशिल्लो. हाका लिफ्ट ऑपरेट करपाक कळनाशिल्लें. हो वयर गेलो आनी वयल्यान सकयल आयलो. परतून वयर गेलो आनी सातव्या माळ्यार पावलो. हाका वचपाचें आशिल्लें चवथ्या माळ्यार. लिफ्ट आनी नाका अशें म्हणून तीन माळयो देंवून तो सकयल आयलो.

डबल डेकर बसीर बसून राणीबाग गेलो, एअर पोर्टार वचून लागींच्यान विमान पळयलें, नॅशन पार्कांत वचून कन्हेरी केव्स पळयल्यो, हँगींग गार्डनांत वचून बूट हाव्स पळयलें, अशें म्हणून मामान सांगिल्ल्यो गजाली आयकून श्रीनिवासाक मुंबय वचपाची खर इत्सा जाली.

मुंबय गेल्यार रावतलो खंय? अशें तो चिंतपाक लागलो. इतल्यान सट्ट करून ताका आनंदरायाची याद जाली. आनंदराय ताचो भुरगेपणाचो इश्ट. तोच ताका भरवंशाचो सो दिसलो. ताणें आपूण मुंबय येतां म्हणून इश्टाक पत्र बरोवन कळयलें. आतांचे वरी तेन्ना लँडलायन फोन, मोबायल फोन बी नाशिल्ले.

श्रीनिवास आनी आनंदराय प्राथमीक आनी माध्यमीक शाळेंतले वर्गमित्र आशिल्ले. ती तेन्नाची तांची इश्टागत तशीच तिगून आशिल्ली. शिक्षण

पुराय करून तो मुंबय गेलो पूण श्रीनिवास होन्नावरांतूच उरलो. हाचें पत्र वाचून तो खोशी जालो. आपूण दादर स्टेशनार तुका व्हरपाक येतां अशें ताणें इश्टाक कळयलें.

आमगेल्या म्हालगड्यांचें खाशेलपण म्हणल्यार तांणी व्यापार-उद्देग, देव-धर्म इतलें सोडल्यार जिणेंत हेर कसल्या गजालींनी चड सूख भोगूंक ना. पूण तांच्या भुरग्यांनी भोगिल्लें सूख पळोवन ते खोशी जाताले.

श्रीनिवासालो बापूय 'आमचो श्रीनी मुंबय वता' अशें म्हणून सामकार मेळिल्ल्या सगल्या नात्यांतल्या जावं वळखिच्यांक सांगत रावतालो. आवय पुताक मुंबय व्हरपा खातीर सोये कापां, चक्री, चिवडो, पुरणपोळी असले जिनस करपाक लागिल्ली.

वचपाचो दीस आयलो. बसस्टॅण्ड लागींच आशिल्लो. श्रीनिवास सक्काळीं उठून न्हावन धुवन देवळांत वचून पांयां पडून आयलो. सकाळीं नाश्तो करून म्हालगड्यांक पांयां पडलो आनी पावणे आठांक बसस्टॅण्डार गेलो. आठांक हुबळी वचपी बस बसस्टॅण्डार येवन उबी राविल्ली.

बापूय ताका पावोवपाक आयिल्लो. ताणें सामानाचो ट्रंक बसीच्या टॉपार चडयलो. बस सुटपाची जाली तेन्ना ताणें पुताक 'सांबाळून वच रे, पावले की तेलेग्राम धाड.' अशें सांगलें.

दुसऱ्या दिसा रातची श्रीनिवासाली ट्रेन दादर पावली. त्या वेळार हुबळी ट्रेन धरली जाल्यार मिरज स्टेशनार देंवून दुसरी ट्रेन धरून मुंबय वच्चें पडटालें. होन्नावरच्यान मुंबय हो दोन दिसांचो प्रवास आसतालो. आतां कोंकण रेल्वेन हो प्रवास बारा वरांचो जाला.

दादर स्टेशनार हाच्या येवकाराक आनंदराय येवन राविल्लो. हो घेवन गेल्लो तें सगलें सामान पळोवन ताणें कपलार हात मारीत म्हणलें, 'हें सरू कित्याक हाळ्ळें म्हाराया?' निमाणे कशें तरी करून सामान घेवन ते गोरेगांवां आनंदरायाल्या बिराडा वचून पावले.

'नळांतु उदाक येत आस्सा. बेग्गी न्हाव्नु यो. तें केन्ना वत्ता म्होणु

सांगच्या जायना.' आनंदरायान ताका म्हणलें.

श्रीनिवासाक हुस्को जालो. शाबू लायतनाच उदक गेल्यार? पूण उदक गेलें ना. तो न्हावन आयलो. दोगूय हॉटेलांत वचून जेवन आयले. श्रीनिवासाक प्रवासान पुरो जाल्लें. दोगूय बेगीन न्हिदले.

सकाळीं उठून आनंदरायान बरी फर्स्ट क्लास च्या केली आनी श्रीनिवासान व्हेल्लें खाण खावन नाश्त्याची वेवस्था जाली. उपरांत रोखडेच दोगूय मुंबय दर्शनाक भायर सरले. पयलीं पोस्टांत वचून श्रीनिवासान घरा पाविल्ल्याची तार केली.

आनंदराय वेवसायान मेडिकल रिप्रेझेंटेटीव. तो सतत फिरतेर आसतालो. ताका लागून पुराय मुंबयची ताका बरी म्हायतती आशिल्ली. सभावान रसीक जाल्ल्यान ताका खूब इश्ट आशिल्ले. ताणें श्रीनिवासाक खंय खंय व्हरप, कितें कितें दाखोवप आनी खावपा पिवपा विशीं सगलें पयलींच थारावन दवरिल्लें. तरणाटे जिणेंत मजा मारप म्हणल्यार कितें तें आनंदरायाल्या सहवासांत श्रीनिवासाक मुंबय येवन सारकें बरें कळ्ळें.

नांवा प्रमाण आनंदरायालो सभाव आनंदी उमेदी आशिल्लो. मुंबयंत रावून तो आदले परसूय बदलिल्लो. मेडिकल रिप्रेझेंटेटीव जाल्ल्या कारणान तो सारको टीपटॉप रावतालो. 'जीवनात तुगेल अपेक्षा कस्सली?' अशें कोणेय विचारल्यार ताची जाप एकूच आसताली. 'खावचें पिवचें बिनदास् मजेंत उर्चें.'

श्रीनिवास मुंबय येतना दोन म्हयन्यांचो पूर्ण पगार घेवन आयिल्लो. पूण आनंदरायान ताका चड खर्च करपाक दिलोच ना. पुराय मुंबय भोंवन दाखयली, वता थंय थंय फोटे काडले. ब्लॅक ॲण्ड व्हायट फोटोंचो आल्बम तयार करून दिलो. नवेच रिलीज जाल्ले सिनेमा दाखयले. फिरत्या रंगमचा वयलें 'तो मी नव्हेच' नाटक दाखयलें.

एक दीस रातची 'कार्यी जायना रे, जिवाक बरी! अशें म्हणून ताका बियर पिवयली. श्रीनिवासाक ल्हान आसतना आवय केन्ना केन्ना वखदी पानांचो रोस पिवयताली, केन्नाय कसाय करून दिताली ती याद जाली.

'जिवाक बरी' म्हणत आनंदरायान दोन बाटल्यो सोंपयल्यो. तितले भितर भीतभीत श्रीनिवासान एक सोंपयली. मर्दी दोन फावटी मुतूंक वचून आयलो.

आनंदराया सांगातान श्रीनिवासाक रजा केन्ना सोंपली कळ्ळीच ना. पूण ताणें मुंबय येवन जी मजा करपाची आशिल्ली तितली करून जाल्ली. आतां परतो होन्नावरा वचपाचो दीस लार्गी पावत आयलो. पूण आनंदराय ताका सोडपाक तयार नाशिल्लो. 'मुंबयतू राब, तुका हांगाची नौकरी सोद्दून दित्तां.' ताणें श्रीनिवासाक सांगलें.

अशें जावन श्रीनिवास दुविधेंत पडलो. ताच्या भायल्या मनाक मुंबयंत रावचें अशें दिसतालें जाल्यार अंतर्मनाक थंयचें जिवीत कृत्रिम म्हूण कळटालें. अशें जावन तो ते मायानगरीच्या मोहांत शिरकून उरलो ना. परतून ताणें होन्नावरा येवची तयारी केली.

तो गांवां वचपाचो आशिल्लो ताच्या आदल्या दिसा आनंदरायाक एका गरजेच्या कामाक हेड ऑफिसांत वचपाचें आशिल्लें. ताचें ऑफीस चर्चगेट आशिल्लें. हें काम आसपावन घेवन ताणें त्या दिसाची कार्यावळ थारायली. सकाळीं बेगीन भायर सरून दोगांयनी चर्चगेट वचप, श्रीनिवासान मेट्रो थेटरांत इंग्लीश सिनेमाचो मेटिनी शो पळोवप. आनंदरायान हेड ऑफिसांत आपणाल्या कामाक वचप आनी मागीर दोगांयनी मेळून जेवणाक वचप. ते उपरांत मंगलदास मार्केटांत आनी क्रॉफर्ड मार्केटांत जाय जाल्ल्यो वस्तू खरेदी करप आनी तें करून गोरेगांवां येवप.

सकाळच्या वेळार चर्चगेट दिशेन वचपा खातीर ट्रेन धरप खूब कठीण. ते खातीर ते बस धरून अंधेरी गेले. अंधेरीच्यान सुटपी ट्रेन धरून ते चर्चगेट दिशेन वचपाक गेले. जनेला कुशीक तांकां मना सारको जागो मेळ्ळो.

योगायोग म्हळ्ळे वरी श्रीनिवासाल्या तोंडा सामकार एकटी सोबीत सुंदर तरणाटी चली बशिल्ली–जायत वीस बावीस वर्सां पिरायेची. एक फावट तिचेर नदर पडली जाल्यार ती हालोवं नजो इतली ती रुपान सोबीत आशिल्ली. श्रीनिवासाच्या ब्रह्मचर्याक तिचे ते सोबायेन गिराण लायलें. तो बशिल्ले कडेन

अंतर्मुख जालो आनी मनांतल्या मनांत मांडे खावंक लागलो.

अचकीत तिणें श्रीनिवासाक पळयलो. दोगांयची नदरेक नदर जाली. एका मनाक दुसऱ्या मनाची भावना कळपाक वेळ लागना. स्त्री सुलभ लजेन तिणें नदर वळयली. लजेच्या सांवटान ती चडच सुंदर दिसली. एक अप्सराच आपणा सामकार बसून प्रवास करता अशें खीणभर श्रीनिवासाक दिसलें.

श्रीनिवासूय एक स्मार्ट तरणाटो दिसतालो. रंगान गोरो, रुपानय सोबीत आनी बऱ्या भरिल्ल्या घटमूट आंगाचो आशिल्लो. व्यक्तिमत्वान प्रभावी दिसतालो.

आनंदरायान ताका हळूच चिमटो काडलो तेन्ना तो एकदम शुद्धीर आयलो. 'तस्सीं दोळे पात्तियो हालनासी तिक्काऽऽ पळैत बस्नाकरे. तुगेल नदर तिक्का लागत!' ताणें म्हणलें.

ते चलये कुशीक एक चलो बशिल्लो. कितें आसत काय तांचे मदलें नातें? तीं दोगांय आपले भितर ल्हवू ल्हवू उलयतालीं. उलयतना ती मर्दी मर्दी हांसताली.

तिगेलो वाटकुळो गोल तोंडावळो. गोरे गोरेच गाल, गुलाबी ओंठ, सोबीत नाक, बदामी आकाराचे आकर्शक दोळे, हांसतना चकचकपी धवे दांत, गालार डिंपल अशें सगळें पळयतल्याक मोहीत करतालें. तिगेलें रुप तारूण्याक आव्हान दितालें. ट्रेन धांवताली आनी तेच गतीन विचारय धांवताले. खंयचें स्टेशन आयलें, खंयचें गेलें ताचे वटेन श्रीनिवासाचें लक्ष नाशिल्लें.

ते राती बियर पिल्लो तेन्ना ताका एके तरेची नशा चडिल्ली. ती तामसी नशा. ते नशेन तकली घुंविल्ले वरी जावन सगळें आंग भेरेल्ले वरी जाल्लें. आयची ही तारूण्याची नशा–रजोगुणाची. हे नशेंत उमेद, उत्साह आंगांत भरिल्लो तो नसानसांत व्हांवतालो आनी कल्पना विलासाचें चक्र फिरतालें.

'मुकावैल स्टेशन मरीन लायन्स. आम्मी देवका.' आनंदरायान सांगनाफुडें श्रीनिवास शुद्धीर आयलो. आनंदरायान ताका मेट्रो थेटरा कडेन वचपाचो रस्तो दाखयलो.

श्रीनिवासालें नशीब म्हणल्यार ती रुपसुंदरी आनी तिचो सांगाती चलो त्याच स्टेशनार देंवपाक उठलीं. तो चलो मुखार गेलो आनी ताचे फाटल्यान ती चलपाक लागली. श्रीनिवासूय तिचे फाटोफाट गेलो.

आनंदरायान बशिल्ले कडच्यान म्हणलें, 'श्रीनिऽऽ तिगे माक्षान वश्शी तूं! कडेरी तुक्का शोधत हांव भोंवका जाय्त!'

थंय आशिल्ल्या कोणाक कोंकणी भाशा कळची ना अशें म्हणून तो मोठ्यान उलयलो. 'पिक्चराक येत्ता जाल्यारी आप्पोन व्हर रे.' अशें म्हणून तो हांसलो.

स्टेशन आयलें. देंवपाचे ते लोक देंवले. ट्रेन चर्चगेट वतना आनंदरायान जनेलांतल्यान हात भायर काडून टा....टा...केलें. कोणाक केलें म्हणून श्रीनिवासाक कळ्ळें ना, आपणाक काय ते रूपवतीक?

ती प्लॅटफॉर्मार देंवून उबी राविल्ली. उबिल्ले केंस सारके करताली. तिचो सांगाती चलो श्रीनिवासाक दिसलो ना. श्रीनिवास आपणाक स्टेशना भायर वचपाक जाय म्हणपाचें विसरून तिकाच पळयत उबो राविल्लो. अस्तुरेचे सोबायेची आकर्शण शक्त कितली तांकिवंत आसता ती ताका जिणेंत पयलेच फावट कळिल्ली. तो आपणाकूच पळयत रावला म्हळ्ळें तिकाय कळिल्लें. असल्या विशयांत दादल्यां परस बायलां चड शिटूक आसतात. पळयतल्या परपुरूशाची नदर कसले तरेची ती तांकां एका खिणांत कळटा.

तिणें दोळे मोटे करून त्याच खिणाक निरखून पळयिल्लेवरी ताका पळयलो. तो नर्वस जालो पूण ताणें दाखोवन दिलें ना.

'मैं इधर एकदम नया है, मेरे को जानेका मेट्रो सिनेमा. रोड मालूम नहीं. प्लीज, बोलेगा क्या?' ताणें एकदम नमळायेन विचारलें. तिणें ताका जाप दिली ना. तीख नदरेन ताका नियाळून पळयलें.

हिंदी भाशा कळना आसत अशें म्हणून ताणें इंग्लीश भाशेंत विचारलें. हागेली इंग्लीश म्हणल्यार -Yes, No, ok, Alright, Don't worry......etc - butlers English. आनी बाप रे! हाका शॉक! तिणें शुद्ध कोंकणींत ताका

जाप दिली. वारो वचून टायर फ्लॅट जाल्ले वरी श्रीनिवास पंक्चर जावन फ्लॅट जालो. ट्रेन प्रवासांत फालतू कमेंट्रस केल्ले ती याद जावन तो नर्वस जालो आनी तिचे मुखार एकदम बाबडो जावन रावलो.

असले वेवस्थेंत दादल्यांक पळोवन बायलां खोशी जातात. श्रीनिवासाक ते दशेंत पळोवन घडये ती मनांतल्या मनांत हांसताली. इतल्यांत तिगेलो सांगाती चलो आयलो. तीं दोगांय मेट्रोंत सिनेमा पळोवपाक आयिल्लीं म्हूण तांणी श्रीनिवासाक सांगलें.

तीं मुखार गेलीं. तांचे फाटल्यान हो गेलो. थेटर चड पयस नाशिल्लें. बूकिंग विंडो बंद आशिल्लो. इंग्लीश पिक्चर 'मेकेनास गोल्ड' ओल्ड आशिल्ल्यान चड गर्दी नाशिल्ली. आतां कितें करूया? असो प्रस्न पडलो आनी श्रीनिवासाक सामकार इराणी हॉटेल दिसलें. ताणें सहज विचारलें 'च्या पिवन येव्या वे?' त्या दोगांनी ना म्हणलें ना. तांणी मस्का पाव मागयलो आनी च्या पिलीं. उठून भायर सरतना श्रीनिवासान मुखार वचून बील दिलें. थंयच्यान भायर वता आसतना तांची खूब वर्सांची पोरणी वळख आशिल्ले वरी उलोवणें चलतालें. विंडोचेर वचून श्रीनिवासानूच तिकेटी काडल्यो.

ते रुपवतीचें नांव श्रीनिवासाक कळ्ळें. कुसुमा नागरकट्टी. गांवान चित्रापूर पूण ती मुंबयंतूच जल्मल्ली. बी. ए. शिकिल्ली आनी नोकरी सोदताली. तिचो बापूय मिलवर्कर. तीं अंधेरींत रावतालीं. एक व्हडलो भाव. तो लग्न जाल्लो. कामाक सेंट्रल बँकेंत आसतालो. तिच्या सांगाता आयिल्लो तो तिचो मावसभाव. तो बेळगांवांत शिकतालो. रजेंत श्रीनिवासावरीच मुंबयंत फिरपाक आयिल्लो. इतली सगळी म्हायती मेळ्ळे उपरांत तांचे मदीं आत्मीयता निर्माण जाली. श्रीनिवासानूय आपणालो परिचय करून दिलो. थेटरांत भितर सरतना तांचे मदीं आपलेपणाचें नातें तयार जाल्लें.

कोणाक खबर, श्रीनिवासालें नशीब बळिश्ट आशिल्ले जावये वा घडये तांचे मदीं पूर्वजल्मांतलो संबंध आशिल्लो जावये. नाजाल्यार ग्रह जुळून आयले जाल्यार संबंद आपशींच जुळून येतात आनी वातावरण अनुकूल

आसलें जाल्यार ते संबंद चडूच घटमूट जातात अशें म्हणटात. तशेंय घडलें आसुये.

तांकां बसपाक मदलीं सिटां मेळिल्लीं. कुसुमाले उजवे वटेन मावसभाव बसलो आनी दावे वटेन श्रीनिवास. थेटर ए.सी. आशिल्ल्यान वातावरण एकदम थंड. पूण श्रीनिवासालें विचारचक्र फिरपाक लागिल्लें. सिनेमा सुरू जावपाक वेळ आशिल्लो. जायराती चालू जाल्यो. कुसुमान श्रीनिवासा कडेन गांवची चवकशी करपाक सुरवात केली. ती शारांत वाडिल्ली पूण तिका गांवा विशीं ओड आनी जिज्ञासा आशिल्ली. तिगेल्या उतरांतल्यान गांवाचो मोग व्यक्त जातालो. आनंदरायान ते विशीं कसलीच भावना व्यक्त करूंक नाशिल्ली.

लायटी डीम जावन पालवल्यो. काळोख पडलो. सिनेमा सुरू जालो. तांचें उलोवणें बंद जालें.

गांवांतल्या थेटरांनी दादले बायलांक वेगळीं वेगळीं बसयताले. एकाच कुटुंबांतले आसल्यार लेगीत एकठांय बसपाक दिनाशिल्ले. आयज पयलेच फावट श्रीनिवास एके तरणाटे पिरायेचे चलयेचे बगलेक बसून सिनेमा पळयतालो.

नांवा पुरतो सिनेमा, मनांत विचार वेगळे चलताले. भावी जिणेंत कुसुमावरी सुशील, सुशिक्षीत, सोबीत सांगाती मेळ्ळ्यार आपूण धन्य जातलो म्हळ्ळे कल्पनेंत तो बुडिल्लो. बशिल्ले कडेन तो अस्वस्थ जाल्लो.

सिनेमा चालू आसतना मदींच हागेलो पांय तिगेल्या पांयाक लागलो. पांय कोणाचो कोणाक सहज लागलो वा हाणें मुद्दम लायलो वा तिणें मुद्दम लायलो हें कळप कठीण. पूण तिणें सॉरी म्हणलें तें आयकून हाच्या जिवाक सूऽऽ जालें. तरी त्या दिसा श्रीनिवास अशे मनःस्थितीत पाविल्लो की कुसुमान पांयां पोंदा घालून मस्तिल्लो जाल्यारय कसलीच प्रतिक्रिया दाखयनासतना तो मस्तून घेवपाक तयार आशिल्लो.

कितलेशेच यत्न करूनूय बी चंचल मनाक आवरप ताका कठीण जाल्लें.

ल्हवूच श्रीनिवासान तिचे वटेन मान वळयली. कितें अजाप! ती हाकाच पळयताली. तो हांसलो. तिवूय बी हांसली. तिगेलो मावसभाव पिक्चरांत गुल्ल जाल्लो.

मुखार कितें जातलें म्हणून विचार करीत बसल्यार मोगाक आंकूर फुटचो ना. अकल्पीत अस्तुरी इतले बगलेक बसून हात मेळोवपाची संद आसतना ती सोडप ना अशें चिंतून श्रीनिवासान फुडाकार घेतलो. ताणें ल्हवूच तिगेलो हात हातांत घेतलो. ताका आंगांतल्यान हून थरथरतो प्रवाह व्हांवून गेल्ले वरी जालें. आपणाल्या आंगांत हुनसाण वाडून आंग थरथरतलें अशें ताका दिसपाक लागलें. तिणें विरोध केलो ना तरी तिगेलोय हात थरथरतालो.

त्या स्पर्शान जादू केल्लो. शब्दांनी व्यक्त करपाक जायनाशिल्ले मनांत उचंबळून आयिल्ले भावनेक तांणी मुक्त वाट करून दिल्ली. मेट्रो थेटरांतल्या काळखांत एअर कंडिशनाच्या प्रसन्न वातावरणांत तांच्या दोगांयचे रोमँटीक जिणेची सुरवात जाल्ली. सुखाचे खीण चड वेळ उरनात. पिक्चर सोंपलें आनी थेटरांत उजवाड जालो. तीं तिगांय भायर आयलीं.

भायर आनंदराय श्रीनिवासाची वाट पळयत राविल्लो. तिगांय सांगातान भायर येतात तीं पळोवन ताका अजाप जालें. श्रीनिवासान खूब उमेदीन ताका ताचो परिचय करून दिलो. टॅक्सी करून तीं चर्चगेट गेलीं. पुरोहित हॉटेलांत गुजराथी थाली मागोवन समाधानान जेवलीं. भायर येवन रस्त्याचे पेले वटेन आशिल्ल्या ब्रेबॉर्न स्टेडियमा लागीं आशिल्ल्या पारसी दुकानांत वचून आयस्क्रीम खाली. गेलीं थंय थंय आनंदरायान बील दिलें. सांगाता आशिल्ल्यांक तो बील दिवपाक दिनाशिल्लो. ते खातीर ताचे दोस्त ताका 'दिलदार' म्हणटाले.

पुरोहित हॉटेलांत वॉश बेसिना कडेन आनंदरायाक त्या दोगांयच्या शॉपिंगाची कल्पना दिल्ली. ते खातीर तांकां आशिल्ले गरजे प्रमाण हांणी आपापलीं कामां थारायलीं.

परतून टॅक्सी करून गेट वे ऑफ इंडिया गेलीं. रिगल थेटरा मुखार

आशिल्ल्या अपना बाजारांत वचून थोडी खरेदी केली. आनंदराय सांगाताक आशिल्ल्यान कसल्यो वस्तू खंय मेळटात त्यो सोदपाचो प्रस्न नाशिल्लो. ते एरियेची ताका पूर्ण म्हायती आशिल्ली. मंगलदास मार्केट आनी क्रॉफर्ड मार्केटांत वचून जाय आशिल्ल्यो वस्तू घेतल्यो आनी थंयच्यान तीं मरीन लायन स्टेशनार आयलीं.

'आरे, एक घेवच्याक विसर्लों' अशें म्हणून आनंदराय कुसुमाल्या मावसभावाक घेवन मिठाय घेवपाचें निमित्त करून पारसी डेरी फार्मांत गेलो. श्रीनिवास आनी कुसुमाक मेकळेपणान उलोवपाक वेळ मेळचो म्हणून ताणें तें निमित्त सोदिल्लें.

विशय कसो आनी खंयच्यान सुरू करचो तें कळना जावन दोगांय गोंदळिल्ले स्थितींत बसून रावलीं. ट्रेनी यो-वच करीत धांवत आशिल्ल्यो. वेळूय धांवतालो. श्रीनिवासान कुसुमाक पत्र बरयत राव अशें सांगून आपणालो पत्तो बरोवन दिलो. दिता आसतना तिगेलो हात हातांत धरून 'आज खंचें पिक्चर पळैलें म्हळिलें हांव आत्त विसर्लों. पण थिएटरांतुल तो क्षण, नंतवैलो हो संबंद मरपर्यंत विसर्नां. आय लव्ह यू.' ताणें मोगान थपथपिल्ल्या उतरांनी तिका पळयत म्हणलें.

'तूं गांवां केन्ना वत्ता?' तिणें विचारलें.

'फाल्लेक वत्तां. नसिबान आमकां एकत्र हाळ्यां. पयलेच वळखीन मोग किल्लून आयलो. वांगडाच काळजांतली वेदना सुरू जाल्या. ही वेदना आमची परिक्षा घेता. परिक्षेक भियेवन फाटीं सरुंनाका. संबंद तोडूं नाका.' अशें म्हणून श्रीनिवासान ताचो ॲड्रेस बरोवन घेतलो. तिणेंय बी मान हालोवन हाचें सांगणें पुरायपणी मानून घेतलें. तितले भितर मिठाय हाडपाक गेल्ले ते येवन पावले. बोरीवली दिकेन वचपाची ट्रेन तेन्ना रोखडीच येवन पावली. तांकां ट्रेनींत बसपाक मेकळो जागोय मेळ्ळो.

श्रीनिवासान आनंदरायाक घडिल्ली गजाल ल्हवूच कानांत सांगली. आनंदरायान खोशी जावन मिठाय बॉक्स थंयचे थंयच उगडलें आनी सगल्यांचीं

तोंडां गोड केलीं आनी कुसुमाक बॅस्ट ऑफ लक म्हणून शुभेच्छा व्यक्त केली. ती श्रीनिवासाक पळोवन गोड हांसली. तिगेल्या मावसभावाक मात कितेंच कळ्ळें ना. तो सगल्यांक पळयतूच उरलो.

इतलें म्हणल्यार अंधेरी स्टेशन आयलें. तीं दोगांय देंवलीं. श्रीनिवासान हात भायर काडून तिका विश करीत 'पत्र बरय आँ' अशें तीन चार फावटी तरी सांगलें.

ती भायर प्लॅटफॉर्मार रावून हांसत 'पैलें तूं बरई ताक्का हांव जवाब बरैतां.' म्हणटाली. हें तांचें उलोवणें भितरल्यान आनंदराय आनी भायर तिगेलो मावसभाव आयकत राविल्ले. ट्रेन सुटली आनी कुसुमा दोळ्यां आड जाली. आनंदरायान श्रीनिवासाली फिरकी घेवपाक सुरवात केली. गोरेगांव स्टेशन पावसर ताची मस्करी चालूच उरली. स्टेशनार देंवतना गर्दैत कोणें तरी श्रीनिवासालें पाकीट मारलें. घरा पावले तेन्ना ताका कळ्ळें. पाकिटांत तशे सामकेच उणे पयशे नाशिल्ले. पूण पयशां परस मोलादीक असो कुसुमालो ॲड्रेस तातूंत आशिल्लो आनी तो गेल्ल्याचें ताका चड दुख्ख जाल्लें. तेंच दुख्ख ताका सतावंक लागलें. अंधेरी ते गोरेगांव ह्या पंदरा मिनटांच्या प्रवासांत ताचें नशीब उरफाटें फिरलें. आनंदरायान ताका समाजावपाचो खूब यत्न केलो पूण ताका तें जमलें ना. रातचो तो न्हिदिल्लो पूण श्रीनिवास हांतरूणांत कुशी परतीत उरलो.

सूख आसूं, दुख्ख आसूं दिसार दीस वचत रावतात आनी म्हयने, वर्सां फाटीं पडटात. वर्सां गेल्लीं कळनात. श्रीनिवास मुंबय वचून परतल्यार दोन वर्सां जाल्लीं. आयले उपरांत देड दोन म्हयन्यां भितर कुसुमालीं दोन पत्रां आयलीं. प्रेमपत्र आशिल्ल्या कारणान पत्र कोणालें तें कळपाक फावना म्हणून तिणें तांचेर भायल्यान आपणालो पत्तो बरोवंक नाशिल्लो.

हेवटेन श्रीनिवासाली अवस्था भगभगपी उज्यांत कोणेय पेट्रॉल रकोवचें तशे तरेन विरहाच्या उज्यांत तो हुलपतालो. 'खंच जन्मांतु कोणाल प्रेमभंग केलिल की! ह्या जन्मांतु प्रायश्चित् ह्या जन्मांत भोगचें पळ्ळें?' अशें चिंतून

तो पश्चात्तापान कळवळटालो.

कुसुमालें तिसरें पत्र आनी आयलें ना. हो अनेक यत्न करूनय तिका विसरपाक शकलो ना. ती परत मेळटली म्हळ्ळो ताणें बाळगिल्लो कुड्डो विस्वास उडून गेल्लो. तरी ताणें केन्ना दुसऱ्या कोणा कडेन लग्न जावपाचो विचारच केलो ना. बऱ्यो बऱ्यो सोयरिको येताल्यो. घरचीं जाणटीं मनशां ताचे फाटल्यान लागिल्लीं. हो कसोच तयार जायना तें पळोवन आवयन एक दीस ताका सांगून सोडलें.

'श्रीनी....पुता.....तूं वे खंची चेल्ली पसंद केल्ली आसल्यार सांग. आम्मी तुक्का आड येनांती. विनाकारण तूं लग्न मुकार धुंगुळ नाक्का. प्रत्येक कार्य त्या त्या वयारी जावका. आमकां वय जाल्लें. ह्या घरांतु नातवंडांनी खेळिलें आम्मीं पळोका कीं नाक्का?'

हें सांगतना तिचे दोळे दुकांनी भरले पूण तीं दुकां फुकट गेलीं नात.

अचकीत एक दीस बँकेंत श्रीनिवासा मुखार एकटो तरणाटो येवन उबो रावलो आनी ताणें विचारलें 'मेगेल परिचय आस्सवे?' श्रीनिवास विचारांत पडिल्लो पळोवन ताणें विचारलें, 'मेकेनाज् गोल्ड पळैल उगडास आस्सवे?'

आनी त्याच खिणाक काळखांत आशिल्ल्या कोणायच्या मुखामळार एक तेजिश्ट बॅटरीचो उजवाड पडचो आनी ताचो चेरो उजळचो तशे तरेन श्रीनिवासाची अवस्था जाली. सट्ट करून तो उठलो आनी ताचे कडेन शेकहॅण्ड करीत बस बस म्हणून आपणा सामकार आशिल्ल्या कदेलार ताका बसपाक सांगलें. कांय खीण संभ्रमीत जाल्लेवरी जावन दीनपणान ताणें विचारलें, 'कुसुमा, कस्सी आस्सा?'

'बरी आस्सा. ती वे आयल्या. भार्यी राबल्यां.' इतली जाप आयकता थंय आसा, श्रीनिवास तसोच भायर धांवलो आनी कुसुमाक हाताक धरून भितर घेवन आयलो. बँक स्टाफ आनी बँकेंत कामाक आयिल्ले लोक तांकां पळयत उरले. हें आनी कितें? असो प्रस्न पडिल्ले वरी सगलेच एकामेका कडेन गुसू गुसू उलोवंक लागले.

चैत्र पुनव

श्रीनिवासाक प्रोमोशन मेळिल्लें आनी तो मॅनेजर जाल्लो. ताणें कुसुमाक आनी ताच्या मावसभावाक आपणाल्या कॅबिनांत बसोवन घेतिल्लें. तरी तो विशय कसो सुरू करचो ह्या विचारांत पडिल्लो. श्रीनिवासाल्या चेऱ्याचेर अपराधीपणाचें सांवट पडिल्लें. ताणें सहजतायेन कुसुमाचेर नदर मारली. ताका तिगेल्या गळ्यांत मंगळसूत्र दिसलें ना. ताका सूऽऽ जालें. सुटकेचो स्वास सोडून तो मेकळो जालो. ताचे आशेक कोमरी फुटली.

सोंपिल्ल्या दोन वर्सांच्या काळांत कितें घडलें ताचो कांयच पत्तो लागना जावन कुसूम चिंतेंत बुडिल्लें. श्रीनिवासाल्या प्रामाणिकपणाचेर ताका विस्वास आशिल्लो पूण सवका सवकास हालपाक सुरवात जाल्ली. पूण सत्य गजाल कितें ती जाणून घेवपाक ती श्रीनिवासाक मेळपाक आयिल्ली. येतना बेळगांवा देंवून त्या मावसभावाक घेवन आयली. ताका तांच्या मोगाची आतां मेरेन पूर्ण खबर कळिल्ली.

ह्या नाजूक विशयाचेर बँकेंत चर्चा करप नाका म्हणून तो तांकां घेवन हॉटेलांत गेलो. ताणें मसाला दोसा ऑर्डर केलो. ऑर्डर घेवन वेटर येतासर ताणें आपणा मुखार कसलो प्रसंग उद्भवलो आनी कुसुमा कडेन संपर्क सादपाक पावलो ना ते विशीं पुराय खबर सांगली.

'ते दीस तूं माक्का ट्रेनारी मेळ्ळी. दोग्गालें मन विलीन जाल्लें जाल्यारी दैवबल मेळनु आयिलनासिलें. पाकीट मारिलें तें एक कारण. त्या निमित्तान तुक्का संपर्क कोरच्याक जालील ना. दोन वर्ष हावें कशी काळ्ळीं ती ते माक्का गोत्तु. जाल्यारी त्या वैश्विकशक्तीचेरी माक्का विश्वास आस्सिलो. कित्ल सोयरिक आयिलतीकी माक्का नजरे मुक्कारी तुगेल चेहरो दिस्तसिलो. तुगेल प्रीतीच हावें केन्ना कम्मी अंदाज केलीलना. अजून हांव पूर्ण मनान, देहान तुगेलो जावनास्सां. तुगेल जाव्नु उर्ता.' श्रीनिवासान म्हणलें.

ताचें हें उलोवणें आयकून कुसुमाच्या मनांत निर्माण जाल्लो हुस्को आनी तणाव देंवलो आनी ताचें मन ल्हव जालें. बाविल्ल्या झाडार उदक फाफडिल्लेवरी तिगेलो चेरो फुलपाक लागलो.

श्रीनिवासाक पळयत तिणें म्हणलें, 'माक्का कस्सीं कळतली तुगेल परिस्थिती? तुगेल पत्र आज येत्तलें, फाल्ले येत्तलें म्हणत वाट पळयत मेगेल विश्वासाक ओट्टे पोडच्या लागले. चैत्र पौर्णिमेक चित्रापूर रथोत्सवाक वोच्चे कारण सांगूनु तुगेल शोध घेवच्या आयलें. येत्तना बेळगांव देव्नु मेगेल मावसभाव सुधाकराक घेव्नु आयलीं.'

श्रीनिवासाक तिगेल्या मावसभावालें नांव आज कळ्ळें. सुधाकर बेळगांवां इंजिनियरींग शिकतालो. दोन वर्सांनी पिराय वाडून ताका बरो समज आयिल्लो. ताणें हांसत म्हणलें, 'तुमगेल ह्या भानगडींतु कोणाले तर्फेन हांव वकालत कर्ना. पूण विनंती कर्तां. दय्कोर्नु एकमेकाक दोश दिव्नाक्काति. नसीबान तुमगेल सत्वपरिक्षा केल्या. तुम्मीं प्रथम श्रेणींतु पास जाल्लेती. आत्तां आन्नी वेळ करचे नाक्का. चला आय्चे हॉटेला बील हांव दित्तां.'

'तुवें दिल्यार सावकार घेना. मेगेल एकौंटांतू बरोन दवरतां.' हें आयकून मालक तांकां पळोवन हांसलो.

बँक बंद करपाक थोडोच वेळ उरिल्लो. श्रीनिवासान ताका आपणाल्या कॅबिनांत बसोवन घेतलीं. सहज एकेक गजाल उलयतना सुधाकरान म्हणलें, 'वर्षभर जालें. मुंबयतु गिरणी कामगारांल संप चालू आस्सा. तो इत्ल बेग्गी बंद जावचें लक्षण बी ना. कुसुमाल पप्पा बेकार जाव्नु घर बस्सून आस्सा. आवय्ल आरोग्य बरें उर्ना. डॉक्टराल ट्रीटमेंट चालू आस्सा. तरीयी ह्या आपत्कालांतु हिक्केक लग्न कोर्का म्होणु खटपट चालू आस्सा.'

'खटपट कोर्नूयी सोयरीक खंयी जमिल्ना वे?' श्रीनिवासान विचारलें.

'हीच लग्न जाय्ना म्होणू आयिले बर-बरी सोयरीक मोड्तसिली. हिणे मन केल्ले आसल्यारि केन्नकी लग्न जाव्नु इत्ल भित्तर आम्मा जातसिली.' इतलें सांगून सुधाकर खो खो करून हांसलो. कुसूम गंभीर रावन आयकतालें. ताणें सांगिल्ले गजालींत लटीक कांयच नासलें.

बँक बंद जावपाचो वेळ जालो. श्रीनिवासान दुसऱ्या दिसा आपूण येना म्हूण सांगून एका दिसाची रजा घेतली. तांकां घेवन तो नीट घरा गेलो.

'चित्रापूर मठाच रथोत्सवाक मुंबयच्यान आय्लेती. आनंदरायान तांकां आमगेल थंय धाडल्या.' अशें म्हणून घरांत सगल्यां कडेन वळख करून दिली. सगल्यांनी आनंदान तांकां येवकार दिलो.

श्रीनिवासाले भयणीन कुसुमाक भितर व्हेलें.

सुधाकर ताच्या बापाय कडेन उलयत बसलो. कसलें तरी निमित्त काडून श्रीनिवासान सुधाकराक भितर आफोवन व्हेलो आनी ल्हवूच सांगलें, 'म्हालगड्यांलागीं उलयतना मनाक ब्रेक खंयी घालका, खंय गाडी एक्सलरेट केन्ना दाबका लक्षांत उरो.'

'तूं काळजी कोर्नाक्का.' ताणें एका अणभवी मनशावरी जाप दिली.

ताणें काळजी करूं नाका म्हणलें म्हणून ती जावची उरता? मोगांत पडून केल्ल्या लग्नाक जाण्टेल्यांचो चड विरोध आसता म्हणपाचें सुधाकराक खबर ना. तो आजून मोग मोहांत पडिल्लो ना.

च्या पिले उपरांत श्रीनिवास कुसूम आनी सुधाकराक बंदरा वटेन भोंवपाक घेवन गेलो. ताची भयणूय तांचे वांगडा भायर सरली. कुसुमान तिका मुद्दम आफोवन व्हेल्ली म्हूण श्रीनिवासाक मागीर कळ्ळें. वरा दोन वरां भितर कुसुमान तिचें मन जिखलें आनी इश्टागतीचें नातें जोडलें.

बंदराचेर पश्चिमेक तोंड करून बसल्यार शरावती न्हंयेचो दर्यासंगम दिसता. सूर्य अस्ताक वता आसतना भांगराळीं किरणां पातळटात तेन्नाचें दृश्य नदर हालोवं नजो इतलें मन भुलोवणें दिसता. थंड शीतळ वारो मन प्रसन्न करता. असल्या सैमाच्या सांगातांत येवन बसल्यार मनांत घर करून राविल्ल्या विचारांक मेकळी वाट मेळटा. सुधाकराक फोटोग्राफींत खूब रस आशिल्लो. दिसता ते ते सोबीत देखावे तो आपणाल्या कॅमेऱ्यांत बंद करतालो. प्रेमाच्या रस्मी जाळ्यांत पडिल्ल्यांक थंयच सोडून तो फोटो काडीत भोंवतालो. त्याच कामांत मग्न जाल्लो.

श्रीनिवासाले भयणीचें शिक्षण पूर्ण जाल्लें. तिचीय बी लग्नाची पिराय जाल्ली. ती आतां नव्या संवसाराच्या सुखाचीं सपनां पळयताली. कथा

कादंबरींतलीं काल्पनीक रंगरंगयाळीं वर्णनां वाचतना मनांतल्या मनांत उत्तेजीत जाताली. सिनेमांत नायक नायिका मोगाचें गीत गावन नाचतना तांच्या अभिनयांत एकरूप जातालीं.

कुसुमान तिका श्रीनिवास मुंबय गेल्लो तेन्ना ताचे कडेन आपणाली वळख कशी जाली ते घडणुके विशीं थोडे भितर सांगिल्लें. आतां श्रीनिवासान तिका पुराय घडणूक विसकावन सांगली. इतलें सांगून रावलो ना तर कसलीच आडखळ येवपाक दिनासतना आपणा दोगांयचो संबंद जुळोवन हाडपाक पुराय मनान मजत कर म्हणून विनवणी केली.

भयणीन कुसुमालो आनी भावालो हात हातांत घेवन आपूण सगले तरेची मजत करतां म्हूण उतर दिलें. त्याच वांगडा नकली रुपान घोवाल्या घरांत प्रवेश केल्ले खातीर तिची मस्करी करीत तिचें अभिनंदनूय केलें.

काळोख पातळचे पयलीं तीं घरां परतलीं. रातचें जेवण जाले उपरांत श्रीनिवास, ताचो बापूय आनी सुधाकर आंगणांत कदेलां घालून उलयत बसले. श्रीनिवासाची आवय, भयण आनी कुसूम घराच्या वसऱ्यार गजालींनी गुंग जालीं. सगल्याचो परिणाम म्हणल्यार ल्हवू ल्हवू तांचे मदले संबंद मजबूत जायत गेले.

त्या काळांत होन्नावरांत आतांचे वरी भाड्याक वाहनां मेळनाशिल्लीं. व्हड्यांतल्यान शरावती न्हंय हुपून सरकारी बसीन प्रवास करचो पडटालो. दुसऱ्या दिसा रथोत्सवाक श्रीनिवासाची भयण येवपाक तयार जाली. तिणें आनी कुसुमान फुसलावन आनी फाटीक लागून आवयक वांगडा येवपाक तयार केली. हरशीं ती केन्नाच घरांतल्यान भायर सरनाशिल्ली.

चित्रापुरांत रथोत्सवाक लोकांनी खूब गर्दी केल्ली. हजारांनी लोक जमिल्लो. श्रीनिवासाले भयणीन आवयचो हात धरिल्लो. श्रीनिवास तांकां वाट करून दितालो. ते गर्देंत श्रीनिवास आनी कुसूम केन्ना नदरेआड जालीं आनी खंय गुल जालीं तांकां कळ्ळेंच ना.

श्रीनिवासान दोन ग्लास उशिकांड्या रस घेतलो. कुसुमाक तोंड गोड

कर म्हणलें. ग्लास तोंडाक लावन तें अर्द ग्लास पिले आनी ताणें म्हणलें, 'गोड ना हो कोबारस!'

'गोड आस्सा.' श्रीनिवासान म्हणलें.

'अस्सी कस्सीं? पिवन पळे!' अशें म्हणून तिणें ग्लासांची अदलाबदल केली. श्रीनिवासाल्या उश्टया ग्लासांतलो रोस पितना 'व्हय मरे, तुगेल ग्लासांतुल रस गोड आस्सा.' तिणें म्हणलें. श्रीनिवासाक तिगेल्या मनांतलो हेतू कळ्ळो. मुमुरखो हांसत ताणें तिचे वटेन पळयलें. खीणभर नदरांची भास दोगांकय कळ्ळी.

तेवटेन लोक रथाचेर केळीं मारताले. ती तो विधी पळोवपाक गुल्ल जाली. तिका गांवांतले अशे तरेचे रितीरिवाज पळोवंक खंय मेळटाले? श्रीनिवासाकूय रथार केळीं मारपाची उमेद आयली. ताणें दुकानार वचून दोन डझन केळीं हाडलीं.

'पयले तूं मार!' अशें म्हणून दोन केळीं कुसुमाल्या हातांत दिलीं.

तिणें तीं घेवन रथार मारलीं. पूण तीं मोखीर पडनासतना खंयचे खंय कोणाल्या आंगार वचून पडलीं.

'आत्त तूं मार!' अशें म्हणत ती थंयचे थंय ल्हान भुरग्यावरी नाचताली. ती खूब खोशी जाल्ली.

तांचे सामकार थोड्याच अंतराचेर सुधाकर काळींग खायत उबो आशिल्लो. ताणें ह्या दोगांक पळयलीं आनी उलो मारून हात दाखयलो. ताणें तांकांय काळींग हाडून दिलें.

'मदें खंय ना जाल्ल रे?' आवयन उमळशिकेन दोळे मोठे करून विचारलें.

'ना जालिल ना गे. केळीं हाडच्याक गेलीलों.' अशें म्हणून ताणें सुधाकराक, भयणीक, कुसुमाक चार चार केळीं दिलीं. 'अम्मा तूं रथाक केळीं मार्त गे?' ताणें आवयक विचारलें.

'अय्यय! मेगेल्यागी मारच्याक जात्त वे? तुम्मी मारा, हांव पळैतां.' तिणें म्हणलें.

केळीं शेंवटून मारपाची सर्त आशिल्लेवरी एका फाटल्यान एक रथार केळीं मारतालीं. आवय कोणालीं कितलीं लागलीं ती मेजताली. हाचे आदीं केन्ना तिणें इतले उमेदीन खंयच्याच उत्सवांत वांटो घेवंनाशिल्लो.

रथारूढ भवानी-शंकराक नाल्ल केळीं पंचकादायेचो निवेद्य दाखोवन, मनोकामना पूर्ण कर म्हणून मागलें, रथाक द्रव्य दान हुंडींत घालून सगळीं सकयल आयलीं. आवयन सगल्यांक प्रसाद वांटलो. प्रसादा ताटांतलीं भटकळ मोगरे फुलां स्वता हातान कुसुमाक माळ्ळीं, कुकूम लायलो. तें सगळें पळोवन सगल्यांक खोस जाली. देवा कडेन केल्लें मागणें फळादीक जालें अशें हेर सगल्यांक दिसलें.

त्या दिसा होन्नावराचे दिशेन, भटकळाचे दिशेन वचपी लोकां खातीर स्पेशल बसी दवरिल्ल्यो. श्रीनिवासाले आवयन कुसुमाक आपणा म्हऱ्यांत बसोवन घेतलें.

भयणील्या हातांत काळींग पळोवन ‘हें आनी कोणाक गो?’ श्रीनिवासान विचारलें.

‘पळेगे अम्मा, हो अस्सी विचारतलो म्होण माक्का गोत्तासिलें.’ भयणीन म्हणलें.

‘काळींगण बरें आस्सिलें. तुगेल बाप्पाक आवडता म्होणु हावें घे म्हळ्ळें रे.’ आवयन सांगलें.

‘बाप्पाक जिलेबी बी आवडताती.’ श्रीनिवासान हांसत म्हणलें.

‘मिठाई घेत्तना जिलेबी बी घेत्ल्याती. बाप्पाक आम्मी विसरिलनांति. तुगेल्यावरी न्हयी.’ भयणीन भावाक चाळयत जाप दिली.

‘बाप्पाक विसरिले तें सोड. बाप्पा होन्नावरा आस्सा. आम्मी हांग उर्न्वुयी कोबा रस पितना आमकां विसरलो. तूं कस्सने लेकला? तुम्मी खंयी गेले की मेगेली बारीक नजर तुमचेरी आस्सिल्ली.’ आवय कुसुमाक पळोवन हांसली.

बसींतल्यान देंवतना, व्हडयांत बसतना, होन्नावरा धक्यार देंवतना कुसूम श्रीनिवासाले आवयक हाताक धरून मदत करताली. हें पळोवन श्रीनिवासान सुधाकराक म्हणलें ‘तुगेली भयण भयंकर चालाक आस्सा म्हारया. आत्तंधोर्नु

मांरयेल सेवा कर्ता.'

तोय बी कमी न्हीं, ताणें म्हणलें 'कुसुमाक्काल आंगांतु नकलीपण ना. हांवें तुगेल अम्माक स्पश्ट सांगून सोळ्यां. ती हो विशय, तो विशय काडत्त कुसुमाक्काली आनी तिगेल कुटुंबाची चवकशी मेगेलागी कर्तसिली. त्या रथोत्सवाच गडबडींतु थंच धक्काबुक्कींतुयी तिगेली बारीक नजर कुसुमाक्काल चालचलावणेरी आस्सिली. तिणे केलील कन्या परिक्षेंतु कुसुमाक्का पास जाल्या. आतं तुगेल बाप्पाक तूं कस्सीं समजाय्त पळे.'

निकाल आपणावटेन लागचे खातीर बाबाक कसो समजावचो? हो प्रस्न खरेपणी श्रीनिवासाक सतायतालो. प्रकरण चड वाडयनासतना, कठीण परिस्थिती निर्माण जावपाक दिनासतना कशे तरेन ती आपणाल्या नियंत्रणांत दवरची आनी त्या खातीर कसल्यो माणण्यो करच्यो तेंच ताका कळना जालें.

मोगांत पडटात तेन्ना सगळें एका उत्साहान चलता. उपरांत भलतेंच संकट आड येता. कोर्टांत वर्सांची वर्सां चलपी सिवील प्रकरणांवरी अशे तरेचीं प्रकरणां वर्सांचीं वर्सां चलत रावतात.

कांय लोकांचें नशीब इतलें पातकी आसता की ते अग्निपरिक्षेंत तीं संबंधीत मनशां करपून कोळसो जातात.

अशे तरेचें संकट श्रीनिवासाल्या वांट्याकय आयलें. संपर्क तुटलो. काळ धांवलो आनी फुकट गेलो. विस्वास मात उणो जालो ना. कुसुमान चिकटसाणेन शेणिल्ल्या मोग्याक सोदून काडलो. प्रामाणिक आनी निर्लेप मोग जिखलो. फकत श्रीनिवासाल्या बापायन आपणालो हयकार दिवपाचो तितलो बाकी उरिल्लो.

राती कडेन जेवणां जाले उपरांत श्रीनिवास, कुसूम आनी सुधाकर कदेलां घालून आंगणांत उलयत बशिल्लीं. चैत्रपुनवेचें शीतळ आनी सात्वीक वातावरण आशिल्लें. चंद्र किरणांनी आनी असंख्य लखलखपी नक्षत्रांनी प्रसन्नताय पातलायल्ली. पूण तांच्या मनांत थोडी अशांतताय आशिल्ली. ताचें कारण भितर वसऱ्यार जाणटीं मनशां सोयरिके संबंदान उलयतालीं. कुसूम मातशें चडच चिंतेंस्त दिसतालें. श्रीनिवास तिका धीर दितालो.

'आमगेल प्रेम स्वप्न न्हयीं, सत्य जाव्नु आस्सा. दुर्दैवान बाप्पान विरोध केलेतिकी, हांव तुक्का सोण दिना.'

बाप्पा भायर येतालो तो पळोवन कुसूम भितर वचपाक उठलें. बाप्पान तिका भितर वचूं नाका भायरच बस म्हणलें आनी एकदम तो मूळ मुद्यार आयलो.

'तुम्मी चित्रापूरा म्होणु आयिल की हांगा सोयरीक जमोच्याक आयिले?'

कुसुमान जाप दिली ना. तें मान सकयल घालून बशिल्लें पळोवन सुधाकरान जाप दिली. 'दोन्नी उद्येश दवोर्नु आयिले. खरें सांगतां तुमकां आमगेल्या म्हालगड्यांनी येवकासिल्लें. तांकां एकना एक अनानुकुलता उरच्या दिकून, ह्या विशयांतु अनुभव नासिल आमकां येवका पळ्ळें. आत्तं तुम्मी म्हालगडे जावनास्साति. आमकां समजून घेयाति आनि हो संबंध मान्य कराति.'

श्रीनिवासालो बाप्पा दिसपाक कठोर दिसलो तरी मोव सभावाचो आशिल्लो. अनुभवान ताका मनशांच्या सभावाचो अदमास घेवपाक कळटालें. सुधाकरालें उलोवणे तो ध्यान दिवन आयकतालो पूण ताची नदर कुसुमाचेर आशिल्ली. तिच्या मुखामळा वयले भाव तो नियाळून पळयतालो.

तितल्यान श्रीनिवासाली अम्मा काळींग कापून ताचेर मिरयां पिठो, मीठ बी घालून ताट घेवन भायर आयली. श्रीनिवासान तिकाय बी तांचे भासाभाशेंत आसपावन घेतली. आवय आसल्यार बापायली पावर इल्ली डीम जाता म्हूण तो जाणा आशिल्लो. खरेपणी ताचो फायदो जालो.

'आम्मी संप्रदायस्थ कुटुंबांतुले. जातका मेळामेळी पळोनु, ग्रहमित्रत्व आसल्यारी मात्र लग्न कर्तले. लग्न म्हळ्यारी बोंबे (बावल्यांचो) खेळ न्हयीं. पति-पत्नी संबंध आजन्म टिक्का. हें तुम्मी म्हणताती प्रेमविवाह तें मुंबईंतु चलता. हे वाटेन चलना.' श्रीनिवासाल्या बाप्पान अधिकारान सांगलें.

तितल्याच अधिकारवाणीन श्रीनिवासाली आवय उलयली, 'वैवाहिक जीवनाच् यश उत्तम सांगातीक निवडच्यांतु आस्सा. तान्नीं ती निवड केल्या. तुम्मी ओगी त्या संबंधाक प्रेम-विवाह म्हाळेल शब्द वापरनाक्काति. कुटुंबा

कलंक लावचे कस्सने काम तान्नी केलिलेना.'

'जातका मेळामेळी पळयल्यावे?' परतून बापायन विचारलें.

'घरांतुल सगळे ग्रह मेळ्नु आयल्यारी, वधु-वरांल दैहिक-मानसिक बलाबल समऽऽ उरल्यारी, अभिरूचींत विशेष फरक नाजाल्यारी, ते दिसनासीले आकाशांतुल ग्रह घेव्नु आमकां कस्सन कोर्चे आस्सा?' आवयन बापायल्या प्रस्नाक आपणालो प्रस्न विचारलो.

हो वाद वाडत वचपाक नाका न्हणून श्रीनिवास मर्दी उलयलो.

'बाप्पा... संप्रदायस्थ कुटुंबाचि मर्याद वोच्ची तस्सल कृत्य हांवें केलील ना, कुसुमानयी केलील ना. मुकार भविष्यांतु आम्मी दोग्गं घरांतुल सर्वांक सर्व रितीन मानमर्याद दीव्नु चंद कोर्नु मेळ्नु वत्ताति. तुम्मीं आमगेल आशा भंग कर्नाति म्हळिल खात्री माक्का आस्सा.'

पुतान शरणांगती पत्करिल्ली पळोवन बापायलें मन कडलें. ताणें म्हणलें -

'तुम्मी पळैत आयिल स्वप्न हांव भंग कर्ना. जाल्यार एक लक्षां दवरा, लग्न म्हळ्यार स्वप्न न्हयी. मनुश्याल पूर्णतेची वाटचाल वैवाहिक जीवना पासून सुरू जात्ता. आज जवानीच आवेशांतु तुम्मी घेवचो प्रत्येक निर्णय तुमगेल भावी जीवनाच सुख-दुख्खाक कारण जावनु उरता. हें बिलकूल विसोरनाक्काति, लक्षां दवराति तुमगेल प्रेमप्रकरणांतु आड येवच्याक आम्मी कांय तुमगेल शत्रू न्हयीं. तुम्मी सुखी संवसार कोर्नु राबिल पोळोचें आमगेल बी एक स्वप्न आस्सा. तें पूर्ण करा. इतलेंचि हांव म्हणचें. आनी कस्सली अपेक्षा ना.'

हें आयकून सगल्यांनी समाधानान दीर्घ श्वास सोडलो.

श्रीनिवासाली आवय भितर वचून जिलेबी घेवन आयली. सगल्यांचें तोंड गोड केलें. भितरल्यान येतना कुसुमाक आनी आपल्या धुवेकय बी ती तोंड गोड करपाक भायर घेवन आयली.

भायर आंगणांत चान्न्यारातीच्या शांत आनी प्रसन्न वातावरणांत बरोच वेळ तांचो स्नेहमेळावो चालू आशिल्लो. श्रीनिवास आनी कुसूम हुसक्या मेकळीं जाल्ल्या कारणान तांणीय बी मेकळेपणान तातूंत वाटो घेतलो.

जिलेबी खायत 'हें प्रकरण मस्त पोर्ने. दोनेक वर्ष पयलेंचें. तुक्का कस्सी कळिल ना गो?'

श्रीनिवासाल्या बाप्पान बायलेक विचारलें.

'बर-बरी सोयरीक आयलेतिकी, इत्ल बेग्गी लग्न नाक्का म्होणू कारण ना सी मुकार धुंगुळतसिलो. तेन्नां माक्का संशय आयिलो.' पुताक पळोवन ती हांसली.

'संशय आयिल तेन्ना ताक्का विचारकासिलें.'

'वेळ आय्ले की तो जाव्नु सांगता, आमगेल्यांगी निपैना म्होणु म्हाका खात्री आसिली.'

'कालि ताणे जाव्नु सांगलें वे तुक्का?' बापायन विचारलें.

'ना बा! माक्का आज चित्रापूर गेल्लि तेन्ना कळ्ळें. घर आयलें की तुमकां सांगलें की ना?'

'सांगलें गो. पूरा ठरले नंतर निप्पोचें कित्याक म्होणु सांगलें.' निमाणची जिलेबी हातांत धरून तो हांसलो.

राग आयिल्ल्याचें सवंग करीत तिणें म्हणलें 'तुम्मी दार्ले जाय म्होणु तुमगेल अधिकार दाकैताति.'

'अधिकार न्हयींगो, प्रेमात फसिल्यांक ब्लॅक एंड व्हाईट फरक कळना. जशें प्यूर भांगर दिलतीकी सोनार तें घास्सूनु पळयता, तस्सीं सोयरिके विशयांतु बेगेन घास्सून पळोकागो.'

'हांव चित्रापूर गेल्लिलीं कसल्याक? तेरा (रथाच्या) पेटांतु (फेरयेंत) मेर्वुच्याक? तुमकां दार्लेक तें सरू कळना. पूरा सोडोन सांगनापडेन कळता. घास्सून पळोनु. हीचेल्ली आमगेल घरांतु सून म्होणु हाडच्याक अड्डीना म्होणु ठरोनु तुमकां सांगलें.'

उत्तम नाटकांतल्यां संवादावरी हांगेलो संवाद हेर सगळीं बसून एंजॉय करतालीं.

'म्हगेल दादा बरी (फकत) बुद्दू म्होणु केलीलें. पूणि हुशार आस्सा. ताणें आमकां सगल्यांक इत्ल दीस बुद्दु कोर्नु दवरले.' श्रीनिवासाले भयणीन

म्हणलें.

‘ताणें बुद्दु कोर्नु दवर्ले. म्होणु तूं आनि आमकां बुद्दु कोर्नु दवोर नाका?’ बाप्पान म्हणलें तें आयकून सगळीं खो खो हांसलीं.

‘चला....चला... घंटे कित्ल जाले पळ्या. तुमकां दार्लेक आराम उटाय्लेंती की चलता. आमकां बाय्लांक टाय्मारी उट्टाच पडता.’ अशें म्हणून श्रीनिवासाली आवय भितर वचपाक उठली.

‘फाल्लेक सून येनापडेन तुवे.. बी आराम कोरेत गो.’ बापायन परतून तिगेली मस्करी केली.

दुसऱ्या दिसा कुसूम परत मुंबय वचपाक भायर सरली तेन्ना श्रीनिवासाले आवयन तिका नवें पातळ, न्हेसपाक लावन फुलां माळ्ळीं, कुकूम लायलो आनी रथाचे फेरयेंतल्यान हाडिल्ली कांकणां घार्ली. तिका मिठाय पुडो दिवन निरोप दिलो.

कुसुमान मागीर जाणट्यांक नमस्कार केलो. श्रीनिवासाल्या बाप्पान तेन्ना आशिर्वाद दितना सांगलें ‘जाल्ले तित्ल बेग्गी लग्ना मुहूर्त काण आमकां कळया.’

तीं वचपाक भायर सरतालीं तेन्ना ‘अण्णा हिगेल एड्रेस घेतला वे?’ भयणीन मुद्दम याद करीत म्हणलें.

खऱ्यांनीच तो एड्रेस घेवपाक विसरिल्लो. भयणीन ताका पेपर आनी पेन हाडून दिली. उबें उबेंच श्रीनिवासान तो बरोवन घेतलो. सुधाकरान तेन्नाच म्हणलें ‘म्हगेल बी घे. बायचान्स एक पोर गेल्यार आन्नेक.’

श्रीनिवास आनी ताची भयण ताकां पावोवपाक बसस्टॅंडार गेलीं. बेळगांव वचपाची बस येवन राविल्ली. बसींत चडटना ‘एड्रेस सांभाळुन दवरी’ कुसुमान सांगलें.

‘तूं काळजी कोर्नाक्का. आजीची बॅंक लॉकरांतु होर्नु दवरतां.’ श्रीनिवासान म्हणलें. इतल्यान बस सुटली. नदरेआड जाय मेरेन भावभयण पळयत रावलीं.

◆◆◆

02.

दुर्गय नायकाली दुर्गती

बिदनूर राज्यांत गेरसप्पे संस्थानिकाच्या शासनांत शिवप्पा नायक सैन्याधिकारी पदार काम करतालो. त्या काळांत जाल्ल्या एका युद्धांत बिदनूर राजा जैतिवंत जालो पूण शिवप्पा नायकाक वीर मरण आयलें.

विजयोत्सवाचो आनंद मनयलो त्या वेळार झुजा मळार वीर मरण आय़िल्ल्यांचो आनी अपंग जाल्ल्यांचो राजान फावो तसो भोवमान करून तांकां फावो तितली कायम येणावळ येवचे खातीर बरी सुपीक जमीन दान केली. अशे तरेचे वेवस्थे वरवीं शिवप्पा नायकाल्या कुटुंबाक गेरसप्पे संस्थानाच्या शासना भितर आशिल्ल्या होन्नावर तालुक्यांतल्या मावीनकुर्वे गांवांतली पन्नास एकर जमीन मेळ्ळी.

काळ बदलत गेलो. राजवंशाचे अधिकार कमी जायत गेले, ब्रिटीशांचें शासन सुरू जालें. शिक्षण प्रसार वाडलो आनी समाज परिवर्तन घडत गेलें.

जमीनदारी करतल्यांचीं भुरगीं शाळा कॉलेजींक वचून उंचेलें शिक्षण घेवन नोकरेचो सोद घेवपाक आपणालो गांव सोडून परगांवांनी वचपाक लागलीं. वतात थंय थंय स्थाय़ीक जावंक लागलीं. ताका लागून अविभक्त कुटुंबां विभक्त जालीं. पुर्वजांली आस्पत तांणी वाटून घेतलीं.

उपरांत गांव सोडून गेल्ल्या कांय लोकांनी आपणाल्या वांट्याक आयिल्ली जमीन विकली. कांय लोकांनी आपणाली जमीन खोतयेक दिली. नवे सरकारी कायदे लागले आनी जमीन खोतयेक घेवपी लोक जमनीचे मालक जाले.

जो कसता तो जमनीचो मालक. अशें जाल्ल्यान जायत्या मालकांचे मालकी अधिकार निरूपेगी जाले.

शिवप्पा नायकाले चौथे पिळगेंतल्या दुर्गय्या नायकाल्या वांट्याक उरिल्ली पांच एकर जमीन तो स्वता कश्ट करून पिकावळ घेतालो. एक शेतकार जावन तो मावीनकुर्वेत रावुनच संतुश्ट जीण जगतालो.

तो मॅट्रीक मेरेन शिकिल्लो. तरी आसतना ताणें नोकरेचे आशेन गांव सोडलो ना. शेता बागायतीच्या कामांत ताणें आपणाल्या शिक्षणाचो उपेग करून एक अणभवी कृषीक जालो. नवे नवे प्रयोग केले आनी गांवांतल्या हेर शेतकारांकय अणभवांचो फायदो करून दिवपाक मार्गदर्शन केलें.

गांवा शेजराक शरावती न्हंय व्हांवताली. उदकाचो दुकळ नाशिल्लो. शेतांत तो वर्साक दोन पिकां घेतालो. पावसांत भात पिकयतालो आनी उपरांत, भिकणां, कणगां, चवळी अशे तरेचीं पिकां काडटालो. थोडे जमनींत उशीकाणोय रोयतालो.

दुर्गय नायकाली बायल रमा. त्या जोडप्याक तीन भुरगीं. सगळ्यांत व्हडली धूव प्रेमा, ताचे फाटले दोग जाण पूत प्रमोद आनी विनोद.

भुरग्यांक तांणी मायेमोगान वाडयलीं. शाळा शिक्षणा वांगडाच लोकशिक्षणय दिलें. सुटये दिसांनी तीं बापाय सांगातान शेतांत वतालीं. थोडीं व्हड जालीं तेन्ना बापायक शेता-बागायतींत मदत करपाक लागलीं. प्रेमा घरांत आवयक मदत करतनाच गोठ्यांत गोरवांच्या कामांतय आदार दितालें. कसल्याच कामांत दुर्गय नायकालें कुटुंब परावलंबी नाशिल्लें.

दुर्गय नित्य नेमान भुरग्यांलो अभ्यास करून घेतालो. तांकां कळनाशिल्लो जावं कठीण लागपी विशय समजावन सांगतालो. पाठ्यपुस्तकांतलो इतिहास सोपो करून सांगतना आपणाल्या कुटुंबाचो इतिहासयबी भुरग्यांक सांगतालो. शिवप्पा नायकालो पराक्रम सांगतना तो आंगांत ताचोच भार आयिल्ले वरी हावभावां सयत इतिहास कथन करतालो.

दुर्गय नायकाली दुर्गती

दुर्गय नायकालो आजो रामचंद्र नायक ब्रिटिशांल्या काळांत मावीनकुर्वे गांवचो पटेल आशिल्लो. ताच्याय कर्तुत्वा विशीं तो भुरग्यांक सांगतालो. मावीनकुर्वा, होसाड, कूड्ला, बेरवळ्ळी, नगरे, पंचग्राम मेळून सगळे गांव पटेलाच्या अधिकारांत येताले. लोक ताका फावो तो मान दिताले.

गोपाळ नायक हो दुर्गय नायकालो बापूय. तो मुळावे शाळेंत शिक्षक आशिल्लो. स्वतंत्रतायेच्या आंदोलनात वांटो घेवन, पोलिसांचो लाठीमार खावन ताणें स म्हयने बंदखणय भोगिल्ली. त्याच कारणा खातीर तेन्ना ताका नोकरेंतल्यान काडिल्लो. देश स्वतंत्र जाले उपरांत सरकारान दिवपाचें केल्लें मानधन जावं हेर सुविधा ताणें नम्रपणान आपणाक नाका म्हणलें.

हो सगळो घराण्याचो इतिहास सांगता आसतना आपणाल्या संबंधितांनी दायजान वांट्याक आयिल्ली जमीन दुसऱ्यांक विकून गांव सोडलो ते विशीं आपणाक जाल्लें दुख्ख तो भुरग्यां सामकार व्यक्त करतालो. हें सगळें सांगतना ताचो सुप्त हेतू इतलोच की भविष्यांत शिक्षणाच्या प्रभावान आनी म्हत्वाकांक्षेन तांणीय बी तोच मार्ग आपणावचो न्हीं.

ताणें धुवेक हायस्कूल शिक्षण दिलें, पूण कॉलेज शिक्षणाक धाडली ना. ताचें मुख्य कारण म्हणल्यार त्या काळांत कॉलेज शिक्षणा खातीर गांवांत लागीं खंयच कॉलेज नाशिल्ली. व्हड्यान न्हंय हुपून होन्नावरा वचून थंयच्यान बस धरून वीस किलोमीटर प्रवास करून कुमठा वच्चें पडटालें. दर दिसा इतलो प्रवास करून वचप येवप चली भुरग्यांक त्रासांचें आशिल्लें. पिरायेर आयिल्ले चलयेक हॉस्टेलांत दवरून शिकोवपाक दुर्गय नायक तयार आशिल्लो, पूण चलयेची आवय तयार नाशिल्ली.

प्रमोद शिकपाक हुशार आशिल्लो. ताणें कुमठा कॉलेजींतल्यान बी.एससी. केली आनी धारवाडा वचून कर्नाटक युनिव्हर्सिटींतल्यान रसायन शास्त्रांत एम्. एस्. सी. केली. ताका मुखार शिकपाक अमेरिकेक वचपाची संद मेळ्ळी.

मावीनकुर्वे गांवांत सगल्यांक प्रमोदा विशीं अभिमान दिसतालो. पूण दुर्गय नायकाल्या मनांत एके तरेच्या भंयान घर केल्लें. ताचें कारण जगांत कितें चल्लां ताचो ताका अदमास आशिल्लो. तो खबरांपत्रां वाचता आशिल्ल्यान अती म्हत्वाकांक्षेन कितल्याश्याच लोकांची जीण कशेतरेन पाड जाल्या ते विशीं तो वाचून जाणां आशिल्लो. पूण तें सगळें अमेरिकेक वचपाचे तयारेंत आशिल्ल्या प्रमोदाक कशें सांगचें तेंच ताका कळना जाल्लें.

प्रमोद पयसुल्ल्या देशांत गेलो तरी विनोद लागीं उरतलो अशें म्हणून ताणें स्वताचें समाधान करून घेतलें. तो प्रमोदाले म्हत्वाकांक्षे आड आयलो ना. ताका बरो आशिर्वाद दिवन ताणें अमेरिकेक धाडलो.

विनोद हुबळींत रावन भूमरेड्डी इंजिनीयरींग कॉलेजींतल्यान B.E. Mechanical Engineer जालो. उपरांत तो गोवा शिपयार्ड कंपनींत कामाक लागलो.

कुटुंबांतल्या जाणत्या मनश्यांक केन्नाच जबाबदारींतल्यान फुरसत मेळना. फाल्यां तांचो मरपाचो वेळ आयलो तरी तांकां आज करपाचीं कामां आसतात. अशें आशिल्ल्यान भुरग्यांच्या शिक्षणाची जबाबदारी सोंपली तरी दुर्गय्याक मुक्ती नाशिल्ली. तो आपणाली धूव प्रेमाक सोयरीक सोदपाक लागिल्लो.

सोयरिकेच्या विशयांत दादल्यां परस बायलां चड शिटूक आसतात. बारीकसाणेन चवकशी करपाक तीं चड हुशार आसतात.

रमान आपणाल्याच नात्यांतलो, ल्हानपणांतल्यान वळख आशिल्लो, सभावान बरो चलो सोदून काडलो. तो चलो मुरूडेश्वरांत हायस्कूल टीचर आशिल्लो. जल्मपत्रिका जुळटाल्यो. अशे तरेन जाय तशें जाल्ल्यान वेळ वगडायनासतना लग्न थारयलें.

दिवपा-घालपाच्या वेव्हारांत दुर्गय नायकान कितेंच कमी केलें ना. उदार मनान खोशयेन मावीनकुर्वेच्या आपणाल्या घरांत सोयरे-संबंधी, इश्टपरिवाराच्या समक्ष कन्यादान केलें. सगल्यांची बरे तरेन उदार मनान

आनी सदळ हातान ऊठ-बस केली. सगल्यांक संतुश्ट केलीं.

चली भुरग्यालें जीवन म्हणल्यार एका जाग्यार वाडिल्लें झाड. फळाक येतनाच मुळा सयत हुमटावन काडून दुसरे कडेन रोयिल्ले वरीच. थंय तें परत पालेवपाचें, फुलपाचें आनी फळपाचें. प्रेमा घोवा घरा वता आसतना सगल्यांचेंच अंतस्करण पिळिल्ले वरी जालें - उसाच्या घाण्यांत दिल्ले वरी! लग्न सुवाळो आनंद खोशयेचो जाल्लो तरी आनंदांत थोडी दुख्खाची सावळीय पातळिल्ली.

प्रमोदाक अमेरिकेक वचून दोन वर्सां जाल्लीं. प्रेमाल्या लग्नाक तो येतलो म्हण सगल्यांक खात्री आशिल्ली. पूण तो आयलो ना....

पयलीं तो म्हयन्याक एक पत्र बरयतालो. आतां चार म्हयन्यांनी एक धाडपाक लागलो. तेंवूय बी संक्षिप्त आसतालें. तातूंत आपलेपणाची ओड नासताली. पुतालें पत्र येवं ना येवं दुर्गय नायक म्हयन्याक एक पत्र पुताक बरयतालो.

त्या काळांत टेलिफोन, मोबायल फोन असले तरेची संपर्काचीं साधनां नाशिल्लीं. व्हडल्या शारांत वचून थंयच्या पोस्ट ऑफिसांतल्यान इंटरनॅशनल कॉल करून फोनार उलोवचें पडटालें. नंबर लावन खूब वेळ वाट पळयत बसचें पडटालें. एक फावट दुर्गय विनोदाक मेळपाक गोंयां गेल्लो. तेन्ना थंय पोस्ट ऑफिसांत वचून इंटरनॅशनल कॉल करून प्रमोदा कडेन उलयलो. तेन्ना प्रेमाल्या लग्नाक कित्याक आयलो ना म्हण ताका विचारलें. ताकाय बी बऱ्यो बऱ्यो सोयरिको येतात म्हणूनय सांगलें. ताचें लग्न करून मागीर विनोदालेंय लग्न करपाचें आसा अशेंय बी ताका सांगलें. ते खातीर केन्ना येता तें कळय म्हूण फोनारूच सांगून सोडलें.

ज्या विशया संबंदान पत्रांत बरोवपाक ताका संकोच दिसतालो तो विशय प्रमोदान बापायक फोनाचेरच स्पश्टपणान सांगलो. बापायन केल्लो फोन ताका बऱ्याक पडलो. ताणें सांगलें,

'बाप्पा, हांव P.hd. खातीर परिसर विज्ञानाचेरि महाप्रबंध बरैत आस्सा. विशय कठीण उरच्या दिकून कित्ल दीस लागतले सांगच्या जायना. तें जावरी हांव लग्न जायना. हांव लग्न जायना. तुम्मी अनावश्यक तोऽऽ ची विशय परत परत काणु मेगेल मन विचलीत कोर्नाक्काती. विनोदाल लग्न कराती. मेगेल निमित्त तागेल लग्न अडून दवोरनाक्काती. त्या लग्नाकयी हांव येत्तां म्होणु आत्तं सांगच्याक जायना. तेन्नाच वेळ पोळोनु ठरैतां!'

पुताची जाप आयकून दुर्गय नायक बेजारलो. दर्यांतल्या ल्हारां वरी संवसारांत समस्या येत रावतात. तातूंतल्यो कांय खूब भंयकर आसतात. कर्तव्यशील मनशाक कर्तृत्वहीन करून सोडटात.

'कर्म करतना चिंता, धर्म करतनाय चिंता, गंगेंत न्हावपाक बुडी मारतना भायर काडून दवरिल्ल्या वस्त्रांची चिंता!' अशें म्हणिल्लेवरी दुर्गय नायकाली अवस्था जाल्ली.

प्रमोदान अंदू लग्न जायना म्हणिल्लें आयकून विनोदालें लग्न अंदू करपाचें दुर्गय आनी ताची बायल रमान थारायलें आनी विनोदाक कळयलें.

विनोदाक सोयरीक जुळून येवपाक वेळ लागलो ना. ताका जायत्यो सोयरिको आयल्यो. तीन-चार पत्रिका जुळटाल्यो. चल्यान अंकोल्यांत पळयल्ली पयली चली पसंत केली. बाकी दोन पळोवपाक आनी गेलो ना. लग्नाच्या विशयांत ताकतीक करप नासता हें तो विसरलो.

चलयेकारांचे श्रीमंतीक विनोदाली आवय भुलून गेल्ली. तांच्या व्हडपणाचो अहंकार चलयेक पळोवपाक गेल्लीं तेन्ना दुर्गयाक चली सुमतील्या तोंडार स्पश्ट दिशिल्लो. ताणें ल्हवूच लागीं बशिल्ले बायलेक कानांत सांगलें 'चेल्ली जास्त फॅशनेबल आनी गर्विश्ट जाव्नु दिसता. अस्स्ल चेल्लियो सभावान कडक आनी हटमारी जाव्नास्ताती. आमगेल विनोद सभावान अस्सी ना. ताक्का ही चेल्ली ऊठ बैस कर्तली.' रमाकय तसोच दुबाव आयिल्लो. पूण गेल्ले कडेन ह्या विशयाचेर उलोवप नाका अशें म्हणून तीं तोंड धांपून

राविल्ली. तिणें घोवाक म्हणलें, 'आम्मीं हो विशय घरा वचून उलोव्यां.'

चली पळोवपाक अंकोला वता आसतना विनोदाले भयणीक प्रेमाक घेवन गेल्लीं. तिगेल्या मांवान ती सोयरीक हाडिल्ली. प्रेमान भावाची वकिली करीत म्हणलें, 'आज कालच्यो चेल्लियो घरांतुयी टिपटॉप उर्ताती. आमगेल्यावरी खेडेगांवातुल न्हय ते. आमगेल गांवांतु बी फॅशन कोर्नु भोंवतले नजरेंतु पडताती. काळ बदल्ला.'

मावीनकुर्वे गांवांत परतले उपरांत भासाभास सुरू जाली. ही सोयरीक नाका म्हणून आवयबापूय विनोदाक समजायतालीं. पूत पयलींच जाळ्यांत शिर्कला म्हळ्ळें तांकां खबर नाशिल्लें.

पत्रिका जुळटात म्हूण कळ्ळें तेन्ना रोखडोच सुमतीलो बाप्पा सांतय्या धुवेक घेवन गोंयां गेल्लो. एका रिसॉर्टांत विनोदाक चली दाखोवन थंयच संबंध पक्के करून परतल्लो. ही पुराय गजाल प्रेमा जाणा आशिल्लें. ताणें आवयबापायक ते विशीं कांयच कल्पना दिवंनाशिल्ली कारण दोनूय वटांनी आपणाल्या आप्त जनांक ती दुखोवंक शकनाशिल्ली. खरें म्हणल्यार ही सोयरीक तिका हून दुदाचो घोंट तोंडांत घेतिल्ले वरी जाल्ली.

अंकोल्याक वचून चली पळोवपाचो कार्यक्रम हें विनोद आनी प्रेमान घडोवन हाडिल्लें एक उत्तम नाटक म्हळ्ळें दुर्गय आनी ताची बायल रमाक कळपाक चड कळाव लागलो ना. उपरांत सोयरिके संबंदान मुखावेल्या कामांत दुर्गयान लक्ष घालें ना. 'तुम्मींची उल्लोव्नु ठरया.' म्हण ताणें सांगलें.

लग्न अंकोल्यांत कल्याण मंटपांत व्हडा दबाज्यान जालें. कसलेच गजालीक आक्षेप घेवपाक वाव दिनासतना सांतय्यान देण्या संबंदान, लग्न खर्चा संबंदान सदळ हातान दुड्डू मोडलो. ही गजाल सगल्या नात्यांतल्या मनशांक उगतेपणी दिसताली.

विनोदाल्या लग्नाकय प्रमोद आयलो ना. ताका आतां अमेरिकेक वचून स वर्सां जाल्लीं. ताचे विशीं जाणून घेवपाची कोणाक उमळशीक उरूंक

नाशिल्ली.

आतां भुरगीं सगळीं स्वतंत्र जाल्यांत आनी दर एकल्यान स्वतंत्र बिराड मांडिल्ल्यान तांचे विचारय बदलल्यात. अविभक्त कुटुंबाची पद्दत केन्नाच फाटीं पडली. ह्या पुराय बदलून गेल्ले परिस्थितीन दुर्गय दुख्खी जाल्लो.

गिरगिरें घुंविल्लेवरी तेज गतीन दीस धांवले. एक दीस अचकीत प्रमोद गांवां येता म्हण खबर आयली. गांवांतल्याक खूब आनंद जालो कारण मावीनकुर्वे सारक्या गांवगिऱ्या प्रदेशांत जल्मा येवन अमेरिके सारक्या प्रगत देशांत वचून ताणें P.hd. डिग्री मेळयल्ली. इतली व्हड डिग्री मेळयल्ली गांवांतली तीच पयली व्यक्ती.

गांवांतलो लोक प्रमोदालो सत्कार करपाचे तयारेक लागले. दुर्गयाल्या घरांत मात उत्साहच नाशिल्लो. भविश्याचो विचार करपाचो सोडून फकत वर्तमाना विशींच चिंतपी प्रमोदा वयलो दुर्गयाचो मोग आनी विस्वास कमी जाल्लो. सदांच आपणाल्या दीसपट्ट्या कामांतूच तो आपणाक गुंथून घेतालो.

प्रमोदाले येवपाचे दीस लागीं पावले. तशी रमाची मनस्थिति बदलपाक लागली. तिचें मातृवात्सल्य जागृत जावंक लागलें. आंगांत वेगळोच आवेश आयिल्लेवरी ती पुताक हें आवडटा तें आवडटा अशें म्हणत तरेकवार खाणां करून डब्यांत भरून दवरपाक लागली. हें सगळें पिशेंपणाचें प्रदर्शन म्हूण घोवान सांगलें तरी ती आयकनाशिल्ली. पुताच्या मोगान ती सारकी पिशी जाल्ली.

आनंद खिणयाळो आसता म्हणटात तें फट न्ही. प्रमोद आयलो आनी कांय दिसांनी गेलोय बी. सारको चार दीस लेगीत गांवांत उरलो ना. होन्नावरांत तो शिकिल्लो त्या स्कुलांत सत्कार, कुमठा कॉलेजींत सत्कार, धारवाडांत सत्कार अशें म्हणत आपणाले विद्वत्तेचें प्रदर्शन मांडीत रावलो आनी तातूंत मागीर रजा सोंपली अशें म्हणून परतो अमेरिकेक गेलो. आवयन डबे भरून दवरिल्लें खाण खावन पळोवपाकूय ताका फुरसत मेळ्ळी ना.

दुर्गय नायकाली दुर्गती

सत्कार सुवाळ्याक वचपा खातीर प्रमोदान एंबसेडर कार बूक केल्ली. आवयकबापायक तो मोटारींत बसोवन घेवन वतालो. सत्कार सुवाळ्याच्या थळार तांकां मुखा वयल्या आसनांचेर बसयतालो.

वेदिकेचेर पुतालो भोवमान जाता आसतना हातांत फुलांतुरो दिवन खांदार शाल घालून ताचो फोटो काडटना पळोवन तांकां खूब खोस जाताली. कॉलेज प्रिन्सिपलान, सत्कार सुवाळ्याच्या मानादीक मुखेल सोयऱ्यान पुताली केल्ली तुस्त-तोखणाय आयकून आवयबापायक खूब अभिमान दिसतालो.

सत्कारा खातीर उपकार मानून प्रमोदान आपलें मनोगत उलोवन दाखयतना इंग्लिशींत अर्दवर सुमार केल्ल्या भाशणांतलो एकूय शब्द समजलो ना. तरी त्या आनंदाच्या वातावरणांत रमा खूब आनंद अणभवताली. दुसऱ्या दिसा कन्नड पेपरांत फोटो सयत छापून आयिल्ली खबर ती मन लावन वाचताली.

पूत परतून अमेरिकेक वच्चे पयल्या दिसा घरांत थोडो वाद जालो.

'कित्याक तुवें आन्नि अमेरिके वोच्चें? तुक्का हांगा बरी नौकरी मेळ्ना वे?' दुर्गयान पुताक विचारलें.

'नौकरी मेळतली पण थंच, तित्लो पगार हांग मेळ्ना.' प्रमोदान बापायक समजायत म्हणलें.

'थंयीं राब्तल्यांक तो पगार जाय पडता. हांगा राब्तल्यांक तित्ल पगार कित्याक? तस्सी पळोच्या गेल्यारी ह्या देशांतु आम्मी दरिद्र वे? सुखान खाव्नु पिव्नु नांति वे? प्रेमाक लग्न कोर्नु दिल्लें. ती घोवा थंयी गेल्ली. तूं शिक्कुनु अमेरिका गेल्लो. विनोद लग्न जाव्नु गोयांतु स्थायी जाल्लो. ह्या इत्ल व्होड घरांतु मांतारे हांवु आनि तुगेली अम्मां. चर्डुवं आस्सूनु आम्मी निपुत्रिकांवरी जगताती. ती हृदयांतुली शून्यता पैसेन मोजच्याक जायना.' इतलें सांगून दुर्गय शांत जालो.

प्रमोदय कांयच उलयलो ना. कारण कितलो समजायलो तरी तो फाटीं सरपाक तयार नाशिल्लो. अमेरिकेचें एशोआरामी जीवन ताका थंय

आपयतालें.

पुरस्कारांनी सन्मानीत व्यक्ती कितलीय व्हड आसली तरीय तिची अंतर्मनांतली संवेदना खुरटेली जाल्यार ती व्यक्ती व्हडविकायेक पात्र उरना. जिणेक आकार दिवपाचें ध्येय दुडू मेजून बाजारांत विकतें मेळना म्हळ्ळें प्रमोदाक आजून कळिल्लें उरना.

ताका हांगा येवचे पयलींच अमेरिकेंत व्हड पगाराची नोकरी मेळिल्ली. थंयचे जिणेच्या मोहान तो प्रभावीत जाल्लो. आतां हांगा कोणें कितलेंय सांगलें, समजायलें तरी आपलो निर्धार बदलपाक तो तयार नाशिल्लो. हांगाच्या लोकांक तो पिशे मानतालो.

ताका मागीर आवयन समजायलो. 'तूं हांगा जन्मा आयिलो. हांगा वाडिलो. तुगेल आंगांतु हांगचे संस्कार भर्लेति. हांगाच वातावरण सर्व दृश्टीन तुक्का अनुकूल जावनास्सा. हांवु आम्गेल स्वार्था खात्तीर तुक्का सांगना. अमेरिकेंतु मात्र सूख आस्सा, हांग ना म्होणु लेकनाक्का. सूख हांगा बी आस्सा. जें आमकां अनुकूल जावनास्सा ताक्का सूख म्हणताति. प्रतिकूल जावनासिल्याक दुख्ख म्हणताति.'

प्रमोद कांयच उलयलो ना. मोन्यांनी सगलें आयकून घेतलें. आवयक समजावप कठीण म्हूण तिका ताणें एकाय उतरान कांयच सांगलें ना.

'आत्तं आयिलो आस्सा. थोडदीस रजा वाढयी. आम्मी तुगेल खात्तीर चेल्ली पोळोनु दवरल्याती. खंची म्होणु तूं सिलेक्ट कऽऽरि लग्न जाव्नु बायलेक आप्पोन व्हऽऽरि.' भयण प्रेमान सांगिल्लेंय ताणें आयकलें ना.

तो वच्चे दिसा देवा मुखार नाल्ल दवरून, पांयां पडून आशिर्वाद घेता आसतना दुर्गय नायकान ताका परतून सांगलें. 'अमेरिकेंत स्थायी जाव्नाक्का. जाल्ले तिल्ल बेग्गी परत यो. ज्ञान, विद्वत्ता आसिल्यांनी भविष्य खंयी फुलोवेत. ह्या देशांतु प्रगती निधान (आस्ते) जालेतिकी तुज्जसल्यांली अवनती केन्ना जायना.'

दुर्गय नायकाली दुर्गती

रमा तागेलो हात सोडपाकूच तयार नाशिल्ली. भावनेच्या उद्वेगान तिगेले दोनूय दोळे भरून भळभळ दुकां गळपाक लागलीं.

शिक्षणाच्या प्रभावान मनीस इतलो स्वार्थी जाता म्हूण प्रेमान लेखलें ना. तो परतून येतलो म्हणपाचो तिचो विस्वासूच उडिल्लो.

प्रमोद व्हड्यांत बसता. गांवचे एक-दोग लोक ताका होन्नावरा मेरेन पावोवपाक वतात. हेर लोक व्हडें दोळ्यांआड जाय मेरेन न्हंयेचे धडेर रावून पयस मेरेन पळयत रावतात.

अस्वस्थ मनान घरा वटेन परत येतना हे जिणेचें खरें मोल दुर्गयाक कळून आयलें. भुरग्यांली चलणूक पळोवन भविश्याचें भिरांकूळ चित्र दुर्गयाक भिवोवपाक लागलें. म्हातारपणांतलो तागेलो एकेक आधार सदळ जायत गेल्लो.

अमेरिकेक गेले उपरांत वर्सा भितर प्रमोदान श्रीलंकी बौद्ध धर्मी चलये कडेन लग्न केलें. ही खबर ताणें फोनाचेर विनोदाक सांगली. हनीमुनाक श्रीलंकेक आयलो पूण भारतांत येनासतना परस्पर थंय गेलो. ही खबर आयकून दुर्गयाक पक्षघात जावचो तितलो आघात जालो. रमान जाल्यार घरांतल्यान भायर सरपाचेंच बंद केलें.

व्हड जायना फुडें भुरगे अशे तरेन बदलतात म्हण तिणें सपनांतय केन्ना येवजिलें ना. होन्नावरांत, कुमठांत, धारवाडांत पुतालो सत्कार जाल्लो पळोवन ती खोशी जाल्ली. ती खोस खिणयाळीच आशिल्ली म्हूण तिका आतां कळ्ळें. पुतान स्वता खातीर नांव कमयलें तरी घराण्याचें नांव पाड घालें अशें म्हणून ती केन्ना जावंनाशिल्ली तितली दुख्खी जाल्ली.

प्रमोद परदेशांतच उरतालो. 'दोळ्यांआड मसण पाड ' अशें म्हणून ओगी रावंयेत. पूण लागीं आशिल्ल्या विनोदानय बी आवयबापायक पयस केल्यार कितें म्हणपाचें ताका?

तो रजा आसतना अंकोल्याक मावोड्यां येवन वतालो. थंयच्यान दोन-

तीन वरांचे वाटेर मावीनकुर्वे येनाशिल्लो. केन्नाय आयलो जाल्यार एकटोच येवन वतालो. बायलेक घेवन येनाशिल्लो. ती कुळाराच रावताली.

'अस्सीं कित्या कर्त रे?' म्हण विचारल्यार 'सुमतीक खेडेगांव आवडना. ती दोणीरि बसच्या भित्ता.' म्हणटालो.

विनोदाक लग्न जावन सात-आठ वर्सां जालीं तरी तांगेर भुरगें जल्मा येवंनाशिल्लें. आवयबापायन आत्मियतेन खबर घेतली जाल्यार ताका राग येतालो. सुनेक विचारया म्हणटलीं जाल्यार ती घरा येच नाशिल्ली.

लग्न जाले उपरांत भुरगें बेगीन नाका अशें म्हणून सुमतीन गर्भ निरोधक उपाय केले. आतां भुरगें जाय म्हणून कपल फोड करून घेतात. एका परस एक नामनेच्या गर्भधारण तज्ज्ञ डॉक्टरांचो सल्लो घेवन उपाय केले. देवदेवतांक सांगणें केलें, उपासतापास केले, पंडीत-शास्त्र्यांक जल्मपत्रिका दाखयल्यो, तांणी सांगिल्ले प्रमाण देवसपणां बी सगळें केलें. सगळें फुकट गेलें. कांयच उपेग जालो ना. हें सगळें विनोद कोणा-कोणाक सांगतालो. तें सांगता आसतना ताका भितरले भितर त्रास जाताले.

मनशाचे जिणेंतली एकेक घडणूक नाटकांतलो एकेक प्रवेश जाल्लेवरी घडटा. एका तीन अंकी नाटकावरी दुर्गयाले जिणेचे दोन अंक केन्नाच सोंपिल्ले. तिसरो अंकूय बी निमण्या पेण्यार पाविल्लो.

एक दीस सांजच्या वेळार रमा गायेचें दूद काडपाक गोठ्यांत गेल्ली. तांगेर दूद कमी दिवन लाथो चड मारपी एक गाय आशिल्ली. ते गायेन मारिल्ली लाथ रमाचेर पडली आनी ती उदारी जमनीर पडली. काडिल्लें सगळें दूद उमथून जमनीर व्हांवलें.

तसो तिका चड मार लागूंक नाशिल्लो. पूण ती जी हांतरूणार पडली ती आनीक उठलीच ना. वखदां उपाय केले तरी कांय फायदो जालो ना. चड दीस लोळत उरनासतना एक दीस पुट्ट करून संवसार सोडलो.

ती हांतरूणार पडून आसा म्हणून दुर्गयान सगल्यांक कळयलें. धूव आनी

जांवय त्याच दिसा आयलीं. भुरग्यांची शाळा परिक्षा आशिल्ल्यान दुसऱ्याच दिसा परत गेलीं. वतना 'अम्माक विनोदान गोंयांत तो आसिल कडेन व्हेल्यारी बरे डाक्टराक दाकोनु उपचार कोरेत.' अशें म्हणून सांगून गेलीं.

विनोद खबर आयकून दोन दिसां उपरांत घरा आयिल्लो. वांगडा बायलेकूय घेवन आयिल्लो. ताणें आवयक गोंया व्हरतां म्हणलें पूण रमा घर सोडून वचपाक तयार जाली ना.

'मांतारपणारि हांगा थयीं धांव्नु खेळचें नाक्का. कस्सन जावचें आस्सा तें हांगा जाव्वो.' तिणें म्हणलें.

प्रमोदान येतां म्हण कळयलें पूण केन्ना म्हण कळोवंनाशिल्लें .

दोन दिसां आड होन्नावरच्यान डॉक्टर येवन रमाक तपासून वतालो. वखदांनी तिची भलायकी सुधारली ना. दिसानदीस जेवण-खाण कमी जायत गेलें. अशक्तताय आयली. आंगान बारीक जाली. दुर्गया तिचे खाटी कुशीक वोल्तेराचेर बसून राती सारतालो. तिणें हांतरूण धरलें तेन्नाच आपणाक अर्धांग जाल्लेवरी तिका दिसपाक लागलें. घोव आनी बायल हांचे मदल्या लांब काळाच्या पवित्र नात्यांत एकल्याक लागून दुसऱ्याचोय जीव गोळाक लागप हें सभावीक.

एक दीस रमान तोंडांत घाल्लें अन्न गिळपाचेंय बंद केलें. उलोवपूय बंद केलें. दोळे उगडपाकूय तिच्यान जायना जालें. ती आतां प्राण सोडटा काय मागीर अशी परिस्थिती जाली आनी तिचे खबरेक आय़िल्ले थंयच बसून उरले. डॉक्टरान सलायन लायलें आनी देखरेखीक एक नर्स दवरली.

हे निमणे घटकेर अमेरिकेच्यान प्रमोद येवन पावलो. ताणें म्हऱ्यांत वचून 'अम्मा' म्हणून उलो केलो. तेन्ना तिणें एक फावट दोळे उगडले आनी तशेच रोखडे धांपले. दोन मिनटां भितर तिचो स्वास बंद जालो. प्रमोदान तिगेलो हात हातांत धरलो. तो थंड जायत गेलो. पुताक पळोवपाक तिगेलो जीव गळ्यांत आडखळिल्लो. ताणें 'अम्मा' म्हणिल्लें तिणें आयकलें आनी दोळे

उगडून ताका पळयलो. त्या समाधानान तिचो आडखळिल्लो जीव मुक्त जालो अशें जमिल्ल्या लोकांक दिसलें.

तिगेले अंत्ययात्रेक जात्रेक जमिल्लेवरी लोक जमिल्ले. गांवांतले सगलेच तिका 'अम्मा' म्हणटाले. कारण ती खऱ्यांनीच तांचे खातीर अम्माच आशिल्ली. अडिल्ल्या-नडिल्ल्यांक ती हात उखलून दिताली आनी तांकां अडचणी वेळार पावताली.

दुर्गया गांवांतल्या लोकां लागीं वेव्हारीक नदरेन आपणाली चाल चलणूक दवरतालो जाल्यार बायलेक ताणें पुराय मेकळीक दिल्ली. कसलेंय काम दुर्गयाक सांगून जायनाशिल्लें, तें रमाक सांगल्यार जातालें.

बाराव्याचे शास्त्रविधी जाले आनी रोखडीच घरांत आस्पतीचे वांटणेचो विशय घेवन पंचायत जमली. मावीनकुर्वेंत म्हालगड्यांनी बांदिल्ल्या घरांत दुर्गया एकटो जाल्लो. ह्या जाणटेल्याक कोण पळयतलो? जमिल्लीं सगलीं विनोदाक पळयतालीं पूण विनोद बायले वटेन पळेतालो. ताचें कारण बायलेचे मान्यताये बगर तो कशी जबाबदारी घेतलो?

सुमतीन सगळें पयलींच चिंतून दवरिल्लें. तिणें तो विशय सोडून मांयच्या भांगराचो विशय काडलो आनी ताचे वांटे आतांच पयलीं जावपाक जाय म्हणलें. हें सांगता आसतना तें प्रेमा वटेन पळयतालें कारण आवय बरी ना जाली तेन्ना तिका पळोवपाक आयिल्लें आसतना ताणें आवयचें सुमार बरें भांगर काडून व्हेलां असो ताका दुबाव आशिल्लो.

प्रेमा आनी सुमती मदीं त्याच विशया वयल्यान वाद जालो. उतरान उतर वाडलें आनी दोगांय दुस्मान कशीं झगडलीं. मोग-माया भायर वचून अविस्वास आनी दुस्वास भितर सरले.

प्रमोद कांयच उलयनासतना ओगी बसून सगलें आयकत राविल्लो पूण मुखार जावपाचो आशिल्ल्या मनस्तापाची ताका कल्पना आयिल्ली. ताणें विनोदाक भितर धाडून पंचायतीचे बसकेंत बाप्पाक आपोवन हाडपाक सांगलें.

दुर्गय नायकाली दुर्गती

बापायक भायर आपोवन हाडलोना जाल्यार वाद सुरू जाल्ल्या वांटणेच्या विशयांतल्यान दुसरी सुटका वाट ना म्हणपाचें विनोद जाणाच आशिल्लो. तरी पूण आजूच मरणाच्या सुतकांतल्यान शुद्ध जाल्ल्या बाप्पाक त्रास दिवप सारकें न्हीं म्हण तो ओगी राविल्लो. पूण मागीर अण्णान सांगलें तेन्ना तो बाप्पाक आपोवपाक भितर गेलो.

हीं भुरगीं इतले बेगीन वांटे करपाची बसका घेवन चर्चा करपाक लागतलीं म्हण दुर्गयान चिंतलेंच नाशिल्लें. तरी आज न्हीं फाल्यां अशें जातलें हाची ताका कल्पना आशिल्लीच. ताणें मन कठोर केलें आनी भायर येवन स्पश्टपणान सगळें सांगलें.

'तुम्मीं मेगेलीं चर्डुवां. तुमका जल्मा घालिल्याक मेगेल ताकत्ती प्रमाणे वाढैलें, उत्तम शिक्षण दिल्लें. तुम्मी तुमगेल पाय्यारी स्वतंत्र राबथायीं तुमगेल जबाब्दारी घेत्ली. प्रमोदाक अमेरिके वत्तना, विनोदाक गोंया घर घेत्तना जाय म्हळे तित्ले पैसे दिव्नू मदत केल्या. प्रेमाल लग्नाक बी भरपूर पैसो खर्चिला. मेगेल कर्तव्य म्होणु हांवें हें केल्यां. ताजे बदलाक कस्सने दी म्होणु तुमगेल्यागीं मागिलना. तुम्मी कित्तल कमैताती, कित्तल खर्चिंताती, कित्तल जमकोर्नु दवरल्याती म्होणू आजथांयी हांवें विचारिलना आनी विचार बी ना. आत्तं तुम्मीं झगडचे नाक्का. तुमगेल आवय्न मोर्चे पैलें आमगेल्यागीं कस्सन आस्सा ताज्जे तीन समऽऽ वांटे कोर्नु मुत्युपत्र बरोन दवरल्यां. योग्य वेळ येनापडेन तुमगेल वांटो तुमकां मेळतलो.'

दुर्गयान सांगिल्ली गजाल आयकून कोणें कांयच म्हणलें ना. ताणें सगल्यांचो आवाज बंद केल्लो. ताणें मुखार सांगलें, 'हें घर जमीन हांवें केलील न्हंयी. मेगेल बाप्पान, आज्जान, पिज्जान केलील न्हंयी. कुटुंबाच आदिपुरूष शिवप्पा नायकाक रणभूमींतु वीर मरण प्राप्त जालील खात्तीर बिदनूर रायान दान दिलीली. हे आस्तीखात्तीर झगडनाक्काती. ही आस्ती विक्कून खावची विचार कोर्नाक्काती. मेगेल नंतर कोण तरी हांगा येव्नु राबा.

ह्या घरांतुल देवाकुडींतुल नंदा दीप सदां जळत उरो. शहरांतुल जीवन कृत्रीम. हांगाच शुद्ध जल, स्वच्छ हवा, प्रसन्न वातावरण थंयीं ना. हांगाच मात्तीतुल अंश अजून तुमगेल रक्तांतु आस्सा म्हळिल विसोरनाक्काती. तुम्मी मेगेल विचार कोर्चो नाक्का, सोडा तो. तुमगेल मुका वयलो विचार आत्तं करा.'

इतलें सांगून दुर्गया थंयच्यान उठून गेलो. प्रेमाले दोळे दुकांनी भरिल्ले. पालवान दोळे पुसत तें भितर गेलें. विनोद मदींच उठून गेल्ल्या सुमतीक सोदपाक गेलो. प्रमोद बशिल्ले कडेन एकलोच गंभीर विचारांत बुडिल्लो.

दुसऱ्या दिसा प्रेमा आपल्या भुरग्यांक घेवन घोवा वांगडा मुरूडेश्वर गेलें. विनोद बायलेक घेवन गोंयां गेलो. प्रमोदान परतून वचपाची ताकतीक केली ना ती पळोवन दुर्गयाक अजाप जालें. पूण ताणें कांयच दाखोवन दिलें ना.

घरांत रांदपाक तांच्याच पयसुल्ल्या नात्यांतली कोण आधार नाशिल्ली जाणटी बायल आदींच्यानूच आसताली. ते खातीर कोण कितलेय दीस रावलीं जाल्यार रांदून वाडपाची तांकां चिंता नाशिल्ली. पूण गरज आशिल्ली तेन्ना एक दीस रावपाक फुरसत नाशिल्लो आतां कित्याक हांगा रावला म्हळ्ळें गूढ गुपीत ताचें मन कोरांतताले.

प्रमोदान अमेरिकेंतल्या वास्तव्या विशीं आनी आपल्या कुटुंबा विशीं आज मेरेन कोणाक कांयच सांगुंनाशिल्लें. कोणेंच ताका केन्ना कितेंय विचारूंकय नाशिल्लें. ताचे केंस आतां धवे जावपाकूय लागिल्ले. दांतूय हालपाक लागिल्ले. दुडवांची भूक न्हिविल्ली. थंयचें जिवीत अर्थ नाशिल्लें म्हूण आतां ताका कळिल्लें. तरी पूण आपल्या मनशां मुखार तें मान्य करपाक ताचो स्वभिमान आड येतालो. दोळ्यां देखत आवयचें मरण पळोवन ताचो स्वाभिमान नानपयत जाल्लो. बापायली संथ जीण पळोवन आपूण खंय चुकलों ते विशीं तो चिंततालो. त्या प्रस्नाक स्वता तोच जाप सोदतालो.

सद्दां सकाळीं बापूय आनी पूत शेतांतले पांयवाटेन अंबाबाई देवळांत वचून येताले. एका वराचे भोंवडेंत आपणा दोगां मदल्या दुराविल्ल्या संबंदांतलें

अंतर कमी करपाचो प्रमोद यत्न करतालो. संकश्ट चतुर्थीक ते दोगूय स्पेशल दोणी करून इडगुंजी वचून महागणपतीचें दर्शन घेवन आयले.

बापूय कडक उपास करता म्हणून प्रमोदानूय उपास केलो. एक शेनवारा सांजचे गुंडबाळा वचून मुख्यप्राण देवाक नाल्ल केळ्यांचो निवेद्य दाखोवन राती कडेन थंय चलपी यक्षगान खेळ पळोवन दुसऱ्या दिसा सकाळीं मावीनकुर्वे परतून आयले.

बापाय वांगडा भोंवता आसतना प्रमोदाक भुरगेपणांतली याद जाता. शाळा, कॉलेजींत वताले त्या काळांत सुटये दिसा शेतांतल्या मानायां सांगातान तांच्या खांदाक खांदो दिवन शेतांत घोळिल्ली याद जाता. नवरात्री उत्सवांत अंबाबाईच्या देवळांत नाटकांत काम केल्लें ती याद जाता तशीच गोपाळकृष्ण देवाले जात्रेचीय याद जाता.

सोंपिल्ल्या पन्नास वर्सांच्या काळांत गांवांतली परिस्थिती बदलली. चड मजुरी मेळटा म्हणून गांवांतले मानाय-वावराडी शारांनी गेले. शिक्षणाचो प्रसार वाडलो तशे कश्ट करून खावपी लोक कमी जाले. पयलीं एकेक घरांत सात-आठ लोक आसताले. त्या जाग्यार आतां रितीं घरां दिसतालीं.

पंदरा वीस दीस जावन गेले तरी दुर्गयान प्रमोदाल्या अमेरिकेच्या कुटुंबा विशीं एका उतरान कांयच विचारलें ना. प्रमोदाक अजाप जालें तशेंच दुख्खय जालें. बाप्पाक वैराग्य येवंक ना मूं? असो ताका दुबाव येवंक लागलो. इतलेंच न्ही तर इतल्या व्हडल्या पोरण्या घरांत तो कशे दीस काडटलो म्हळ्ळी चिंता ताका सतावंक लागली.

एक दीस चान्न्याच्या राती आंगणांत वोल्तेरां (आरामखुर्च्यो) घालून ते दोगूय बशिल्ले. तेन्ना दुर्गयान एक सुपारी फोडून कुडको तोंडांत घालून पानाक चुनो लायता आसतना प्रमोदान ताका विचारलें, 'बाप्पा हावें अमेरिके वोचून तीसेक वर्सां जालींती. थंयी त्या कालावधींतु हावें कस्सने केल्लें म्होणु तुवें माक्का केन्ना विचारलें ना. कित्याक? तुमगेल मना विरूद्ध परधर्मीय

चेल्ली ओट्टु लग्न जाल्लों दिकून मेज्जेरी राग वे?'

'पुता.., मनाविरूद्ध म्होणच्याक तुवें आमगेल अभिप्राय विचारिल वे? तुगेल लग्न जालिल नंतर घडिल घटना आमगेल्यागी बदलच्याक जात्तसिलवे? ना नवे? त्या खात्तिर तुमगेल थंचें जीवनांतु आम्मी हस्तक्षेप कोर्चे ना म्होणु ठरलें. केन्ना केन्ना तुमगेली खबर आमगेल कान्नारी पडतसिली. तें आयकूनु दुख्ख जात्तसिलें. अंतक्करणाक खूब खोंबिल्यावरी वेदना जात्तसिली. तें सर्व सहन करत देवाचेरी भार घाल्नु तुमगेलें बरें येवजीत गप उर्ले.'

थोडो वेळ कोण कांयच उलयलो ना. दुर्गया उठून गेलो आनी पाना पीक उडोवन आयलो. प्रमोद कांयच उलयलो ना तरी सुरू केल्लो विशय अर्दार सोडप नाका म्हणून पूर्ण करपा खातीर तोच उलयलो. 'तुगेल बायल श्रीलंकन. तूं भारतीय हिन्दू. ती बुद्ध. तूं अप्पर कास्ट हिन्दू. एक्का एक मेचिंग ना. तुम्मी दोग उच्च पदवीधर आनी अमेरिका अस्सल प्रगत देशांतु आस्सिले एक्कु विशय सोडल्यारी आनी खंचे आचार विचारांतु मेळामेळी ना. शारिरीक सुखा खात्तीरि 'living in relationship' म्हळ्यावरी समजायिसी कोर्नु एकत्र आयिले. अस्सल संबंद आवश्यकता संपले की वेगळे जात्ताती. तुमगेल बी तेंऽऽचि जालें. दोन चेर्डुवं जाले नंतरि ती तुक्का सोणु गेल्ली. वत्ताना कोर्ट कचेरींतू तुका नांचोनु पूरा बोळसून गेल्ली. चेर्डुवं वया आयिल्लीं. शिक्षण अर्दारी सोणु आनी कोणाल की फाटल्यान गेल्ली म्हळील आयकलें.'

आपणाली इतली खोलायेन म्हायती बाप्पाक कशी कळ्ळी, कोणें सांगली असो प्रमोदाक प्रस्न पडिल्लो आनी दुर्गयान मेळिल्ले संदीचो उपेग करून घेतलो.

'विशय तुवें जाव्नु काडलो म्होणु सांगतां. ज्या दीस तुगेल चेर्डुवां तुक्का सोणु गेल्लींती त्या दीस तुगेल आम्मां हांत्लारी पळ्ळी. कावळ्यान बोसच्याक, रूक्काच फांदो समऽऽ जालें म्हळिल्यावरी गोट्यांतुल गायीन लात मारिलें तिगेल मरणाक एक क्षुल्लक कारण जालें. तस्सल लात ताज्जे

पयलें तिणें कित्लकीऽऽ खाल्लेति.'

दुर्गया एकलोच उलयतालो. प्रमोद मोन्यांनी आयकतालो. दुर्गयान सांगिल्ल्यांत सत्य आशिल्लें. ताणें म्हणलें, 'आत्त विनोदाल खबर सांगतां आय्कव. तो सभावान बरो पोर. बायलेल हातांतुल कठपुतली जाल्ला. तागेल बायल गर्विश्ट, हटमारी. आपूण अजून लग्ना माटवांतुली व्हंकल म्हणटा. पयलें संतती नाक्का म्होणू ना ना उपाय केल्ले. प्राय सरना पडेन आत्तं संतती जाय म्होणू ना ना उपचार करताती. विकृत स्वभाव. प्रायेरी मुकावयल विचार केलील ना. आत्तं प्रयत्न केल्लेतीकी फला येना. दोग्गं निराशादायी जीवन जगताती. क्लबांतु जास्ती वेळ काडताती. स्वता केलील चुकी बद्दल स्वता सूड घेत्ताती.'

''प्रेमाल घोव, चर्डुवं आमकां बरें कोर्नु पळयतासीली. पैरी वत्तना 'बाप्पा तूं हांगा एकळो राबनाक्का. मुरूडेश्वर यो' म्होणु हात जोडणू सांगून गेल्लेती. तांगेल मोग कृत्रीम न्हंयी. ते चल्लीन केल्ले तितली आवयबापाय्ल सेवा तुम्मी कोणें केलील ना.''

'तान्नीं आपयलतीकी हांव वत्ना रे. हें एकटेपण चार दीस माक्का सतायतलें. नंतर तीच संवय जात्तली. आय्चे जमान्यांतु मांतार मन्शांनी अस्सल परिस्थितीक तोंड दिवचे पडता. उरो ! कालाय तस्मै नमः. पदरांतु पडिलें पवित्र म्होणु आयिल दिवस धुंगुळचे.'

मध्यान रात जाल्ली. फाल्यां उलोवचें अशें म्हणून ते भितर वचून न्हिदले.

दुर्गयाक रोखडीच न्हीद लागली. प्रमोद मात न्हीद येनाशिल्ल्यान हांतरूणांत लोळत उरलो. ताचे तकलेंत तरेकवार विचार घोळटाले. अमेरिकेक वचून कितें केलें? कोणालें बरें केलें? दुसऱ्यांली आंतरीक भावना समजून घेवपाची योग्यताय आपणाक ना जाली व्हय? अशे तरेच्या प्रस्नांनी तो अस्वस्थ जातालो.

भोग आनी चिन्ता हे दोन प्रवाह मनशाक खंयच्यान खंयीं घेवन वतात

तें सांगू नजो. कुटुंब, समाज, देश सोडून अमेरिकेक वचून प्रमोदाले भोग भोगून जाल्ले. आतां ताका चिंता सतायताली.

सगली रात हांतरूणार लोळत उरिल्ल्यान ताका फांतोडेर न्हीद लागिल्ली. सकाळीं अंबाबाई देवळांत वतना दुर्गयान ताका उठयलो ना. तो आपूण एकलोच वचून आयलो.

हे फावटी अमेरिकेक वतना 'जालेतित्ल बेग्गी हांव मायदेशांतु परत येत्तां. मावीनकुर्वेंतु स्थायी जात्तां.' अशें सांगून तो गेलो.

ताका पावोवपाक मुंबय मेरेन गेल्ल्या दुर्गयान पुताक बाय-बाय करतना सांगलें, 'खंयचो तीर्मान (निर्णय) भावनेक बळी पोणु ठरो नाक्का. एक चूकी सुधारच्याक आन्नेक चूकी कोर्नाक्का. विवेकबुद्धी वापर. विचार कर्तना मन शांत दवर. तुवें रमाक अमेरिकेक आप्पोन व्हेल्यां म्होणु लेकून हांव हांगा दिवस काडतां आनी तीचि तुक्का परत अप्पोन हाडतली म्होणु विश्वास दवरतां.'

Air - India विमान प्रमोदाक घेवन उडिल्लें पळोवन दुर्गया गांवां परतलो. ही जीण व्यर्थ अशें म्हणून नशिबाक दोश दीत तो घरांत बसून रावलो ना. सतत तो शेतांत आनी बागांत काम करीत रावतालो. घरा वोल्तेरांत बसून खावंयेत इतलो पैसो ताचे कडेन आशिल्लो. तरी जमीन पाड घालप ना अशें म्हणून तो ते जमनींत वावरत रावलो.

शिक्षणाचो प्रसार जावन समाजांत वेगान परिवर्तन जाल्लें. आधुनीक जीण जगपाच्या मोहान लोक शारांनी वचपाक लागले. शेतांत काम करपाक मनीस मेळप कठीण जालें. मेळ्ळो तरी ते मागतात तितली मजुरी दिवप जमीनदारांक परवडना जालें. गांवांतली हजारांनी एकर पिकाळ जमीन पाड जावपाक लागली.

काळ आपणाले दिसा-म्हयन्यांचे गतीन फाटीं पडत रावलो. कॅलेंडरां बदलत रावलीं. परतून येता अशें सांगून गेल्लो प्रमोद आयलोच ना. तीच

एक आशा दुर्गयाक आशिल्ली. विनोदाली आशा ताणें सोडिल्ली.

आयचें शिक्षण प्रज्ञावंत नागरीक तयार करना. प्रत्येक विशयांत अभिलाशेन, अहंकारान, अतृप्तीन जीण जगपाक सोदतले अभागी नागरीक तयार करता. होच विशय दुर्गयाचे निर्शेणेचें कारण जाल्लो. पिरायेन जाण्टो जाल्लो तरी तो हातांत बडी घेवन चलपा सारको जावंनाशिल्लो. नदर मंद जाल्ली तरी चस्मो लायनाशिल्लो. ताचो उत्साह उणो जावपा वांगडाच आंगांतली शक्त कमी जाल्ली.

मनशाच्या आंगांतलें त्राण कमी जाले जाल्यार ताका मनोबल सांबाळटा पूण तें कमी जालें जाल्यार मनीस चड दीस टिकना. तेन्ना ताचो अवसान काळ लागीं आयला म्हूण लेखचें. दुर्गयाली तीच अवस्था जाल्ली.

वणटीक खिळो मारून लांबयल्लें कॅलेंडर जुलय म्हयनो आयलो तरी मे म्हयनोच दाखयतालें. दुर्गयाक कॅलेंडराची, पंचांगांची गरज नाशिल्ली. दीस आनी रातीचो फरक सोडल्यार आनीक दुसरें कितेंच ताच्या लक्षांत उरनाशिल्लें. एकेक दीस रातची न्हीद पडना म्हणुन आरामखुर्चेंत बसुनूच पुराय रात सारतालो. सट्ट करून न्हीद लागली जाल्यार भायलीं दारां धांपपाक विसरतालो. सकाळीं फुलां घेवन देवळांत वचपाचें ताणें बंद केल्लें पूण शेतां वटेन मात चुकनासतना वतालो.

त्या वर्सा जून म्हयनो सोंपलो तरी सारको पावस पडलो ना आनी शेतांतलीं कामां तशींच पडून उरिल्लीं. जुलय म्हयन्यांत सारको बरो पावस पडपाक लागलो. शरावती न्हंयेक हुंवार आयलो. शेतांत खूब उदक भरून उरलें. उदक वचपाक वाट करून दितलो म्हणल्यार इतल्या सान कामाक लेगीत कोण मानाय मेळनाशिल्लो. पिकास खोरें घेवन काम करपा इतली ताकत दुर्गय नायकाल्या आंगांत आतां नाशिल्ली.

दुसऱ्या दिसा एका मानायान येतां म्हणिल्लें म्हूण पावसांतल्यान सत्री फुलोवन निसरडे पांयवाटेन तो आपल्या शेताचे वाटेन चलपाक लागलो.

दुर्गय नायकाली दुर्गती

वतना दोनूय वटयां पळयत वचपाक लागलो. कांय लोकांच्या शेतांत भाताचीं रोपां रोवन जाल्लीं. थोडे कडेन रोंपणी चलताली जाल्यार कांय कडेन शेत कसताले.

दुर्गयाल्या शेतांतलीं सगलींच कामां जावपाचीं आशिल्लीं. मानायाची वाट पळयत शेता धडेर एका फातराचेर दुर्गया बसून रावलो. दनपरां जेवणाचो वेळ जालो. तरी ताका भूक लागिल्ली कळ्ळीच ना. वादळी वारें जगलावणें गडगड आदी कसल्याचेंच ताका भान उरलें ना. ताच्या हातांतली सत्री वाऱ्यान उडून गेली. बशिल्ले कडेन ताचो तोल गेलो आनी धप्प करून तो शेतांत पडलो. कितलो वेळ तो थंय चिखला उदकांत पडून उरलो कोणाक खबर. केन्ना ताचो स्वास बंद जालो कळ्ळोच ना.

पूण तें सगलें कळून कितें जातलें आशिल्लें? अशे तरेन सैमाचे कुशींत दुर्गय नायकालो प्राण पंचम्हाभुतांत भरसून गेल्लो.

शिवाप्पा नायकान रणभुंयेर प्राण ओंपिल्लो. त्या बलिदाना खातीर ताच्या कुटुंबातल्या मनशांक जमीन मेळिल्ली. ते जमनीचो एक वांटो दुर्गय नायकाल्या वांट्यांक आयिल्लो. कुटुंबाच्या अभिमानान, त्या वीर बलिदानाच्या स्मरण रूपान ती जमीन विकप ना, राखून दवरप ह्या हट्टान ताणें तेच जमनीक प्राण अर्पण केलो. जाल्यार हो इतिहास सांगतलो, तागेल्या कुटुंबाचो कोणूच त्या मावीनकुर्वे गांवांत ना.

♦♦♦

03.

पतीत पावन

मनशा आंगांत तीन तरांचे गूण आसतात. ‘सत्व’, ‘रज’ आनी ‘तम’. दर एका गुणाक अणसरून मनशाची मनोवृत्ती घडटा. सत्व गूण चड प्रमाणांत आसल्यार मनशा आंगांत देवत्वाचे गूण येतात वा ती व्यक्ती देवमनीस म्हणोवन घेता. असलो मनीस कोणालें वायट येवजिना, कोणालें वायट करना. सदांच तो परोपकारी भावनेन चलता. रजोगूण चड आसल्यार एक व्यक्ती सरळ सभावाची आसता. संवसार बंधनांत रावून पाप-पुण्याचो फावो तसो तोल सांबाळून आनी चुकून पाप घडलें तरी तातूंतल्यान सांवरून वांट्याक आयिल्ले त्याग, भोग खोशयेन स्विकारीत जीण जगता. तमो गूण चड प्रमाणांत आसल्यार ती व्यक्ती कोणालें बरें करना आनी बरेंय येवजिना. राक्षस वृत्तीची अशी ती व्यक्ती स्वार्थी आनी समाज घातकी उरता. लोकाक जाल्ल्या त्रास आनी दुख्खाची अशे व्यक्तीक पर्वा आसना.

प्रभाकर दाते भायल्यान दिसपाक सद्गुणी दिसतालो. पण भितरल्यान तो तमोगुणी आशिल्लो. शासकी सेवेंत आसतना ताणें आडवाटेन खूब दुडू कमयल्लो, स्थावर आस्पतय खूब जमयल्ली. बत्तीस वर्सां कस्टम्स डिपार्टमेंटांत काम केल्लें. रिटायर जावचे पयलीं ताणें अंधेरींतलो टू रूम किचन ब्लॉक विकून दादर शिवाजी पार्क वाठारांत दर्यादेगे सामकार तीन रूम, हॉल, किचन आशिल्लो ब्लॉक घेतिल्लो.

ब्लॉक व्हडलो पूण भितर फकत दोगांच मनशां रावतालीं - तो आनी

ताची बायल. ताका तीन भुरगीं. एकूच पूत आनी दोन धुवो. पूत चंद्रशेखर उच्च शिक्षणाक अमेरिकेक गेल्लो तो शिक्षण पूर्ण करून थंयचोच जाल्लो. दोनूय धुवांक सान पिरायेचेरूच मागिल्ली तितलो दोत दिवन व्हडल्या दबाज्यान लग्न करून दिल्लीं. व्हडली धूव मंदाकिनीलो घोव दिल्लींत केंद्र सरकाराचे कचेरेंत उंच पदार अधिकारी आशिल्लो. दुसरी धूव सुहासिनीलो घोव एअरफोर्सांत पायलट आशिल्लो आनी तीं कानपुरांत रावतालीं.

सगलें वेवस्थीत चलतालें तरी आसतना प्रभाकर दातेक मनाची शांती नाशिल्ली. ताचें कारण तांच्या म्हातारपणांत तांकां आपणालीं अशीं कोणूच तांचे वांगडा घरांत रावपी नाशिल्लीं.

अमेरिकेक आशिल्ल्या पुताक अमेरिका सोडून हांगा येवन नोकरी कर म्हणल्यार तो आयकनाशिल्लो. आनीक दोन वर्सांनी येतां अशें म्हणटालो. अशें म्हणत कितलिंशींच वर्सां जाल्लीं. ताका ताची पर्वा नाशिल्ली. हांगा ताची आवयबापूय तो एक ना एक दीस परत येतलो हे आशेर जगतालीं.

बसपगारी जाल्ल्या दातेक कसलेंच काम नाशिल्लें. फकत इंग्लीश आनी मराठी पेपर वाचून ताचे दोळे थकताले आनी नंबर वाडटालो. घरांत बसून ताका कंटाळो येतालो. तेन्ना तो बाल्कनींत घाल्ल्या झोपाळ्याचेर बसून दर्याची सुकती-भरती पळयत व्हिस्कीचे घोंट घेत घेत, ट्रीपल फाय सिग्रेटीचो धुंवर नाका तोंडांतल्यान सोडीत वेळ सारपाचो यत्न करतालो. कमोवन दवरिल्ल्या पयशांनी म्हातारपणांत सूख-समाधान मेळटा म्हळ्ळें ताचें गणित चुकिल्लें. पयशांनी सूख-समाधान विकतें घेवपाक मेळना हें ताका कळिल्लें. उरिल्ली जीण निरूपेगी जाल्या अशें ताका दिसपाक लागिल्लें.

ही मनांतली व्यथा कोणाकूय सांगप ताका कठीण जाल्लें. विचार एका खाब्यां भोंवतणी घुंविल्लेवरी ताचे तकलेंत घुंवताले. त्या विचारांक अंत नाशिल्लो. हो क्रम चालूच उरलो आनी दातेले जिणेंत दुख्खाचें सांवट पातळत उरलें. घरांत एकएक वायट घडणूक घडत रावली.

प्रभाकर दातेली बायल अनुराधा न्हावपाक गेल्ली थंय न्हाणयेंत

निसरून पडली. तिच्या फाटी कण्याक मार लागलो. दोन तीन म्हयने तिका हॉस्पिटलांत दवरची पडली. घर आनी हॉस्पिटल हांचे मदीं यो-वच करून फावटी मारपाक कोण ना जालो. घरांत प्रभाकर एकटो. ताका एक च्या करप सोडल्यार दुसरें कांयच करपाक कळनाशिल्लें. ताकाय खाणा-जेवणाचे त्रास जावपाक लागले.

अशे तरेन त्रास जातात तेन्ना आपणालींशीं दिसतात त्या मनशांची याद येता. पूण प्रभाकर दातेल्या जिवितांत खऱ्या अर्थान आपणालीं म्हणपा सारकीं कोण नाशिल्लीं. ताचें कारण ह्या मनशान श्रीमंती-ऐशआरामी जीण जगतना आपणाल्या नात्यांतल्या मनशांक मुद्दाम पयस दवरलीं. तांच्या सूख-दुख्खांत केन्नाच सहभागी जालो ना, जावं कोणाक केन्ना कसलोच आधार दिलो ना. उदारो पडिल्ल्या जल्ल्यावरी ताची अवस्था जाल्ली. तो एकलो कितलो म्हण हात-पांय धाडायतलो. पयलीं लोकां मुखार जें मोठेपणाचें प्रदर्शन केल्लें ताचें आतां तो पानवळ भोगतालो.

ताणें पुताक कळयलें, धुवांक कळयलें. कोणूच आयलीं नात. फोनाचेर आवयची खबर घेतना अर्द अर्द वर उलयतालीं, बऱ्या दोतोराक दाखय, बऱ्या हॉस्पिटलांत दवर, असो उपदेश करतालीं. तुर्ताक आपणाक येवपाक मेळना. अशें म्हणून हजार अडचणी सांगतालीं. तीं बेश्टीच एक एक निमतां सांगतात म्हण प्रभाकर कंटाळटालो आनी मदींच अर्दारच फोन कट करतालो.

हॉस्पिटलांत अनुराधाचे खबरेक कोण ना कोण येत आसतालीं. दाते कुटुंबावरीच सभ्यतेचो बुरखो घाल्लीं मनशांच चड. बरें येवजून येवपी मनशां परस दातेलो जिरिल्लो तोरो पळोवन मनांतलें मनांत खोशी जावपी चड.

खाटीर न्हिदिल्ले बायलेची असहाय स्थिती पळयत कुशीक बशिल्ल्या प्रभाकराक बोरीवलींत रावपी जोशी कुटुंबाची याद जाली. जोशीली बायल सुलोचना दातेगेर देवकृत्य वा हेर कसलेंय कार्य आसतालें तेन्ना रांदपाक येताली. तशीच ती लोणचें, पापड, सांडगे असले जिनस विकपाकूय येताली. तिका कितेंय दिता म्हणलें जाल्यार दुडवां आशेन ती मदतीक येतली म्हळ्ळ्या

विचारान प्रभाकर दुसऱ्याच दिसा तिका मेळपाक बोरीवली गेलो.

सदाशिव जोशीलें कुटुंब गरीब. सदाशिव एके कंपनीच्या कॅण्टीनांत कामाक आसतालो. बोरीवलींत एके चाळींत गरीब वस्तींत रावतालो. ताची बायल सुलोचना घरांत शेव, चिवडो, चक्री, लाडू आनी हेर कांय घरगुती खाणाचे पदार्थ करून वळखीच्या मनशांगेर वचून ते विकताली आनी चार पयशे कमायताली. वेळ प्रसंगार कोणेंय एक दोन दिसां खातीर रांदपाक आपयल्यार बी वताली.

अनुराधाले असहाय स्थितीची खबर आयकून सदाशिव आनी सुलोचनाक खूब वायट दिसलें. इतली व्हड गिरेस्त आनी प्रतिश्ठीत व्यक्ती एका गरिबाले खोपींत आदार मागपाक आयिल्ली पळोवन ताका ना कशें म्हणप असो तांकां प्रस्न पडलो. तीं दोगांय चिंतपाक पडलीं. तेन्ना प्रभाकर दातेले आशेक पालवी फुटली. ताणें सदाशिवाक म्हणलें, 'तुगेले बायलेक शक्य जायना जाल्यार व्हडले धुवेक तरी मातशी धाड. हांव तुमचेर विस्वास दवरून आयलां.' ताणें मानसीक दबाव हाडीत म्हणलें.

जोशी कुटुंबाक तीन भुरगीं. एक चलो आनी दोन चलयो. व्हड चली बारावी शिकिल्लें. अर्थीक परिस्थितीक लागून मुखार शिकपाक जायनाशिल्ल्यान तें नोकरी सोदतालें. आवयन ताका घरांतलीं सगलीं कामां शिकयल्लीं. तरी ती ताका कोणागेरय रांदपाच्या कामाक धाडनाशिल्ली. तिणें दातेक सांगलें, 'ना, माफ करात. धुवेक कोणागेरय रांदपाच्या कामाक धाडपाक हांव तयार ना. हांवें त्रास काडले तितले पुरो.'

'तूं म्हणटा तें सारकें. म्हाकाय दोन धुवो आसात. तुमगेले धुवेक हांव म्हजीच धूव जाल्लेवरी लेखतां. म्हगेल्यो धुवो लागीं आसल्यार धांवून येतल्योच आशिल्ल्यो. पूण त्यो पयस आसात. असल्या प्रसंगार कोणा सामकार हात पसरपाची गरज नाशिल्ली. एकली तरी लागीं आशिल्ली जाल्यार...' अशें म्हणून ताणें बोल्सांतलो लेंस काडून दोळे पुसपाचें नाटक केलें.

जोशीली व्हडली धूव मंजुळा घरचे परिस्थितीक लागून सगले तरेची समज आयिल्लें पिरायेर आयिल्लें चली. गरीब वस्तींतली चाळ आनी तातूंतले एके सान कुडींतलो संवसार आसता तेन्ना उलोवर्णी करपाक वेगळो जागो आसना. तिगांय जाणटीं उलयतालीं तें मंजुळान आयकलें. तिच्याय मनांत एक विचार आयलो की जर आपणाली कोणाकूय मदत जाली आनी त्या निमतान आपणाल्या कुटुंबाक थोडो अर्थीक आदार मेळून अडचण पयस जाता आसत तर प्रभाकर दातेक 'हां' कित्याक म्हणचें न्ही? अशें चिंतून तिणें आपूण तयार आसां म्हणून आवयक कानांत सांगलें.

चली तयार आसा म्हण कळपाक कस्टम इन्स्पेक्टर पदा वयल्यान रिटायर जाल्ल्या दातेक कळपाक वेळ लागलो ना. फट्ट करून बोल्सांतल्यान पाकीट काडून तातूंतल्यान हजारांच्यो दोन करकरीत नोटी काडून 'हे दवरून घे. पगार म्हूण दिना. तुगेले धुवेच्या नांवान दवर. मुखार केन्नाय उपेग जातलो.' अशें म्हणून सदाशिव जोशील्या हातार दवरले. 'मनशां म्हणना फुडें एकामेकांले मदतीक पावनात जाल्यार उपेग कितें? ... अशें कितें कितें व्हडलें व्हडलें उलोवन जोशी कुटुंबाचे गरिबीचो पूर्ण फायदो घेतलो.

प्रभाकर दातेल्या गोड उतरांक जोशी कुटुंब फसलें. मनशाले कपडे-मुस्तायकी, कामधंदो, येणावळ, घरदार इतलें पळोवन कोणूय व्यक्ती सुसंस्कृत म्हण समजप सारकें न्हीं. मनशाची चाल चलणूक आनी ताचे विचार पळोवचे पडटात. तें सगळें ताच्या दोन चार दिसांच्या सहवासान कळना. तें कळपाक वेळ लागता.

अशे तरेन गाय सोदीत आयिल्लो दाते तिचें पाडूक आमडून घेवन गेलो. मंजुळाक धाडटना सगल्यांचे दोळे भरून आयले कारण सद्दां गेलें, आयलें अशे तरेची नोकरी नाशिल्ली ती. इतलें वाडिल्लें व्हंकल चली पयस धाडपाचो प्रसंग तांचेर केन्ना येवंनाशिल्लो आनी अशे तरेन तो येत म्हूण तांणी चिंतूंनाशिल्लें. सगलें अचकीत घडिल्लें.

'दाते आपणाले जातींतलीं. घोव आनी बायल जाणटीं. हांगचे हांगा

शिवाजी पार्कांत रावतात. केन्नाय वचून येवं येता.’ अशें समाधान तांणी करून घेतलें. दीस वचत रावले तसतशें तांचें दुख्ख उणें जायत रावलें.

– 2 –

मंजुळा घर कामांत हुशार आशिल्लें. ताणें दातेल्या घरांतली रांदचीकूड वेवस्थीत सांबाळ्ळी. घरांतलें काम करून मागीर हॉस्पिटलांत वचून अनुराधालीय तें सेवा करतालें. कसलेंय काम ताका एक फावट सांगल्यार पुरो जातालें. ताणें येवन प्रभाकर दातेले त्रास कमी केले.

आजकाल वैजकी पेशांतलें प्रामाणीकपण उणें जालां. आदल्या काळांतलो सेवाभाव आज उरिल्लो ना. पेशंटाची अर्थीक तांक पळोवन ट्रीटमेंट दितात. ताका हॉस्पिटलांत दवरून घेतात आनी

‘अंडर ऑबझर्वेशन’ म्हणून खूब फावटी पेशंटाक रावयतात. तरेकवार टेश्टी करतात आनी फिजियोथेरपीच्याय नांवार चडांत चड पैसो पुंजावन घेतात.

अनुराधाक साडेतीन म्हयने हॉस्पिटलांत खाटीर न्हिदोवन दवरली. उजव्यान दाव्यान हालपाक दिली ना. कमराचो मणको निसरला म्हणलें. पयली दोन म्हयने सैमीक विधी हांथरूणाचेरच करच्यो पडल्यो तिका. असले त्रास तिणें केन्नाच भोगूंक नाशिल्ले. तिचो जीव सुखी आशिल्लो. ‘आतां हांव बरी आसां. घरा वतां.’ अशें म्हणून ती दोतोराक विनवणी करताली.

निमाणें एकदांची दोतोरान अनुराधाक घरा वचपाक मान्यताय दिली. घरांतूय बेडरेस्ट घेवपाक सांगलें.

घरांतलो बेडरूम आतां पेशंट रूम जालो. रूमांत व्हील चेअर, बेड पॅन, खाटीकुशीक टीपॉयार तरेकवार वखदां, गुळयो, टॉनिका बाटल्यो अशें सगलें मांडिल्लें. हीं सगलीं वखदां अनुराधाक दिवपाचें काम मंजुळा करतालें. थारायल्ल्या वेळार तें श्रद्धेन आनी सेवाभावान चुकनासतना तिची

सेवा करतालें. हीं कामां करपाक म्हयन्याक पांच हजार रूपया दितां म्हणलें तरी कोण मेळनाशिल्ली. घरांतलो कोयर काडप, आयदनां घांसप, कपडे उमळप इतलेंच करपाक चार हजार रुपया घेतालीं.

मंजुळा शिवाजी पार्काक आयलें तेन्ना सुरवातेक सप्तकांत एक फावट बोरीवली आपणाल्या घरा वचून येतालें. प्रभाकर दाते तेन्ना तिका रेल्वे तिकेटीक येवपा-वचपाचे पयशे दितालो. अनुराधाक हॉस्पिटलांतल्यान घरा हाडली तेन्ना घरांतलीं कामां चड जालीं आनी तेन्ना मंजुळा पंदरा दिसांनी एक फावट वचून येवपाक लागलें. केन्ना केन्नाय म्हयन्याक एक फावट गेल्लेंय आसा. म्हणटां म्हणटां ताका शिवाजी पार्क येवन सात-आठ म्हयने जाले.

दीस वतात तशी तशी अनुराधाली भलायकी सुधारत गेली. सवकास ती व्हील चेअरा वयल्यान उठून बाल्कनींत वचून बसपाक लागली. घरांत प्रामाणीक मनीस काम करपाक मेळिल्ल्यान ती खोशी जाल्ली. तरी तिगेली दुश्ट बुद्धी तिका ओगी बसपाक दिना जाली. मंजुळाच्या प्रामाणीकपणाचो गैर फायदो घेवपाची तिका बुद्द जाली.

घरांत दोन दोन कामवालीं कित्याक जाय अशें म्हणून आयदनां घांसतलेक, कपडे उमळटलेक कितें ना कितें कारण सांगून झगडें करून कामा वयल्यान काडटाली. तें काम मागीर मंजुळाक करचें पडटालें.

दाते कुटुंबाच्या अडचणीच्या काळांत मदत करपाक म्हण आयिल्लें मंजुळा आतां घरांतली वावराडी जाल्लें. आपूण बोरीवली वचून येतां म्हणल्यार तिकेटीक पयशे दिवपाचें दातेन बंद केल्लें. मंजुळा सगळो पगार आवयल्या हातांत दिवन येतालें. ताका स्वताच्या खर्चाक पयशे उरनाशिल्ले.

'तुका खर्चाक एक पन्नास रूपया तरी दवर गो.' अशें आवयन म्हणल्यार 'म्हाका कित्याक गे?' म्हणटालें.

आतां बोरीवली वतना दाते कडेन उशणे मागचे पडटाले. धा-वीस रुपया दिल्यारय तो बरोवन दवरतालो. ताच्या दोन हजार रुपया पगारांतल्यान ते कापून घेतालो.

जाणट्या मनशां विशीं मंजुळाल्या मनांत निर्माण जाल्ली सानुभुती, आपलेपणां आपशींच नश्ट जायत गेलीं. ताका आतां घरची याद तीव्रतायेन येवपाक लागली. ताच्या मनांत नोकरी सोडून वचपाचो विचार घोळपाक लागलो. पूण नोकरी सोडून झोपडेवरी त्या घरांत बसून करतली कितें म्हळ्ळ्या विचारान ताचेर निर्शेणी येताली. एकेक फावट मनीस भंयान निर्णय घेतना चुकता. मंजुळालेंय तशेंच जाल्लें. किरकिर नाशिल्ली नोकरी अशें मनांत म्हणून तें स्वताचें समाधान करून घेतालें आनी दुख्ख गिळीत दीस काडटालें.

मंजुळा घरा आयल्यार चड दीस जाले तेन्ना बापूय सदाशिव जोशीक हुस्को जालो. तो एक दीस ताका मेळपाक शिवाजी पार्क गेलो. बापायक पळोवन तें खोशी जालें पूण दुख्खान ताचो गळो भरून आयलो. बापायक घेवन बाल्कनींत गेलें आनी आपणाक जे त्रास जाताले ते सगळे सांगून आपूण हांगा रावना म्हूण ताका सांगलें. हें सगळें सांगतना ताच्या दोळ्यांतल्यान भळभळीत दुकां व्हांवतालीं.

'आनीक दोन म्हयने कशेंय करून राव. मंगलाली मॅट्रीक परिक्षा जाल्या. तिणें बरो अभ्यास केला. बरें मार्क घेवन तें पास जातलें. तिका मागीर हांव खंय तरी कामाक लायतां. मागीर तूं हें काम सोड.' अशें सांगून बापायन धुवेक समजायली. आपणाले धाकले भयणी खातीर मंजुळा आनीक दोन म्हयने काम करपाक तयार जालें.

बापूय आनी धुवेलें उलोवणें दातेन दारा आड रावून चोरयां आयकलें. ताणें बापायक 'यो, बस च्या घेवन वच.' अशें एकाय उतरान सांगलें ना. तो सगळे शिश्टाचार विसरून गेल्लो.

सदाशिवान वच्चे पयलीं अनुराधाली खबर बी घेतली. वच्चे पयलीं दाते कडच्यान धुवेलो पगार मागून घेतलो आनी वतां वतां 'बरीं करून जाणट्यांक सांबाळ ' असो धुवेक उपदेश करून भायर सरून गेलो.

तो वचना फुडें 'चल, च्या कर गो आमकां.' असो मंजुळाक आदेश दिवन आपूण आरामखुर्चेर बसलो. मनीसपणाची शीम हुपून गेल्लो मनीस

आशिल्लो तो.

त्या वर्सा कसल्याय कामा निमतांन जावं तें देवकार्य वा हेर शुभकार्या खातीर सुलोचनाक दातेगेर वच्चें पडलें ना. अनुराधा तीं रांदपा करपाचीं कामां मंजुळा कडच्यान करून घेताली. इतलीं कामां कमी आशिल्ल्यावरी आनीक एक संकट मंजुळाल्या वांट्याक आयलें. दातेली कानपुरा रावताली ती धूव आवयची भलायकी सुधारली म्हूण कळ्ळें तेन्ना तिका मेळपाक आयली. खरो हेतू आशिल्लो तो एक म्हयनो आरामांत मजा मारपाचो. तिच्या भुरग्यांक सुटी पडिल्ली. ती मजेंत घालोवपा खातीर ती तांकां घेवन आयिल्ली.

तांची मजा आनी आराम चलतना मंजुळाच्या वांट्याक मात कामांची रास आयली. तरेकवार खाणा-जेवणांचे पदार्थ करप, रासभर आयदनां घांसप, इतल्या सगल्यांचे कपडे उमळप, सुकोवप, इस्त्री मारप आदी सगळें करता म्हणल्यार ताका नाका पुरो जातालें. ताची स्थिती काकुळटेची जाल्ली. धूर्त, स्वार्थी आनी कपटी दाते कुटुंबाक ताचे त्रास कशे कळटले? तांची संवेदनशीलताय दुडवांनी हाडिल्ल्या आपसुवार्थाच्या वज्या पोंदा चिड्डल्ली. आपूण अन्याय करतात हें तांकां कळपा इतलें मनीसपण तांचे कडेन उरूंक नाशिल्लें.

दातेची धूव सुहासिनी भुरग्यांक घेवन सिनेमा, नाटक, जंबो सर्कस बी सगळें पळोवन आयलीं. एस्सेल वर्ल्ड पळोवपाक गेलीं. सद्दां सांजचीं फिरपाक शिवाजी पार्कार वतालीं. पूण चुकून लेगीत एक दीस मंजुळाक यो म्हणलें ना. दातेच्या घरा येवन मंजुळाक वर्स जावपाक आयलें तरी केन्ना ताका एक सिनेमा, एक नाटक पळोवंक मेळ्ळें ना. सांजचे चौपाटीर वचून फिरून येवपाक फुरसत ना. बाल्कनींत सान्न मारतना, जमीन पुसतना कमर नीट करून रावतना पयसुल्ल्यान दिसतालें तितलेंच ताका माफ.

भुरग्यांची सुटी सोंपपाक पावली. सुहासिनी कानपुराक वचपाक भायर सरलें. वतना ताणें आवयलो कान फुकलो. 'आई, मंजुळाक तूं भोळेंभाबडें

समजून चड विस्वास दवरूं नाका. कपाटाची चावी तूंच सांबाळ. भांगर घरांत दवरूं नाका. बॅकेंतल्या लॉकरांत दवर. तुमी दोगांय जाणटी म्हातारीं. एक दीस तुमकां फसोवन पळून वचपाक उणें ना तें. सगळें घेवन पळ्ळें जाल्यार मागीर माथ्यार हात घेवन रडत बसून उपेग ना. ताचेर आतांच बारीक नदर दवर. वयावयली चली ती.'

अनुराधान धुवेक ती घरा वतना पैठणी साडी घेवन दिली. जांवयाक पॅण्टपीस, शर्टपीस दिले, नातरांक तांच्या आवडीचे कपडे घेवन दिले. पूण घरांत इतलें झरझर झरिल्ल्या मंजुळाक एक सादें पातळ घेवचें अशें तिका दिसलें ना. पयलीं घरांत चड मनशां आयल्यार आयदनां घांसपी, कपडे उमळपी कामवाली चड पयशे मागतली. हींच मनशां मागतात तितले पयशे तोंड धांपून दितालीं. आतां वतना सुहासिनीन पांच, पन्नास रुपया बक्षीस म्हणून मंजुळाल्या हातार दवरले नात. वयल्यान ताचेर दुबाव घेवन आवयचे कान फुकून गेलें.

सुहासिनी गेले उपरांत मंजुळाली आनिकूय दुर्दशा जाली. अनुराधा तिगेल्या प्रत्येक कामांत खोडी काडपाक लागली. जेवतना ताका वेगळें बसोवपाक लागली. ताचें जेवणाचें ताट वेगळें दवरपाक लायलें. ताचे कपडे वेगळे उमळपाक आनी सुकोवपाक लायले. इतले दीस तें घरांत न्हिंदतालें. ताका बाल्कनींत न्हीद म्हणलें. एके अस्तुरेच्या शरीर धर्मा खातीर ताका म्हयन्यांतले तीन दीस थोडो तरी विसव गरजेचो आसता हें लेगीत ती विसरली. एका उंच कुळांतले चलयेक आपणाल्या श्रीमंतीच्या दर्पान मंजुळाक ती गुलामावरी लेखताली.

मंजुळाक आपणाल्या घरा बोरीवली वचून येवपाक तिकेटीचे पयशे प्रभाकर दाते पयलीं पयलीं दितालो. ते आतां ताणें बंद केल्ले. दर म्हयन्याक मंजुळाल्या पगारांतले पयशे व्हरपाक सदाशिव जोशी येतालो. हे फावट ताणें घरा वचपाक दाते कडेन पयशे मागले. ताणें 'आज वचूं नाका' अशें म्हणून ओगी रावलो. ताची म्हयन्याची पाळी चलताली आनी ताका जिवाक अशक्त

दिसतालें. अनुराधाक ताणें सांगलें पूण तिणेंय ' बायले जल्माक असले त्रास जावपाचेच' अशें म्हणून मंजुळालें तोंड बंद केलें.

कशें तरी करून त्या दिसा सकाळचो नाश्तो जालो, दनपारचें जेवण जालें आनी जेवणा उपरांत दोगांय जाणटेलीं बेडरूमाचें दार आड केलें, ए.सी. लायलो आनी आरामांत न्हिदलीं. हो वेळ सादून मंजुळा तांकां जाग लागपाक दिनासतना घरांतल्यान पळ्ळें. तें नीट दादर स्टेशनार चलत गेलें. तिकेट नासतनाच ट्रेनीर बसून बोरीवली घरा वचून पावलें.

खूब दिसांनी घरा आयिल्ले धुवेक पळोवन सुलोचना खोशी जाली. पूण तिची खोस खिणयाळी थारली. मंजुळान सोंशिल्ले त्रास आनी तिचे वेदनेची गजाल आयकून ती संतापली.

त्रासांत पडिल्ल्याक मदत करची अशें चिंतून परोपकाराचे भावनेन तिणें धुवेक दातेगेर धाडिल्ली. तीं मनशां स्वार्थी आनी कपटी आसूं येता म्हळ्ळो अदमास वा निसट्टो दुबावूय तिका आयलो ना. तें विशीं तिच्या घोवाक कळिल्लें तरी ताणें कोणाकूच सांगलें ना.

रातचो सदाशिव घरा येना फुडें घोवा-बायले मदीं वाद जालो. निमाणे कडेन परतून शिवाजी पार्क दातेगेर मंजुळाक धाडचीं ना म्हूण सुहासिनीन घोवाक सांगलें.

दनपरां न्हिदून उठना फुडें दातेक च्या जाय आसताली. बेडरूमांतल्यान भायर आयल्यार मंजुळा खंय दिसलें ना. पुराय घरभर आनी भायर बाल्कनींतूय पळोवन जालें. खंय गेलें हें चली? तो विचारांत पडलो. शेजाऱ्यांगेर लेगीत केन्ना पावल दवरना जाल्लें चली आज सांगनासतना खंय गेलें? अनुराधाय गडबडली. खंय तरी भायर गेलां आसतलें अशें म्हणून एकामेकांक समजायलें. तरी आसतना तिणें घरांत सगल्याक एक फेरी मारली. दाते सकयल वचून भोंवतणेंत नदर मारून आयलो. सांज जाली, रात जाली, पूण मंजुळाचो पत्तो ना. दोगांय अस्वस्थ. अनुराधाक न्हीद पडली ना. बोरीवली जोशीगेर फोन करतलो जाल्यार तेन्ना सामान्य मनशाल्या घरांत आतांचे वरी फोन

नासताले. दातेलीय न्हीद उडिल्ली. दुसऱ्या दिसा सकाळ फुडें प्रभाकर दाते बोरीवली पावलो.

खोंपीचीं दारां दिसाचीं केन्ना बंद आसनात. प्रभाकर दाते दारांत पावलो. तेन्ना सगल्यांनी ताचे वटेन तिरस्कारान पळयलें. तरी शिश्टाचाराक धरून सदाशिवान ताका भितर आपयलो आनी बसपाक खुर्ची दिली. तो तसोच उबो रावलो.

सदाशिवान म्हणलें, 'तुमी आयले तें बरें केलें. हांव आनीक थोड्या वेळान भायर STD बुथार वचून तुमकां फोन करून कळयतलोंच आशिल्लों.'

'तूं आरामात रावला आनी केन्ना तरी आमकां फोन करून कळोवपाच्यो गजाली करता. तेवटेन आमच्या जिवांत जीव ना जालो. तें तुमकां कशें कळटलें? तुमचें मंजुळा खंय गेलें म्हूण आमी कोणाक विचारपाचें? तें हांगा आमकां सांगून आयिल्लें जाल्यार हुस्को नाशिल्लो. आमी कितें ताका बांदून घालताशिल्लीं? आमकां रातभर जेवण ना, न्हीद ना, सकाळीं घोंट भर च्या ना. सकाळ जावचे पयलीं उठून पयली ट्रेन धरून हांगा आयलां.' प्रभाकरान सगलो दोश मंजुळाचेर थापलो.

घोव बावलो सो जावन ओग्गी राविल्लो पळोवन सुलोचना मुखार आयली. 'दोन-तीन म्हयन्यां खातीर तुमी म्हगेले धुवेक घेवन गेले. आतां तुमगेली गरज भागली. अनुराधा वयनी घरा येवन वर्स जावपाक आयलें. तिगेली भलायकी आतां सुधारल्या. आतां आमी खंयचेय परिस्थितींत मंजुळाक कोणाचगेर कामाक धाडनात. हें सांगपाक हांव तुमगेर येवचेंच आशिल्लें.' तिणें सांगलें.

सुलोचनाली कडक उतरां आयकून प्रभाकर दाते मोव पडलो. कारण बायलांनी कसलीय गजाल मनार घेतली जाल्यार तीं सोंपेपणी फाटीं सरनात.

आवयबापूय दाते कडेन उलयता आसतना मंजुळा ताका एक कप च्या करून दिवपाक विसरलें ना. तो च्या पिलो. सदाशिव घरा आयिल्लो तेन्ना ताका च्या दिवपाक तो विसरिल्लो ती ताका याद जाली काय ना तें कळप

कठीण.

प्रभाकर दाते च्या पिलो. लेंस काडून तोंड पुसलें आनी वचपाक उठलो. उलोवपाक तो हुशार हार मानपी न्ही असो आशिल्ल्यान ताणें निमाणें अस्त्र वापरलें.

'मंजुळाक धाडचें काय ना हो निर्णय तुमचो. हांव जबरदस्ती करपाक शकना. तरी पूण आमी दुसरी कामवाली सोदतात ते मेरेन हिणें म्हजे वांगडा आयल्यार उपकार जातले. म्हजे बायलेचें आरोग्य सुधारलें तरी घरांतलें काम करपाची शक्त तिका ना. हांव सांगता तें खरें काय फट तें तुमचें धुवेक तुमी विचारात.' ताणें म्हणलें.

मंजुळा तोंड धांपून मान सकयल घालून ओग्गी बशिल्लें पळोवन ताणें ताकाच विचारलें, 'तुका आमगेर रावपाचें मनांत ना जाल्यार तुवें आमकां तशें सांगल्यार जातालें न्ही? हांव कोणाक तरी सोदून हाडटलों आशिल्लों. तूं अशें सांगनासतना धांवून आयलें तें योग्य जालें? तुजेर निंबून आशिल्ल्यांक दगो दिल्ले वरी जालें ना तें?'

इतलो वेळ जाणटीं उलयतात थंय मदीं उलोवप ना म्हण ओग्गी राविल्ल्या मंजुळान नीट आपणाक विचारिल्ल्या प्रस्नाची जाप दिली.

'हांवें तुमकां दगो दिवंक ना. तेन्नाचे तुमचे परिस्थितींत म्हाका तुमी आदाराक म्हण घेवन गेले. उपरांत तुमी म्हाका घरांतले कामवाले परस पाश्ट केलें. तुमच्या घरांतलीं आयदनां घांसपी, कपडे उमळपी वावराड्यांक तुमी काडलीं. त्या दोगा मनशांचें काम म्हाका करपाक लावन कामवाली करून सोडलें. म्हजो पगार मात वाडयलो ना तुमी.'

'ही गजाल तुवें म्हाका सांगिल्ली जाल्यार हांव तेन्नाच तुजो पगार वाडयतलो आशिल्लों.' प्रभाकरान आपूण कांयच नकळो आशिल्ल्यावरी केलें.

'तुमकां सांगलें ना जाल्यार कितें जालें, काकीक सांगिल्लें न्ही? दुसरी कोणूय सोदात आनी म्हाका घरा धाडात म्हणून?'

'काकीन कितें सांगलें ?' दातेन विचारलें.

'दोन-तीन कामवाल्यांक सांगून दवरलां. कोण तरी मेळटली. ती मेळना फुडें रोखडेंच तुका घरा धाडटां म्हणलें तिणें. पूण म्हज्या नशिबांत तो दीस येतलो सो दिसना म्हाका.'

सोसायटींत कामाक येवपी सगल्या कामवाल्यांक दाते वयनीलो सभाव खबर आशिल्लो. कोणूच तिगेर काम करपाक तयार नाशिल्ली. मंजुळाकूच कोण कोण चड पगार दितां म्हूण सांगून आपणागेर कामाक यो म्हणटालीं. अनुराधा हॉस्पिटलांत आशिल्ली तेन्ना मंजुळा घरांत काम करतालें तें पळोवन तें तांच्या नात्यांतलेंच कोण तरी आसतलें अशें तीं शेजारचीं बायलां समजल्लीं. पूण कानपूरच्यान आयिल्ल्या सुहासिनीन तांकां तें कामवाली म्हूण सांगलें. तेन्नाच्यान लोकांची नदर बदलली आनी कांय हायफाय कुटुंबांतलीं बायलां ताका उणाक नदरेन पळोवंक लागलीं.

प्रभाकर बशिल्ले कडल्यान उठपाक तयार ना तें पळोवन सदाशिवान ताका सांगलें, 'सुरवातेक मंजुळाक तुमगेर धाडटा आसतना आमची भावना वेगळी आशिल्ली. पूण आतां ती तशी ना. आमचे धुवेक लोकांगेर आयदनां घांसपाक आनी कपडे उमळपाक धाडप मातूय पसंत ना. इतले दीस ताणें त्रास सोंसले ते पुरो. ताचे सहनशक्तीचो आमकां अंत पळोवपाचो ना. तुमी हांगा येवपाचे त्रास घेतले ते खातीर आमकां माफ करात.'

प्रभाकर दाते अस्सल बेरकी मनीस आशिल्लो. कस्टम डिपार्टमेंटांत आसतना कसल्या कसल्या मनशांक जाय आशिल्ल्या वेळार जाय तशें ताणें वापरून घेतिल्लें आनी आपणालें काम साध्य केल्लें. तो अणभव ताचे गांठीक आशिल्लो. तो ताणें आतां वापरलो.

'सदाशिवबाब एक दुख्खी मनशाक दुसरो दुख्खी मनिसूच पावता. ताच्या आदाराक धांवून येता. कठीण प्रसंगार हांव तुमचे कडेन आदार मागपाक धांवून आयलों. तुमी म्हाका दारांत आयिल्लो पळोवन निराश केलो ना. तुमगेले उपकार हांव केन्नाच विसरचों ना. तुमचे धुवे बाबतींत आमी मात्शें

निश्काळजीपण केलें आसूं येता. ना म्हणना हांव. घरांत कितें घडटा तें आमच्या दादल्यांच्या लक्षांत सट्ट करून येना. तुमी तें सगळें मनालावन घेनाकात.' अशें म्हणून ताणें बोल्सांतलें पाकींट काडलें आनी भितरल्यान पांचश्याच्यो चार नोटी काडून मंजुळाल्या हातार दवरूंक लागलो.

मंजुळान ते घेतले नात. ताणें म्हणलें, 'म्हजो पगार तुमी दिला. हे आनी कसले?' ताचीं उतरां आयकून दाते ताचे म्हऱ्यांत गेलो आनी मोगाचो उमाळो आयिल्ले वरी करून ताणें म्हणलें,

'हे पयशे म्हजे खोशयेन हांव दितां. आनी केन्नाय गरज पडल्यार शिवाजी पार्कांत तुजो एकलो काका रावता म्हळ्ळें विसरू नाका.'

हें नाटक चलिल्लें तेन्ना ताची नदर सुलोचनाचेर आशिल्ली. मंजुळान ते पयशे आवयल्या हातार दवरले. तेन्ना तिगेलो निर्धार मात्सो सदळ जालो. बुटाची लेंस सारकी बांदून दाते उठून उबो रावलो. घरांतल्या धाकल्या दोन भुरग्यांक आपोवन तांच्याय हातार ताणें शंबर-शंबर रुपयांच्यो दोन नोटी दवरल्यो. अशे तरेन ताणें आपूण एकूच विनंती करतां म्हणलें, 'आतां सध्या तुमी उपकार करून मंजुळाक म्हजे वांगडा धाडात. दुसरी कामवाली मेळना फुडें हांव स्वता ताका हांगा हाडून पावयतां. आमगेर चड दीस रावोवन घेना.'

प्रभाकर दाते ज्या कामाक आयिल्लो त्या कामांत ताका येस आयलें. जोशी दांपती ताच्या दुडवांक बळी पडलीं. ताचे सारक्या आपसुवार्थी, घातकी मनशाचेर प्रामाणीकपणान विस्वास दवरचो न्ही म्हळ्ळें तीं विसरलीं. मंजुळान आपूण वचना म्हळ्ळें. 'थोड्या दिसां खातीर वच.' अशें म्हणून तांणी ताका धाडलें.

प्रभाकर दाते मनांतल्या मनांत खोशी जालो आनी वेळ करिनासतना टॅक्सी करून तो मंजुळाक बोरीवलीच्यान शिवाजी पार्क घेवन गेलो.

काकुळट बाबड्या मंजुळाची. एक निरपराध्याक अपराधी थारावन जेलांत धाडिल्ल्यावरी ताची मनस्थिती जाली. टॅक्सींत बसून वतना ताणें मातशेंय नदर वयर करून घरा वटेन पळयलें ना. परिस्थिती मनशाक बदलूंक लायता

क्रांय मनीस परिस्थिती बदलता ह्या विचारान घुस्पल्ल्यान ताका शिवाजी ार्क केन्ना येवन पावलें तें कळ्ळेंच ना.

– 3 –

मंजुळा परत आयिल्लें पळोवन अर्द मेल्ली जाल्ल्या अनुराधाल्या जिवांत जीव आयलो. तें चड दीस रावचें ना म्हणून कळ्ळें तेन्ना ताका मायेमोगान भुलोवपाक तिणें सुरवात केली. जाल्यार एक फावट उडून गेल्लो विस्वास त्याच घरांत परतून मेळप शक्य ना म्हळ्ळी मंजुळाक खात्री आशिल्ली. पराधीन परिस्थितींत तें सान पिरायेर निराश जाल्लें. आपणालें दुख्ख तें कोणाक सांगतलें? रांदचे कुडींत रांदतना, बाथरूमांत काम करतना तें रडटालें. आयदनां घांशिल्ल्या पावडरांतल्यान, कपडे उमळिल्ल्या शांबवांतल्यान कसलेंच नांव-निशाण फाटीं उरनासतना तागेलीं दुकां खंयचे खंय व्हांवून वतालीं. ताचो स्वता वयलो विस्वास उडिल्लो, आवयबापाय वयलो विस्वास उडिल्लो आनी ते खातीर ताणें बोरीवली वचपाचें बंद केल्लें. बापूय सदाशिव जोशी येतालो तेन्ना तें उदास स्वरान एक-दोन उतरां उलोवन आपणाल्या कामांक भितर वतालें.

प्रभाकर दाते बरो धूर्त मनीस आशिल्लो. सदाशिव जोशी शिवाजी पार्क येतालो तेन्ना मंजुळालो एका म्हयन्याचो पगार एडवान्स दितालो. बँकेंतल्यान नव्योच नोटी हाडून दवरतालो. ताचे कडेन घरांत उलोवपाक चड वेळ रावनाशिल्लो. ताका घेवन सकयल एका उडपी हॉटेलांत वचून ताका रूच्चीक पदार्थ खावोवन, च्या-कॉफी कितें जाय तें पिवोवन खूश करून धाडटालो. जोशी कुटुंबाचे दुर्बळकायेचो तो पूर्ण फायदो करून घेतालो.

सूख-दुख्खाचे दीस बदलतात, रूतू बदलतात, काळ बदलत मुखार वता. मंजुळाक त्या कसल्याच बदलांचें कांयच पडिल्लें आसना. सकाळीं उठपाचें धरून रातीं न्हिदपा मेरेन तें कसलें ना कसलें तरी काम करीत रावतालें. एकेक

फावट केल्लें काम परतून करतालें आनी आपणाल्या नशिबाचेर सूड घेतालें.

आमी आमगेलें काम केल्ले वरी नियती आपणालें काम करीत उरता. ती पाप-पुण्य वळखना, गरीब-श्रीमंत म्हळ्ळो फरक पळयना. मनशाक स्वताचेर भरवंसो जाय. दुसऱ्यांचेर दवरल्यार ती कमजोरी थारता. दिसान दीस मंजुळाली कमजोरी वाडत वताली आनी तातूंत आतां आनीक भर पडली.

दोन वर्सां उपरांत प्रभाकर दातेलो चलो चंद्रशेखर अमेरिकेच्यान रजेर घरा आयलो. दाते कुटुंबाच्या आनंदाक शीम-मेर उरली ना. पूत सर्गा वयल्यानच आयिल्लेवरी तांणी ताका येवकार दिलो.

चंद्रशेखर ल्हानपणांतल्यान हट्टी सभावाचो आशिल्लो. खावन-पिवन मजा करपाकूच जल्मा आय़िल्लेवरीच. गरिबी म्हणल्यार कितें तेंच ताका खबर नाशिल्लें. बरे तरेन ताणें शिक्षण पूर्ण केल्लें तरी तो तामसी वृत्तीचो आशिल्लो. अमेरिकेंतलें वातावरण ताचे ते वृत्तीक पसवण दिवपीच थारलें.

तो आयलो ताच्या दुसऱ्या दिसाच ताणें घरांत एक व्हडली पार्टी दवरली. आदल्या आपणाल्या सगल्या दोस्तांक मुद्दाम आगरो करून आमंत्रण दिलें. सादी खाणां-जेवणाची पार्टी नाशिल्ली ती. दोनूय तरांचें व्हेज-नॉनव्हेज जेवण आनी मद्याचे तीन-चार प्रकार. पोटभर पियात, पोटभर खायात आनी मौजमजा करात. असले पार्टीक येवपाक कोण ना म्हणनात. आशिल्लीं कामां कुशीक सारून हाजीर रावतात.

एकलो एकसुरो पूत आशिल्ल्यान आवयबापायन ताका खूब मोगान वाडयल्लो. मागता तितलें दिलें, तो म्हणटा तें आयकलें आनी केलें. ताणें कितेंय वांकडे केलें तरी तांकां तातूंत चूक कांयच दिसनाशिल्ली आनी दिसली तरी मोठेपणां मिरोवपाक तीं ताच्यो चुको धांपतालीं. पूत आपणाल्या नियत्रणांत उरिल्लो ना म्हूण कळून लेगीत कळनाशिल्लेवरी वागतालीं. लोकांक पुताच्यो व्हडविकायो सांगतालीं.

पार्टेक दादल्यां वांगडा बायलांय आशिल्लीं. तिंवूय बी ड्रिंक्स ऍन्जॉय करतालीं. प्रभाकर दातेक ड्रिंक्स ही चीज नवी न्ही. तो सप्तकांत दोन फावटी

तरी भायर बाल्कनींत बसून ड्रिंकाचे कोप रिते करतालो. अनुराधाकूय ताणें अमेरिकेक गेल्लो तेन्ना जीन–वायनाची रूच पळय म्हण पिवपाक दिल्ली. तिकाय ड्रिंक एॅन्जॉय करपाक कळटालें.

पुतान दिल्ले पार्टेंत थोडेंतरी पिना जाल्यार तांचे ग्रेडीक कमीपण येत म्हणून तिणेंय घोवा वांगडा थोडें थोडें घेतलें. पयलीं वायन म्हण पिली आनी मागीर तिका आपूण कितें पितां तेंच कळ्ळें ना. त्या दिसा त्या घरांत एक मंजुळा सोडल्यार हेर सगलीं मद्याचे नशेंत तर्रर जावन धोलतालीं. तरेकवार अर्थहीन विशय काडून बडबडटालीं.

जेवण हॉटेलांतल्यान मागयल्लें. मंजुळान सगलें मेजार मांडून दवरिल्लें. थोडे सारके जेवले, थोडे अर्द्यार उठले. पार्टी सोंपतासर अर्दी रात जावन गेल्ली.

ते उपरांत घरा वतना पार्टेक आयिल्ल्यांनी मंजुळाक कामवाली समजून टीप दिली. पांच रुपया, धा रुपया न्ही तर कोणें पन्नास, कोणें शंबर अश्यो नोटी दिल्यो. मंजुळा घुस्पल्लेवरी जालें. ताणें नाका म्हणलें तरी ते दिवन वताले. कितलेय पिले तरी ते टिप्स दिवपाक विसरले नात. तितली शुद्ध तांकां आशिल्ली. अनुराधा मात शुद्धीर नाशिल्ली. जेवचे पयलींच ती वचून हांथरूणार पडिल्ली. प्रभाकर मात बशिल्ले कडेन जांबयो काडीत परवंतालो. चंद्रशेखर आयिल्ल्यांक टाटा, बाय, बाय करीत सकयल वचून इश्टांक पावोवन आयलो.

मंजुळा फाटल्यान उरिल्लें. सगळें उश्टें, कोपां, प्लेटी काडून निवळ करपाक लागलें. ताका असली पार्टी हो एक नवोच प्रकार आशिल्लो. बायलांय मद्य पितात हें ताणें आयकल्लें पूण त्या दिसा प्रत्यक्ष दोळ्यांनी पळयलें. अनुराधालेंय नवें रुप ताका दिसलें. सगलीं सोऱ्याचे गुंगींत घुंवळटालीं. तेन्ना सोरो हो कितें चीज आसता, तो पिल्यार कितें जाता? तें सगलें जाणून घेवपाची इत्सा, उमळशीक ताका जाल्ली. सोऱ्याचीं रितीं कोपां धुता आसतना ताचो वास ताच्या नाकांत वतालो. तरी एक कोप

नाका कडेन व्हरून ताणें वास घेतलो आनी नाक मुड्डून, तोंड वांकडें करून आंग शिरशिरायलें.

चंद्रशेखराक असली पार्टी म्हणल्यार सदांचीच गजाल. ताका पळयल्यार तो सोरो पिवपी सो दिसनाशिल्लो. ताणें बापायक हाताक धरून बेडरूमांत व्हरून न्हिदायलो. रूमांतली लायट काडली आनी दार भायल्यान बंद केलें. मागीर तो हॉलांत टीव्ही पळयत बसलो.

पार्टे दिसा घरांत चार लोक येतले म्हणून अनुराधान मंजुळाक न्हेसपाक एक नवी साडी दिल्ली. बरें न्हेसून केंस बी वळोवन, पावडर लावन, नितळ निवळ राव म्हण तिणें मंजुळाक सांगिल्लें. हारशांत आपणालें सोबीत रूप पळोवन मंजुळा खोशी जाल्लें. इतले दीस बाविल्लो तिचो चेरो त्या दिसा फुलिल्लो. चंद्रशेखरान ताका अमेरिकेच्यान हाडिल्लो पावडर आनी स्प्रे दिल्लो. तिणें पावडर लायलो पूण स्प्रे वापरलो ना. चंद्रशेखर आपलेपणान वागता अशें तिका दिशिल्लें. तो आपणाचेर नदर दवरून संद सोदीत रावला म्हळ्ळें तिका कळ्ळें ना. तो सभ्यतायेचें नाटक करतालो. म्हण तिका दुबावूय आयलो ना. टीव्ही चालू आशिल्लो पूण चंद्रशेखराची नदर मंजुळाचेर लागिल्ली. ताचे नदरेक तें पुराय आरपार दिसतालें. चड चड सोबीत दिसतालें. ताची कामूक नदर चाळवल्ली. ते नदरेंतल्यान तें ताका चडूच सोबीत दिसतालें. तागेल्या मनांत वायट विचार येवपाक लागले.

ताणें आनीक वेळ केलो ना. आवयबापूय न्हिदल्यात म्हणपाची खात्री करून घेतली. तांच्या रूमाक भायल्यान कडी लायली. एका ग्लासांत थोडी वायन घाली आनी चोर पावलांनी किचनांत गेलो.

मंजुळा आयदना घांसतालें. फाटल्यान हो आयला तें ताका कळ्ळेंच ना. अचकीत सोऱ्याचो ग्लास तोंडा कडेन आयिल्लो पळोवन ताणें आंग काडलें. नाका नाका म्हणत तें फाटीं सरून भायर वचपाक पळयतालें. चंद्रशेखर ताची वाट आडावन उबो रावलो. ताका कशेंच भायर वचपाक दिलें ना. 'हाका द्राक्षांरस म्हणटात. हो पिल्यार कांय जायना. थोडो पिवन

पळय.' अशें म्हणून ताणें ताका दोन घोंट पिवयले.

'तुजे मुखारच म्हजे आईन घेतलो ना? म्हज्या दोस्तांच्या बायलांनी घेतलो ना? कितें जालें तांकां? म्हगेल्यो भयणी मंदाकिनी जावं सुहासिनी हांगा आशिल्लीं जाल्यार सगली बाटली रिती करतलीं आशिल्लीं. तुका वास घेवपाक एक थेंबूय मेळचो नाशिल्लो.' अशें म्हणून ताणें मंजुळाक मोगान काजूबियो, बदाम, पिस्ता अशें सगलें खावपाक दिलें. आनी करूकरून अर्दो वयर ग्लास रितो केलो.

बोरीवलींत आशिल्लें जाल्यार असलो प्रसंग मंजुळाक प्रत्यक्ष पळोवपाक मेळचो नाशिल्लो. हाचे पयलीं हिंदी सिनेमांत ताणें पळयल्लें, कादंबरींत वाचिल्लें तशेतरेचें सगलें त्या दिसा प्रत्यक्ष ताच्या जिवितांत घडलें. स्वप्न लोकांत आशिल्लेवरी भायलें जग तें विसरलें. नीट उबें रावंक जायना जावन तें लकतालें.

उपरांत कितें करपाचें तें चंद्रशेखरान पयलींच थारायल्लें. ताका उखलून तो आपणाल्या बेडरूमांत घेवन गेलो. एका खलनायकावरी ताणें ताचें कौमार्य भंग केलें. 'हांव तुजे वांगडा लग्न जातां. तुका अमेरिकेक घेवन वतां.' अशें फटींचे उतर दिवन ताणें रातभर ताचो भोग घेतलो.

त्या दिसा घडपाक जायना तें घडलें आनी ताच्या उपरांत परतूपरतून घडत रावलें. 'तुजो पासपोर्ट करतां. तुका अमेरिकेक व्हरतां.' अशें म्हणत तो ताका भुलयत रावलो. ताचेर पूर्ण विस्वास दवरून, सुखी संवसाराचें सपन पळयत मंजुळा कल्पना साम्राज्यांत बुडून उरलें. तागेले पाडे बुद्धीन आपणालें जिवीत पाड जायत म्हळ्ळो विचार मात पसून केन्ना ताणें केलो ना. ताचेर इल्लोय दुबाव घेतलो ना.

मंजुळा खूश आशिल्लें पळोवन अनुराधाय खूश आशिल्ली. पुतान मंजुळाक इतलें लागीं केल्लें पळोवन तिका तें आवडलें ना. तरी तांचे चलणुकेंत वांकडें अशें कांयच दिसलें ना आनी तसो कसलोच दुबावूय आयलो ना. घरांत कोणाक दुबाव येनासतना तांचे राती कडले खेळ चालूच

उरले. कोणाक तांचो दुबाव आयलो ना. ह्या चोर मार्गान चलिल्ल्या खेळाचे अंतीम परिणाम चंद्रशेखर जाणून आशिल्लो. पूण मंजुळा तातूंत फसलें.

आनी म्हणटां म्हणटां तो दीस आयलो. चोरयां केल्ल्या कर्माचें फळ मंजुळाल्या वांट्याक सोडून चंद्रशेखर आयिल्ले वाटेन भुर्रर उडून अमेरिकेक गेलो. ताका पावोवपाक आवयबापूय विमानतळार गेलीं. तेन्ना घरांत मंजुळा एकटेंच उरलें. गरयेक फारावल्ले मासळे वरी तें फडफडटालें, वळवळटालें पूण ताची विवेकबुद्द जागी जाली तेन्ना खूब वेळ जाल्लो.

शिता खातीर शेगडेर दवरिल्लें आदन रोखडेंच तापना. तें सवकास तापता. थोड्या वेळान एकेक बोमाडो येता आनी उपरांत उदक खतखतता. तेच तरेन मंजुळाल्या आंगांत शारिरीक बदल घडपाक लागले. एक दोन म्हयने कोणाक कांयच कळ्ळें ना. आनी एक दीस काम करतना ताची तकली गिरगिरपाक लागली. रांदचे कुडींत गॅसार दवरिल्लें दूद तापून वयर येवन रकलें. तरी ताका कांयच कळनाशिल्लें. कुकराची शिटी जाली. तरी आवाज आयकूंक येना आशिल्लो. कितेंय भाजपाक दवरलें जाल्यार तें करपलें तरी ताका पत्तोच लागनाशिल्लो. कपबश्यो धुतासतना फुटपाक लागल्यो. मसालो घालपाचें प्रमाण चुकतालें. च्या लेगीत आदल्यावरी सारको जायना जालो. एक फावट साकर घालपाक विसरलें जाल्यार दुसरे फावट चड साकर घालतालें.

अनुराधाक आतां दुबाव येवपाक लागलो. तिणें घोवाक सांगलें, 'दुबावाचें भूत तूं ' अशें म्हणून ताणें बायलेक दोश दिलो. तरी हें चली पयली सारकें ना म्हळ्ळी गजाल ताच्याय लक्षांत आयली. एक दीस जेवणाक बशिल्लें तेन्ना मंजुळाक ओंकारो आयलो. तें अर्द्यार जेवण सोडून उठलें.

इतलें सगलें पळयलें तेन्ना अनुराधाचो दुबाव घट जालो. तिणें मंजुळाक म्हणलें, 'कितें जाता तुका तें म्हाका सारकें सांग ना जाल्यार आतांच दोतोराक आपोवन हाडटां.'

सुपारे बेडो होंटयेंत लिपोवं येत पूण सुपारे माडी लिपोवं नजो. मंजुळा सामकार दुसरो पर्याय नाशिल्लो. ताणें घडिल्ली गजाल सुरवातेच्यान सगली

ागली. अनुराधाचे पांय धरून तें रडपाक लागलें. दुकांनी तिर्ची पावलां धुलीं.

इतलें सगलें रामायण घरांत घडिल्लें आयकून दाते दांपतीच्या माथ्यार ीज कोसळिल्ले वरी जावन तांकां धक्को बसलो. पूण तीं रोखडींच सांवरलीं. ी गजाल सोसायटींतल्यांक कळून बदनामी आंगार येवचे पयलीं मंजुळाक ोरीवली धाडपाचें तांणी थारायलें. पुतान केल्लो बलात्कार धांपून मंजुळाक यभिचारी म्हूण थारावपाची तांणी मांडणी केली. ताका कसलोच पत्तो लागूंक देनासतना तीं रोखडींच कामाक लागलीं.

– 4 –

प्रभाकर दाते सारकी सकाळ जावचे पयलींच दारांत हाजीर जाल्लो ळोवन सुलोचना भिली.

'सगळें आराम आस्सानवे?' तिणे विचारलें. सदाशिव मुखार आयलो आनी दातेक भितर यो म्हणलें. तो भितर आयलो ना. 'कालि मंजुळा हांगा आयिल वे?' ताणें भायरच रावून विचारलें. हें आयकनाफुडें 'अय्यो देवा ! मगेली धूव खंयी गेल्ली?' सुलोचनान एकदम आड्डूनच विचारलें. तितले भितर सदाशिवान प्रभाकर दातेक हाताक धरून भितर ओडून व्हेलो आनी दार बंद केलें.

सुलोचना हड्डें बडोवन रडटाली तें पळोवन 'तूं ओग्गी रडनाक्का. मंजुळा आमगेल घर आस्सा. पण तूं हांवें विचारिल प्रस्नेंक उत्तर दी.' अशें म्हणून प्रभाकर उरफाटे तांकां प्रस्न विचारून भिवयतालो. 'कालि मंजुळा हांगा आयिल वे?' परतून तोच प्रस्न. 'ना आयिल ना. तुम्मी तिक्का आप्पोनु व्हेलेनंतर ती आयिली ना. हे मेळच्याक वत्तसिले. हांगेलागी सांगून धाळ्ळेतकी ती आयि़ल ना.'

'तूं आयिल ना म्हणता. दर आठवड्यांतय बोरीवली वत्त म्होणु ती आमगेल घरांतुल्यान दनपारां जेवण जालें की बेग्गी भायरि पडतसिली. हांव

तिक्का वोच्चे-येवचे तिकिटा पयशे दित्तसिलों. खर्चाक बी पयशे जाय की म्होणु विचारतसिलों. तीं खंयीं वत्तसिली की! कोणाक गोत्तू?'

'अस्सीं म्हळ्यार कस्सीं? तुम्मी तिगेली जवबदारी घेत्तिली न्हय वे ? विचारकांसिलें.'

'जोशीऽऽ हांवें जवाबदारी घेत्तिल व्हयी. पण तिणे बोरीवली वता म्हणतना तिगेल मागशान हांवें वोचकासिलवे? तुमगेली चेल्ली आत्तं पयलेवरी ना. घरांत बसून बेजार येत्त म्होणु सांजेचें सद्दां शिवाजी पार्क वेळेरी फिरच्याक वत्तसिली. आम्मी तिक्का केन्ना बंधनांतु दवरिल ना. वत्तां म्हळिल तेन्ना सोडतासिले. कालि म्हगेल बायलेक संशय आयलो. ही चल्ली ह्या नमुन्यान मेकप आनी कोर्नु कोणाक मेळच्याक वत्ता? भायरि पडतना ताक्का विचारलें म्होणु राग आयलो आनी थोड वेळ फुग्गून बसली. आम्मी विचारिल प्रस्नेक जवाब दिलील ना. उलट दिवळाणी नंतर 'हांव आनी हांग राबना. आत्तां बोरीवली वत्तां.' म्होणु भायरी सरली.

दाते सांगतालो तें सगळीं तोंड धांपून आयकतालीं तेन्ना दाते प्रत्येकाचो चेरो निरखून पळयतालो.

आपणाले चालीक येस आयलें हाची ताणें खात्री करून घेतली. तागेली कपोलकल्पीत कथा आयकून घरच्यांक मंजुळाचो राग आयिल्लो पळोवन आनी वातावरण तापिल्लें पळोवन दाते मुखार उलयत रावलो.

'हांवें तुगेल कंपनींतु फोन केलीलो. तुक्का कळोवचें आमगेल कर्तव्य नय वे? फोन रिंग जाल्लो पूण गोरो... गोरो.... आवाज येत्तसिलो. कोण उलयत म्होणु कळनासिलें. हे इतले उपद्रव कम्मी म्होणु मेगेल बायले बी.पी. वाडली. हांवें तिक्का पळोचे की तुगेल धुवेल माग्शान धांवचें? मेगेली अवस्था सुणे दिल्यारी नाक्का तस्सीं जालीली. शेजारच्यांली मदत घेवया म्हळ्यारी जाय म्होणु तोंड वयरी कोर्नु थुंकल्यावरी जात्तलें म्होणु निरूपाय परिस्थितींतु हांवूचि येवच्याक भायरी सरलों. रात्रीवेळु, बायल माक्का एकल्याक वोच्या सोणा. घरांतु बोसून उरच्याक माक्का जायना.'

"रात्री सुमार धा वाजिले. हांव आनी हांगा राबना म्होणु गेलीली अचानक परत आयली. इत्ल वेळ तूं खंयी गेलीली म्हळ्ळ्या प्रस्नेक जवाब ना. रात्रभर आमकां नीद पडिल ना. सक्काणी हांवें हांगा येत्तना 'तुक्का बोरीवली पावयतां, यो गो' म्हळ्यारी आयिल ना. तिक्का आप्पोन हाळच्याक तूंचि यो." अशें म्हणून सदाशिवाल्या हाताक धरून दाते उठून उबो रावलो.

इतलें सगळें आयकून सदाशिवान वेळ केलो ना. कपडे चडोवन दाते सांगाताक भायर सरलो. शर्टाचे बटनय सारके लायनासतनाच.

दातेन टॅक्सी केली आनी दोगूय शिवाजी पार्क आयले. येवपा-वचपाचें भाडें ताणें आदींच थारायल्लें. सदाशिवाक चड वेळ आपणाल्या घरा कंपावडांत रावोवन घेवपाक तो तयार नाशिल्लो. सगली गडबड करून ताका विचार करपाकूय वेळ दिनासतना मंजुळाक घरांतल्यान भायर काडपाची ताची माण्णी ताणें सारकी तडीक पावयली.

सकाळीं उठून प्रभाकर दाते बोरीवली गेला म्हळ्ळें मंजुळाक खबर नाशिल्लें. तो तेवटेन बोरीवली गेलो तेन्नाच अनुराधान मंजुळाक घरा धाडपाची तयारी केली आनी ताका लागीं बसोवन घेवन उपदेश केलो.

'गपचुप खंचे एक डॉक्टराक दाक्कोनु पोट साफ कोर्नु घे. जाल्लें गेल्लें विसर. दुख्ख करत बोसनाक्का. दुख्खान दुख्ख वाडता. कम्मी जायना. अजून सान आस्स तूं. ओगीच आयुश्य पाड कोर्नु घेवनाक्का.....!'

ह्या जगांत मनीसपण ना जायत आसा म्हणपाक हाचे परस आनी दुसरी देख आसपाची गरज ना.

खरेपणी गुन्यांवकार आशिल्लो तो फरार जाल्लो. पापी थारलें तें मंजुळा. ऐन पिरायेर पावल चुकून चिखलांत पडिल्लें. फुडाराचें चिंतून असहाय जाल्लें. तितल्यान टॅक्सी कंपावडा भितर आयली. अनुराधान बाल्कनींतल्यान ती पळयली.

'चल गो पुता, टॅक्सी घेवन आयले.' अशें म्हणून मंगलाक घेवन लिफ्टांतल्यान ती सकयल देंवलीं. ताका तिणें टॅक्सींत बसयलें. ड्रायव्हरान

तिचें सामान डिकींत घालें. टॅक्सी फिरावन घेतली आनी तो बोरीवली वटेन वचपाक लागलो. सदाशिवाक तांणी सकयल देंवपाकच दिलो ना. अशे तरेन प्रभाकर दातेलो मास्टरप्लॅन जैतिवंत जालो. प्रभाकर दाते आपणाल्या बापायक मेळपाक बोरीवली गेल्लो म्हळ्ळें मंजुळाक टॅक्सींत बसले उपरांत कळ्ळें. बोरीवली वटेन प्रवास करतना बापायन विचारिल्ल्या एकाय प्रस्नाक मंजुळान जाप दिली ना. ताचे वटेन तिणें पळयलेंच ना. हारशांतल्यान भायर पळयतालें. दोळ्यांतल्यान गळपी दुकां पालवान पुसत रावलें.

थंय शिवाजी पार्कांत 'सुंठी बगर खोकली गेली' म्हळ्या समाधानान दाते दंपती मंजुळान सकाळच्या नाश्त्याक केल्लें खाण रूचयेन खावन समाधानान विसव घेतालीं.

तांचे सारक्या धूर्त कपटी चालचलणुकेचो हेतू हेरांक सट्ट करून कळना. कोणाक उपकारान मारप, कोणाक अपकारान मारप, केन्ना कशीं मारप ही कला दाते दंपती कडच्यान शिकची. पूण स्वता आपूण कितलीं प्रामाणीक आसात तें तांचो अंतरात्मो तांकां सांगता.

आदल्या एका दिसा साकून मंजुळा उपाशी आशिल्लें. मानसीक वेदनेन तें घुस्मट्टालें. घरांत पावल दवरिल्ल्या खिणाक ताणें आवयक घट्ट वेंग मारली. बापायक राग आयलो तरी आवय आपणाक सांबाळटली म्हळ्ळो थोडो विस्वास ताका आशिल्लो. इतलो वेळ आडावन धरिल्लो ताचो भावनेचो उमाळो आतां फुटलो. काळजांतल्यान भायर सरिल्लो दुख्खाचो कड आडावं नजो जावन, ताणें घाल्लो बांद फुटून निशक्त जावन तें आवयचेर कोसळ्ळें. भावान आनी भयणीन उखलून ताका खाटीर न्हिदयलें.

घरांतलें वातावरण कलुशीत जालें. धुवेक कितें जालां तें सुलोचनाक आजून सारकें कळुंनाशिल्लें. सदाशिवय रागान ताळमेळ नाशिल्ल्या बेताळावरी नाचतालो. मंजुळा सावध जाले उपरांत डॉक्टराक दाखोवचें अशें तांणी थारायलें.

व्यभिचार चड दीस लिपून उरना. घडिल्ली पुराय घडणुक मंजुळाक

पांगचीच पडली. तो सगलो प्रकार कळना फुडें आवय आनी बापूय दोगांय ताका बडोवंक लागलीं. सान्नी खुट्यान मारलें, खोंटांनी मारलें. मारमार मारूनय तांचें समाधान जालें ना. सदाशिव जाल्यार सारको राकेस जाल्लो. तो मंजुळाचो गळो अंदून ताचो जीव घेवपाक गेलो. भाव आनी भयण मदीं पडूंनाशिल्लीं जाल्यार तो मंजुळाचो जीव घेवपाचो. मंजुळा त्या दिसा वांचून उरचें नाशिल्लें. जल्म दिवपीच ताचो जीव घेतलीं आशिल्लीं.

भिरांकूळ वादळ येवन सगलें नानपयत जाता आनी त्या उपरांत सगली शांतताय पातळटा. तेच तरेची शांतताय जोशील्या घरांत आशिल्ली आनी भंय निवळूंनाशिल्लो. चाळींतल्या त्या सानशा घरांत मंजुळाक दोळ्यांआड दवरपाक जायनाशिल्लें. कोणूच ताचे कडेन उलयलें ना तरी तीं उलयतात तें मंजुळाक आयकुचें पडटालें. तांचीं उतरां सूय तोपिल्लेवरी ताका तोपतालीं आनी कितले दीस त्यो यातना सोंसून घेवच्यो पडटल्यो तें कळना जावन ताची विचारशक्त क्षीण जाल्ली. तिगेल्या दुख्खांत वांटेकार जावपाक, तिका धीर दिवपाक कोण मुखार येनाशिल्लीं.

खरें म्हळ्यार मंजुळाले शील भ्रश्ट जावपाक आवयबापायलें बेजबाबदारपण कारण आशिल्लें. दुसरे फावट तें आपूण आनीक शिवाजी पार्क वचना म्हणून हट्टान फाटीं सरतालें. ताका हांणीच मुद्दाम समजावन धाडिल्लें ती चूक कोणाली? प्रभाकर दातेले पयशे हातार पडले तें पळोवन भुलून वाडिल्ले पिरायेचे धुवेची खरी अडचण समजून घेनासतना स्वार्थी आनी मतलबी मनशाली गुलामगिरी करपाक तिका धाडली. ती चूक कोणाली? तिगेल्या पगाराचे पयशे हाडपाक गेला तेन्ना बापायचे मायेन तिगेलें दुख्ख आनी त्रास समजून घेनासतना फाटीं परतलो ती चूक कोणाली? ह्या सगल्याचो विचार करिनासतना फकत ऊठ-बस धुवेक दोश दितालीं. कितेंय तरी उपाय करून मंजुळाल्या गर्भांत वाडपी पापाचो पिंड पाडपाचो तांणी यत्न केलो. ताका आख्खी पोपाय खावयली, अनस खावयलें, वज्रेश्वरी खेडेगांवांतल्या भोंदू गांवठी वैद्यालें वखद केलें. सगले उपाय फुकट गेले. रानवटी झाड सगळे

तरेचे प्रतिकूल परिस्थितींत जे तरेन घसघशीत वाडटा तेच तरेन मंजुळाल्या पोटांतलो गर्भ वाडटालो.

कायद्यान गर्भपात करप हो अपराध पूण कांय डॉक्टर पयशे घेवन कायदो मोडून गर्भपात करताले आनी मान-मर्यादांचे कात्रींत शिरकल्ल्यांक वांचयताले. पूण मंजुळाक तशे तरेन वाटीवप कठीण जाल्लें. कारण ताका चड दीस जाल्ले. गर्भाची वाड जाल्ली. कोणूच डॉक्टर ताची मेकळीक करपाक तयार नाशिल्लो. परिणाम म्हणल्यार आवयबापूय जी गजाल लिपोवंक पळयताले ती चाळींतल्या लोकांक कळ्ळी.

नियतीचे नेम एकेक फावट विचित्र आसतात. भुरगें नाका म्हणटल्यांक गर्भ काडपाक मेळना जाल्यार कोणूय जें भुरगें जावचें म्हणून तरेतरेन यत्न करतात तांचे गर्भपात जातात.

मंजुळा घरांतल्यान भायर सरनाशिल्लें जाल्यार भायलीं कसलें ना कसलें कारण सोदून जोशीगेर येतालीं. 'आवय म्हजे! मंजुळाक पळयल्यार वर्स तरी जालां आसतलें मिगे!' अशें म्हणून ताचे कुशीक बसतालीं. आनी आपल्याक कळिल्ले वाऱ्या वयले वार्तेची खात्री करून घेतालीं. कांय नात्यांतली वा लागींच्या संबंदांतलीं मनशां सानुभुतीन धिराच्या उतरांनी ताण उणो करपाचो यत्न करतालीं. अशे तरेच्या तोंडी उतरांनी परिस्थिती बदलना खरी पूण तांचे आत्मियतेन मना वयलो ताण ल्हव जातालो. चाळींत रावतल्यांच्यो कश्ट-पीडा तांच्यो तांकांच कळटात पूण शिवाजी पार्क आनी मलबार हिलार रावतल्या श्रीमंतांनी त्यो आपणाले बुद्दीन समजून घेवच्यो पडटात.

एक दीस जोशील्या कुटुंबांतलीं कांय जाण्टीं मनशां रत्नागिरी साकून बोरीवली पावलीं. कसल्या तरी कामां निमतान तीं आयिल्लीं. तांकां जेन्ना मंजुळाली ही खबर कळ्ळी तेन्ना तांणी आदींच भगभगून पेटिल्ल्या उज्यांत पेत्रोल घालून मोटो बोवाळ केलो. कुटुंबाचे प्रतिशठेचो प्रस्न काडून व्हडली विद्वत्ता शिवरायत अर्थ नाशिल्लो उपदेश केलो. वच्चे पयलीं मंजुळाल्या कपलार

'पतिता' म्हूण शिक्को मारलो. घरांतलें वातावरण दुख्खाचें आसून लेगीत वेळार पोटभर खावन-पिवन बोरीवलीच्यान रत्नागिरी वचपी रातचे बशीर गांवां वचपाक गेलीं. सदाशिव तांचें सामान उखलून बसस्टँडा मेरेन तांकां पावोवंक गेलो.

येवन गेल्ल्या मनशांनी केल्लो अपमान सोंसूं नजो जावन सुलोचना मंजुळाक तोंडाक येता तें सुमार नासतना उलोवंक लागली. 'तुवें एकल्यान आमच्या सगल्यांची प्रतिश्ठा तीन पयशे मोलाची करून उडयली. आतां आमकां गांवांत वचपाकूय तोंड ना केलें, वाटूच बंद केली. आजमेरेन कोणेंच करूनाशिल्लें सामकें उणाक काम केलें तुवें. तो रांडेचो गेलो उठून. ताचे फाटल्यान तूं गेल्लें जाल्यार आमकां इतलें लजेक पडपाची पाळी येवची नाशिल्ली. 'दोळ्यां आड मसण पाड' म्हणून थंड पडून उरतलीं आशिल्लीं. तूं आनी आमच्या दोळ्यां मुखार येवन पडलां.... आनी कोणा कोणाल्या तोंडांतल्यान आमी कितें कितें आयकुपाचें उरलां देव जाणां.' अशें म्हणून ती वण्टीर कपल आपटूंक लागली. तिची असमर्थताय तिका भिवयताली. अडचणींतल्यान भायर येवपाची संद सोदपाचें सोडून ती स्वता बंदी जावन कोळ्याच्या जाळ्यांत एकाद्रो बारीक जीव घुस्मटत उरचो तशे तरेन घुस्मटत उरिल्ली.

मंजुळाक आतां घरांतलीं मनशांच परकीशीं दिसपाक लागलीं. कुटुंबीक संबंद कृत्रीमशे दिसूंक लागले. हे कठीण अवस्थेंतल्यान भायर येतलें जाल्यार घर सोडून वचपाक जाय अशें चिंतून ताणें तसोच निर्धार केलो. तो आतां सोडप ना. कसलोय कठीण प्रसंग आयल्यार ताका फुडो करपाक तें तयार जालें. कोनशाक बसून रडप ताणें बंद केलें.

इतले दीस तें नशिबाक दोश दीत बशिल्लें. आतां नशिबाक खोंटावन उबें रावलें. भंय ताका भिवयतालो. आतां भंयूच ताका भिवपाक लागलो.

– 5 –

जिणेंत इश्टागती इतलो बळिश्ट संबंद दुसरो ना. खरे इश्टागतीची व्याख्या करपाक येना. इश्ट खंयीय उरूं कशेय उरू, एकमेकांलें बरेंच चिंततात. वायट चिंतनात. विचारांत फरक पडलो तरी संबंदांत फूट पडपाक दिनात. दुख्खांत आशिल्ल्याक तांकता तितली मदत करतात.

रजनी गुप्ते ही मंजुळाली एक बालमैत्रिण. तांचें प्राथमीक आनी माध्यमीक शिक्षण एकाच स्कुलांत जाल्लें. अर्थीक अडचणींक लागून मंजुळाक कॉलेज शिक्षण घेवपाक जमलें ना. रजनीक तसले परिस्थितीन आडायलें ना. तें मुखार शिकत रावलें. मंजुळान भयणीक धाडून रजनीक आपोवन घेतलें. कित्याक काय विचारल्यार कांयच सांगूं नाका म्हणलें. ताका अर्जंट आपयलां अशें सांग. मंजुळालो अर्जंट आपयलां म्हळ्ळो अचकीत आयिल्लो रकाद पावलो तेन्ना रजनीक हुसको जालो आनी तें मंजुळाक मेळपाक धांवून गेलें. खूब दिसांनी मेळटा म्हळ्ळी खोस जाल्लीच पूण तेच वांगडा अर्जंट कित्याक आपयलां हाची ताका उमळशीक आशिल्ली. मंजुळाक पळोवन ताच्या हुसक्याक बळ मेळ्ळें. तें नेर्वोज जालें. मंजुळान ताचो हात घट्ट धरलो आनी ताच्या दुख्खाचो बांद फुटलो. काळजा खोलांतल्यान हुडके–हुडकेवन तें रडपाक लागलें. भळभळीत दुकां व्हांवतालीं. ताका थातारून शांत करपाक रजनी कडेन उतरां नाशिल्लीं. तेंवूय बी ताचेच पिरायेचें किशोर पिरायेंतलें. ताचेय दोळे भरून आयले. आतां आनी आयकुपाचे कांयच उरूंक ना अशें दिसलें तेन्ना तें उठलें. आपूण परत येतां अशें सांगून ताका जाता तितलो धीर दिवन तें घरा गेलें.

रजनीन मंजुळाली दुखदिणी खबर आवयक सांगली. ती मंजुळालो सभाव जाणा आशिल्ली. तांची घरचीय परिस्थितीय बी तिका खबर आशिल्ली. एक विचारी अस्तुरी जाल्ल्यान एका विखाळ चक्रांत घुस्पल्ले ते चलयेचे अवस्थेची खबर आयकून ती ओगी बसून रावंक शकनाशिल्ली. तेच राती

तिणें ही गजाल घोवाक सांगली. तोवूय बी असल्या अडचल्ल्या लोकां विशीं सानुभुती बाळगुपी मनीस आशिल्लो. तसल्या मनशांचें दुख्ख ल्हव करपाक वावुरपी आशिल्लो.

सदाशिव जोशीन धुवेचे सुरेक्षे विशीं कांयच चिंतलें ना. दातेचेर विस्वास दवरून स्वार्थी हेतून तो घाळ रावलो. सदाशिव आनी सुलोचना हांच्या घाळपणाचो तांकां राग आयिल्लो. पूण घडून गेल्ले घडणुकेचेर विचार करीत बसनासतना संकटांत पडिल्ल्या मंजुळाक भायर काडप चड म्हत्वाचें मानून तीं त्या कामाक लागलीं. तांचो निर्णय कळ्ळो तेन्ना रजनीक खोस जाली. आवयबापायचो तिका अभिमान दिसलो. मंजुळाक तिगेल्या घरांत त्रास जातात जाल्यार ताका आपणाल्या घरा हाडया अशें थारावन तीं न्हिदपाक गेलीं.

दुसऱ्या दिसा रजनी आवयक घेवन मंजुळागेर गेलें. अशीं कोणूय घरा आयल्यार सुलोचनाक त्रास जाताले. तिगेले नदरेंत तिरस्काराचे भाव दिसताले. तांकां भितर यो म्हणपाक ती विसरली. खरेपणीं ती विसरली कांय तिगेल्या मनांत तांकां भितर आपोवपाचें नाशिल्लें, तिकाच खबर.

मंजुळाले भयणीन तांकां भितर आपयलीं. तांकां बसपाक कदेल आनी स्टूल दिलें.

रजनीले आवयच्या मनांतूय त्याच विशयाचेर उलयत तांगेर चड वेळ बसपाचें नाशिल्लें. सुलोचना कडेन ती नीट आनी स्पश्ट उतरांनी विशया संबंधान उलयली. दुसऱ्या कोणायवरी तोंडी उपचारान सांत्वन केलें ना. हें संकश्ट आंगार येवपाक तुमी आवयबापुयूच जबाबदार म्हूण तिणें सुलोचनाक स्पश्ट शब्दांनी सांगलें.

'खंचो मनुश्य बरो म्हणु कपाळारी बरोनु उरना. सहवासान स्पश्ट कळता.' मंजुळान दुसरे पंता शिवाजी पार्क वचना म्होणु हात जोडिले. तेन्ना त्या नीच मनशाले दक्षिणे पोणु, ताणे हात्तारी दवरिले पैशे मोहान, हिक्का घाण दिलील कोणें? तुम्मी नवे? तेन्नाचि ताक्का गेट आऊट म्हळिल आसल्यारी आज अस्सी मात्यारी हात घेव्ची परिस्थिती येनांसिली. तुम्मी त्या मनशाक

अस्सीं सोळ्ळें कित्याक? पोलिस केस करकासिलो. वकिलाक ना वे समाज सेवकांक मेळ्नु दाते कुटुंबियांचेरी दबाव हाडकासिलो. हे चेल्लिक थोडतरी न्याय मेळतासिलो.'

रजनीली आवय आवाज वाडोवन उलयना फुडें सुलोचना मोव पडली. संवसाराचो खर्च वाडत वता तेन्ना खर्चाक थोडे चड पयशे मेळटात आनी बाकी दोन भावंडाल्या भविश्याच्या विचारान मंजुळाले त्रास समजून घेवपा कडेन दुर्लक्ष जालें म्हूण तिणें मान्य केलें. प्रभाकर दातेन सगलें घडोवन असत्य सांगिल्लें तरी ताचेंच खरें मानून विस्वास दवरलो ती आपणाली चूक जाली म्हण तिणें कबूल केलें. गरिबीक लागून जोशी कुटुंबाची असहाय अवस्था जाल्ली पळोवन 'भिंवनाक्काती, कार्यी ना कार्यी मार्ग सोद्दून काडया. सगल्यांत प्रथम मंजुळाल आरोग्याची काळजी घेयाति. तुमकां तिगेल निमित्त त्रास जात्त जाल्यारि माक्का कळया. हांव तिक्का आमगेल घर व्हरतां. मेगेल धुवेवरी पळयतां.' अशें म्हणून रजनीले आवयन मंजुळाक पोटा कडेन घेवन मायेन समजावन ताका धीर दिलो. परतून येता अशें म्हणून वतना प्रभाकर दातेचो पत्तो घेवन गेलीं.

सदाशिव जोशील्या नांवान रजनील्या बापायन प्रभाकर दातेक पत्र बरयलें.

'मंजुळाल पोट्टटांतु वाढत आस्सिल गर्भ आत्तं काडचो अशक्य म्होणु डॉक्टरान सांगल्या. तरियी आड वाट्टेन प्रयत्न केल्यारी तिगेल जिवाक धोखा आस्स म्हळ्यां. तुम्मी मेगेल धुवेक तुमगेल धुवेवरी पळयतां म्हळिलें. त्या दिकून हात जोड्डून विनंती करतां की मंजुळाक दूर कोर्नाक्काती. ती आत्तं तुमगेलीची म्होणु लाग्गीं कराती.'

प्रभाकर दातेन पत्राक जाप दिली ना. तरी गुप्तेन पत्र बरोवप बंद केलें ना. दुसऱ्या पत्रांत ताणें बरयलें, 'हांव बरयले पत्राक जबाब येत्तलो म्होणु वाट पळयली. विशय कोळ्नु निश्चित तुमी विचारांतु पोणु आसच्या पुरो! कारण तो विशयूचि तस्सीं आस्सा. तुम्मी शिक्किले, वाच्चिले एक कुलीन कुटुंबांतुले, आमगेले हितचिंतक जाव्नु योग्य निर्णय घेत्तले म्हळिल खात्री

आमकां अजून आस्सा.'

ह्या पत्राकूय दातेन जाप दिली ना. हें पत्र वाचून ताची जाप येतली अशें म्हणून वाट पळयत बरेच दीस गेले आनी एक म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार मुख्य आरोपी अमेरिकेक आशिल्लो. तेन्ना आतां नीट चंद्रशेखराक पत्र धाडचें म्हूण गुप्तेन थारायलें.

मंजुळा कडेन चंद्रशेखरालो ऍड्रेस आशिल्लो. ताणें अमेरिकेक पावना फुडें बापायक पत्र बरयल्लें. पत्र काडून कवर कोयरा डब्यांत उडयल्लें. त्या कवरा फाटल्यान चंद्रशेखरालो ऍड्रेस आशिल्लो. मंजुळान तो केन्नाय आपणाक उपकरा पडटलो म्हूण सांबाळून दवरिल्लो. पूण तो अशे तरेन उपेगी पडत म्हूण ताणें चिंतूक नाशिल्लें. केन्ना तरी कोणाक कळनासतना आपणाल्या मनांतलें गोड गुपीत विचार ताका बरोवन मेळटलें म्हळ्ळें सपन ताणें पळयल्लें. तें ताचें गोड सपन कोडू सपनांत रुपांतरीत जाल्लें.

गुप्तेन चंद्रशेखराक पत्र बरयतना ताच्या बापायक दोन पत्रांनी बरयल्लो मजकूरय बी तातूंत बरयलो. त्या भायर मंजुळाल्या बाळंतपणाचो दीस लागीं आयिल्ल्याचेंय कळयलें. 'जाणा जावन वा नकळटां जवानीचे नशेंत अनैतीक शरीर संबंदांतल्यान मंजुळाल्या घरांत व्हड अरिश्ट तांचे सामकार उबें रावलां. तीं फकत तुजेर विस्वास दवरून त्रास सोंसतात. तुगेलीं घरचींय बी तागेली वासपूस करनात. ह्या कठीण प्रसंगार तूं ताचे लागीं उरलो आनी पयलीं दिल्ल्या उतरा प्रमाण ताका विस्वासांत घेतलें जाल्यार तांची त्रासांतल्यान सुटका जातली. एका सुखी संसाराची सुरवात जातली. तुजोच पिंड ताच्या पोटांत वाडत रावला. हें मात विसरूं नाका. घडये तुका रजा घेवन येवपाक जमना जाल्यार पत्र बरोवन तरी तुगेलो विस्वास व्यक्त कर. कायेमनान तुजे सुवादीन जाल्ले एके असहाय्य अस्तुरेक संकट काळांत आधार दिवपाचो सोडून निर्दय जावंनाका. बरें चिंतून पळय, उपरांत पश्चताप करून पापांतल्यान मुक्ती मेळना.' अशें बरोवन गुप्तेन चंद्रशेखराली विवेकबुद्दी जागोवपाचो यत्न केलो. पूण अमेरिकेंतली 'यूज ॲन्ड थ्रो' संस्कृताय आपणायल्ल्या

चंद्रशेखराक गुप्तेच्या हितोपदेशाचें म्हत्व कळ्ळें ना. ताणेंय बी पत्राक जाप दिली ना.

खरें म्हणल्यार पत्र बरोवन प्रस्न सुट्टलो म्हणपाची गुप्तेक आस्त नाशिल्ली. पूण ते व्यक्तीक लागिल्लो दाग पुसलो तरी वचना म्हळ्ळें ताणें दाखोवन दिलें आनी वांगडाच मंजुळा संबंदान कितें करपाचें तें थारायलें.

गुप्तेक दोन भुरगीं. व्हडलो चलो अनिल आनी धाकली चली रजनी. अनिल शिक्षण पूर्ण करून पुण्यांतले एके सरकारी बँकेंत उपशाखाधिकारी पदार काम करतालो. दर शेनवारा घरा येतालो आनी सोमारा सकाळीं पुण्या वतालो. केन्नाय सुटी आसताली तेन्नाय मुंबय घरा येतालो. तो काम करतालो त्या कर्वे रोडार एक अनाथाश्रम आशिल्लो. त्या आश्रमांत आंकवारपणांत मातृत्व आयिल्ल्यांक आनी तांच्या जल्मल्या भुरग्यांक आसरो दिताले. अनिलान ही सगली म्हायती स्वता वचून मेळयल्ली आनी आवयबापायक कळयल्ली. उपरांत एक फावट तांकां थंय व्हरून आश्रमांतली वेवस्था दाखयल्ली.

देश स्वतंत्र जावचे पयलीं एके ख्रिश्चन मिशनरीन परोपकार बुद्दीन पिडीत लोकां खातीर ती संस्था सुरू केल्ली. जिणेंत अपघातान निराश जाल्ल्या मनशांक नवी जीण जगपाक आनी ते खातीर एक संद मेळोवन दिवपाचे मोखीन ही संस्था काम करताली. थंयच्या आश्रितांक आत्मनिर्भर करताली. थंयचें वातावरण, वेवस्था, शिस्त गुप्ते दांपतीक आवडली. मंजुळाक थंय हाडून दवरपाचो तांणी निर्णय घेतलो. वेवस्थापकाक मेळ्ळीं. तांचे नेम, अटी बी सगळें समजून घेतलें आनी मुखा वयल्या सप्तकांत येतात अशें सांगून मुंबय परतलीं.

खंयचेय समस्येंत भितर सरप सोपें आसता पूण तातूंतल्यान भायर सरप कठीण जाता. गुप्ते दंपतीन खूब जबाबदारेन मंजुळाल्या आवयबापायक विस्वासांत घेवन पुणे शारांतल्या त्या आश्रमाची पुराय म्हायती दिवन दुसऱ्या आयतारा मंजुळाक थंय पावोवपाचो निर्णय घेतलो. दाते कुटुंबियांनी विस्वास दाखोवन घात केल्लो आनी आतां गुप्ते कुटुंबियांनी अपघातांत शिरकल्ले

चलयेक विस्वासान भायर काडपाचो यत्न केल्लो.

पुण्या वचपाक भायर सरलीं तेन्ना सगल्यांचे दोळे दुकांनी भरले पूण मंजुळाल्या दोळ्यांतल्यान मात एकूय दूक गळ्ळें ना. ताणें भायर सरतना एकदांय फाटीं वळून पळयलें ना.

दनपारचे सिंहगड एक्सप्रेस ट्रेनीर गुप्ते कुटुंबा वांगडा सदाशिव आनी सुलोचनाय पुण्या गेलीं. रजनी आनी अनिल हिंवूय बी पुण्या वांगडा गेलीं. सगळीं कागदपत्रां पयलींच तयार करून दवरिल्ल्यान त्याच दिसा मंजुळा आश्रमांत भरती जालें. ताच्या भविश्याची दिका बदलपी असो तो पयलो दीस आशिल्लो. कसलीय कठीण समस्या आपणाल्या विस्वासांतल्या मनशां कडेन व्यक्त केल्यार तिचेर उपाय सोदून काडप शक्य जाता हें पिरायेन ल्हान आसून लेगीत रजनीन सिद्ध करून दाखयलें. रक्ताच्या संबंधितांक जें करपाक जमलें ना तें इश्टागतीच्या बंधनान करून दाखयलें. सगलें काम येवजिल्लें तशें जावन पडलें. उपरांत पावोवपाक आयिल्ल्यांनी 'देवा आमचे धुवेची राखण कर !' अशें मागणें करून थंयच्यान घरचे वाटेक लागलीं.

– 6 –

व्यक्तीविकास घडोवप ही कुटुंबाची जबाबदारी आसता. ती सारकी निभायली नाशिल्ल्यान मंजुळाली अशी दशा जाल्ली. बुद्दी प्रगल्भ जावचे पयलींच मानमर्यादेची पर्वा नाशिल्ल्या दादल्याचे वासनेक बळी पडून तें निर्शेणेच्या खोल देंगणांत पडलें. जीण मातये भरवण जाली. हे भावनेन उबगल्लें, मानसीक वेदनेन बावून सुकून गेल्लें ताचें मन आस्ते आस्ते नवी कोमरी येवन पालेवंक लागलें, टवटवीत दिसूंक लागलें. हो बदल घडपाचें कारण म्हणल्यार त्या आश्रमांत कसलोच भंय नाशिल्लो, एक खात्रेचो भरवंसो आशिल्लो. चोख वेवस्था आशिल्ली आनी ती नेमा भायर वचूनय करतालीं. तरेकवार कारणांनी समाजांतल्या दुश्टपणांक बळी पडिल्लीं एकामेकांक अडचण

समजून, विचारनासतना, मागनासतना मदत करतालीं. दुख्खितांक दुख्खितूच आपूण जावन फुडें येवन हात दिता म्हळ्ळी गजाल थंय दिसून येताली.

कर्वे रोडा वयलो आश्रम सुमार सात एकर भूंय वाठारांत फादर फिलीप नांवाच्या एका जाण्ट्या मायेस्त मिशनरीले देखरेखींत गेल्लीं साबार वर्सां वेवस्थीत रितीन चलतालो. त्या फादराल्या हाता सकयल आनीक सात आठ मिशनरी मदतीक आशिल्ले. गरज आशिल्ले कडेनूच फकत पगारी सेवक नेमिल्ले. चडांत चड कामां आश्रमांतलीं आपवावुरपी करतालीं. ते भायर जायती समाजसेवक आनी सेविका नेमान येवन आपापणाले तांकी प्रमाण मदत करतालीं. तांचे मदली माधुरी कुळकर्णी, हेमंत कारखानीस हीं मनशां अनिल गुप्तेल्या परिचयांतलीं आशिल्लीं.

हेमंताक ल्हानपणांत पोलियो जाल्लो. त्या वेळार पोलियोचेर आतांचेवरी वखद नाशिल्लें. गांवठी वखदान तो इतलो सुधारतलो अशें कोणाक दिसुंनाशिल्लें. स्वता घरच्यांनी आशा सोडली. तरी तांच्या शेजाराक रावपी कुळकर्णी कुटुंब त्या चल्याक अंकोला घेवन गेलीं. अंकोला तांचो मूळगांव. थंयच्यान सात-आठ किलोमीटर अंतराचेर बेळंबर नांवाच्या ल्हानशा गांवांत एकटो गौडा गांवठी वखद दितालो. पांयांतले ज्ञानतंतू आनी हाडांची अशक्तताय कमी करपाक तो एक तेल दितालो. समाजसेवेचे नदरेन तो हें काम करतालो. ताच्या उपायान हेमंताल्या पांयांत थोडें बळ आयलें. कसलोय मात्सो आदार घेवन तो स्वता उठून उबो रावंक लागलो. हातांत बडी घेवन चलपाक शिकलो.

ताच्या अपंगत्वाक लागून ताची घरचीं खंयी वता आसतना ताका माधुरीगेर दवरून वतालीं. जाल्यार माधुरीले घरचीं आपूण खंयीं वता आसतना हेमंताक मुद्दाम आपणा वांगडा घेवन वतालीं. ताच्या अपंगत्वाची ताका जाणीव जावंक दिनाशिल्लीं. स्वताचोच भुरगो आशिल्लेवरी कुळकर्णी ताका सांबाळटालो. ताच्या पांयांक तेल मालीश करतालो. बाजारांत वतना ताणें येतां म्हणल्यार ताका सायकलीर बसोवन व्हरतालो. हेमंत कारखानीसागेर जल्माक

आयिल्लो पूण कुळकर्णीगेर व्हड जाल्लो. माधुरीक तो ताई म्हणटालो.

दोगांलेंय शिक्षण पूर्ण जालें. हेमंताक बँकेंत नोकरी मेळ्ळी. माधुरी लग्न जावन घोवाघरा गेलें. तिगेलें घरचें कुटुंब पयलीं साकून परिचयांतलें. आपणा भितर हो संबंद जोडया अशें जाणटेल्यांनी थारायल्लें. वेळप्रसंगार आपणा भितर तीं ते विशीं उलयतालीं. माधुरीलें शिक्षण पूर्ण जावपाची वाट पळयतालीं. फायनल परिक्षा जाली तेन्ना साकरपुडो जालो आनी रिजल्ट जाले उपरांत लग्न जालें. घोव बरो समजुतदार आशिल्लो. ताका लागून लग्ना उपरांतूय माधुरील्या समाजकार्यांत कसलोच फरक पडलो ना. तें तशेंच चालू उरलें आनी योगायोगान त्याच काळांत अनिल गुप्ते मुंबयच्यान बदली जावन पुण्या आयलो. तो हेमंत कारखानीसालो इश्ट जालो. ताका लागून माधुरी कडेन वळख जाली. ह्या तिगांनी मेळून मंजुळाल्या भविश्याची दिका बदलली.

दिसानदीस मंजुळान आश्रमाचे दीनचर्ये कडेन जुळोवन घेतलें. थंयच्या आपणा सारख्या दुख्खी बायलांक पळोवन ताका आपणालो दुख्खाचो भार ल्हव जाल्ल्यावरी दिसलो. कसलीय वायट परिस्थिती बदलपाक शकता म्हळ्ळे तिगेले आशेक कोमरी फुटली.

माधुरी समाजसेवा करतालें. त्या निमतान तें आश्रमांत येतालें. तेन्ना तें मंजुळाक मेळटालें. अशक्त दिसपी तागेलो देह म्हयने पुराय जाल्ल्यान मुखार आयिल्लें पोट पळयल्यार माधुरीक ताची स्थिती हुसक्याची दिसताली. अशें आसलें तरी तें निर्शेणेचे खोलायेंतल्यान थोडे वयर आयिल्लें ताका जाणवलें. माधुरी ताका धीर दिवपा खातीर ताका मानसीक बळगें मेळपाचे नदरेन मायेमोगान ताचे लागीं बसून आंकवारपणांत कुंतीक आयिल्ल्या मातृत्वाची देख, दुश्यंताक विसर पडली तेन्ना शकुंतलेक आश्रमांत रावचें पडून तिणें सोंशिल्ल्यो यातना, लव-कुश जल्मले तेन्ना सीता मातेन वाल्मिकील्या आश्रमांत रावून भोगिल्ले मनस्ताप अशे तरेच्यो देखी दिवन तें मंजुळाक ताच्या मनांतली पतीता म्हळ्ळी भावना पयस करून आयुश्य उमेदीन जगपाक प्रेरीत करतालें.

अनिल गुप्ते सुटये दिसांनी मुंबय वतालो तेन्ना मंजुळाक मेळून, तिगेले भलायकेची खबर घेवन वतालो. ताका वाचपा खातीर साप्ताहिक, मासीक बी घेवन येतालो.

आनी म्हणटां म्हणटां तो दीस आयलो. णव म्हयने पूर्ण जावन मंजुळा बाळंत जाली. चलो जल्मा आयलो. कवळे पिरायेर तें आवय जालें. ताचें आंग ल्हव जालें, पूण जबाबदारी वाडली.

मंजुळा बाळंत जाल्ल्याची खबर आयकून सगल्यांत पयलीं माधुरी धांवून आयलें. हेमंत आयलो आनी अनिलय बी पावलो. अनिलान पोस्ट ऑफिसांत वचून तार केली आनी आवयबापायक कळयलें. तांकांय खोस जाली. तांणी ही खबर जोशी कुटुंबाक कळयली.

ज्या दिसा मंजुळाल्या स्त्रीत्वाक गिराण लागिल्ल्याची खबर कळिल्ली त्या दिसाच्यान ताच्या संबंदांतली कसलीय खबर कळ्ळी जाल्यार ताच्या आवयबापायक दुख्खच जातालें.

'बाळंतपणात तें भुरगें मेल्लें जाल्यार एक कटकट वतली आशिल्ली. आतां ते भानगडीक पुराव्याच्या रुपान हें भुरगें उरतलें.' सुलोचना घोवाक सांगताली. तेन्ना तांचीं भुरगीं आयकतालीं. तीं ल्हान आसलीं तरी घरांत कितें चल्लां तितलें कळपा इतली बुद्द तांकां आशिल्ली. तांकां स्वताच्या आवयबापाय परस माधुरीलीं आवयबापूय चड मोगाळ आनी सभावान बरीं म्हण कळटालें. घरांत तीं तशीं उलोवन दाखोवंक शकनाशिल्लीं तरी तांच्या मनांतली ती भावना पुसपाक जायनाशिल्ली. मंजुळाक तीं आश्रमांत घेवन गेलीं. ताची सतत खबर घेतली आनी आतां तें बाळंत जावन चलो जाल्ल्याची खबर तांणीच कळयली. घरांतलीं जाणटीं आसुनूय हांणी कांय केलें ना. भयणीक वायट उतरां दिवन अपशकून करीत रावलीं.

मंजुळाक अनाथाश्रमांत रावपाक व्हेलें तेन्ना जल्माक येवपी भुरग्याचें कितें करचें ते विशीं कांयच चिंतुंनाशिल्लें. तेन्ना फकत तुर्ताक कितें करप तितल्याचोच विचार केल्लो.

कर्वे रोडार आशिल्ल्या त्या अनाथाश्रमांत भुरगीं नाशिल्लीं आवयबापूय भुरगें दत्तक घेवपाक नांवां नोंदवन दवरतालीं. जल्माक आयिल्ल्या अभागी बायलांच्या भुरग्यांक मनांत आयलीं जाल्यार कायद्याचे फास्के भितर योग्य ते सोपस्कार करून तीं दत्तक घेतालीं. अशे तरेन आयज मेरेन ते संस्थेन अनेक भुरग्यांक आधार सोदून दिल्लो.

पोसपाक भुरगें जाय आशिल्लीं आनी नांव नोंदयल्लीं मनशां मंजुळाल्या चल्याक पळोवपाक येतालीं. मंजुळा भुरग्याक दिवपाक तयार नाशिल्लें. चल्याच्या नाजुक कोमल स्पर्शान इतले दीस सारिल्ली शापीत जीण तें विसरलें. ताका सांबाळटा आसतना तान भूक न्हीद बी सगळें विसरलें.

माधुरी आश्रमांत येत उरतालें. मंजुळाक मेळून ताच्या मनांतली नाजूक भावना समजून घेतालें. तांचें मन परिवर्तन करपाचो यत्नूय करतालें.

'तूं पिरायेन ल्हान. तुका कोणालो आधार ना. ल्हान भुरग्याक पोटाक घालप, ताका वयर काडप हें सोपें काम न्हीं. तांचो सांबाळ करून तांकां व्हड करपाक, व्हडां परस चड खर्च येता. तूं स्वताच अजून ल्हान आसा. तुगेल्या भविश्याची दिका तुकाच अजून खबर ना. अशें आशिल्ल्यान कोणेय बऱ्या कुटुंबान तुगेल्या भुरग्याक आपूण सांबाळटां, वाडयतां म्हणलें जाल्यार खोशयेन भविश्याचो विचार करून तुजो भुरगो तांकां पोसपाक दी. तुज्या मनांतलो भंय आनी हुसको सोड आनी देवाचेर विस्वास दवर.' माधुरीन ताका समजायलें.

कितलेंय समजायलें तरी भुरग्याक दत्तक दिवपाक मंजुळा कशेंच तयार जालें ना. 'सुण्यापेटो, माजरापिल बी पोसपाक दिल्ले वरी हांव म्हज्या भुरग्याक पोसपाक दिवं?' अशें तें चिंततालें. संकटांत पडून ताचो आत्मविस्वास खचिल्लो पूण वात्सल्यान ताचे भितर एके तरेचो उत्साह निर्माण जाल्लो.

एक दीस सांजेच्या वेळार फादर फिलीप आपणाल्या बंगल्या भायर एकलोच बशिल्लो आसतना मंजुळा आपल्या चल्याक घेवन थंय गेलें.

भुरग्याक ताच्या सामकार दवरलो. हात जोडून फादराक ताणें म्हणलें, ’फादर कांय मनीस धूर्त आनी मतलबी आसतात हें म्हाका कळचे पयलींच हांव भ्रश्ट जालें. एके विखाळे शिमेर जें घडलें ताचो परिणाम भविश्यांत इतलो दुखदिणो जातलो हाची कल्पनाय करपा इतलोय वेळ म्हाका मेळ्ळो ना. तो चलो शिकिल्लो केल्लो, रूपान सोबीत आशिल्लो. ‘तुजे कडेन लग्न जातां, भियेवं नाका तूं .’ अशें ताणें कुळदेवाचो सोपूत घेवन सांगलें. म्हाका अमेरिकेक व्हरतां म्हूण सांगून म्हजो फोटो काडून पासपोर्ट फॉर्मार म्हजी सय घेतली. ताचेर हांवें पूर्ण विस्वास दवरलो. अजून म्हजो ताचे वयलो विस्वास उडिल्लो ना. तो घडये हांगा आशिल्लो जाल्यार हें अशें घडपाक पावनाशिल्लें जावंये. तागेलीं आवयबापूय आमकां ताचे कडेन संपर्क करपाक दिनात. तांच्या कारस्थानांक लागून हें निश्पाप भुरगें अनाथ जावन हांगा जल्माक आयलां. आज ना फाल्यां हाचो बापूय अमेरिके साकून भारतांत येतलो. हें जें कितें घडलां ताची माफी मागून हो भुरगो आपणालो म्हणून स्विकार करतलो अशी म्हाका आशा आसा. एकूच फावट, फकत एक फावट चंद्रशेखराचें म्हणणें स्पश्ट समजून घेतले बगर हांव म्हजें भुरगें कोणाक पोसपाक दिवचें ना.’

फादर फिलीप म्हणल्यार विश्वाक शांततायेचो संदेश दिवपी येशू क्रिस्तालो दूत. एका ऊंच ध्येया खातीर पुराय जिवीत ओंपून घेतिल्लो दयावंत. असलीं अनेक प्रकरणां सुटार्वी केल्लो अणभवी मनीस. तरी आसतना ह्या प्रकरणाचो निकाल कसो लावचो ताचो विचार पांयां कडेन दवरिल्ल्या भुरग्या कडेन पळयत तो करतालो.

त्या निश्पाप भुरग्याक थंय कितें चललां तें कांयच खबर ना. ताचे फकत हात-पांय हालत आशिल्ले. विचार करीत बशिल्ल्या फादराक पळयत मंजुळा शांत बसून राविल्लें.

‘हें पळय गो बाय, तुगेले हे पिरायेर चडश्या तरणाट्यांक दूरदृश्टी कमीच उरता. भविष्याचो योग्य विचार करपाक पावनाशिल्ल्यान तरणाट्यो चलयो

'वांकडे वाटेर पावलां घालतात आनी तुजेवरी समाजांतल्यान कुशीक पडटात. मागीर पश्चताप करीत हांगा येतात. हांगा आयिल्ल्यांक मुजरत आमी सगलो आदार दितात पूण चड काळ न्हीं. गरज आसता तितलेच दीस हांगा रावपाक मेळटा हें तूं लक्षांत दवर. तूं अजून ल्हान आसा. स्वतंत्र ना तूं. तुगेली बुद्दी भविश्याचो विचार करपा इतली थीर ना. विस्वासघात केल्ल्या मनशाचेर तूं विस्वास दवरता. परतून तू विखाची परिक्षा घेवंक सोदता. हें सोड आनी स्वावलंबी जावपाचो विचार कर. ह्या आश्रमांत कितलिंशींच मनशां आसात पळय. तांचे कडेन उलोवन तांचे अणभव समजून घे. हांगा तुका फसोवपी कोण नात. सगळे तुजें बरें चिंतपी आसात.' फादरान ताका थंडसाणेन समजावन सांगलें.

फादरान नितळ मनान संतुलीत भाशेन केल्ल्या उपदेशाचो मंजुळाचेर बरो प्रभाव पडलो. तरी पूण तें भुरग्याक दत्तक दिवपाक तयार जालें ना. भावनेच्या उमाळ्यान ताणें म्हळें, 'म्हाका रस्त्यार भीक मागची पडली तरी हांव भीक मागून भुरग्याक पोसतलें. ताका व्हड करतलें. पूण ताका म्हजे कडच्यान पयस करचें ना.' अशें म्हणून तें आपल्या सान बाळकाक उखलून घेवपाक बागवता आसतनाच फादरान ताका उखलून मंजुळाच्या हातांत दिलें आनी म्हणलें, 'चंद्रशेखर दातेलो ऍड्रेस आसा जाल्यार म्हाका दी. तुगेली इत्सा पूर्ण जाली जाल्यार म्हाका खोसूच जातली.'

अनिल गुप्ते पयलीं पयलीं थोडे दीस दर खेपेक मुंबय वतना मंजुळाक मेळून वतालो. पूण मागीर तो तशें कितेंय गरजेचें काम आसल्यारच वचपाक लागलो. तरी तो माधुरी आनी हेमंता कडच्यान खबर घेत आसतालो. मंजुळाच्या मनांतलो विचार माधुरी कडच्यान ताका कळ्ळो. मुंबय गेल्लो तेन्ना ताणें ती खबर आपणाल्या आवयबापायक सांगली. परतून त्याच संबंदान चर्चा जाली. मंजुळालो विचार आयकून तांणी म्हळें, 'आमी हाका अडचणींतल्यान भायर काडपाचो यत्न करतात आसतना हें परतून तेच अडचणींत शिरकून रावपाचो यत्न करता.' तांकां ते गजालीचें दुखख जालें.

कोणाचेर आपूण उपकार करतात अशी तांची अहंकाराची भावना नाशिल्ली. पूण चिखलान चिखल निवळ करपाक जायना म्हळ्ळें ते चलयेक केन्ना कळटलें ही नवी समस्या तांचे सामकार उबी जाल्ली. अनिल परतून पुण्या वतना चंद्रशेखरालो एड्रेस आनी आपणें बरयल्ल्या पत्राक ताणें दिल्ली जाप हीं दोनूय माधुरी कडच्यान फादराक दिवपाक ताच्या बापायन धाडून दिलीं.

माधुरील्या बापायन पत्र बरोवन चंद्रशेखराक नीट मार्गार हाडपाचो यत्न केल्लो. पत्र बरोवन दोन म्हयने जाले तरी ताणें पत्राक जाप दिली ना. त्या काळार आतांवरी नवीन आय. टी. युगांतल्यो सुविधा नाशिल्ल्यो.

अमेरिकेंतल्या भोगप्रधान समाजांत वावुरपी चंद्रशेखरान तें पत्र पिंजून कोयरा डब्यांत उडयलें. सदां परस दोन-तीन पेग चडच सोरो घोंटून, सिगरेटी फुस्कायत दुशीत वातावरणांत आनी दुशीत मनान 'हलकट राण्ड फुकट मजा मारून म्हाका ब्लेक-मेल करता.' अशा उतरांनी मंजुळाकूच उरफाटो दोश दिवन हांथरूणार लोळत पत्राक जाप बरयलीच ना.

तरी आसतना खूब संयमान मंजुळाक आश्रमांत भर्ती केलें तेन्ना गुप्तेन चंद्रशेखराक आनीक एक पत्र बरयलें.

'तू एक शिकिल्लो केल्लो मनीस. तें मंजुळा एक परावलंबी चली भुरगें हें कशें विसरता? तुवें ताका अमेरिकेक व्हरतां म्हूण आस दाखोवन फसयलें. ताका दीस गेल्यात म्हूण कळून लेगीत तुगेल्या आवयबापायन तुका कांयच कळपाक दिनासतना ताच्याच चारित्र्याचेर कलंक थापून अमानुशपणान घरांतल्यान भायर काडलें. ताच्या आवयबापायन ताचेर व्यभिचाराचो आरोप केलो. संबंधितांनी ताकाच पापी थारावन ताचेर बहिश्कार घालो. पूण समाजांतले सगलेच निर्दय आसनात. कोण तरी दयावान आसतात. चुकून वा दुश्ट मनशांचे करणेन त्रासांत पडिल्ल्यांक मनीसपणान लागीं करतात. तांकां त्रासांतल्यान सोडोवपाक मदत करतात. मंजुळा आतां एका आश्रमांत आसा. कांय दिसांनी तें बाळंत जातलें. एका बाळकाक जल्म दितलें. तें बाळक तुमच्या वंशाचें आसतलें. हें सत्य न्हयकारप शक्य ना. तेन्ना ताका

आतां तुगेली खूब गरज आसा. तूं नासतना ताची जीण निरर्थक जातली. तेन्ना तुमी दोगांयनी एकठांय येवचें आनी समजून करून विस्वासान संसारी जीण सुरू करची हीच आमगेली इत्सा.' अशें सगळें बरोवन एक खाशेली सुचोवणी केली - ह्या पत्राकय तुवें जाप दिली ना जाल्यार आमकां योग्य वकील पळोवन कायद्याचो सल्लो घेवचो पडटलो.

ह्या पत्राक चंद्रशेखरान जाप दिली. 'हांव एक लग्न जाल्लों संवसारी मनीस. म्हाका बायल भुरगीं आसात. तुमी कारणा शिवाय म्हजेर आरोप थापतात. म्हगेल्या सुखी संवसारांत दुबावाचें वादळ हाडपाक पळयतात. तुमगेलें पयलें पत्र वाचून हांवें कायद्याचो सल्लो घेतिल्लो. घुबडाक मारपाक ब्रह्मास्त्र सोडप योग्य न्हीं म्हणून ओगी रावलों. तुमगेले चलयेचें चारित्र्य दुशीत जावपाक हांव जबाबदार न्हीं. शिवाजी पार्कांत ताचे अनेक दोस्त आशिल्ले. तांचे मदलो पापी कोण तो सोदून काडपाची जबाबदारी तुमगेली. हीच म्हजी तुमच्या पत्राक निमणी जाप. तुमचे कायद्याचे धमकेक हांव भिना.'

ह्या पत्रान सदाशिव जोशी भियेलो. कायदो-कानून, कोर्ट-कचेरी म्हळ्यारूच ताचे हात-पांय थरथरपाक लागले. ताणें गुप्तेक समजावपाचो यत्न केलो. 'तुमी कितलेय यत्न केले तरी दाते कुटुंबांतलीं मनशां मंजुळाक लागीं करचीं नात. चडूच त्रासांत घालपाचो यत्न करतलीं. तांच्या हातांत पयसो आसा, प्रतिश्ठा आसा, न्याय विकतो घेवपाची तांक आसा. आमचे कडेन दुबळ्यां दुकां बगर कांयच ना. तेन्ना आमचे चलयेच्या नशिबांत जें कितें आसा तेंच ताका मेळटलें. ह्या संबंदान दातेक आनी पत्र बरोवप नाका.' जोशी फाटीं सरले उपरांत गुप्तेन चंद्रशेखराक परतून पत्र बरोवपाचो विचार सोडलो. अनिलान जेन्ना तो विशय काडलो तेन्ना ऍड्रेस आनी चंद्रशेखरान बरयल्लें पत्र माधुरी मार्फत फादराक दी म्हूण धाडलें.

ऑफिसांत पावलो तेन्ना अनिलान तें पत्र आनी ऍड्रेस हेमंता कडेन दिलीं. वेळ मेळटा तेन्ना पत्र वाचून माधुरीक दिवपाक सुचयलें. उपरांत दोन दिसांनी तिगांय मेळून सांजच्या वेळार आश्रमांत गेलीं आनी ते पत्र आनी

ऍड्रेस फादराक दिलीं.

पत्र वाचतां वाचतां 'जह! चू त्रेब्र!' हे उद्‌गार फादराल्या तोंडांतल्यान आयलें. 'त्या मनशाक आनीक पत्र बरोवपांत कांय अर्थ ना.' ताणें म्हणलें. 'तुर्ताक जी परिस्थिती आसा ती तशीच उरूं. मंजुळाक पत्रांतलो मजकूर सांगप नाका. तुमी ऍड्रेस म्हाका दिला अशें सांगपाक जाता. तें आदींच दुख्खी आसा. हें सांगून आनीक दुख्खी करप नाका. तुमी आयल्यांत तीं ताका मेळून वचात. ह्या आश्रमांत आशिल्ल्यांक आपलीं अशीं कोणूय येवन मेळ्ळ्यार उमेद जाता. हो समाज दुश्ट म्हळ्ळी जी खर भावना जाल्ली आसता तिची खरसाण कमी जाता. असल्या खिणांचो लाव घेवपाक जाय. मोग मायेन तांचो विस्वास जोडपाक जाय. तांचो स्वाभिमान वाडोवपाक जाय. एकदम हें साध्य जायना, कांय दीस कांय म्हयने लागतले. तो वेळ मेरेन हांगाच उरूं तें.' इतलें सांगून फादर प्रार्थनेचो वेळ जालो म्हण उठून गेलो.

अनिल, हेमंत आनी माधुरी अनेक मठ मंदिरां फिरिल्लीं. संत महंतांक मेळिल्लीं. तांचीं प्रवचनां आयकल्लीं. पूण प्रत्यक्ष परित्यक्त मनशांक जात-पात पळयनासतना, तांचीं राखणदार जावन, देवपुजे इतले श्रद्धेन तांची सेवा करून, तांचे भितर परिवर्तन घडोवन हाडपी फादर फिलिपा सारको मिशनरी तांणी पयलोच पळयल्लो. ताणें निश्ठेन चलयल्लें कार्य आनी कार्यपद्दत तसोच तांचो चोख वेव्हार पळोवन तो मंजुळाक समजावन योग्य मार्गार हाडटलो म्हणपाचो पूर्ण विस्वास तांकां पयले भेटेंतल्यानूच दिसून आयिल्लो. पूण केन्ना? आनी कितल्या दिसांनी? ह्या प्रस्नाक जाप मेळुंनाशिल्ली.

– 7 –

हेमंत कारखानीस सत्तावीस अठ्ठावीस वर्सां पिरायेचो आशिल्लो. रुपान सोबीत पूण पोलियोन तो अपंग जाल्लो. आधारा बगर ताच्यान नीट उबो रावंक जायनाशिल्लें. घरांत भोंवपाक तो व्हील चेअर वापरतालो. भायर

वतना पांयांक कॅलिपर्स लावन हातांत वॉकींग स्टीक धरतालो. शरिराच्या बळा परस मनोबळाच्या आधारान तो स्वावलंबी जीण जगतालो. बँकेची नोकरी आशिल्ली. पगार बरो आशिल्लो. जाणटीं ताचें लग्न करपाक सोयरीक सोदतालीं. अपंग आशिल्ल्यान सोयरीक जमनाशिल्ली. कांय चलयोय बी कसली ना कसली अडचण आशिल्ल्यान सोयरीक जुळनासतना उरतात. अशी एकाद्री चली आसल्यार सोदतालीं. शरिराक स्वास गरजेचो तेच तरेन आत्म्याक मायामोग दिवपी कोणूय आसचें अशें दिसता. भुरगेपणांत आवयबापूय आसतात. यौवनांत बायल आनी म्हातारपणांत स्वताच्या भुरग्यां कडल्यान ती अपेक्षा आसता. हेमंतालें भुरगेपण सोंपून अर्दे यौवनूय सोंपिल्लें. घरगृहस्तीचें सपन तोवूय बी पळयतालो पूण समाजीक मजबुरीन उपभोगा खातीर तो लग्न नाका म्हणटालो. कोणालेय गरिबीचो फायदो घेवन तांचे चलयेक तिच्या मनांत नासतना बळजबरेन लग्नाक उबी करप ताका पसंत नाशिल्लें. अशे तरेच्या लग्नांतल्यान घडून आयिल्लो शरीर संबंध व्यभिचारा समानच आसता हाचो विचार हेमंतान सूक्ष्म नदरेन आनी विवेकबुद्दीन केल्लो. ताचें शरीर अपंग आशिल्लें, तरी ताची बुद्दी अपंग नाशिल्ली.

एक दीस माधुरी हेमंतागेर गेल्लें. कोणूय समाजसेवक मेळटात तेन्ना स्वता विशीं उलोवचे परस दुसऱ्यां विशीं चड उलयतात. अशें आशिल्ल्यान तांच्या उलोवण्यांत मंजुळालो विशय आयलो.

'आपणाल्या वांट्याक जें दुख्ख आयलें तें एक वायट सपन.' अशें समजून मंजुळा तें विसरपाचो यत्न करना. त्याच सपनांत आनीक एक सपन पळयता. तो घातमारो हिरो आपणाक विमानांतल्यान अमेरिकेक घेवन वतलो अशें लेखून त्या सानुल्या भुरग्याक खेळयतना वयल्यान वचपी विमान दाखोवन सांगता. 'आमी हाका सुधारपाचो यत्न करतात जाल्यार हें चडूच पिशें जायत वता.' माधुरीन म्हणलें.

'हें प्रकरण मारूतीचे शेंपडीवरी वाडत आसा. तें खंय तरी थांबोवपाक जाय. जग बदलत आसतना रूढी, परंपरांतूय बदल जावपाची गरज आसा.

पोरणे विचारय बदलपाक जाय.’ हेमंतान म्हणलें

‘ते दृश्टीन हांव यत्न करतां.’ माधुरीन म्हणलें. मंजुळाक आश्रमांत येवन वर्स जाल्लें. फादराक तिचो पुराय इतिहास कळिल्लो. स्वावलंबी जीण जगपाक तो तिका तयार करतालो. आश्रमवासी लोकांक गृहउद्योगाचें प्रशिक्षण दिताले. तांणी तयार केल्ल्या वस्तूंक समाजसेवक गिरायक मेळोवन दिताले. मंजुळा थंय शिवणकाम शिकतालें. माधुरी ताका मेळपाक आयिल्लें. तेन्ना तें शिविल्ल्या कपड्यांक बटण लायतालें.

माधुरी ताचे लार्गी वचून बसलें. विशय खंयच्यान आनी कसो सुरू करचो ताका कळनाशिल्लो. फादराक मेळून मंजुळाक खरी खबर सांगतां म्हूण सांगून ताची मान्यताय घेवन तें आयिल्लें.

‘मंजुळा, तूं घडिल्ली घडणूक ही एक अपघात म्हूण समजून ती विसरना. त्या चंद्रशेखराचेर विस्वास दवरून बसलां. ताका तुगेलें कांयच पडिल्लें ना. तूं जितें आसा काय ना ते विशींय ताणें खबर घेतिल्ली ना. हाचें कारण थंय तो लग्न जावन संवसार करून आसा. ही खबर फादर जाणां. तुगेले सहनशक्तीचो अंत त्या संत पुरूश्याच्यान पळोवं नजो जाला. ते खातीर ताणें तुका सांगूंक ना. आनी कितले दीस लिपोवन दवरतलीं म्हूण ती जबाबदारी हांवें घेतली. हें तुका सांगता आसतना म्हाकाय बी दुख्ख जाता. कितलेंय दुख्ख जालें तरीय आत्मविस्वास सोडूं नाका. आत्मविस्वासाचे तांकीचेर एके व्यक्तीचें भविश्य थारता.’ इतलें ताका सांगून आपणाक एक गरजेचें काम आसा अशें म्हणून माधुरी थंयच्यान गेलें.

‘चंद्रशेखर दातेन दुसरें लग्न केलें!’ ही खबर आयकून मंजुळाल्या हड्ड्यांत धस्स जालें. कच्च करून बोटांत सूय तोपली ती ताका कळ्ळीच ना. ताचें कारण शरिराचे वेदने परस ताची मानसीक वेदना व्हड जाल्ली. माधुरीन मंजुळाल्या दोळ्यांतल्यान व्हांविल्लीं दुकां पळयलीं आनी तें उठून गेलें. ताच्या बोटांतल्यान व्हांवपी रगत पळयलेंच ना.

मंजुळान हातांतलें काम थंयच सोडलें आनी घावो जाल्ल्या बोटाक

मलमपट्टी करपाक उठून गेलें. आश्रमांतल्या लोकांक ताच्या बोटाक जाल्लो घावो दिसतालों, मनाक जाल्लो दिसनाशिल्लो. आतां खऱ्या अर्थान ताका चंद्रशेखरालो राग आयलो आनी मनांत ताचे विशीं द्वेश निर्माण जालो. हाणें सर्वस्व ताका अर्पण केल्लें. हाका सर्ग सुखाचें सपन दाखोवन नरकांत धुकळून घालें.

सुयेन जाल्लो घावो पेखत येतना मदीं आनीक एक गजाल घडली. अनिल गुप्तेची मुंबय बदली जाली. वच्चे पयलीं तो मंजुळाक मेळपाक आयलो.

मंजुळा भुरग्याक खेळयत बशिल्लें. ताच्या मनांतलें द्वेश आनी रागाचें वादळ मातशें थंड जाल्लें. तो केन्ना रित्या हातान येनाशिल्लो. मंजुळाक आनी ताच्या भुरग्याक कितें ना कितें घेवन वतालो. हातांतली पिशवी मंजुळाच्या हातांत दिवन ताणें भुरग्याक उखलून घेतलें. दोन गोड शब्द उलोवन मूळ मुद्द्यार आयलो.

'आयज पुण्यातल्या ऑफिसांत म्हजो निमाणो दीस आशिल्लो. फाल्यां हांव मुंबय वतां. वच्चे पयलीं तूं कशें आसा, कितें करता खबर घेवपाक म्हूण आयलों.' ताणें म्हणलें.

मंजुळान आयकून घेतलें. कांयच उलयलें ना. तरी तिचे भितर जाल्लो बदल अनिलाक कळ्ळो. फुडारांत हो बदल ताचे जिणेक नवी दिका दाखयतलो म्हणपाची ताका खात्री दिसली.

'हांव मुंबय गेलों तरी माधुरी, हेमंत तुका येवन मेळटलीं. तुका जाय नाका तें पळयतलीं. तुगेल्या मनांत कितें येता तें तूं तांचे कडेन व्यक्त कर. तुका हांगाच्यान भायर वचपाची वाट तीं दाखयतलीं. म्हाका तांचेर पुराय विस्वास आसा.' इतलें सांगून ताणें भुरग्याक मंजुळाल्या हातांत दिलें. दोन पावलां वचून ताणें फाटीं वळून पळयलें. भुरग्याक खांदार घेवन तें शांत उबे आशिल्लें. ताका ती एक वात्सल्याची मूर्त कशीच दिसली. ताणें मनांतल्या मनांत मागलें, 'देवा असली काकुळट हाडपी अवस्था कोणाक दिवं नाका सायबा. हें भ्रातृत्वाचें नातें अशेंच राख!' ताणें हात हालोवन मंजुळाचो

निरोप घेतलो.

अनिल गुप्ते मुंबय गेले उपरांत हेमंतान आश्रमांत येवप कमी केल्लें. माधुरी नेमान येतालें. एक दीस ताका मंजुळाक मेळपाची इत्सा जाली. कारण तिचे विशीं ताच्या मनांत आपलेपण निर्माण जाल्लें.

शेनवारा अर्द दीस काम. सांजच्या वेळार बँक बंद आसता. बँक बंद जाले उपरांत तो आश्रमांत गेलो. थंय वतना तो केन्ना रित्या हातान वचनाशिल्लो. थंयच्या आश्रमवासीं खातीर कितेंय तरी घेवन वतालो. हेमंतान भुरग्यांच्या दुदा पावडराचो डबो घेतलो. मंजुळाल्या सान भुरग्यावरी थंय आनीक दोन भुरगीं आशिल्लीं. जल्म दिल्ल्यांनी तांकां थंय हाडून सोडिल्लीं. आवयो नाशिल्ल्यान तांकां दुदा पावडराची गरज आशिल्ली.

हेमंत आश्रमांत पावलो तेन्ना मंजुळा आपणाल्या भुरग्याक खेळयतालें. तो आयिल्लो पळोवन तें सट्ट करून उठून उबें रावलें. ताचे वटेन वचपाक मुखार सरलें पूण थंयचें थंयच उबें रावलें.

अनिल गुप्तेचे वळखीन मंजुळाली हेमंता कडेन वळख जाल्ली. एका वर्सांन ती आतां दाट जाल्ली. स्वताचें दुख्ख विसरून दुसऱ्यालें दुख्ख उणें करपा खातीर तो धांवून वतालो आनी जाता तितलें आपणालें योगदान दितालो. ते खातीर मंजुळाचो ताचेर विस्वास बशिल्लो. फकत

'तूं कशें आसा?' इतलेंच विचारून वचपी समाजसेवक न्हीं तो हाची ताका आतां खात्री जाल्ली.

हेमंताक बसपाक ताणें कदेल दिलें आनी म्हणलें, 'खूब दिसांनी आयलें तुमी हे वाटेन.'

आपूण जावन मंजुळान संवाद सुरू केल्लो पळोवन हेमंताक अजाप जालें. ताका आनंदय जालो. तागेल्या विचारांत जाल्लो हो फरक म्हळ्ळें ताच्या लक्षांत आयलें. तिच्यांतल्या ह्या बदलाक थोडें बळ दिलें जाल्यार रोखडीच ताका आश्रमांतल्यान भायर काडपाक जातलें म्हळ्ळो मुखा वयलो विचार ताणें केलो.

पतीत पावन

तो अपंग ही अनाथ. दोगांय आशावादी जीण जगपाक आधार सोदतालीं. ो अपंग जालो तरी बुद्दिवंत आनी बँकेंत कामाक आशिल्ल्यान अर्थीक दरेन घटमूट आशिल्लो. मंजुळा कलंकीत जिणेंतल्यान भायर येवपाक ाट सोदतालें. सन्मार्ग आपणावन भुरग्याच्या बऱ्या फुडाराचो विचार करून कसलेय कश्ट करपाक तयार आशिल्लें. मनस्थिती बदलल्यार परिस्थिती बदलपाक जाता. तातूंतल्यान नवी जीण सुरू करप शक्य जाता. रात दीस वेचार करून ताका हो मार्ग योग्य दिसपाक लागलो.

'खूब दिसांनी आयले तुमी हे वाटेन.' ताणें म्हणलें. भुरग्यां खातीर हाडिल्लो दुदा पावडराचो डबो मंजुळाल्या हातांत दीत 'तुमी म्हणूं नाका, तूं म्हण. तुमी म्हणल्यार परकेपण दिसता. तूं म्हणल्यार आपलेपण दिसता.' ताणें म्हणलें.

हें आयकून मंजुळा मनांतल्या मनांत खोशी जालें. पूण ताणें दाखोवन दिलें ना. भुरग्या वटेन पळोवंक लागलें.

'तुगेली खबर माधुरी कडच्यान कळटाली. काल गुप्तेन बँकेंत फोन केल्लो. तुगेली खबर घेतालो. तुका मेळिल्लो कांय म्हण विचारतालो. हांवें आज मेळटा म्हणलें वचून.'

'बरें केलें तुवें येवन. माधुरीताई येवन खबर घेत रावता. ती आनी तुमी सोडल्यार ह्या शारांत म्हाका आनीक कोण आसा मायेन खबर घेवपी?'

'तूं अनाथाश्रमांत आसलें तरी तूं अनाथ न्हीं. त्या वेळार दुसरी व्यवस्था करपाक आमकां वेळ नाशिल्लो. माधुरीताईक हे संस्थेची पुराय म्हायती आशिल्ली. ताका लागून तुका हांगा हाडटना सगलीं कामां सोपेपणीं जावन गेलीं. आतां जाता तितले बेगीन तुका हांगाच्यान भायर काडपाचो विचार करतात. तूं कसलीच चिंता करू नाका.'

'अनिल गुप्तेल्या घरचीं म्हजी खूब काळजी घेतात. तीं न्हीं जाल्यार हांव खंयच्या नरकांत कुसतलें आशिल्लें कोण जाणा !' तिगेलो चेरो दुख्खी जालो.

'वायट परिस्थिती येता तेन्नाच आमकां बरीं मनशां कोण तीं कळटात.

तुका अनिल गुप्तेल्या पप्पान मदत केली न्हीं तशीच म्हाका माधुरीताईल्या पप्पान मदत केली. म्हज्या आवयबापाय परस चड माया दिली.' तो बशिल्ले थंयच्यान सवकास उठून उबो रावलो. वतना तिकाच थीर नदरेन पळयत ताणें म्हणलें, 'मनशान परिस्थितीचो दास जावंक फावना. परिस्थिती बदलपाचो यत्न करीत रावपाक जाय. बदल जायनाशिल्ले जिणेंत जीव आसना, उत्साह आसना. विचार करून पळय.'

हेमंत कर्वे रोड लंगडत लंगडत हुपून वतना मंजुळा ताकाच पळयत राविल्लें. आपणाली इतली आस्थेन काळजी घेवपी त्या मनशा विशीं तागेल्या मनांत सहज अशें एक आपलेपण निर्माण जाल्लें.

भुरग्याक दुदाक धरून तें दोन मनशांची तुळा करीत बसलें. एक चंद्रशेखर आनी दुसरो हेमंत.

चंद्रशेखर म्हळ्यार राकेसान आस्वासन दिवन फसयलें. आपणाली जीण पाड घाली, आपणालें शील भ्रश्ट केलें. आपणाक सासणाचें दुख्खी केलें. सोरपाच्या दांतांत वीख उरता, विंचवाचें शेंपडेंत वीख उरता. चंद्रशेखरा सारक्या पाड बुद्दी मनशांच्या पुराय आंगांत वीख उरता. तांणी सोडिल्ले स्वासूय विखाळे आसतात. हेमंत शरिरान अपंग जाल्यार चंद्रशेखर विचारान अपंग. शरिराचें अपंगत्व कोणाकूय दिसता. विचारांचें अपंगत्व कोणाक दिसना. शरिराच्या अपंगत्वा परस विचारांचें अपंगत्व घातमारें आसता. आपणाल्या सुखा खातीर हे घातमारे लोक दुसऱ्यांक बळी दितात.

आश्रमांत कोण येतात, कसल्या उद्देशान येतात, कोणाक मेळटात त्या सगल्यांचेर फादर फिलीपाचें लक्ष आशिल्लें. मंजुळा संबंदान ताणें उगतेंपणी कितेंय केलें ना तरी मुख्य सुत्रधार तोच आसता हें मंजुळाक कळनाशिल्लें.

आपणाल्या मनांतले विचार व्यक्त करपाक मंजुळाक विस्वासांतली अशी कोण व्यक्ती मेळनाशिल्ली.

हेमंत गेले उपरांत ताका माधुरीची याद जाली आनी देव प्रसन्न जाल्लेवरी ताचे सामकार माधुरी येवन उबें रावलें.

पतीत पावन

माधुरीन मानसशास्त्र विशयांत पदवी घेतिल्ली. समाजसेविकेचें काम करता आसतना ताका त्या विशयाचो खूब उपेग जातालो. मोठें वादळ पावन झाडांपेडां पडटात, मोडटात आनी मालमत्तेचें लुकसाण जाता. ते उपरांत सरभोंवतणी सगलें शांत जाता. तशे तरेचीं वादळा उपरांतची शांतताय मंजुळाल्या मुखामळार माधुरीक दिश्टी पडली. सैमांत नवें चैतन्य निर्माण जाता त तरेन कठीण प्रसंगाक फुडो करपाचो आशावाद आनी जिद्द मंजुळाल्या मुखामळार माधुरीक जाणवली.

माधुरीक पळोवन मंजुळा खोशी जाल्लें. ताच्या तोंडार हांशें फुलिल्लें. भितरले भितर ताका कसली तरी खोस जाल्ली म्हणपाचें ताका पळयतनाच कळटालें. ताचे ते मनस्थितीचो फावो तो फायदो करून घेवपाची संद माधुरीक मेळ्ळी. ताणें म्हणलें, 'मंजुळा तूं जाणां, गुप्तेल्या घरचीं तुका समजून घेवपी असो एक जीवनसाथी सोदतात. त्या संबंदान तुजो विचार कितें आसा तो समजून घेवपाक हांव आज आयलां.' माधुरीन एक नाजूक विशय काडलो.

हो विशय ती काडीत अशें मंजुळान केन्नाच चिंतूक नाशिल्लें. मंजुळालो चेरो एकदम गंभीर जालो. विजेचो धक्को लागिल्लेवरी तें कांय खीण एकदम तटास जालें. प्रसन्न चेऱ्याचेर काळी सावळी पातळ्ळी आनी तशेच स्थितींत ताणे म्हणलें, 'म्हजें लग्न जालां. म्हाका परतून लग्न जावपाचें ना.'

'मंजुळा, हांवें काडिल्ल्या विशयान तुका त्रास जाता जाल्यार माफ कर म्हाका. तुका दुख्ख दिवपाक येवंक ना हांव. तुजें दुख्ख पयस करपाक आयलां. विस्वास दवर म्हजेर. तसोच ह्या आश्रमाच्या वेवस्थापकांचेर विस्वास दवर. आमचो स्वताचो कसलोच स्वार्थ घुस्पल्लो ना हांगा. कोणूच हांगा कमिशन एजंट ना. हेंवूय बी लक्षांत दवर. तुगेलें लग्न जावंक ना. एका दुश्ट विचारांच्या मनशान तुजेर अत्याचार केला. तूं पिरायेन ल्हान आसा. व्हडलें आयुश्य जगपाचें आसा तुका अजून. तें फुकट वचपाक दिवं नाका. सारको विचार करून पळय. ' अशें सांगून माधुरी वचपाक उठलें. पूण विशय आयिल्लोच आसतना तो अर्दार सोडप नाका अशें चिंतून तें परतून

ताचे म्हऱ्यांत बसलें आनी मनांत घोळटालें तें सगलें ताका सांगून सोडलें सांगता आसतना बारीक नदरेन मंजुळाल्या मुखामळा वयले भाव निरखितालें आनी शब्द जोखून मापून वापरतालें.

'मंजुळा... पळय सांगतां, दुसऱ्यालें दुख्ख पळोवन जे मेरेन आमी रडपाक शिकनात ते मेरेन आमचें दुख्ख आमी विसरपाक पावनात. आमी हांगा येतात तीं कित्याक? काम-धंदो ना म्हणून आमकां? आमकांय बी आमच्यो समस्या आसात. हेमंत कारखानीसाक पळय. कितलो भांगर तरणाटो. शिकला बरो. बँकेंत कामाक आसा, पगार बरो आसा. नियतीन मात ताचेर अन्याय केला. म्हाका ताई म्हणटा तो. तेन्ना ताच्या भविश्याची काळजी घेवप ही म्हजी जबाबदारी अशें मानतां हांव. ताचे त्रास समजून घेवपी बरी चली मेळ्ळ्यार जाता तितले बेगीन लग्न करपाची जबाबदारी म्हजीच अशें म्हाका दिसता. हें सगळें तुका हांव कित्याक सांगतां जाणां? कारण तुका तो जोडीदार म्हणून पसंत आसा जाल्यार तुगेल्या भुरग्याक आनी तुका तो बरीं करून सांबाळटलो हातूंत म्हाका इल्लोय दुबाव ना. असली संद परतून परतून येना. विचार कर, आमी कोणूच तुजेर दबाव हाडचीं नात. तुगेलो निमाणो निर्णय घेवचे पयलीं फादर फिलीपालें मत आयकून घे. कोणालेंय बरें करप हें ताचें व्रत. तागेलो हेतू आनी कर्म शुद्ध आसता. देवमनीस तो. ताचें मार्गदर्शन घे. तुजो फुडार बरो जालो जाल्यार ताका आनंद जातलो.'

मान सकयल घालून बशिल्ल्या मंजुळाक परत येतां अशें सांगून माधुरी गेलें.

माधुरी गेलें तरी मंजुळा विचार करीत थंयच बसून आशिल्लें. तागेल्या भविश्या कडेन भुरग्यालें भविश्य बांदिल्लें आशिल्ल्यान कितेंय तरी तडजोड केले बगर ताका दुसरो उपाय दिसनाशिल्लो.

आश्रमांतल्यान भायर वच्चे पयलीं माधुरी फादर फिलीपाक मेळपाक गेलें. मंजुळा कडेन आपलें कितें उलोवणें जालें तें फादराच्या कानार घालून तें थंयच्यान हेमंताक मेळपाक गेलें. ड्युटीचो वेळ सोंपिल्ल्यान हेमंत मेकळो

आशिल्लो. माधुरी अचकीत मेळपाक आयिल्लें पळोवन 'खंयच्यान आयलां गोत?' अशें म्हणून लागींच बसपाक ताका कदेल दाखयलें.

'अनाथाश्रमांत मंजुळाक आनी फादराक मेळपाक गेल्लें. मेळून उलोवन बी नीट तुका मेळपाक आयलां.'

हें आयकून हेमंतालो चेरो मातसो गंभीर जालो. तो मातसो भावनाशील मनीस आनी विशय इल्लो घुसपागोंदळाचो. प्रसंग सांबाळून घेवपा खातीर ताणें प्युनाक आपयलो आनी म्हणलें, 'मातशी दोन च्या हाड आनी तूं थंयच पियेवन यो.' अशें सांगून ताच्या हातार पयशे दवरले.

'हेमंत हांव आयिल्ल्यान तुगेल्या कामाक कांय आडखळ येवंक ना मरे?'

'शे, शे! हांव काम सोंपोवन आतांच बेकार जालां. तेच खातीर च्या मागयली. सांग, फादर कितें म्हणटालो?'

'फादर म्हणटालो, मंजुळाक आनीक कितले दीस आश्रमांत दवरून घेवचें आमी? भुरग्याक दवरून घेवं येत. तिगेली दुसरे कडेन खंय तरी वेवस्था करपाक अनिल गुप्तेक कळयात म्हणटालो.'

हेमंत कांयच उलयना तें पळोवन ताणेंच ताका म्हणलें, 'ही गजाल आजच फोन करून गुप्तेक कळोवया.'

'गुप्तेक ही गजाल कळोवया पूण भुरग्याक आनी आवयक वेगळीं करप नाका. तागेल्या मातृवात्सल्याक धक्को लागपाक दिवंनये आमी. आमीच तांकां हांगा खंय तरी एक रूम पळोवन दिवया. अशें केल्यार जायत न्हीं?' नमळायेन हेमंतान माधुरीक विचारलें.

माधुरीक तांच्या दोगां मदीं मायेची पालवी फुटल्या अशें दिसलें. ताका एक आशेचें किरण दिसून खोस जाली. आपूण जावन तीं दोगांय एकठांय आयल्यार चडच बरें जातलें अशें दिसून ताणें तो विशय वाडयलो ना. प्युनान हाडिल्ली च्या घेवन माधुरी थंयच्यान गेलें.

आपणाले जिणेंत चंद्रशेखर, हेमंत, माधुरी हांचे सारकीं मनशां येतलीं अशें मंजुळाक सपनांत लेगीत दिसुंनाशिल्लें. एकलो आयलो आनी आपणाली

जीण पाड केली. आतां आनीक एकलो आयला आनी आपणालो उद्ध
करपाची आस दाखयता. ताका 'हां' म्हणून येवकार दिवप काय 'ना' म्हण
मेकळें जावप? असो प्रस्न ताका पडलो. त्याच विचारान ताची तकल
भेरेली. पंदरा-वीस दीस जाले माधुरीय बी आश्रमांत येवंक ना. कोणा
म्हूण विचारपाचें? इतले मजगतीं दोन जोडपीं येवन आश्रमांतल्या दोन अना
भुरग्यांक दत्तक घेवन गेलीं. हें सगळें मंजुळा सामकार घडलें. त्या भुरग्यांकू
ताणें सांबाळिल्लें. त्या दिसा तांकां तांच्या भावी आवयबापायच्या हातां
दिता आसतना ताचो जीव तळमळ्ळो. भूक मेली, न्हिदूय गेली. दुसऱ्य
दिसा आपूण जावन तें फादर फिलिपाक मेळपाक गेलें.

माधुरीन फादराक आदींच कल्पना दिल्ली. ते खातीर फादराची ताचे
नदर आशिल्ली. आश्रमांतल्या हेर वावुरपी मनशां कडल्यानूय ताका मंजुळ
विशीं म्हायती मेळटाली. तें दारांत आयिल्लें पळोवन फादरान ताका 'यो
बस' म्हणलें.

मंजुळाक विशय कसो सुरू करचो तेंच कळना जालें. तें नदर जमनी
लावन मोनें जाल्लेवरी बसलें. फादराक कितेंय तरी उलयले बगर पर्याय
नाशिल्लो. 'हें पळय धुवे, तुका कितेंय सांगपाचें आसल्यार मेकळेपणा
सांग. भावना चेपून दवरूंक फावना. संपत, ज्ञान, विद्वता धांपून लिपोव
दवरप नासता. ती वांटून दिवपाची आसता. तूं तुज्या मनांतलें कितेंय सांगूं
सोदता जाल्यार तें मेकळेपणान सांग. मनांत कांयच लिपोवन दवरूं नाका.
प्रत्येकाच्या जिवितांत दुख्ख आशिल्लेंच आसता. कांय लोक ताचो गुणाका
करतात जाल्यार कांय लोक भागाकार. पूण एक मतींत धर की शाळेंतल
गणीत असले परिस्थितींत उपेग पडना. आमच्या जिवितांत दोन अदीक दो
केन्नाय तीन जातात वा केन्नाय पांच जातात. हें जिविताचें गणीत स्वताच
सोडोवपाचें आसता. तें तुवें स्वता सोडोवपाक शिकचें म्हूण आमी इतले दीस
तुका आलाशिरो दिलो. तुका शिवण काम शिकयलें, भुरग्यांक सांबाळपाचे
खाशेलें ट्रेनिंग दिलें. तुका स्वावलंबी करपाचो यत्न केलो. आतां तुवे

आश्रमांतल्यान वचून स्वताचो फुडार घडोवपाचो यत्न करपाक जाय. तुवें वता त्या संबंदान कितेंय चिंतलां जाल्यार म्हाका सांग.'

मंजुळाक उतरच फुटना जालें. जें कितें सांगपाचें म्हूण थारावन आयिल्लें तें सगळें विसरलें.

'ह्या आश्रमांत रावून उपरांत भायर वचून आनंदान जीण जगपी अस्तुऱ्यो गांव पळयल्यात. त्यो अस्तुऱ्यो आश्रमाक विसरनात. अर्दी-मर्दी हांगा येत आसतात. आपणाले प्रगतीची खबर सांगतात. आपणाले अणभव आमकां सांगतात. त्या अणभवांतल्यान आमकां मार्गदर्शन जाता. आमकां अर्थीक मदतूय करतात. तुवेंय बी तांचे सारकें येस मेळोवचे अशी आमची इत्सा आसा. स्वताचेर विस्वास दवर. विस्वास शब्दांत स्वास आसा. अशें आशिल्ल्यान जोवेर स्वास तिगून उरतलो तोवेर विस्वास उरतलो हें लक्षांत दवर.'

मंजुळा फादरा लागीं स्टुलार बशिल्लें. तें उठून उबें रावलें. फादरय वोल्तेरार बशिल्लो, तोवूय उठलो. ताचे वांगडा चार पावलां चलत गेलो आनी वतना ताका थोडो उपदेश केलो. 'आतां तुजी नवी जीण सुरू करता आसतना तुजे जिणेंत जें घडलें तें अपघातान घडलें अशें समज. त्या कोडू घडणुकांक जीणभर बंदखणीची ख्यास्त दिल्लेवरी बंदखणीचे कुडींत बंद करून दवर. आपूण एक बहिश्कृत असो जर तुवें समज करून घेतला तर तो विचार मनांतल्यान काडून उडय. तो चुकून लेगीत मनांत हाडूं नाका. हाचे फुडें मनशाक वळखूंक शीक. निर्मळ मनान जोडिल्ले संबंद केन्ना तुटनात. तरी तुका कितेंय दुबाव येता जाल्यार म्हाका सांग. तो पयस करपाचो यत्न करया.' इतलें सांगून फादर आपणाले कुडींत वचपाक गेलो.

कसलोय निर्णय घेवपाक चड वेळ केलो जाल्यार मनशाक फोंडांत घालता. मंजुळाक अशे तरेचो अणभव आयिल्लो. ताणें त्याच दिसा रजनीक पुराय म्हायती दिवन आपणें कितें करपाचें येवजिलें तें पत्र बरोवन कळयलें. ते खातीर तिगेल्या आवयबापायची मदत मागली. तीं दोगांय जाता तितले

बेगीन पुण्यां आयलीं जाल्यार खूब उपकार जातले म्हूण विनंती केली. इतलेंच न्हीं तर ही गजाल आपणाल्या आवयबापायक कळपाक दिवची न्हीं म्हूण अगत्यान बरोवन-तो मुद्दो रेखांकीत केलो.

गुप्तेल्या घरच्यांक पत्र वाचून अजाप जालें ना. कारण हो विशय तांका थोडो भोव खबर आशिल्लो. अनिल गुप्ते हेमंत आनी माधुरील्या संपर्कांत आशिल्लो. हेमंतालो सभाव तो जाणा आशिल्लो. 'जें कितें घडटा तें बऱ्या खातीर अशें म्हणून आमी चड वेळ वगडावंक फावना.' अशें ताणें आवयबापायक सांगलें.

'आनीक दोन दिसांनी येता त्या आयतारा आमी पुण्या येतात.' अशें ताणें हेमंताक फोनार सांगलें. येवपाचें कारणूय बी सांगलें. ही खबर माधुरीक, फादर फिलीपाक आनी मंजुळाकूय बी कळोवपाक सांगलें. पूर्वतयारी सारकी जावं दी, आपणाक सगळ्यांचें पूर्ण सहकार्य आसतलें म्हूण ताका आस्वासन दिलें.

त्याच दिसा सांजचो हेमंत फादराक मेळपाक गेलो आनी अनिल गुप्तेन सांगिल्ली खबर ताका सांगली. फादर ती आयकून खोशी जालो. ताणें म्हणलें, 'देव कोणाक सोडून दिना. तो भरवंसो दिता. आतां जुळून येवपी संबंद अखेर मेरेन उरचो म्हळ्ळे दूरदृश्टीन, मंजुळा हो प्रस्ताव परिस्थितीच्या दबावाक लागून स्विकारना तर भुरग्याच्या बऱ्या फुडारा खातीर स्विकारता हाची खात्री करून घे.' अशें सांगून फादरान ताका मंजुळा कडेन उलोवपाक धाडून दिलो आनी तो वतना गुप्तेकाका येवपाचो आसा ती खबरय ताका कळय म्हणलें.

सांजचो दिवो लावच्या वेळार हेमंत मेळपाक आयिल्लो पळोवन मंजुळाक दुबाव आयलो. ताका उमळशिकूय बी लागली. ताणें मंजुळाक भायर व्हराड्यांत आपोवन घेतलें आनी कदेलाचेर बसोवन उलोवंक लागलीं.

'फादराची मान्यताय घेवन एका म्हत्वाच्या विशयाचेर उलोवपाक आयलां.' हेमंतान नीट आपणालो हेतू स्पश्ट केलो. 'आमगेली सोयरीक तुका मान्य आसल्यार रोखडेंच लग्न थारावपा विशीं उलोवणीं करपाक अनिल

आपणाल्या आवयबापायक घेवन येता त्या आयतारा हांगा येतलो. हो विशय तुका आनी फादराक कळय म्हूण ताणें म्हाका फोन करून सांगलें.' हेमंत जें उलयतालो तें मंजुळा आयकत रावलें.

'तूं समाजांतल्यान बहिश्कृत जाल्ली एक पतिता, अनाथाश्रमांत येवन पडिल्ली एक निराधार अस्तुरी अशें म्हणून तुजेर दया दाखोवपा खातीर हांव ह्या लग्नाक तयार जालां अशें समजूं नाका. ते प्रमाण म्हगेल्या ह्या शरिराच्या अपंगत्वाक लागून म्हाका कोण चली दिवपाक मुखार येनात अशें म्हणून तुवें म्हजेर दया दाखोवची अशेंय बी ना. एकामेकाचेर पुराय विस्वास दवरून, कसल्योच अटीतटी नासतना समानतायेचे भावनेन तूं आमचो संबंद स्विकारता जाल्यार आमी मुखार सरया. तुका ना म्हणपाचें आसा जाल्यार आजून वेळ आसा.' अशें म्हणून हेमंतान आपणालें म्हणणें सांगून सोंपयलें.

ताका कितें जाप दिवची तें मंजुळाक कळना जाली. ताका उलोवपाक शब्द सुचनाशिल्ले. तें ताका पळयत बसलें, मोनें जाल्लेवरी.

ताची ती स्थिती पळोवन हेमंतान म्हणलें, 'हांव हांगा तुजे लागीं मेकळेपणान उलोवपा खातीर आयलां. तुज्या मनांतली भावना समजून घेवपाक आयलां. तुजो निर्णय आजून थारूंक ना जाल्यार आनीक जाय तितलो वेळ घेवया. म्हाका ताकतीक ना. लग्ना उपरांत निमाण्या स्वासा मेरेन आमचे संबंद पवित्र उरपाक जाय. असहाय परिस्थितीचो दुरूपेग केलो असो आक्षेप येवपाक जायना. विचार कर. आतां रात जाल्या. हांव येतां.' अशें म्हणून तो उठलो. 'तुगेलो निर्णय तुवें म्हाका कळोवपाक जाय अशें ना. फादर, माधुरीताई, अनिल गुप्ते हांचे मदल्या कोणाकूय कळयल्यार जाता. तीं थंयच्यान येवपाक भायर सरचे पयलीं कळय. तुवें ना म्हणलें म्हूण आमी तुका सोडून दिवचीं नात हें लक्षांत दवर.'

तो वचपाक उठपाचो जाल्लो पळोवन मंजुळान उलोवपाक सुरवात केली. 'जिवितांत इतलो सगळो वायट अणभव आयलो, वायटा वांगडा बऱ्या मनशांचोय अणभव घेतलो आनी तातूंतल्यान थोडी सद्‌बुद्‌दी आयल्या म्हाका.

बरें वायट कळपाक लागलां. म्हजें भुरगेपण खूब गरिबींत गेलें. योग्य पिराय जावचे आदींच म्हजें शील भ्रश्ट जालें. मनाक बळिश्ट धक्को बसलो. आतां तें घडून गेल्लें सगळें विसरून उरिल्लें आयुश्य सुखा समाधानान जगपाचे आशेन आधार सोदतां हांव. तो आधार म्हाका एकल्याक न्ही तर म्हगेल्या भुरग्याकूय बी तूं दिवपाक आसा जाल्यार म्हजी दुसरी आनीक कसलीच अपेक्षा ना. होच म्हजो निर्णय.'

'मंजुळा, हांवें तुका जो लग्नाचो प्रस्ताव दिला तो तुज्या भुरग्याचो विचार करूनच दिला. ताका वाडोवचें, शिकोवचें, व्हड करचें हें हांव म्हजें कर्तव्य मानतां. कायद्याच्या कागदपत्रांचेर ताचो बापूय म्हूण हांव म्हजें नांव लायतां. तूं कसलीच चिंता करपाची गरज ना.' खूब वेळ जाल्लो पळोवन तो उठून गेटी वटेन चलपाक लागलो.

'तुगेलीं घरचीं ह्या बेळशेल्ल्या संबंदांक मानून घेतलीं म्हूण जाणां तूं?' ताणें दुबाव उलोवन दाखयलो.

'तूं जाणां मंजुळा, असल्या विशयांत हजार विघ्नां येतात. आमी दृढ निर्धार केलो जाल्यार कोण कांयच करपाक शकना. तेन्ना तूं तुजो निर्धार पक्को कर. म्हजो निर्धार जाला.' ताचो हात हातांत घेवन ताणें म्हणलें, 'मंजू...विस्वास दवर, बरे दीस पयस नात.' अशें म्हणून एक ऑटो रिक्षा थांबोवन मंजुळाक हात दाखोवन तो गेलो.

मंजुळा त्या आस्वासक स्पर्शान आनी उतरांनी तृप्त जालें. सुखावलें. ते खोशयेच्या भारार ताणें निर्णय पक्को केलो.

हेमंत वचनाफुडें मंजुळा आश्रमा वटेन वचनासतना फादर फिलीपाल्या बंगल्या वटेन गेलें. ताच्या बंगल्यार कोणेय केन्नाय गेल्यार तो त्या मनशाक मेळटालो. ताका इल्लोय अहंकार नाशिल्लो. मंजुळा पावलें तेन्ना तो भायल्या व्हराड्यांत पुस्तक वाचत बशिल्लो. मंजुळान भोवमानान ताका नमस्कार म्हणून अभिवादन केलें. ताणें ताका बस म्हणलें. तें बसलें ना. तशेंच फादरा मुखार उबें रावन देवा मुखार प्रार्थना केल्लेवरी आपणें आनी

हेमंतान घेतिल्ल्या निर्णया विशीं खबर सांगली.

फादरान म्हणलें, 'तूं भियेवं नाका. काळजी हुस्को सोड. सगळें सारकें वेवस्थीत जातलें. सगळी देवाक काळजी. तो राखतलो तुमकां.' अश्या उतरांनी धीर दिवन फादरान ताका निरोप दिलो.

ऑटो रिक्षा धांवताली त्याच वेगान हेमंताले विचार धांवताले. मोगांत पडून जाल्लें लग्न तांच्या कुटुंबांत तशें पळयल्यार नवी गजाल न्ही. पन्नास वर्सां आर्दी ताच्या आज्यान पुण्यांत राविल्लो तेन्ना घरच्या म्हालगड्यांच्या मना विरूद्ध मोगांत पडून लग्न केल्लें. पूण हेमंताली गजाल थोडी वेगळी आशिल्ली, मंजुळा ब्राह्मण कुटुंबांतले आसलें तरी ताका आंकवारपणांत परपुरूष संबंदांतल्यान शीलभ्रश्टपणाचो दाग लागिल्लो. त्या कारणान तें ख्रिश्चन पाद्रीच्या आश्रमांत येवन पडिल्लें. ते भायर एका भुरग्याची आवय जाल्लें. त्या भुरग्याक कारखानीस कुटुंब स्विकारीत व्हय हो प्रस्न आशिल्लो.

आपणालें कुटुंब ह्यो गजाली स्विकारचीं नात हे विशीं हेमंताक पूर्ण कल्पना आशिल्ली कारण तीं मनशां तशीं विशाल मनाचीं नाशिल्लीं हें तो जाणां आशिल्लो. तें चली उणे पिरायेचें आनी अशिक्षीत न्ही. बारावी मेरेन शिकिल्लें. शरीर संबंधा विशीं ताका जाण नाशिल्ली अशें निर्विवादपणान म्हणपाक जावचें ना असो मुद्दो फुडें करून तीं वाद घालतलीं हाची हेमंताक कल्पना आशिल्ली. ते खातीर ताका मनांतल्या मनांत भंय दिसतालोच.

ट्रॅफिकांतल्या आडखळींवरी ताच्या विचारचक्राक आडखळी येताल्यो. नो एंट्रींतल्यान गाडी घुसयल्लेवरी ताका अपराधी थारायताल्यो. म्हालगड्यांनी सांगिल्लें आयकना जाल्यार घरांतल्यान भायर घालतले आदी विचार ताका भिवयताले. अचकीत ताणें ऑटो रिक्षा माधुरील्या घरा वटेन व्हरपाक सांगलें.

इतले रातीं हेमंत आयिल्लो पळोवन अजाप जालें तरी माधुरीन ताका हांसून येवकार दिलो. ताका फॅना सकयल बसयलो आनी थंड सरबत हाडून दिलें. सरबत पिले उपरांत ताणें आपूण फादर फिलीपाक आनी मंजुळाक मेळून आयिल्ल्या विशीं माधुरीक पुराय गजाल सांगली.

‘तुवें योग्य तेंच केलें.’ अशें म्हणून माधुरीन ताचें कवतूक केलें. मंजुळा सामकार बसून स्पश्टपणान ताचेय विचार समजून घेतले म्हूण हेमंताची प्रशंसा केली.

‘ताई, तूं म्हजी तोखणाय करता खरी पूण म्हजीं घरचीं म्हज्या निर्णयाक खात्रेन विरोध करतलीं.’ ताणें मनांतलो दुबाव उलोवन दाखयलो.

आतां माधुरीक तो इतले खातीर कित्याक आयला तें कळ्ळें. वेगान धांवपी गाडयेक ब्रेक लायिल्लेवरी हेमंताल्या विचारांक ब्रेक लागिल्लो ताका कळ्ळो. ताच्या कुटुंबांतल्या मनशांचो सभाव तें जाणां आशिल्लें. हेमंताक हाचे मुखार कसल्यो कसल्यो अडचणी येतल्यो ते विशीं चर्चा करून ताणें ताका मानसीक धीर दिलो आनी ताचो निर्धार बळिश्ट करपाचो यत्न केलो.

‘तुगेल्या कारखानीस कुटुंबांततले म्हालगडे स्वताक व्हडले बुदवंत म्हण समजतात. पूण इतलीं वर्सां तुगेली सोयरीक जमोवपाक तांकां जमलें ना. तांणी ते खातीर कितेंय यत्न केल्लेय बी दिसनात. आतां तुका येवजलां तशें वाद, चर्चा अशें सगळें जातलें. तुजेर दबाव येतलो पूण तुवें फाटीं सरपाचें ना. कोणाक भियेवपाचें ना. भित्र्यांक भिवयतले खूब आसतात. संघर्श करपाक जाय. ते बगर जैत मेळना.’

हेमंताक माधुरी सांगतालें तें पट्टालें पूण कुटुंबांत तो एकोडो पडिल्लो.

माधुरीन ताका सांगलें, ‘योग्य पिराय जाता तेन्ना भुरग्याचें लग्न करून दिवप ही म्हालगड्यांली जबाबदारी. तांकां तें करपाक जमना जाल्यार भुरग्यांक आपणाले पसंतीन जोडीदार सोदपाची मेकळीक वा हक्काचो पर्याय तांकां मेळपाक जाय. तूं हांगा जेवन वच. जेवण तयार आसा. वाडटां हांव तुका.’ अशें म्हणून माधुरी भितर गेलें.

कितल्याश्याच दिसांनी तो माधुरीगेर आयिल्लो. तागेलें लग्न जाय मेरेन तें हेमंताली शेजारी आशिल्लें. आतां तें पयस रावतालें. तीं भायर मेळटालीं जाल्ल्यान घरा कडेन येवपाचो प्रसंग चुकून केन्नाय येतालो.

ताणें मायेमोगान वाडिल्लें जेवन तृप्त जावन हेमंत आपणाल्या घरा

वचपाक भायर सरलो.

ताका पावोवपाक माधुरी भायर गेलें. रिक्षाची वाट पळयत राविल्लें तेन्ना ताणें हेमंताक साधकबाधक गजाली सांगून खूब उपदेश केलो. रिक्षांत बसतना ताका म्हणलें, 'हेमंत, हांव जे मेरेन तुका फाटबळ दिवपाक आसां ते मेरेन तुवें भिवपाचें कांयच कारण ना.' अशें म्हणून माधुरीन ताका बाय बाय केलें.

– 8 –

समाजकार्य करता आसतना दुर्बळ मनाच्या मनशांक खूब बरें समजावचें पडटा. परिस्थिती पळोवन केन्ना केन्नाय जबरदस्तीय बी करची पडटा. एकेक फावट समाजाच्यो चाली रिती विसरिल्ल्यांक वा वाट चुकून अनैतीक वाटेर पाविल्ल्यांक भंय दाखोवन नीट मार्गार हाडचे पडटात.

मंजुळाक समजावपाक अशे तरेचे उपाय करचे पडले नात. ताका फकत समजावन सांगचें पडलें. कारण रांदनी वयले कायलींतल्यान भगभगीत उज्यांत पडत म्हूण तें भियेल्लें. हून दुदान जीब भाजली आनी ताक लेगीत फूक मारून पिवचें तशे तरेन तें सावध पावल घालतालें.

आश्रमांतल्या वास्तव्यान तें बुद्दीन आनी विचारान प्रगल्भ जाल्लें. मनशांक शिकिल्लें. आपले कोण परके कोण तें ताका कळपाक लागिल्लें. एक ना एक दीस आश्रम सोडून आपणाक वच्चेंच पडटलें ही चिंता ताका सतायताली. एक अस्तुरी आशिल्ल्यान चारित्र्याक दाग लागिल्लो आसतना स्वतंत्र जीण कशी सारप आनी तिवूय बी एका भुरग्याक सांबाळीत, कितलें कठीण हाची ताका कल्पना आशिल्ली. रात दीस चिं तून चिंतून निमाणें ताणें हेमंता कडेन लग्न जावपाचो निर्णय घेतिल्लो.

एक फावट लग्नाचो निर्णय जाले उपरांत हेर कामां सडसडीत जावंक लागतात. फादराक सांगून ताचे मान्यतायेन माधुरी मंजुळाक फोटो स्टुडिओंत घेवन गेलें. ताचे केंस वळोवन, फुलां माळून बी फोटो काडून घेतलो.

ताका बाजारांत घेवन गेलें आनी दोन तीन साडयो आनी दोन पंजाबी ड्रेस घेवन दिले. लेडीज ट्रेलरा कडेन व्हरून ब्लावज शिंवपाक दिले. लंच टायम जालो तेन्ना बँकेंत वचून हेमंताक वांगडा घेतलो आनी कर्वे रोडा वयल्या हॉटेलांत वचून जेवलीं. कितल्याश्याच वर्सांनी मंजुळाल्या वांट्याक हो आनंद आयिल्लो. ताच्या अंतर्मनांत संघर्श चालू आशिल्लो तरी ताच्या मुखामळार समाधान दिसतालें.

मंजुळा वॉश बेसिना कडेन गेलें तेन्ना हेमंतान माधुरीक विचारलें, 'मंजुळा खातीर तुवें कपडे बी घेतले पूण ताच्या भुरग्या खातीर कितेंय कपडे बी घेतले मूं?'

'आरे! कशें विसरलें हांव ताच्या सानुल्या भुरग्याक? बरें केलें हां तुवें याद करून. आतांच घेतां हां हांव ताचे खातीर थोडे कपडे.' अशें म्हणून तें आंवपाक उठून गेलें.

जेवन बी हेमंत बँकेंत गेलो. माधुरी मंजुळाक घेवन मार्केटांत कपडे घेवपाक गेलें. साडी घेतना मंजुळान उमेद दाखोवंक नाशिल्ली पूण भुरग्याक कपडे घेतना ताणें इतली खोस दाखयली की प्रयत्नान परिस्थिती बदलपाक जाता म्हणटात ताची माधुरीक खात्री जाल्ली.

मंजुळाक परतून आश्रमांत पावोवन माधुरी घरा गेलें. दीसभर फिरून तें सामकें थकिल्लें. पूण हातांत घेतिल्लें काम तडीक पावता ह्या समाधानान तें खोशी जाल्लें.

दुसऱ्या दिसा हेमंत कामाक गेले उपरांत मंजुळालो फोटो घेवन माधुरी तागेल्या घरा गेलें. ताचे पयलीं हेमंताले सोयरिके विशीं तें ताच्या आवयबापाय कडेन उलयिल्लें. अशें आशिल्ल्यान त्या संबंदान उलोवपाक ताका कसलीच भीड वा आडखळ नाशिल्ली. ते भायर ल्हानपणांतल्यान तें तागेल्या शेजराक ल्हानाचें व्हड जाल्ल्यान ह्या विशयाचेर उलोवपाक तें भिनाशिल्लें.

फोटो पळोवन कारखानीस कुटुंबाक चली पसंत पडली पूण तीं जल्म पत्रिका जाय म्हणपाक लागलीं. चली कोणाली, ताचें घर खंय आदी म्हायती

तांणी विचारली.

ह्या प्रस्नाक जाप दिवचीच पडली तरी माधुरी गडबडलें ना. सवकास एकेक मुद्दो सांगतालें पूण मंजुळाचे बरे बरे गूणच चड सांगतालें.

हेमंताल्या आवयबापायक मंजुळाल्या वांट्याक आयिल्ल्या दुख्खा विशीं सगळी म्हायती आशिल्ली. अनिल गुप्तेन ताका मुंबयच्यान हाडिल्लें, अनाथाश्रमांत दवरिल्लें, ताका भुरगें जाल्लें ह्या सगळ्या घडणुकां विशीं घरांत उलयतना हेमंता कडच्यान ताका कळिल्लें. तेन्ना तांकां ताची काकुळट दिशिल्ली. पूण मरमळाच्या फुलांत कीड आसल्यार तें कोण देवा माथ्यार घालता व्हय? मंजुळाक सून म्हणून घरांत हाडपाक तीं बिलकूल तयार नाशिल्लीं. 'चली गरीब जाल्यार जाता. कुरूप आसल्यारय पर्वा ना. ती सुशील आसपाक जाय. असली शीलभ्रश्ट नाका.' अशें तांचें म्हणणें आशिल्लें.

तरीय बी माधुरी तांचें मन वळोवपाचें यत्न करीत रावलें. ताणें म्हणलें, 'काकू, तें शीलभ्रश्ट जालें हो ताचो गुन्यांव न्हीं. आपखोशयेन ताणें त्या मनशा कडच्यान शीलभ्रश्ट करून घेवंक ना. बलात्कार जाल्लो ताचेर. एक अपघात तो काकू, ताचे जिणेंतलो.'

'ही असली पाड घालपी समाजसेवा करतात तुमी. तेच खातीर समाजांत हीं कुकर्मां वाडल्यांत. पर्वा ना तुमकां कसलीच. धर्माचो अभिमान ना. रितीरिवाज लागनात तुमकां. शिक्षण चड जायत गेलें तसो समाज भ्रश्ट जावपूय चड जालें. आमचींच मनशां आमचो धर्म बुडोवपाक लागल्यांत.' हेमंताली आवय माधुरी कडेन तुच्छतायेन उलयली.

'असली सोयरीक गांठावची आसल्यार तुवें हेमंताच्या विशयांत पडपाचें सोडून दिल्यार बरें. ताचे सोयरिकेचें आमी पळोवन घेतात.' हेमंताच्या बापायन ताका कडक भाशेंत शिटकायलें. पूण हो विशय कितलो मुखार पाविल्लो तें तो नकळो आशिल्लो.

समाजांत बदलत्या काळांत घडून येवपी परिवर्तन समजून घेवन आपणाले विचार बदलपाक हेमंतालीं आवयबापूय तयार जालीं नात. आपणें सांगिल्लें

धाकल्यांनी आयकुपाक जाय असो तांचो हट्ट आशिल्लो. तांच्या जमान्यांत पन्नास वर्सांच्या विधुरा कडेन सतरा-अठरा वर्सांचे चलयेक लग्न करताले. पयशांनी श्रीमंत आसल्यार तो थोटो, भेड्डो आसल्यारय चलतालो. आजकाल हातापांयान घटमूट आशिल्ल्याक चली मेळना. हो विचार तांकां नाशिल्लो. घरांत बसून उरल्यार हेमंतालें लग्न जमतलें म्हळ्ळें तीं समजतालीं तें कसल्या आधाराचेर तें माधुरीक कळनाशिल्लें. शेवटाक तांकां हो संबंध मान्य ना हाची माधुरीक खात्री जाली.

कारखानीसाल्या घरांतल्यान भायर सरतना खरी परिस्थिती तांकां सांगूं काय नाका ह्या प्रस्नान तिचीं पावलां फाटीं-फुडें जातालीं. तरी तो विशय सोंपयल्यार बरो अशें चिंतून 'माफ करात म्हाका, तुमकां खरी परिस्थिती कितें आसा ते विशीं कांयच खबर ना. त्या विशयांत आतां कोणेच पडपाची गरज ना. कारण हेमंतान मंजुळा कडेन लग्न जावपाचें थारायलां. तो तांचो दोगांयचो निर्णय. तांचो संवसार बरो जावचो म्हण फकत तुमचो आशिर्वाद दियात.' इतलें सांगून माधुरी शेजराच आशिल्ल्या आपणाल्या कुळारा गेलें.

खूब दिसांनी कुळारा गेल्लें तरी तें चड वेळ थंय रावलें ना. कारखानीसाल्या घरांतल्या तापिल्ल्या वातावरणाची झळ शेजाऱ्याली शांतताय भंग करताली.

एस. टी. डी. बुथांत वचून माधुरीन हेमंताक फोन केलो आनी तागेल्या घरांत घडिल्ले पुराय भासाभाशेची खबर ताका सांगली. 'तूं आवयबापायलो विरोध सोंसून घे. कसलोच वाद घालूं नाका. शांत राव.' अशी ताका सुचोवणी दिली.

माधुरीन सांगिल्ली खबर आयकून हेमंत बेजार जाल्लो. तीं विरोध करतलीं म्हूण तो जाणां आशिल्लो. ते खातीर तो स्वता जावन लग्ना संबंदान तांचे कडेन उलोवपाक भितालो. माधुरी ताच्या घरच्यांक अनवळखी न्ही. हेमंताक तें भाव मानतालें. ह्या मानिल्ल्या नात्याच्या आधारान ताचे कडच्यान ताणें आवयबापायक ही गजाल कळयली.

'समस्या येता तेन्ना जगप सोंपलें आतां, आनीक उपाय ना अशें म्हणून

रडत बसप ना.' असो उपदेश मंजुळाक करपी ह्या दोगांक स्वताचेर आयिल्ल्या कठीण प्रसंगाक फुडो करतना तसोच मनस्ताप जालो. पूण केदेंय विघ्न आयलें तरी लग्न करपाचेंच अशें थारायिल्ल्या कारणान तीं भाव-भयण भिनाशिल्लीं. समस्येक तांणी चोख उपाय सोदून काडलो.

'जें जें कितें घडपाचें आसा तें घडूं! देवा विघ्नेश्वरा, कृपा कर. सदां राखण कर फुडारांतय म्हजी.' अशी प्रार्थना करीत हेमंत ऑफिसांतल्यान भायर सरलो आनी घरा वटेन वचपाक लागलो.

आवयबापूय तो येवपाची वाट पळयत आशिल्लीं. तो दारा भितर पावल दवरता थंय आसा तांणी आपल्या उतरांचो मारो सुरू केलो. तो कितें म्हणटा तें आयकून घेवचे पयलींच तांच्या तोंडाचो भातो सुरू जाल्लो, 'सगळी मानमर्यादा सोडल्या तुवें. कारखानीस घराण्याक कलंक लावपाक उठला तूं. असली चरित्रभ्रश्ट जाल्ली कलंकीत जावन एक पापाचें भुरगें पदराक आशिल्ली चली घरांत घेवचीं नात आमी.'

आपणाले समाजांतले प्रतिश्ठेक दाग लागतलो म्हूण तीं ताका विरोध करतालीं. पुताले समाजीक नदरेन उच्च विचारांक तीं तुच्छ मानतालीं. परंपरेचें अनवाळें न्हेसून सुधारणा करपाक जायना. ते सोडून घडी करून दवरचें पडटा म्हळ्ळें तांकां सुचनाशिल्लें.

हेमंताक ते राती न्हीद पडली ना. शस्त्रक्रिये पयलीं रोगी जे तरेन भियेल्लो आसता तशी ताची अवस्था जाल्ली. आवयबापायचे खोटे प्रतिश्ठेची ताका तिडक आयिल्ली. आर्दी जेन्ना मंजुळाची खबर आयकल्ली तेन्ना 'आरेरे, काकुळट बाबड्याची!' अशें म्हणटार्ली तींच मनशां आतां ताका पापी म्हणटात. घरांत घेवचीं नात म्हणटात. असल्या विचारांनी ताणें हांथरूणार तळमळत रात काडली.

घरांतर्ली रागान उलयलीं, आड्डलीं तरी ताणें कांयच म्हणलें ना. सगळें आयकून घेतलें. राग उक्तावन भावना व्यक्त केली ना. रजिस्टर्ड लग्न करपाचें आनी शक्य तितले बेगीन पुणेच्यान बदली घेवन खंय तरी पयस

वचून रावपाचें ताणें थारायलें.

दीस धांवताले आनी समस्या वाडटाल्यो. प्रत्येकजण आपापले परीन समस्या सोडोवपाचो यत्न करतालो. पयली थारायिल्ले प्रमाण आयतारा दनपारचीं जेवणा उपरांत फादर फिलीपाल्या बंगल्यार सगळीं जमलीं.

मुंबयच्यान अनिल गुप्ते आनी ताचीं आवयबापूय आयलीं. तीं येतना मंजुळाल्या आवयबापायक वांगडा घेवन आयलीं. माधुरी आनी हेमंत आयलीं आनी मंजुळाकूय आपोवन हाडलें. फादर फिलीपान बरो विचार करून अनाथाश्रमाचो कायदो सल्लागार रामेश्वर सावंत हाकाय बी मुद्दाम आपयलो.

फादर येवन कदेलार बसलो तेन्ना हॉलांत शांतताय पातळ्ळी. ताचेंय चित्त शांत आशिल्लें. ताचे फाटल्यान वण्टीर लायिल्ले रोमन आंकड्यांचे अश्टकोनी घडयाळीचेर दनपारचीं तीन वरां जाल्लीं. घडयाळीचो लोलक टक्......टक्.... टक्...टक्....आवाज करीत आशिल्लो. तोंडा सामकार वण्टीर आशिल्लो करूणेन भरिल्लो येशू ख्रिस्ताचो फोटो, जो सगळ्यांक आशिर्वाद दितालो. सगळ्यांनी उठून फादराक आदरान नमस्कार केलो.

सगळीं पूर्वतयारेन आयिल्ली आशिल्ल्यान फादराक उलोवपा खातीर प्रस्तावनेची गरज पडली ना. तरी पूण दोन जिवांचो संबंद कायम तिगून उरपाक जाय म्हणून समजावणेचीं दोन उतरां ताणें सांगलीं, 'पयल्यान पयलीं हो संबंद मंजुळान जावं हेमंतान आपखोशयेन स्विकारला म्हणपाचें सदांच लक्षांत दवरपाक जाय. दुसऱ्यान कोणें बळजबरी केल्या अशें न्ही. फुडारांतलो संवसार हो दोगांयचो. तांणी दोगांयनी तो सांबाळून चलोवप ही तांची जबाबदारी. ती तांणी समजून घेवन वांटून घेवची. तेच प्रमाण सूख-दुख्खांत दोगांयनी समान वांटेकार जावचें. हें मोगान जाल्लें लग्न न्ही. मोग शरीरसुखाचे ओडीन जल्माक येता. लग्नांतल्यान जिवीत सुखा समाधानान सारपा खातीर आदरयुक्त मोग जल्माक येता. तुमच्या लग्न संबंदा कडेन मंजुळाल्या लग्नपूर्व संबंदांतल्यान जल्माक आयिल्ल्या सान भुरग्यांचें भविश्य जोडिल्लें आसा. अशें आशिल्ल्यान हांगा जमिल्ल्या कोणाच्याय मनांत कितेंय दुबाव आसल्यार आतां हांगाच तो पयस करून घेयात. ते नदरेन विचार करून

कायद्या संबंदान प्रस्न आसल्यार ते विशीं जाणून घेवपाक वकील रामेश्वर सावंत हांकां हांवें हांगा आपयल्यात.'

'त्या भुरग्याक हांव कायद्यान दत्तक घेतां. तो हेमंत कारखानीसालो पूत म्हण व्हड जातलो.' हेमंतान जमिल्ल्या सगळ्यांक साक्षी दवरून सांगलें.

'जल्म, मरण आनी तांचे मदलें घुसपागोंदळाचें जिवीत कोणाल्या नशिबांत कशे तरेचें उरत हें कोणाच्यान सांगपाक जायना. ताचे फाटलें गुपीत त्या परमात्म्याकूच खबर. हेमंतान व्हड मनान त्या भुरग्याची जबाबदारी घेतिल्ली पळोवन आनंद जालो.' अनिल गुप्तेल्या बापायन म्हणलें.

'मंजुळाल्या आवयबापायन येवन बरें केलें. हेमंतालीं आवयबापूय आयिल्लीं जाल्यार बरें जातलें आशिल्लें.' वकिलान म्हणलें. तीं कित्याक आयलीं नात तें तांकां समजून घेवपाक जाय आशिल्लें.

'सगळें आमगेल्या मना सारकें जाल्लें जाल्यार हें जग अशें उरचें नाशिल्लें. तीं आजून हो संबंद स्विकारपाक तयार नात. आमी निराश जावंक नात. आमचे प्रयत्न चालू आसात. पूण त्या एका कारणा खातीर शुभकार्य मुखार धुकलप नाका.' माधुरी हेमंता वतीन उलयली.

'इतले दीस ते चलयेची जबाबदारी घेवचे कडेन आमी खूब चुकलीं. आमी जबाबदारी टाळ्ळी. ते खातीर आमचे चलयेक खूब त्रास सोंसचे पडले. तिगेलें हाचे मुखा वयलें जिवीत सुखाचें जावपा खातीर देवा लागीं मागणें करून आमी शुभ म्हुर्तार कन्यादान करून दितात.' मंजुळालो बापूय भावूक जावन उलयतना ताचे दोळे भरून आयले.

'लग्न रजिस्टर्ड करया कारण समाजांत हो चर्चेचो विशय जावपाक नाका.' हेमंतान म्हणलें.

'समाजाक भिवपाची गरज ना. आज ना फाल्यां तांकां हो विशय कळटलोच. चार दीस लोक उलयतले, मागीर विसरतले.' वकिलान म्हणलें.

'तुमी म्हणटात तें सारकें. लग्न आमगेल्या शास्त्रा प्रमाण केलें तरी रजिस्टर्ड जावप गरजेचें.' गुप्ते काकान म्हणलें.

'तें जाता तितले बेगीन जावपाक जाय. हें काम आमी वकील सावंता

कडेन दिवया. तें केले बगर ही समस्या सुटची ना.' फादर फिलीपान म्हणलें. ताचो विचार सगळ्यांनी मानून घेतलो.

तितले भितर हेमंत आनी माधुरीन चर्चा करून एक निर्णय घेतलो. रजिस्ट्रेशन जायना फुडें सगळ्या इश्ट-परिवाराक आमंत्रण दिवन ल्हानशें रिसेप्शन करप, परतून आनी शास्त्रोक्त लग्नकार्य करप ना. ताचें कारण कसलेय विधी करपाचें थारायलें तरी हेमंताचीं घरचीं जाणटीं मनशां कोणूच येवचीं नात हाची तांकां खात्री आशिल्ली. माधुरीन सगळ्यांक ताची कल्पना दिली.

इतल्यान माधुरीन हाडिल्ले पेडे-बर्फीची मिठाय सगळ्यांक वांटली. कर्वे रोडा वयल्या हॉटेलांतलो वेटर च्या-कॉफी आनी सँडविचाची दिल्ली ऑर्डर घेवन थंय पावलो. सगल्यांनी उमेदीन, खोशयेन कार्यावळीचो आनंद घेतलो.

येवजिल्ले प्रमाण सगळें जालें आनी आयिल्लीं सगळीं वचपाक भायर सरलीं. हेमंत आनी मंजुळान म्हालगड्यांक नमस्कार केलो. गुप्ते काकाक नमस्कार करता आसतना मंजुळाले दोळे भरून आयले. ताच्या मनांत जी पापभावना आशिल्ली ती पयस करून नवी जीण जगपाची संद मेळोवन दिवपी गुप्ते काकाचे उपकार तीं दुकां व्यक्त करतालीं.

अनिल गुप्तेन आपणाली खोस व्यक्त करीत हेमंताक वेंगेंत घेतलो आनी एक याद जावन ताणें ताका सांगलें, 'मंजुळाक अनाथाश्रमांत भितर वचपाची वाट तुवें दाखयली आनी आतां भायर येवपाची वाटय तुवेंच दाखयली.'

'हें प्रकरण अशें टर्न घेत म्हूण म्हाका खंय खबर?' अशें म्हणून हेमंत हांसलो.

मु ंबयच्यान आयिल्लीं त्याच दिसा परत गेलीं. हेमंत आनी माधुरी आपापणाल्या घरा गेलीं.

– 9 –

नवो संबंद जोडटना पोरणो संबंद तोडचो पडटलो हो विचार हेमंतान

करुंनाशल्लो. ज्या दिसा ताच्या आवयबापयन 'मंजुळाक ह्या घरांत घेवचीं नात' म्हणिल्लें त्याच दिसा हेमंतान लग्ना उपरांत सुखाचें सपन पळयत नवो संवसार मांडटना पयस खंय तरी बिराड करून रावपाचो विचार केल्लो.

आमचो मोग, विस्वास पळोवन तांकां एक ना एक दीस आमचो उगडास जातलोच. तांच्या काळजांत मायेचो पाझर फुट्टलोच. तेन्ना ती आमकां लागीं करतलीं हे आशेन 'देवा, म्हज्या निर्धाराक बळ दी!' अशें ताणें मागणें केल्लें.

धिटाय पळोवन दैव साथ दिता म्हणटात. हेमंताक ताचो प्रत्यय आयलो. ताच्या ब्रँच मॅनेजराक तो त्रासांत आसा ही गजाल खबर आशिल्ली. तरी पूण तागेल्या खाजगी विशयांत पडप नाका अशें म्हणून जाणा आसुनूय बी कांयच खबर नाशिल्लेवरी दाखयतालो, लग्न थारलां म्हण कळनाफुडें ताणें हेमंताक कॅबिनांत आपोवन व्हेलो. ताका शुभेच्छा दिली आनी कसलोय आदार-मदत जाय जाल्यार सांग म्हणलें.

'हेर सगळें मना सारकें जुळून आयलां. फकत घरांतले ग्रह आड येतात. लग्ना उपरांत आमी दुसरे कडेन बिराड करून रावपाचें थारायलां. ते खातीर म्हाका खंयूय दुसऱ्या गांवांत बदली जाल्यार बरें जातलें आशिल्लें.' ताणें म्हणलें.

बँकेच्या मॅनेजरान नेमा प्रमाण ताचे कडल्यान थंयच एक अर्ज बरोवन घेतलो आनी आपूण जाता तितली मदत करतां म्हूण ताका उतर दिलें. कर्वे रोडा वयले ब्रँचीचो मॅनेजर एकनाथ कामत हो गोड उलोवन फटकिरीं आस्वासनां दिवन दुसऱ्याक हुमकळत दवरपी मनीस न्ही आशिल्लो. तो अणभवी आनी कर्तृत्वी मनीस आशिल्लो. ताचे उंच पदा वयल्या अधिकाऱ्यां कडेन बरे संबंद आशिल्ले.

पर्सोनेल डिपार्टमेंटांत फोन करून तो योग्य मनशा कडेन उलयलो. हेमंताली अडचण कितें आशिल्ली ती ताका सांगली. ताका ट्रान्सफर कित्याक जाय आशिल्ली ताचें कारण सांगलें. पुणे सोडून आशीकुशीच्या खंयच्याय गांवांत वचपाक तो तयार आसा आनी गरज पडल्यार त्या संबंदान आपूण मॅनेजिंग

डायरेक्टराक पत्र बरोवन विनवणी करीन अशेंय बी ताणें म्हणलें.

एकनाथ कामत रिटायरमेंटाक आयिल्लो. ताची वयर मेरेन वळख आनी शब्दाक मान आसा म्हळ्ळी गजाल स्टाफ सेक्शनांत काम करपी सगळो स्टाफ जाणां आशिल्लो. अशें आशिल्ल्यान ताणें आनीक वेळ केलो ना. बेळगांवच्यान हेमंताले ग्रेडीर काम करतल्या एकल्याक पुण्या येवपाचें आशिल्लें. ताणें केल्लो अर्ज तसोच मेजार पडून आशिल्लो. हेमंत बेळगांव येवपाक तयार आसल्यार हाका पुण्यात धाडपाक आमी लेटर धाडटात अशें दुसऱ्या दिसा स्टाफ सेक्शनांतल्या अधिकाऱ्यान एकनाथ कामतीक कळयलें. बदली घेवन बेळगांव वचपाक हेमंत तयार जालो. एका दिसा भितर हें काम जातलें अशें ताका दिसनाशिल्लें. मॅनेजराचे उपकार मानून तो कॅबिनांतल्यान भायर सरलो.

त्याच सप्तकांत लग्नाचें रजिस्ट्रेशन जालें. हेमंता वटेंतल्यान माधुरी आनी तिचो घोव आनी मंजुळा वटेंतल्यान अनिल गुप्ते आनी सदाशिव जोशी रजिस्ट्रेशन ऑफिसांत हाजीर रावले. वकील रामेश्वर सावंत आशिल्ल्यान सगळें काम सोपें जालें.

हेमंताच्या लग्नाची खबर आनी ताची बेळगांवां बदली जाल्ल्याची खबर सगळ्याक कळ्ळी. ताणें स्वता जावन सांगली ना तरी ताच्या घरच्यांकूय बी कळ्ळी. कर्वे रोड ब्रँच मॅनेजरान ताका रिलीव ऑर्डरय बी दिली.

इतले दीस हेमंताली गाडी वयर वयरच चडटाली. आतां ती देंवतेर धांवूक लागली. ताणें सडसडीत कामां आवरूपाक सुरवात केली. हॉटेलांत एक रुम बूक केलो. मंजुळाक आनी ताच्या भुरग्याक आश्रमांतल्यान हॉटेलांत हाडलीं. तांकां हॉटेलांत हाडचे पयलीं आश्रमांतल्या सगळ्यांक डिनर पार्टी दिली. आश्रमांतल्यान भायर सरतना दोगांयनी फादराक नमस्कार करून ताचे आशिर्वाद घेतले. 'एकामेकांचे विचार समजून घेवन संवसार करात. देवाचेर विस्वास दवरात. तुमचो फुडार बरोच जातलो.' फादरान हांसत्या मुखान तांकां निरोप दिलो. जल्माक आयिल्लें ती चाळ सोडटना मंजुळाक जितलें दुख्ख जावंक नाशिल्लें तितलें दु' ख आज आश्रम सोडून वतना जालें. ताचें

ारण जिणेतलें सूख-दुख्ख कशें वांटून घेवप तें आश्रमांत पावले उपरांत ाका शिकपाक मेळिल्लें.

माधुरी आनी तिगेलो घोव डिनर पार्टेक आयिल्लीं. तांणीच नव्या ोडप्याक हॉटेलार पावयलीं. दुसऱ्या दिसा हेमंतान आपणाल्या आप्त-इश्टांक ंगल कार्यालयांत रिसेप्शन दवरिल्लें. मुंबयच्यान गुप्ते परिवार, मंजुळालीं रचीं येवपाचीं आशिल्लीं. मदतीक आमी येतात अशें सांगून माधुरी गेलें.

मुंबयच्यान येवपाचीं आशिल्लीं आप्त-इश्टां दनपरां पावलीं. रिसेप्शन ांजवेळा आशिल्लें. हॉटेलांत बूक केल्ल्या रुमांत तीं रावलीं. मंजुळाक ाची इश्टीण रजनीक केन्ना काय मेळटा अशें जाल्लें. रजनीकूय तशीच मळशीक लागिल्ली. येवचें येवन तें मंजुळाक मेळपाक धांवलें. सुमार एका र्सान तीं मेळिल्लीं. मंजुळाच्या आंगलोटांत जाल्लो बदल पळोवन रजनीचो आपल्या दोळ्यांचेर विस्वासूच बसलो ना. मंजुळान ताका वेंग मारली. ताचे दोळे दुकांनी भरले. दोगांय थोडो वेळ आत्मियतेन उलयलीं.

'जाणां रजन, हांव जिणेंत खूब निर्शेवन गेल्लें. सगळीं म्हाका पापी म्हणटालीं. बोरीवलींत थंय बंद कुडींत सतत मनाक लागपी उतरां आयकून म्हाका जगप नाका शें दिसतालें. खंय तरी वचून जीव दिवचो अशें दिसतालें. ूण मन धजलें ना. तितल्यान तुजी याद जाली. तूं धांवून आयलें आनी नागीर तुजीं घरचीं धांवून आयलीं. म्हाका हांगा पुण्यांतूच अनाथाश्रमांत दवरिल्लें. थंय म्हाका धीर मेळ्ळो. म्हज्या मनांतलो भंय उणो जालो. म्हाका जिविताचो अर्थ समजलो. निराशेन करपून गेल्ली म्हजी उमेद नवी कोमरी येवन पालेवंक लागली. आज हांव खोशी आसां. ह्या सगल्यांचें श्रेय हांव तुका आनी तुज्या घरच्यांक दितां. तुमचे उपकार हांव केन्नाच विसरचें ना. खूब उपकार जाले तुमचे. सदांच हांव तुमच्या रिणांत उरतले.' मंजुळान परतून रजनीक वेंगेंत घेतलें.

रजनीक आपल्या आवयबापायचो आनी भावाचो अभिमान दिसलो. भावा कडच्यान ताणें हेमंताच्या सभावा विशीं आयकल्लें. तो अपंग म्हणपाचेंय ताका कळिल्लें. त्या दिसा प्रत्यक्ष ताच्या शरिराची स्थिती पळोवन तें

चुरचुरलें. ताका ताची काकुळट दिसली. तशेंच मंजुळाचेय ताका चुरचुरे दिसले.

तरणाटे पिरायेर दादलो आनी अस्तुरी हांकां एकामेकां विशीं आकर्शण निर्माण जाता तें रुपाच्या आदारान. त्या रुपाच्या आकर्शणांतल्यान मोगाची कीट पेट्टा. रुप दोळ्यांक दिसता. सभाव दोळ्यांक दिसना. संपर्कांत येतात तेन्ना तो कळटा.

मंजुळान परतून आनीक एक चूक केली अशें रजनीक दिसपाक लागलें. तेंवूय बी पिरायेन वाडिल्लें. कॉलेजींत पदवेच्या निमाण्या वर्सांत शिकतालें. किशोर पिराय सोंपून प्रौढ जाल्लें. कथा, कादंबऱ्यो वाचून, सिनेमा, नाटकां पळोवन भावी जिणेचें सपन पळयतालें. हेमंताक पळयलो तेन्ना मंजुळान परतून आनीक एक चूक केली अशें ताका दिसलें. ताणें मंजुळाक ते विशीं विचारलें, 'मंजुळा, तुवें ह्या पोलिओ जाल्ल्या मनशाक कसो पसंत केलो गो? आश्रमांतल्यान तुजेर जबरदस्ती बी जाली? तुका भिवयलें बी ना मुगो तांणी? हांव कित्याक विचारतां जाणां तूं? पळय, लग्ना उपरांत संभोग घेता आसतना दादलो बायल बळान फाटीं-फुडें समान आसपाक जाय. कोणाय एकट्याचें शरीर दुर्बळ वा अपंग आसत जाल्यार वा कोणा एकल्याक कसलोय रोग आसत जाल्यार संभोगाची तृप्ती मेळना. ती अतृप्तताय घोवा बायलेच्या संबंधाक कातर लावन घाय घालता.'

रजनीच्या उलोवण्यान मंजुळाचेर कसलोच परिणाम जालो ना. ताचें कारण सगळ्या वटांनी विचार करून ताणें हेमंता कडेन लग्न जावपाचें थारायल्लें. ताणें इश्टिणीक सांगलें, 'जाणां रजनी, जिवितांत कोणाकूच पूर्ण सूख मेळ्ळें अशें जाल्लें ना. एक मेळोवपाक सोदल्यार दुसरीं दोन विसरचीं पडटात. हें सत्य म्हाका सान पिरायेचेरूच कळ्ळें. तूं आजून स्वप्नलोकांतूच आसा. फाल्यां तुजेंय बी लग्न जातलें. फकत रुप पळोवन चलो पसंत करुंनाका. संभोग घेता आसतना आंतरीक भावनाय बी जुळून येवपाक जाय. नाजाल्यार फकत भोग म्हणल्यार रोग जाल्लेवरीच जावन पडटा. तूं म्हगेली जिवाभावाची सखी म्हणून सांगतां, हांगा आश्रमांत आयलें त्या पयल्या दिसा साकून

ांव हेमंताक पळयतां. एक दीस लेगीत ताणें मोग, प्रेम जावं तसले कितेंय ाटकी शब्द वापरले नात. हेर सगळ्यांनी ताका ताकतीक केली तरी स्वता ाणें विचार करपाक म्हाका जाय तितलो वेळ घे म्हणलें. आपूण कसलीच ाकतीक करून दबाव हाडचो ना म्हणलें. हांवें 'हां' म्हणलें तेन्ना तो मुखार रलो. म्हज्या भुरग्याक दत्तक घेतलो. चंद्रशेखर दाते सारको पिशाच्च न्हीं ो. खूब सहनशील आनी विचारी मनीस तो. आयच्या रिसेप्शनाचें आमंत्रण ाणें प्रभाकर दातेकूय बी धाडलां. म्हज्या पुताक आश्रमांतल्यान हॉटेलांत ाडटना चार दीस माधुरीन आपूण ताका पळयतां म्हणलें तरी नाका म्हणून तो ाका हांगा घेवन आयलो. म्हजे खातीर घरदार सोडलें. आनी कितें जाय? ो हॉलाचो खर्च, रिसेप्शन खर्च ताणेंच केला. म्हजे कडेन कितें आसा?'

'आदले ते दीस इतिहासांत जमा जाले तरी अणभव फुकट गेलो ना. सोड तें आतां. तुका तुमचे भावी जिणे खातीर शुभेच्छा! चल, आतां आमी मुखा वयले तयारेक लागया.' रजनीन म्हणलें.

मंजुळान आत्मविस्वासान अपमान जिरयलो. हेमंतान मनीसपणान मंजुळाचें मन जिखलें.

रिसेप्शनाक खूब उमेदीन, हांसून ताणें आयिल्ल्या अतिथींक येवकार दिल्लो पळोवन रजनीक त्या मनशा विशीं आदरभाव निर्माण जालो. अनिल गुप्तेन 'ही म्हगेली भयण' म्हणून हेमंताक ताची वळख करून दिली.

गुप्ते कुटुंबाच्या सांगाताक फोटो काडटना रजनी मंजुळाल्या सान बाळकाक घेवन हेमंताचे उजवे वटेन उबें रावलें. त्या दिसा चड वेळ त्या बाळकाक रजनीनूच सांबाळ्ळो. आपणें मदत करची म्हणून हो जीव हुस्क्या विणें जल्माक आयलो, बरें नशीब घेवन जल्माक आयलो म्हळ्ळें आत्मसमाधान ताका जाल्लें. खऱ्या समाधानाचे खीण जिणेंत मदीं-मदीं येत रावतात. ते दोळ्यांक दिसनात. त्या वेळार आमकां कळनात कारण तो खीण फुलपाक वेळ लागता. तितलो वेळ आमची सहनशक्त तिगून उरना. आमी घटके भितर निराश जातात.

माधुरीन आनी तिगेल्या घोवान रिसेप् शनाची वेवस्था एकदम चोख

केल्ली. खंयच कितेंय कमी पडपाक दिलें ना. आयिल्लीं सगळीं समाधानान खोशी जावन गेलीं. हॉल रितो जायत गेलो. मुंबयच्यान आयिल्लीं इश्ट, सोयरीं, लागींचीं नात्यांतलीं वचपाक भायर सरलीं.

मंजुळा कितलें खोशी आनी तृप्त जाल्लें तें ताचो चेरो सांगतालो.

अनिल गुप्तेन तांकां सांगलें, 'तुमीय खंयूय रावलीं तरी आमचे कडेन संपर्कात रावात.'

'आमगेर आतां लँडलायन फोन आयला. अर्दी-मर्दी फोन करात.' रजनीन मंजुळाक सांगलें आनी आपणालो नंबर दिलो.

तेन्ना हेमंतान म्हणलें, 'तुमगेर फोन आयला पूण आमगेर खंय फोन आसा?'

'ओह....भावोजी. एस. टी. डी. बुथार वचून करात न्ही.' पयलेच फावट कोणें तरी ताका भावोजी म्हणिल्लें आयकून सगळीं हांसलीं.

आवयबापूय, सदाशिव आनी सुलोचनान धुवेक आनी जांवयाक म्हणलें, 'बेळगांवां वच्चे पयलीं बोरीवली येवन वचात.'

सदाशिवान मंजुळाक मातशें कुशीक व्हेलें आनी म्हणलें, 'बाय गो, पयलींचें सगळें विसर. चूक म्हजी पूण ख्यास्त सगळी तुकाच भोगची पडली. चुकलों हांव. माफ कर म्हाका.' मन ल्हव करपाक तीच एक संद आशिल्ली. तो वेळ सादलो ना जाल्यार परतून ताका तशी संद मेळची नाशिल्ली. हें ताका कळिल्लें.

'हाचे मुखार सांबाळून राव गो बाय. संवसारांत संकटाक पूर्णविराम नासता. तुका केन्नाय आमची गरज पडल्यार कळय, फाटीं-फुडें जावंनाका.' सुलोचनान धुवेक म्हणलें.

गुप्तेकाका आनी काकीन नव्या जोडप्याक आशिर्वाद दिले, मंजुळाल्या हातांत आशिल्ल्या भुरग्याक माठाळ्ळें आनी हातान ताचे पोले सांसपून अपुरबाय केली. मागीर एक पयशांचें पाकीट मंजुळाल्या हातांत दिवन 'तुगेल्या बाबू खातीर' अशें म्हणून तिगांकय शुभेच्छा दिवन कुशीक सरलीं.

कार्यक्रम सोंपून हॉल सोडटना अहेराच्या रुपान आयिल्ल्यो वस्तू आनी

यशे अनाथाश्रमाक दान दी म्हण माधुरीक सांगलें आनी तें सामान माधुरीले डयेंत घालपाची वेवस्था केली.

माधुरील्या घोवाक ताच्या उदार गुणाचें खूब कवतूक दिसलें. ताणें गीर माधुरीक म्हणलें, 'ह्या मनशाक हांव सारको वळखूंक नाशिल्लो.' परांत हेमंत आनी मंजुळाक आपणाले गाडयेंत बसोवन दोगांयकूय हॉटेलांत वयलीं आनी मागीर घरा गेलीं.

आपणें इतलें व्हड जबाबदारेचें काम हातांत घेतलें आनी तें जैतिवंत ालें हाचें माधुरीक पूर्ण समाधान मेळ्ळें आनी रातची ताका हुसक्यामेकळी री न्हीद पडली.

मनशाचें जिवीत ही एक कादंबरीच. मुखा वयल्या पानार कितें आसा ं सांगपाक येना.

दुसऱ्या दिसा हेमंत आपणाल्या घरा गेलो. रिसेप्शनाचें आमंत्रण शेजाऱ्यांक दिवपाक गेल्लो तेन्ना तो घरा गेल्लो. आवयबापायकूय बी ताणें रिसेप्शनाक येवचें म्हूण विनवणी केल्ली. 'लग्ना उपरांत आमी पुण्यांक उरचीं नात. म्हजी बेळगांवां बदली जाल्या.' अशें सांगिल्ल्यान तीं रिसेप्शनाक येतलीं अशी ताका थोडीशी आस्त आशिल्ली पूण तीं इतलीं कठोर जातलीं अशें ताका दिसुंनाशिल्लें. अशें जाल्ल्यान तांचे गैरहाजिरेंत सगळीं कामां जावन गेलीं.

ताणें आवयक दिवपाक साडी आनी बापायक शर्ट पीस आनी पॅण्ट पीस घेतिल्ले. ती लग्नाची भेट दिवपाक तो गेल्लो. घरांत ताचे कडेन कोण उलयलीं नात. ताणें दिल्ल्यो भेटी घेतल्यो नात आनी नमस्कार करपाक गेलो तेन्ना फाटीं सरलीं.

हाचे परस व्हडलो अपमान तो कसलो! ताच्यान तो सोंसपाक जालो ना. त्यो वस्तू ताणें भितर वचून देवा पांयां कडेन दवरल्यो, देवाक नमस्कार केलो आनी ताणें मागलें, 'देवा, हांवें कसलीय चूक केल्या आसत जाल्यार म्हाका माफ कर!'

दुख्ख दुख्ख म्हणत तें वजें कायम माथ्यार घेवन रावलो जाल्यार सुखाचे दीस आमच्या वांट्याक येनात. पयलीं तो भार ल्हव करचो पडटा. हेमंतान

आज तेंच केल्लें. सगळ्यांच्या बंधनांतल्यान तो मेकळो जाल्लो. 'आज सांजचीं आमी पुणे सोडून वतात. तुमकां आनीक त्रास दिवपाक येनात.' अशें म्हणून तो भायर सरून गेलो.

आतां तो आपणाल्या फुडारांतल्या संवसाराचो विचार करपाक लागलो. हनिमुनाक ताणें गोंयां वचपाचें थारायल्लें. गोंयांत फमागुडयेर ताणें प्रवासी बंगलो बूक केल्लो. ताणें एका सप्तकाचो राबितो करपाचें थारायल्लें. पयल्या दिसा विसव घेवन उपरांत एकेक दीस एकेका थळार टॅक्सी करून भोंवपाची कार्यावळ आशिल्ली.

पुण्या साकून गो ंयां वचपी बस रातची आठांक सुट्टाली. माधुरी तांकां पावोवपाक बसस्टॅण्डार आयिल्लें. तागेलो घोवूय आयिल्लो. तिंवूय बी लग्ना उपरांत गोंयांच गेल्लीं. तीं आपणाल्या अणभवांतली म्हायती तांकां दितालीं. मर्दी-मर्दी हेमंत आनी मंजुळालीं फकाणांय करतालीं. तितले भितर तांच्या आनंदांत अनपेक्षीत अशी भर पडली. हेमंतालीं आवयबापूय तांकां मेळपाक स्वारगेट बसस्टॅण्डार आयलीं. सगळ्यांक अजाप आनी आनंद जालो. अशें घडत म्हूण कोणाक दिसुंनाशिल्लें.

बस सुटपाचो वेळ जाल्लो. तेच गडबडींत मांयन सुनेल्या हाताक कांकणां, पांटल्यो घाल्यो आनी गळ्याक मोतयाचो हार. मागीर कुकूम लावन, साडी कपडो घालून, फुलां फांती माळून होंट भरली. बापायन हेमंताक मुदी आनी सरपळी घाली. आशिर्वाद दिता आसतना भुरग्याल्या हातांत पयशांचें पाकीट दिलें. हनिमुना साकून आयले उपरांत पुण्या येवन वचात म्हण मायेमोगान सांगलें.

सगळ्यांच्या दोळ्यांतल्यान गोड भावनेचीं दुकां आयलीं.

ड्रायव्हरान बस सुरू केली. माधुरी आनी घोवान हेमंताक वयर चडून बसपाक आदार दिलो, हेमंतान तांचे भरिल्ल्या दोळ्यांनी उपकार मानले. ताच्यो भावना तांकां कळ्ळ्यो. तीं दोगांय देंवलीं आनी बस सुटली. बस दोळ्यां आड जाय मेरेन हांणी तांकां टाटा केलें.

◆◆◆

04.

सुधा आत्या

दत्तण्णाक जिवितांत ल्हानपणांत सावन आनी उपरांत घर संवसार सुरू जालो तेन्ना लेगीत सोपेपणीं कांयच मेळ्ळें ना. कश्ट काडचे पडले. शिक्षणा खातिरूय खूब जाणांची मदत घेवची पडली.

इंजिनियरींग डिप्लोमा घेतलो पूण गांवांत नोकरी मेळ्ळी ना. नोकरी सोदीत मुंबय गेलो. इतल्या व्हड शारांत तीन वर्सां धांवाधांव केली आनी नशिबान कोणा एका सज्जनाच्या वशिल्यान ताका नोकरी मेळ्ळी. ती पर्मननंट जावपाक आनीक दोन वर्सां गेलीं. सुरवातीक पगारय बी सारको नाशिल्लो. अशें जीवन जगत डोंबिवली उपनगरांत वन रूम किचन घर घेवन रावपाक ताका धा वर्सां लागलीं.

पयलीं काम ना म्हणून, काम मेळ्ळें तेन्ना बरो पगार ना म्हणून, रावपाक घर ना म्हणून एक ना एक कारणान सोयरीक जमनाशिल्ली. ताचे पिरायेचे लग्न जावन तांगेलीं भुरगीं बॅगां खांदाक लावन स्कुलाक वतालीं.

अशें तशें करून पस्तीस वर्सांचेर लग्न जालें आनी बऱ्या लक्षणाची चली मेळ्ळी. हांगा नशीब आड आयलें ना. अरूणा रुपान सुंदर, शिक्षण बी. ए. मेरेन. सभाव निगर्वी, चारचौगां मदीं मेळून वचपी आशिल्लें.

लग्न जावन वर्सभर दोगांले दीस बरे मजेन गेले. त्या उपरांत नवी कटकट सुरू जाली. अरूणा दर म्हयन्याक भश्टें जावप चुकलें ना. स्पेशालिस्ट दोतोरांक दाखयलें. तांचे वखदां-उपाय केले. पूण कोणालेच उपाय फळादीक

जाले नात. लग्नाक चार-पांच वर्सां जालीं पूण अरूणाचें भशटपण थांबलें ना.

असले परिस्थितींत फकत बायलेक दोश दिवप सारकें न्ही म्हूण दत्तण्णान स्वताच्योय तपासण्यो करून घेतल्यो. त्योवूय नॉर्मल आयल्यो. कोणा भितर कसलोच दोश नाशिल्लो. अशें आसुनूय अरूणाक गुरवारपण आयलें ना तें ना. इतलीं वर्सां मेडिकल तपासणी आनी वखदां-पाणयाक खर्चिल्ल्या पयशां भितर बारा बाळंटेर करूं येताले.

देवान संतती नियंत्रण केल्लें आसल्यार मनशाच्यान कांयच करपाक जायना. ही गजाल लक्षांत घेवन तांणी डॉक्टरां कडेन वचप बंद केल्लें. तरी आसतना आशा जितीच आशिल्ली. निपुत्रीक म्हळ्ळें दुख्ख इतलेंय कमी जावंनाशिल्लें. सोयरे संबंधी तोच विशय काडून दुख्खांत भर घालताले. आपापणापरीं हजार उपदेश करताले.

'इडगुंजी भटाक जातक दाखया. नाग दोश आसल्यार सुब्रह्मण्या वचून येया. गुंडबाळा वचून भारार विचारात. देवाक एक यक्षगान खेळ करतां म्हूण सांगणें करात, शिरालीच्या पंडितालें वखद करात. तें लागना जाल्यार नाबूंद पंडितालें एक फावट करात. बारकुरांत आयुर्वेदीक वैद्य आसा ताका मेळा. वेळ करूं नाकात. पिराय कोणाक रावना, गेल्ली पिराय येना...' अशे तरेन तरेकवार उपदेश करताले. जांकां सांगपाक भीड दिसताली ते पत्रां बरोवन कळयताले. उपदेश करतल्यांचो आमच्या देशांत दुकळ पडिल्लो ना कारण उपदेश करपाक पयसो मोडपाची गरज पडना.

थोड्या लोकांक उपदेश करतना अरूणाल्या दोळ्यांत दुकां भरून आयलीं जाल्यार एके तरेचो आसुरी आनंद मेळटालो दिसता घडये. 'देवान तुमकां कितें कमी केलां हय गो? चड वेळ वगडावंनाकात. एक भुरगें घेयात पोसपाक.' अशें चार चौगां मेळटकच सुचोवण्यो करतालीं.

हे मानसीक वेदनेंतल्यान मुक्त जावपा खातीर दत्तण्णान अरूणाक समाजीक वा कुटुंबीक कार्यावळींक घेवन वचपाचें वा ताका धाडपाचें कमी

केलें.

लग्न थारायलें तेन्ना नामनेचो ज्योतिशी गोविंदाचार्यान जातकां जुळटात काय ना तें पळयल्लें. बत्तीस गूण पडटात म्हूण सांगिल्लें. ग्रह दोश ना, संतती दोश ना अशें जातकाचे फाटल्यान बरोवन दिल्लें. ताणें दिल्ली ती जातकाची कॉपी दत्तण्णान आजून सांबाळून दवरल्या.

दत्तण्णाल्या मांवान तरी आसतना गोकर्णा वचून थंय शिवराम भटाक जातक दाखयल्लें. जांबावले वचून दामोदराक प्रसाद लायिल्लो. देवाचो प्रसाद बरो जाल्लो. त्या उपरांत पंचांगांत म्हुर्त पळोवन सगळें शास्त्रोक्त रितीन लग्न करून दिल्लें.

प्रत्येक फावटी गांवां वताली तेन्ना 'दामोदरान दिल्लो प्रसाद केन्ना फट जायना रे!' अशें दत्तण्णालो मांव सांगतालो. त्या जाणट्या मनशाची श्रद्धा आनी उतरां सोळा वर्सांनी फळाक आयलीं. अचकीत एका म्हयन्यांत अरूणाली म्हयन्याची पाळी चुकली. पयलो म्हयनो गेलो. दुसरो म्हयनोय तसोच गेलो तेन्ना डॉक्टरा कडेन गेलीं. ती गुरवार, तिचो गर्भ धरला म्हळ्ळी डॉक्टरान खात्री दिले उपरांत ती खबर ताणी गांवांतल्या म्हालगड्यांक पत्रान कळयली.

वर्सांचीं वर्सां दुकळ पिडीत प्रदेशांत खंयच्यान तरी पावसाचीं कुपां मळबांत भरून आयिल्लीं पळोवन जितलो आनंद जावचो तितलो आनंद नात्यांतल्यांक आनी इश्टमित्रांक जालो. कांय जाणांनी अशें कशें जालें म्हूण अजाप व्यक्त केलें. कोणाकोणाली चर्चाय सुरू जाली. चर्चा केलिना जाल्यार तांकां खाल्लो घांस जिरतलो कसो?

थोड्या दिसांनी दत्तण्णाक आवयलें पत्र आयलें. तातूंत तिणें बरयल्लें : 'जिवाक चड त्रास करून घेवुंनाका म्हण बायलेक. पोटांत वाडत आशिल्ल्या जिवाची काळजी घे म्हण. तीन म्हयने जाले उपरांत तिका कुळारा धाड. पयलो बाळंटेर कुळारच्यांनी करचो आसता. तांकां आतां पत्र बरोवन कळय.'

अश्यो कांय गजाली तिणें बरयल्ल्यो.

लग्न जावन सोळा वर्सां जाल्लीं. कुळारचो संबंद इतल्या काळा उपरांत कसले तरेचो उरला आसतलो हाचो अदमास वा समज आवयक आसपाक नाका आशिल्लो?

अरूणाल्या कुळारच्यानूय बी पत्र आयलें. त्या वेळार आतांचे भाशेन लॅण्डलायन फोन, मोबायल फोन असल्यो सुविधा नाशिल्ल्यो. सगळें कितें तें पत्रांतल्यान कळोवचें पडटालें. अर्जंट आसल्यार पोस्टांत वचून टेलेग्राम धाडटाले.

कुळारच्यांनी मुखा वयलो सगळो विचार करून विस्तारान पत्र बरयलें : पत्र वाचून खूब आनंद जालो. अरूणालें बाळंतपण हांगा गांवांत करूं येतालें. पूण ह्या दळिद्री गांवांत हॉस्पिटल आसलें तरी मेडिकल सुविधा फावो तश्यो पातयेवन रावपा सारक्यो नात. ऐन वेळार मणिपाल व्हरात, मंगळूर व्हरात अशें सांगतात. सरकारी हॉस्पिटलांतल्या डॉक्टरांचेर आमकां विस्वास ना. मुख्य काळजी घेवपाची गरज आसा ती म्हणल्यार इतल्या वर्सांनी आयिल्लें गुरवारपण आशिल्ल्यान मात पसून हयगय जावपाक जायना. ते खातीर आमी सगळो विचार करून कळोवंक सोदतात की बाळंतपण डोंबिवलींतूच एका बऱ्या प्रसूतीगृहांत करप बरें.

गांवां पत्र बरयतना दत्तण्णान वा अरूणान इतलो खोलायेन फुडलो विचार करूंनाशिल्लो. तांणी फकत एक खूश खबर म्हूण गांवांत घरच्या मनशांक कळयल्ली. पूण आतां तीं मुखा वयलो विचार करपाक लागलीं.

सोळा वर्सां उपरांत भुरगें जल्माक येता म्हळ्ळी खबर आयकून अम्मा धांवून येतली अशें दत्तण्णान लेखिल्लें. ताचो तो अदमास चुकलो. ती आयली ना. इतलेंच न्ही तर बाळंटेर कुळारच्यांनी करचो आसता म्हूण आदींच याद करपाक विसरलीं ना. अरूणाल्या कुळारच्यांनीय बी येवपाची खबर काडलिना वयल्यान हें कारण, तें कारण सांगून तुमगेली जबाबदारी

तुमी घेया म्हणून गोड उतरांनी सांगून अळंग जबाबदारी टाळ्ळी.

तेन्ना भुरगें जायना म्हूण दुख्ख व्यक्त करतालीं तींच मनशां आतां भुरगें जाता म्हळ्ळें आयकून खोशी जाल्ल्याचें नाटक करतालीं. खूब टॅन्शनांत आशिल्लेवरी दाखयत दर आठवड्याक, पांच पयशांचें पोस्ट कार्ड बरोवन चवकशी करतालीं.

ह्या कठीण समयार दत्तण्णाक नातेंसंबंध म्हळ्ळ्या शब्दाचो गूढार्थ कळपाक लागलो. आपणाक मायेचीं मनशां कोण नात हे निराशेचे भावनेन तो अस्वस्थ जालो.

अरूणाक डॉक्टरान पूर्ण बेडरेस्ट घेवपाक सांगिल्लें. दीसभर हांथरूणार पडून रावप ह्या एकाच विचारान ताका राती कडेन न्हीद पडनाशिल्ली. चुकून न्हीद पडली जाल्यार 'आमकां कोणाचोच आधार ना, आमी अनाथ जावन पडल्यांत' ह्या विचारान आंग काडून जाग येताली आनी उठून बसतालें. जिवाक कितें जाता तेंच कळनाशिल्लें. घोवाक जागयतालें. तो बोंडो आनीक कितें करतलो? दोगांय एकामेकांक समजायत धीर दीत कशी तरी रात सारून सकाळ करतालीं. दोन फावटी व्हड रातीर डॉक्टराक आपोवन हाडचें पडलें. कांय समस्या एक फावट सुरू जाल्यो जाल्यार नाकापुरो करून सोडटात. हें फकत कोण भोगता ताकाच कळटा. हेर कोणाक आयकून कळना.

डॉक्टरान धीर दिलो तरी दत्तण्णाक धीर नाशिल्लोच कारण तो कामाक वतालो तेन्ना अरूणा घरांत एकलीच उरताली. ते परिस्थितींत कितेंय जास्ती कमी जालें जाल्यार पळयतलो कोण आशिल्लो? व्हडल्या शारांतल्या ब्लॉक सिस्टमांत ऐन आकांताच्या वेळार शेजरा कोण आसात काय ना म्हळ्ळें कळपाक कठीण. सोसायटींत चाळीस कुटुंबां रावतात आसलीं तरी सगल्यांचीं दारां सदांच बंद उरतात. कोणाल्या घरा कितें चल्लां तें शेजाऱ्यांक खबर आसना. तातूंत आनी दत्तण्णा शिफ्टांत काम करतालो. ते खातीर ताका रातच्या वेळारय कामाक वच्चें पडटालें.

सुधा आत्या

ही कारणां लक्षांत घेवन ताणें अरूणाक हॉस्पिटलांत व्हरपाचो निर्णय घेतलो. मातृत्वा बगर स्त्री जल्म अपूर्ण म्हणपाचें चिंतून तो कितलोय पयसो खर्च करपाक तयार आशिल्लो.

डॉ. मीरा नायक ही अरूणाची डॉक्टर. ती खूब अणभवी आनी सभावान खूब बरी आशिल्ली.

पेशंटांक सानुभुतीन आनी जागरूकतायेन पळयताली आनी काळजी घेवन सांबाळटाली. तिणें दत्तण्णा आनी अरूणाक धीर दिलो. 'इतले बेगीन हॉस्पिटलांत व्हरपाची गरज ना. तशें करूं नाकात. घरांत ती एकलीच उरता जाल्यार गांवांतल्या कोणाकूय आपोवन हाडात.' तिणें सांगलें. डॉक्टरांक असले प्रसंग नवे न्ही. असले अणभव तांकां सदांचेच.

गांवांतलो कोण येवपाक तयार नात म्हण डॉक्टराक कशीं सांगतलीं? तरी डॉक्टरान सांगिल्लें तें गांवांतल्यांक तांणी कळयलें.

आठ दिसां भितर दत्तण्णाक मावालें पत्र आयलें. 'तुगेलें पत्र वाचून बायलेक धाडची म्हूण हांवें चिंतिल्लें. पूण कितें सांगूं, तिगेलीं धोंपरां दुखपाक लागल्यांत. एके कडेन बसली जाल्यार तिका उठपाक जायना. उठली जाल्यार परतून बसपाक जायना. सध्या बेळंबर भटालें गांवठी वखद सुरू केलां. तूं हांगाची काळजी करूं नाका. हांगा गांवांतली कोणूय कामाक मेळटा जाल्यार पळयतां. चार पयशे चड घेतले जाल्यार पर्वा ना, धाडून दितां. तुमची खबर कळयत राव. आमकां हांगा तुमचोच हुस्को.'

दत्तण्णा वाट पळयत रावलो. पूण ताणें कोणाकूच धाडली ना. पत्रांतल्यान फकत धीर दीत रावलो.

त्या पत्रा फाटोफाट दत्तणाले आवयचेंय बी पत्र आयलें. तिणें बरयल्लें : 'सट्ट करून म्हज्यान एकलेच्यान भायर सरून येवपाक जाता? कोणें तरी येवन म्हाका घेवन वचपाक जाय न्ही? नाजाल्यार म्हाका कोणेय डोंबिवली व्हरून पावोवंक जाय. डॉक्टरान अरूणाक कितली तारीख दिल्या? कित्याक

वेचारता काय म्हणल्यार आमगेली गाय तुंगा गाबणी आसा...' आनी त्या संबंदान आनी जायत्यो गजाली. दत्तण्णाक उपेग नाशिल्लेंच सगळें बरयल्लें.

दत्तण्णान आयुश्यांत केन्ना बरोवंक नाशिल्लीं तितलीं पत्रां अरूणाल्या गुरवारपणांत बरयलीं. जशी काळखांत भोंवतना सावळी लेगीत फाटल्यान येना तशे तरेन तांच्या खऱ्या अडचणी वेळार आपलीं लागींचीं म्हण समजतात तीं लेगीत गरजेक पावनात म्हळ्ळें दत्तण्णाक कळ्ळें. ताणें स्वता रजा घेवन घरा रावपाचें थारायलें.

घोवाल्या त्या निर्णयान अरूणाक धीर आयलो. तिगेलें मनोबळ वाडलें. तिणें म्हणलें, 'शारांतलो बाळंटेर म्हणल्यार फकत हॉस्पिटलांनी धांव धांव करपाचो खेळ न्ही? उपरांत दोन म्हयने बाळटीक आनी भुरग्याक तेल लावपाक कोण ना कोण मेळटली.'

दुसऱ्या दिसा दत्तण्णाक मॉर्निंग शिफ्ट ड्युटी आशिल्ली. मॉर्निंग शिफ्टाक वचपा खातीर ताका फांतोडेर साडे तीन वरांचेर उठचें पडटालें. ते खातीर तो बेगीन न्हिदलो आनी अलार्म आयकून वेळार उठलो. तोंड धुवन, न्हावन बी देवाक फुलां घालून, पयलीं एक कप च्या करून पिलो आनी बायलेक काळजी घे म्हण सांगून रेल्वे स्टेशनार गेलो. वचपाक ताका धा मिनटांची वाट.

ऑफिसाक वचपाक ताका सवाय चारांची ट्रेन धरची पडटाली. ते ट्रेनिकूय खूब गर्दी आसताली. एकेक फावट बसपाक जागो मेळ्ळो ना जाल्यार डोंबिवलीच्यान उबो रावन प्रवास करपाची पाळी येताली. अशें जावपाक कारण म्हणल्यार भायल्या गांवांतल्यान रातच्या ट्रेनींचेर येवन कल्याण स्टेशनार देंविल्ले प्रवासी मुंबय शाराच्या उपनगरांनी वचपाक तीच ट्रेन धरतात. ते भायर भाऊच्या धक्यार वचपी खारवी, भायखळा बाजाराक वचपी भाजीवाले, दादर फूल मार्केटाक वचपी फुलवाले आनी तिकेट काडिनाशिल्ले भिकारी तीच ट्रेन धरतात. सिटार बसपाक जागो ना जालो तरी येतल्या वतल्याची वाट आडावन बसतात.

सुधा आत्या

त्या दिसा दत्तण्णाक बसपाक सीट मेळ्ळें ना. तो पॅसेजींत उबो राविल्लो. ठाणे स्टेशनार ट्रेन पावली तेन्ना गर्दी आनीक वाडली. मुलुंड स्टेशनार, भांडूप स्टेशनार लोक देंवतना आनी चडटना गचमुड्डी जाली. उतराक उतर आनी तीं सभ्य मनशांनी आयकुपा सारकीं न्ही. मुंबयंत सबर्बन ट्रेनींतल्यान प्रवास करतना सभ्य मनशांक असभ्यपणाचें लक्षण जाणा जावप गरजेचें आसता.

विक्रोळी स्टेशनार देंवपी खूब लोक आशिल्ले. एका कुटुंबाचे धा बारा सदस्य आशिल्ले. तांचें सामानूय खूब आशिल्लें. प्लेटफॉर्मार ट्रेन अर्द मिनीट रावता. तितल्या वेळा भितर देंवतल्यांनी देंवपाचें आनी चडटल्यांनी चडपाचें. ती गर्दी, धक्काबुक्की आनी बोवाळांत एक जाणटे पिरायेचे बायलेक सकयल देंवपाक मेळ्ळें ना. ट्रेन सुटली आनी ती भितरूच उरली. धांवते ट्रेनींतल्यान प्लेटफॉर्मार उडी मारतली म्हणल्यार दारांत वाट आडावन उबे आशिल्ल्या लोकांनी तिका भितर धुकळ्ळी. ती एका अपघातांतल्यान वांचली पूण दुसरेच अडचणींत शिरकली.

तिका मुंबयची भाशा सारकी कळनाशिल्ली. विक्रोळी खंय वचपाची आशिल्ली तो पत्तो तिचे कडेन नाशिल्लो. जाणटेली पुराय भियेल्ली आनी लोक नाका जाल्ले प्रस्न विचारून तिका आनीक भिवयताले. तिचीं फकाणां करताले. धांवपी ट्रेनींत ती लोकांचे करमणुकीचो विशय जाल्ली.

दत्तण्णा मुखा वयल्या स्टेशनार देंवपाचे तयारेंत आशिल्लो. म्हातारेची ताका काकुळट आयली. तिका मदत करपाक जाय अशें ताका दिसलें.

'तूं खंयच्यान आयल्या?' दत्तण्णान हिंदींत विचारलें. तिणें जाप दिली ना. तोच प्रस्न मराठींत विचारलो. तिका मातशें कळ्ळें शें दिसलें. 'विजापूर' तिणें म्हणलें.

'कन्नड भाशा येता?' दत्तण्णान विचारलें.

'हौदरी...बर्त दे.' तिणें म्हणलें. तिका बुडटलेक आधार मेळिल्लेवरी दिसलें. रडत, हुस्कारत तिणें खंयच्यान आयली, कित्याक आयली आदी

न्हायती सडसडीत सांगली.

'तूं भियेवं नाका. तुका तुगेल्या मनशा कडेन हांव पावयतां.' अशें म्हणून दत्तण्णा तिका घेवन घाटकोपर स्टेशनार देंवलो. त्या दिसा तो कामाक गेलो ना. तिका घेवन परतून विक्रोळी

स्टेशनार आयलो. थंय तिगेलीं कोण मनशां दिसलीं नात.

तिणें सांगले ते प्रमाण आठ-धा वर्सां आदीं एक फावट ती विक्रोळी कन्नमवार नगरांत रावपी तिगेले धुवेगेर आयिल्ली खंय. हे फावटी ती ते धुवेले धुवेच्या लग्नाक म्हूण आयिल्ली. दोन दिसांनी तें लग्न शिवाजी पार्क वाठारांतल्या खंयच्या तरी एका हॉलांत जावपाचें आशिल्लें, पूण खंय तें तिका खबर नाशिल्लें.

विक्रोळी स्टेशनांतले पोलीस चौकेर कोणेंय कंप्लेट बी केल्या जाल्यार पळोवया म्हण दत्तण्णा गेल्यार थंय कोण एक पुलिसूय बी ताका दिसलो ना. स्टेशन मास्तराल्या कॅबिनांतूय कोण एक फालतू मनीस विडी ओडत बशिल्लो. ताका विचारल्यार ताणें 'मुझे मालूम नहीं' म्हणलें.

'तें म्हातारेक घेवन आनी खंय खंय म्हण चवकशी करीत भोंवपाचें?' अशें चिंतून दत्तण्णान डोंबिवलीची तिकेट काडली आनी तिका घेवन आपणाल्या घरा गेलो.

कामाक वतां म्हूण गेल्लो तो कोणाक तरी घेवन घरा आयिल्लो पळोवन अरूणाक अजाप जालें. म्हातारेक पळोवन 'कोण बाबा ही?' असो प्रस्न पडलो आनी जाणून घेवपाची उमळशीक लागली. घडिल्ली घडणूक आयकून अरूणाक बी तिची काकुळट दिसली.

सकाळचीं आठ वरां जावंनाशिल्ली. कोणेंच ब्रेकफास्ट घेवंनाशिल्लो. अरूणान उपीट करया म्हणलें तरी दत्तण्णा सकयल वचून रुची सम्राट हॉटेलांतल्यान इडली वडा, सांबार घेवन आयलो.

म्हातारी खूब भिडेताली. सोफार बस म्हणल्यार वणटीक तेंकून जमनीर

बसली. च्या पितना तिका घे खा म्हणून आग्रो करचो पडलो. ती टॅन्शनांतूच आशिल्ली. भूक लागली तरी तिका खावपाची इत्सा नाशिल्ली.

दत्तण्णान कामाक वचपा खातीर घाल्ले कपडे काडुंनाशिल्ले. ताका विक्रोळी वचून तिगेले धुवेलें घर सोदून काडपाचें आशिल्लें. च्या पितना उलयतां उलयतां ताणें तिचे कडल्यान आनीक थोडी म्हायती काडून घेतली. विजापूरचो एड्रेसूय बी विचारून घेतलो. थंय तार करून कळोवया म्हणल्यार ती थंय घराक कुलूप लावन आयिल्ली. पत्तो कसोय तरी सोदून काडटां म्हळ्ळ्या विस्वासान दत्तण्णा घरांतल्यान भायर सरलो.

दादर स्टेशनार देंवून तो शिवाजी पार्क गेलो. शिवाजी पार्कात समर्थ हॉटेलाचो मॅनेजर जयराम शेट्टी दत्तण्णाले वळखीचो आशिल्लो. तो हॉटेलाचें कॅटरींग काँट्रेक्ट बिझनेसूय बी करतालो. अशें आशिल्ल्यान शेट्टीक ते एरियेंतल्या लग्न सुवाळ्याच्या सभाघरांची बी म्हायती आशिल्ली. इतलेंच न्ही तर थंयच्या ऑफीस स्टाफाकूय बी तो बरो वळखतालो.

'वाटेन वतल्या वागा म्हाका येवन खा गा!' अशें म्हणिल्लेवरी 'तूं ह्या प्रकरणांत कसो खंय शिरकलो रे म्हाराया?' शेट्टीन दत्तण्णाक विचारलें. दत्तण्णा उलयलोच ना. ताची तापिल्ली तकली थंड करपा खातीर जयराम शेट्टीन ताका फॅना सकयल बसपाक सांगलें आनी एक ग्लास थंड पिवपाक दिलें आनी मालका कडेन भायर वचपाक ताणें परवानगी मागली.

हॉटेल मालकाकूय म्हातारेची काकुळट आयली. ताणें मोटरबायकाची चावी दिली आनी म्हणलें, 'सकाळचो धंद्याचो वेळ न्ही, बेगीन वच आनी बेगीन यो.'

दत्तण्णा कडेन आशिल्ले अर्दकुटे म्हायतीच्या भरवंशार दोगूय बायकान फुर्रर करून भायर सरून गेले.

व्हंकलेचें नांव रेखा देशपांडे म्हळ्ळें खबर आशिल्लें आनी लग्नाची तारिखूय बी जाणां आशिल्ल्यान अर्द वरा भितर लग्नाचो हॉल सोदून काडलो.

बुकींग क्लार्का कडल्यान देशपांडेच्या विक्रोळी घराचो पत्तो बरोवन घेतलो. त्या वेळार व्हडल्या ऑफिसांनी, हॉटेलांनी, सभाघरांनी टेलिफोन कनेक्शनां आयिल्लीं तरी सबर्बन वाठारांत घरांक कनेक्शनां मेळुंनाशिल्लीं.

दत्तण्णाक माथें ल्हव जाल्लेवरी जालें. खोशी जावन ताणें जयराम शेट्टीक मिठी मारली आनी म्हणलें, 'थँक्यू माय फ्रेंड! दोस्त हो तो तुम्हारे जैसा.' आपणाक मातसो दादर स्टेशनार सोड म्हणून ताणें फ्रेंडाक रिक्वेस्ट केलो.

ट्रेन धरून विक्रोळी वतना दत्तण्णा खूब खोशी आशिल्लो. पोलीस डिपार्टमेंटाचे मनीस लेगीत जितले बेगीन पत्तो सोदपाक शकनाशिल्ले तितले बेगीन दत्तण्णान ते जाणटेलेक जाय आशिल्लो पत्तो सोदून काडलो. ताका आपूण केन्ना कन्नमवार नगरांत पावतां अशें जाल्लें.

देशपांडेच्या घरा पावतासर दनपारचें देड जाल्लें. घरांत पावल दवरपाक जागो ना इतले लोक थंय जमिल्ले. लग्न सुवाळ्याची उमेद थंय नाशिल्ली. एकेकल्यालो चेरो पळयल्यार शोकसभेक लोक जमल्यात अशें दिसतालें. सगळींच गोंदळांत पडिल्लीं.

दत्तण्णान जाणटेली डोंबिवलींत आपणाल्या घरा आसा म्हूण सांगनाफुडें करंट गेल्ल्या घरांत झग्ग करून लायटी पेटून चक्क उजवाड पडचो तशे तरेन सगल्यांच्या तोंडार हांसो फुललो.

'सुधा आते सिक्किदरंते?' (सुधा आत्या मेळ्ळी खंय?) अशें मोठ्या मोठ्यान घरभर सगल्यांक सांगत दादले-बायलो नाचपाक लागलीं. त्या देशपांडे कुटुंबाक दत्तण्णा देवदूत कसो पावलो अशें दिसलें. तांणी दत्तण्णालें तोंडभर खूब कवतूक केलें. ताचे खूब खूब आभार मानले.

सुधा आत्यालो नातू दत्तण्णा वांगडा डोंबिवली गेलो. वतना ट्रेनीर सकाळच्यान तांगेल्या घरांत घडिल्ली सगळी धांदळ आनी धांवपळ सांगत सांगत गेलो.

विक्रोळी स्टेशनार कंप्लेन बरोवपांत अर्द दीस गेलो खंय. दोग जाण

मनीस प्रत्येक स्टेशनांत देंवून सुधा आत्याक सोदतात म्हूण सांगून वी. टी. स्टेशना कडेन गेले खंय. तिगेल्या आंगार धा ते पंदरा तोळ्यांच्यो भांगरा वस्ती आशिल्ल्यान भांगरा आशेन ते जाणटेलेक खंय तरी व्हरून कितेंय केलें जाल्यार? ह्या वायट विचारान लग्नाक आयिल्ले सोयरे संबंधी, शेजारी-पाजारी लोक एकदम भियेल्ले खंय. कितलेशेच जाण सकाळच्यान उपाशींच उरले खंय.

ते दोगूय डोंबिवली घरा पावतासर चार वरां जालीं. नातवाक पळोवन आजी खोशी जाली. वेळ काडल्यार ट्रेनींत गर्दी वाडटली म्हणून, नातू आजयेक बेगीन घेवन गेलो. वतना 'नातील्या लग्नाक मुद्दम येयात. सभाघर तूं पळोवन आयलाच.' अशें म्हणून हांसत विसरनासतना सांगून आग्रहान आमंत्रण दिवन गेली.

सकाळच्यान फुरसत नासतना धांवपळ करून दत्तण्णा जाम थकिल्लो. तीं गेलीं तसो दनपरां जेवला काय ना म्हळ्ळो विचार करनासतना एक उशें घेवन फॅना सकयल आड पडलो. तो थकिल्लो, तरी जिवितांत एक व्हडलें कार्य केल्ल्याचें ताका समाधान मेळिल्लें. मातसो दोळो लागता लागना अशे तंद्रींत आसतनाच तो न्हिदिल्लो थंय अरूणा तापत फडफडत आयली.

'कितली चवकशी रे बाबा ते म्हातारेन करची? एक मिनीट तोंड बंद दवरना. तुगेल्या लग्नाक कितलीं वर्सां जालीं? तुका भुरगीं कितलीं? हें गुरवारपण पयलेंच हय गे? कितले म्हयने जाले? घरांत कोण कोण आसात? गांवांत कोण आसात? बाळंतपणाक कोण येतलीं मूं? आवयस, म्हज्या देवा! एक आनी दोन प्रस्न? शीऽऽ!'

'स्त्री सुलभ चवकशी गोती. तातूंत तूं कसलोच अर्थ सोदीत रावंनाका पळोवया. चल, मातशें शांत न्हीद वचून...हांवूय मातसो दोळो लावन उठ्ठां.'

आपूण कोणालेंय बरें करता आसतना दुसरेय कोण तरी आमगेलें बरें येवजीत आसतात म्हळ्ळी गजाल त्या वेळार तांकां मात पसून येवजली ना.

सुधा आत्या

सुधा आत्याक लग्नाक येवपाचें आमंत्रण दिवन गेल्ली खरी पूण दत्तण्णाक वचपाक जमलें ना. कारण दोन दिसां पयलीं ताणें रजा घेतिल्ली. बायलेच्या बाळंतपणा वेळार रजा जाय म्हूण अर्जी दिल्ली. अशें आशिल्ल्यान रजा काडून ह्या लग्नाक वचप नाका म्हूण तो गेलो ना. आनी त्या उपरांत तो सुधा आत्यालें प्रकरण विसरलो.

दीस वचत रावले आनी डिलिव्हरीची तारीख लागीं पावपाक लागली. मर्दी एक दीस सकाळीं ब्रेकफास्टाक बशिल्लीं तेन्ना बेल वाजली. दत्तण्णाक दनपरां कामाक वचपाचें आशिल्ल्यान तो घराच आशिल्लो.

'केन्नाय पळयल्यार अशेंच...खावपाक पिवपाक बशिल्लीं आसतना, जेवतना, न्हावंक बाथरूमांत आसतना जावं टॉयलेटींत वा कपडे बदलपाक गेल्लो आसतना कोण ना कोण येतात आनी बेल वाजयतात.' अशें म्हणून फडफडत दत्तण्णा उठलो आनी दार उगडलें. पळोवन ताका अजाप जालें. सुधा आत्या आनी तिगेलो नातू दारांत उबीं. ताणें आदरान आनी वळखीच्या आपलेपणान 'येयात, भितर येयात.' म्हणलें. तिणें येतना नातीच्या लग्नाची गोड मिठाय हाडिल्ली. ती खाली आनी सगल्यांनी सांगातान पोळेय बी खाले.

च्या पिता आसतना सुधा आत्यान म्हणले, 'आमकां भायल्या संवसारांत कितें चल्लां तें कळनासतना उरत पूण घरांत एक नदर फिरयले बरोबर भितरल्या वातावरणाचो अंदाज घेवपाक कळटा. त्या दिसा तूं म्हगेले धुवेचो एड्रेस सोदपाक गेलो तेन्ना कसोय तरी तूं तो सोदून काडटलो हाची म्हाका खात्री जाल्ली. तूं परतून घरा पावलो तितल्या वेळा भितर हांवें तुगेल्या घरांतली परिस्थिती जाणून घेतली. म्हज्यान जाता तितली मदत तुमकां करची अशें हांवें त्याच दिसा थारायलें. तोच निर्धार करून हांव आज हांगा आयल्यां. अरूणालो बाळंटेर करून मागीर गांवां वतां.'

हाकाच म्हणटात मनीसपण. भियेल्ल्यांक कोणेय तरी 'हांव आसां, तुमी आतां भियेवं नाकात.' इतलें म्हणल्यार पुरो जाता. तातूंत आनीक घरांतली

जबाबदारी घेवपा सारकी कोणूय जाणटी बायलमनीस आपूण जावन आयिल्ली पळोवन दत्तण्णाले आनी अरूणाले दोळे कृतज्ञतायेन भरून आयले.

नियतीच मनशाच्या जिवितांतल्या घडणुकांक आकार दिता. तशें नाशिल्लें जाल्यार विजापूरच्यान नातील्या लग्नाक आयिल्ली एक अनवळखी जाणटेली लग्ना उपरांत आयिल्ल्या हेर मनशां बरोबरच परतून विजापूरा वचनासतना डोंबिवली येतली आशिल्ली? देवानूच तिका तशी बुद्द दिली न्ही?

तिका घेवन आयिल्लो नातू परत गेलो आनी सुधा आत्या घरांतलें काम करपाक उबी रावली.

पिरायेन ती जाण्टी जाल्ली पूण आंगान घटमूट आशिल्ली. मुख्य गजाल म्हणल्यार दत्तण्णाक घरच्या कामांक न्ही तर अरूणाल्या धिराक आनी आदाराक एक जाणटी बायल जाय आशिल्ली. ती अपेक्षे प्रमाण मेळिल्ली. ताचो हुस्को मेकळो जाल्लो. दनपरां जेवन बिनधास्त तो ड्युटीर वचपाक लागलो.

विजापूरांत सुधा आत्यालें व्हड कुटुंब आशिल्लें. त्या एकवटीत कुटुंबांतले बाळंटेर केल्ल्याचो अणभव तिका आशिल्लो. तिणें अरूणाक सांगलें, 'तूं कांय काळजी करूं नाका. आतां ह्या घरांत कितें जाय, कितें नाका तें हांव पळयतां. तूं निश्चिंत राव.' ते दीस धरून सुधा आत्या त्या घरची वांगडी जाली. दत्तण्णा आनी अरूणा तिणें सांगिल्लें तशें आयकतालीं.

अरूणालें पयलें गुरवारपण. तेंवूय बी लग्ना उपरांत सोळा वर्सांनी आयिल्लें. गुरवारणीच्या दुवाळे-जेवणाचें शास्त्र करपाचें उरलां म्हळ्ळें कळ्ळें तेन्ना सुधा आत्यान दुसऱ्याच दिसा ती तयारी सुरू केली.

दत्तण्णाक घेवन ती बाजारांत गेली. जाय आशिल्ल्यो वस्तू विकत्यो घेतल्यो. अरूणाक नवी सिल्क साडी घेतली. कॅटरर कामतेकराक मेळून वीस पंचवीस लोकांच्या जेवणाची ऑर्डर दिली. फोटोग्राफराक सांगलें. फुलांची ऑर्डर दिली. सोयऱ्याधायऱ्यांक आनी सोसायटींतल्या शेजाऱ्यांक

आमंत्रण दिलें.

सुवाळ्याच्या दिसा अरूणाक नवी साडी न्हेसयली. आंगभर भांगरा वस्ती घाल्यो. फुलां माळ्ळीं. सवायशिणी बायलांनी होंटी भरली. देवाची आरती म्हणली. सगळी कार्यावळ वेवस्थीत जाली. कसलोच त्रास जालो ना. आमंत्रीत लोकांक जेवण दिलें. सगल्यांनी समाधानान अरूणाक शुभेच्छा दिल्यो आनी सुधा आत्याची प्रशंसा करीत तांणी निरोप घेतलो. जेवण भायलें आशिल्लें तरी सुकुरउंडे सुधा आत्यान केल्ले. कोणे कोणे आनीक मागुनूय खाले.

अरूणालें मनोबळ वाडिल्लें. डॉक्टरांल्या वखदांनी करूंनाशिल्लें काम सुधा आत्याल्या मातृवात्सल्यान करून दाखयल्लें. डॉक्टरान सांगिल्ल्या दिसा अरूणाक हॉस्पिटलांत व्हेलें. दोन दीस गेले तरी बाळंत जावपाचीं लक्षणां दिसलीं नात. गर्भाक णव म्हयने णव दीस जाल्ले. आनीक रिस्क नाका म्हणून डॉक्टरीन दुसऱ्या दिसा सिझेरियन करपाचें थारायलें. ताचें कारण ती डिलिव्हरी डॉ. मीरा नायकाक स्वता खातीर खूब म्हत्वाची आशिल्ली. सोळा वर्सांनी आयिल्ल्या गुरवारपणांत अनेक अडचणी आशिल्ल्यो. मात पसून दुर्लक्ष जावन चूक जाल्ली जाल्यार भुरग्याचो आनी आवयचो जीव धोक्यांत येवपाचो संभव आशिल्लो. हाची पूर्ण कल्पना डॉक्टरीन दत्तण्णाक पयलींच दिवन दवरिल्ली.

डॉक्टरीन, सुधा आत्यान बी कितलोय धीर दिलो तरी बुराक पडिल्ले मडकेंतल्यान थेंब थेंब उदक गळत गेल्लेवरी दत्तण्णालो धीर गळत आशिल्लो.

देवादयेन सिझेरियन करचें पडलें ना. जो दीस सांगिल्लो त्याच दिसा रातच्या साडे इकरा वरांचेर अरूणाक वेणो येवपाक सुरवात जाली. थोड्या वेळान ती बाळंत जाली. पूत जल्माक आयलो.

ही खोशयेची खबर आयकून डिलिव्हरी रुमा भायर दोळे धांपून देवाचें नामस्मरण करीत बशिल्ल्या सुधा आत्यान दोळे उगडले. प्रसन्नतेची पूर्ण

छाया तिगेल्या चेऱ्याचेर दिसताली. दत्तण्णा जाल्यार खोशयेन फुलिल्लो. थै थै नाचिल्लेवरी तो भायर-भितर यो-वच करतालो. डॉ. मीरा नायक खूब खोशी जाल्ली. तिगेले वेवसायीक जिणेंत आनीक एका अणभवाची भर पडिल्ली. असले तरेच्यो केशी म्हणल्यार तांच्या वेवसायांतली एक म्हत्वाची परिक्षाच आसता.

चार दिसां उपरांत बाळक-बाळंतिणीक घरा हाडलीं. उपरांत बारशाची तयारीय बी सुधा आत्यान वेवस्थीत केली. सोसायटींतले लोक, दत्तणाल्या ऑफिसांतले, सोयरे संबंधी आनी सुधा आत्याली नवी लग्न जाल्ली नात घोवाक घेवन हाजीर जाल्ली. घरांत खूब गर्दी जाली. बारसोय बी व्हडा दबाज्यान जालो. भुरग्याक नांव 'प्रथमेश' दवरलें.

आयिल्ले लोक आनी जोडपीं एकेक करून वचपाक लागलीं. सुधा आत्याय बी आपणाल्या नाती वांगडाच वतली म्हळ्ळो अरूणाक हुस्को आशिल्लो. पूण ती गेली ना. पुराय तीन म्हयने ती दत्तण्णागेर अरूणाक मदत करपाक रावली. तितल्याय दिसां भितर तिणें एकदांय आपणाल्या घरची याद काडली ना.

घरची याद तिका येनासतना उरता व्हय? पूण तिणें तांचे मुखार ती व्यक्त केली ना. भुरगो आनी अरूणाली ती इतली काळजी घेताली की तीं दोगांय सुधा आत्याल्या मोहांत पडिल्लीं. हें नातें खंयच्या जल्माचें अशें म्हणून तीं आपले भितर उलयतालीं.

जल्मतना भुरग्याचें वजन सात पौंड आशिल्लें. तीन म्हयन्यांत तें बारा पौंड जालें. अरूणाक आतां भुरग्यांक सांबाळपाची संवय जाल्ली. ती घरांतलें कामूय करपाक लागिल्ली. सुधा आत्याक आराम कर म्हणटाली. आनी एक दीस सुधा आत्या गांवां वचपाचो दीस आयलो. चवथी परबेक आपणाक विजापूरा वचपाक जाय अशें ती म्हणटाली.

आत्याक विक्रोळी पावोवपाक दत्तण्णान एक टॅक्सी सांगून दवरिल्ली.

च्चे पयलीं एक णव वारी साडी आनी कपडो भेट दिवन दोगांयनी सुधा आत्याक नमस्कार केलो. विजापूर व्हरपाक मिठाय घेवन दिली.

'इदेल्ला याक्री?' (हें सगळें कित्याक?) अशें म्हणत तांकां आशिर्वाद देता आसतना भावूक जावन ते जाणटेलेचे दोळे भरून आयले.

पावोवपाक अरूणाय भायर सरली. भुरग्याक गणेश मंदिरांत व्हरून देवदर्शन घेवन विक्रोळी वचपाचें पयलीं थारायल्लें. वतना भुरगो सुधा आत्या कडेनूच आशिल्लो. तो आतां घरच्यांक वळखुपाक लागिल्लो. नदरेक नदर मेळयल्यार हांसतालो. परत येतना आवय ताका घेवपाक हात मुखार केल्यार सुधा आत्याक सोडपाक तयार नाशिल्लो.

'प्रथमेश....भुर्रर वचुया....भुर्रर!' अशें म्हणत अरूणान बळयां ताका उखलून घेतलो. हीं परतून टॅक्सींत बसतना सुधा आत्या पालवान दोळे पुसत आशिल्ली. अरूणाकूय दुकां आडावंक जालीं नात. दत्तण्णा भावूकतेन थंड पडिल्लो. 'खरें वात्सल्य खूब कमी लोकांक अणभवपाक मेळटा.' ताणें मनांत म्हणलें.

'सुधा आत्या, तूं परतून मुंबय येतली तेन्ना म्हाका कळय. तुगेल्या स्वागताक हांव कल्याण स्टेशनार येतां.' अशें म्हणून दत्तण्णा टॅक्सींत बसलो. टॅक्सी सोसायटीचे गेटींतल्यान भायर येवन रस्त्यार पाव मेरेन सुधा आत्या दारांत उबी आशिल्ली.

♦♦♦

05.

परोपकाराचें प्रतिफळ

अयोध्येंत रामजल्मभूमीचो वाद सुरू जालो आनी ते उपरांत आमच्या देशांत जायते कडेन दंगे सुरू जाले. आमच्या गांवांतूय बी मारामारी, खून असले प्रकार घडले. तीन दीस कर्फ्यू लावनय बी वातावरण भिरांकूळ जाल्लें. अखेरेक गांवच्या धा जाणांनी जमून समजिकायेन विचार करून शांततायेन लोकजीण सामान्य स्थितींत हाडली.

गांवांतल्या धा जाणां मर्दी दुर्गा परमेश्वरी देवस्थानाचे पुजारी शिवराम भट आनी मुसलमान समाजाचे एक मानेस्त इब्राहीम साब हे मुखेल फुडारी आशिल्ले. तांकां गांवांतले लोक खंयूय गेले जाल्यार मान दिताले.

त्या उपरांत तीन-चार म्हयन्यांनी रामनमी दिसा गांवांतलो रथोत्सव आशिल्लो. उत्सवाक धा-पंदरा हजार लोक जमिल्ले. तांचे मर्दी सगल्या समाजांतले जाणटे नेणटे, भुरगीं, बायलां अशे सरभरस लोक आशिल्ले. रथ भर बाजारांतल्यान ओडून व्हरताले. तेन्ना कोणें तरी दुश्ट विचारांच्या समाज विद्रवाट्यान रथार फातर मारले. तितल्यान दंगो सुरू जालो.

सर्वसामान्य लोक असल्या प्रकारांत वांटो घेनात. जीव वाटावपा खातीर वाट मेळटा तेवटेन लोक धांवपाक लागतात. हे धांवपळींत खूब लोक आपटले, धोपटले, कोणाकोणालें रगतय व्हांवलें.

गांवांतल्या पुलिसांक दंगो आटापाक हाडप कठीण जालें. स्पेशल फोर्स येवपा मेरेन दंगेखोरांनी दुकानां लुटलीं आनी पेत्रोल घालून उजोय लावन

ोडलो.

भर तणावग्रस्त परिस्थितींत शिवराम भट आनी इब्राहीम साब हांणी जेवाची पर्वा करिनासतना गांवचें नांव इबाडपाक फावना हो विचार करून दीं रस्त्यार उबो आशिल्लो रथ कांय मेजक्या लोकांच्या आदारान परतून वस्थाना कडेन व्हरून पावयलो.

दुसऱ्या दिसा लोकांनी हरताळ पाळ्ळो. परतून दंगो पेटत ह्या भंयान कुलां, कॉलेजी, बाजार आदी सगळें बंद दवरलें. असले भंय आनी हुस्क्याचे स्थितीचो राजकारणी लोक आपापणालो प्रभाव वाडोवपा खातीर नाका जाल्ल्यो उलाढाली करताले. शांततायेच्या नांवान मोर्चा काडून लोकांक भडकावन घालपी भाशणां करताले. निमाणे कडेन चैत्र पुनवे उपरान्त आस्ते आस्ते लोकजीण सामान्य स्थितींत आयली. लोकांनी सुटकेचो निश्वास सोडलो.

स्थिती सामान्य जाली तरी शिवराम भटागेर खूब वर्सां साकून कामाक येवपी नागम्मा कामाक आयली ना. नागम्मा आयलिना जाल्यार शिवराम भटाली बायल भागिरथीचे हात पांय मोडिल्लेवरी जाताले. केन्नाय येवपाक जायना जालें जाल्यार नागम्मा पुता कडच्यान सांगून धाडटाली. हे फावट तिणें तेंवूय बी केलें ना अशें म्हणून भागिरथीक हुस्को जालो.

नागम्मालें सोळा वर्सांचेरूच लग्न जाल्लें. तेन्ना तिगेल्या शरिराची घसघशीत वाड पळयल्ल्या कोणाकूय ती वीस बावीस वर्सांची आशिल्ले वरी दिसताली. तिगेलो घोव लोकल बसीचेर क्लीनर म्हणून काम करतालो. ताका सोऱ्याचें व्यसन आशिल्लें. कितलोय समजायलो तरी सोरो सोडपाक तो तयार नाशिल्लो. सदांच रातचीं घोवा बायले मदीं झगडीं जातालीं. फाटीं-फुडें पळयनासतना तो तिका बडयतालो. आयकतल्याकूय लज दिसपा सारक्यो गाळी संवतालो. तोंडाक येता त्या अश्लील उतरांचो तिचेर शिंवर करतालो. हें लग्न म्हणल्यार तिका एक ख्यास्त जावन पडिल्लें. ताचे तसले हीण

चलणुकेन ती मनान पुराय मोडून गेल्ली. तिचे हे असहाय स्थितींत तिका गुरवारपण आयलें. तिचे त्रास वाडले. शिवराम भटागेर कामाक वचपाक तिच्यान जायना जालें. घरांतली येणावळ कमी जाली. घोवाली जोड व्यसना खातीर ताची ताकाच कमी पडटाली. बायले कडेन सोरो पिवपाक पयशे मागतालो. ती खंयच्यान दितली ताका पयशे?

एक दीस सदचे वरी झगडलो. तिका मारली आनी म्हणूंक लागलो, 'वच रांडे....आत्तां वच.....तुगेलो तो मींड शिवराम भट आसा न्ही, ताचे कडल्यान पयशे मागून हाड. तुका गुरवार करपाक कळटा. ताका आनी तूं हांगा उपाशीं मरता तें दिसना?'

हें आयकून नागम्मा पुराय गर्भगळीत जाल्लेवरी जाली. हीं उतरां तिच्यान सोंसूं नज जालीं. पूण कितें करतली बाबडी? सोंसून ओगी रावली कारण नशिबांत बरयल्लें आसता तें रबर घेवन पुसपाक येना. तरीपूण सोंसणुकेक एक मर्यादा आसता. ती हुपले उपरांत नागम्मा देवमनीस शिवराम भटाचेर आरोप करपी दुश्ट बुद्दी आनी दुबावी घोवाक सोडून कुळारा गेली.

आपणाली बायल संवसाराक विटून घर सोडून गेली म्हूण लोकांनी म्हणचे पयलीं होच गांवभर सांगत फिरपाक लागलो, 'नागम्मा शिवराम भटा वांगडा पळून गेली. ताणें मंत्र मारून तिका पिशी केली.' अशें म्हणून.

ताच्या घरा वाठारांतल्या बेबद्यांक तो म्हणटा तें खरें दिसलें. तो मेळत थंय तें सांगत भोंवतालो. असल्यो खबरो वाऱ्यार पातळपाक चड वेळ नाका. भागिरथील्या कानार ही खबर पावली. ती तें आयकून विचलीत जाली ना.

तिचो घोवा वयलो विस्वास असले वाऱ्या वयले वार्तेन हालपा सारको नाशिल्लो. तांचें घोवा बायले मदलें नातें प्रामाणीक मोगाचें आशिल्लें.

गिरगिरें घुंविल्लेवरी दीस धांवले. एकार एक कितें ना कितें घडत गेलें. खबरो येत आशिल्ल्यो. नागम्माल्या हुस्क्यान भागिरथी दुख्खी जाताली. कारण अन्यायाक धिटायेन फुडो करपा इतलें मनोबळ नागम्माल्या आंगांत

नाशिल्लें. तिका कोणाल्या तरी अर्थीक आनी मानसीक आधाराची गरज आशिल्ली. देखून भागिरथीच तिगेल्या आधाराक धांवली.

आनी अशे तरेन नागम्मा बाळंत जाली. तिगेर पूत जल्माक आयलो. पुताक मंजुनाथ नांव दवरलें. हे खूशखबरे वयर फूकट दिल्लेवरी आनीक एक बातमी आयली.

नागम्माल्या घोवाक कामीण जाली. सरकारी हॉस्पिटलांतलें वखद गुणार पडलें ना. लिव्हर सुजून ताची आवतिकाय खूब गंभीर जाल्ली. ताका ताकतिकेन मणिपाल नाजाल्यार मंगळुरा व्हरात म्हूण डॉक्टरांनी सांगलें. जाल्यार आतां व्हरतलो कोण?

ताचे लार्गी चार पयशे आसतना सोरो पिवपाक आपोवचे पयलींच दोस्त धांवून येताले. आतां एकलोय ना. तो मेल्यार ताका उबारून व्हरपाक तरी कोण येत काय कितें कोणें सांगचें!

शिवराम भटाक ही खबर कळ्ळी तेन्ना ताणें वेळ केलो ना. ॲम्ब्युलन्स मागोवन ताका मणिपाला घेवन गेलो. ताचो जीव वाटावपाक डॉक्टरांनी यत्न केले. पूण सगळे यत्न फुकट गेले.

लिव्हर फेल जावन नागम्मालो घोव मेलो. तो मरतना शिवराम भट सोडल्यार ताचे लागीं दुसरो आनी कोणूच नाशिल्लो. हॉस्पिटलाचें बील भरून ताचें प्रेत घेवन गांवां परतलो आनी ताच्या संबंदितां कडल्यान निमणे संस्कार करून घेतले.

मनशाच्या दुख्खाक पूर्णविराम आसना. तीं एका फाटोफाट एक अशीं येत रावतात.

मंजुनाथाली पिराय वाडत गेली तसो ताच्या फुडाराचो हुस्को नागम्माक सतावंक लागलो. कुळारा रावन दीस काडप तिका त्रासाचें जावपाक लागलें. तिणें परतून शिवराम भटागेर कामाक वचपाक सुरवात केली. भटागेर तिका वावराडी म्हूण लेखिनाशिल्लीं. घरचीच कुटुंब वांगडी मानतालीं. भटाल्या

भुरग्यां वांगडा नागम्मालो मंजुनाथ शाळेंत वतालो. तो मॅट्रीक पास जालो आनी कॉलेजींतूय वचपाक लागलो.

मंजुनाथ दीसभर शिवराम भटागेरच आसतालो. ताका लागून लोक ताका भटालो पोर म्हणून चाळयताले. ल्हान आसतना ताका तें कळनाशिल्लें. व्हडलो जालो तेन्ना ताका राग येवपाक लागलो. त्या रागा भरांत विचार करता आसतना ताका आवय विशीं दुबाव येवपाक लागलो.

होमांत तूप घाल्लेवरी मंजुनाथाचे जातींतले लोक ताका लागीं बसोवन घेवन हितचिंतक जाल्लेवरी 'तुगेल्या बापायल्या मरणाक शिवराम भट कारण.' अशें सांगून ताच्या मनांत द्वेशाची कीड घालताले. फकत लावन घालपाचें काम करताले.

अशें लावन घालतल्यांची जीब धार मुंडिल्ले ब्लेडीन कातरपाक जाय. त्या बगर ते सुधारचे नात.

सान पिरायेर लग्न जाल्लें देखून नागम्मा अजून तरणाटे पिरायेंतूच आशिल्ली. सोबीत दिसताली. तिका पळयनाफुडें कामूक मनशाल्यो लैंगीक भावना चाळवताल्यो. ती विधवा आसली तरी तिगेले जातींतले दादले तिचे कडेन लग्न जावपाक तयार आशिल्ले. ते भायर दुसरे जातींतले पयशेकार तिका उपपत्नी म्हूण दवरून घेवपाक गळ घालताले.

नागम्मा कोणाल्याच उपभोगी हेतूक बळी पडली ना. ती फकत मंजुनाथाल्या चकचकीत फुडाराचें सपन पळयत उरिल्लें आयुश्य जगताली.

दीस रावनात. रेसीच्या घोड्यावरी वेगान धांवतात. मंजुनाथ कॉलेजींत फायनल इयर परिक्षेक बशिल्लो. रिजल्टाची वाट पळयतालो. ताका हे फावट आपूण पास जातलो काय ना म्हळ्ळो भंय आशिल्लो कारण अभ्यासाचेर ताचें दुर्लक्ष जाल्लें. लक्ष दुसऱ्या गजालींचेर भरकटिल्लें. चड वेळ तो घरा भायर उरतालो. तवनास पोरां वांगडा भोंवतालो. ताचे विचार भश्टल्ले, नदर पातकी जाल्ली. असल्या मनशांक खरें आशिल्लें फट दिसपाक लागता

आनी फट आशिल्लें खरें दिसता. न्याय-अन्याया मदली शीम रेशा पुसट जाल्लेवरी दिसता.

हेच मनस्थितींतल्यान मंजुनाथ शिवराम भटाचो दुबावाच्या आदारान द्वेश करपाक लागलो. आवयक आनी ताका इतलीं वर्सां आदार जावन आशिल्लो, शिक्षणाक सगळे तरेची मदत करपी अशा मनशाचेर सारको विचार करिनासतना मंजुनाथ दुबाव घेवंक लागलो. आवयले आनी भटाले अनैतीक संबंध आसात हे कल्पनेन अस्वस्थ जावन मंजुनाथान सूड भावनेन बदलो घेवपाचो निर्णय घेतलो.

नागम्मा कामाक कित्याक आयली ना? तिका जिवाक बरें ना बी काय? रथोत्सवा दिसा जाल्ले पळापळींत कितेंय मार बी लागूंक ना मूं? असल्या दुबावांनी भागिरथीक हुस्को जालो. 'मातशें नागम्माल्या घरा वचून खबर घेवन येयात तिगेली.' अशें तिणें सांजचो देवस्थानांत वतना घोवाक सांगलें.

मंजुनाथ घरा पावलो तेन्ना तागेले आवय कडेन शिवराम भट उलयत बशिल्लो तो ताणें पळयलो. ताका राग सहन जालो ना. ताच्या मनांत विचार आयलो. 'हो नीच, निर्लज्ज सो रातचो आमगेर घरा येवपाक लागलो!' तेन्नाच तो सोरपान फणो काडून ताका दंश करपाक सोदिल्लेवरी भितरले भितर फुरफुरलो. पूण आवय सामकार तशें करप नाका अशें चिंतून तो भायले भायर फार्टी परतलो.

नागम्माल्या घरा कडच्यान शिवराम भटागेर वतना वळणार इब्राहीम सायबालें घर लागतालें. वाट बारीक आशिल्ली. रस्त्याची लायट नाशिल्ली. वळणार काळोख आशिल्लो. कोणायलो जीव घेवपा खातीर तो जागो फावो तसो आशिल्लो.

मंजुनाथ थंय आड वचून शिवराम भट थंयच्यान येवपाची वाट पळयत उबो रावलो. खुनाच्या विचारान तांगेल्या घरांत रांदिल्लें अन्न आजून आपणाल्या रक्तांत आसा म्हणपाचें तो विसरलो.

परोपकाराचें प्रतिफळ

निमाणे कडेन तो काळ आयलो. शिवराम भट वळणार पावून घुंवता आसतना मंजुनाथान एक पाशाणी फातर उखलून ताचे तकलेर घालो. एकाच धपक्यान शिवराम भट सकयल पडून ताची जीव, वाचा गेली. मंजुनाथान थंयच्यान धांव मारली.

शिवराम भटाल्या तोंडांतल्यान मरतना कसलोच आवाज आयलो ना. ताचे तकलेची कवटी फुटून मेंदू भायर आयलो. चेरो विद्रूप जालो. हात पांय बडयत देह निस्तेज जालो. ताणें केल्ल्या परोपकाराचें ताका अशे तरेन विखारी फळ मेळ्ळें.

रस्त्या वयल्या सुण्यांनी भोंकून कुलकुलाट केल्लो आयकून इब्राहीम सायब टॉर्च घेवन भायर आयलो. ताका शिवराम भट रगताच्या कोंडांत पडिल्लो दिसलो. ताणें बोब मारली. 'हाय अल्ला ऽऽऽ!'

त्या आवाजान शेजारी जमले. इब्राहीम सायबाल्या घरा कुशीक भटालो खून जाल्लो पळोवन निवळिल्लो दंगो परत द्वेशाग्नीन भगभगीत पेटलो. इब्राहीम सायबाल्या दोळ्यांतलीं दुकां तो अग्नी पालोवपाक असमर्थ थारलीं.

♦♦♦

06.

हुंवार

शरावती न्हंय सह्याद्री पर्वत श्रेणींत जल्माक येता. दोंगर आनी रानांवनांतल्यान वाट काडीत 'जोगीमठ' ह्या गांवांत पावता. थंय खोल देंगणांत उडी मारून ती 'ज्योग फॉल्स' नांवान संवसारभर नामना आशिल्लो वजरो निर्माण करता. उपरांत ती अरबी दर्याक मेळपाचें एकूच ध्येय बाळगून गेरसप्पा, कोडाणी, संशी, हेग्गार बाळकूर, करिकुर्वा, मावीनकुर्वा, होसाड, नगरे, होसपट्टण, कासरकोड अशे ल्हान व्हड गांव समृद्ध, पाचवे पिकाळ आनी फळभरीत करीत होन्नावरा पावून अरबी दर्याक येवन मेळटा.

हे न्हंयेक पावसा मोसमांत एक दोन फावटी हुंवार येता. त्या वेळार तिच्या दोनूय कांठांचेर आशिल्ल्या गांवांनी बुडटी येवन लोकांची जीण अस्त्यावस्त जावन आकांताचो प्रसंग निर्माण जाता. गांवांतल्या लोकांक त्या वेळार खूब जागृत रावून दीस काडचे पडटात.

हे न्हंयेच्या पात्रांत पांच जुंवीं आसात. तांचे मदलें सगल्यांत व्हड जुंवें 'मावीनकुर्वा'. होन्नावर तालुक्यांत चडांत चड भात पिकोवपी शेतजमीन हांगा आसा. पन्नाशेक वर्सां फाटीं व्यंकटरमण हेगडो मावीनकुर्वेंतलो श्रीमंत जमीनदार आशिल्लो. इतलेंच न्हीं तर त्या गांवचो तो पटेल आशिल्लो. तागेल्या शेतांतलीं कामां करपाक धा-पंदरा मजूर आशिल्ले ते ताच्या घराच्या आसपास रावताले. ताचे जमनींत भात, भिकणां, भाजीपालो तशेंच बागायतींत नाल्ल, सुपारी, केळीं, आंबे, पणस आनी हेर तरेकवार उत्पन्नूय मेळटालें.

तशेंच गोठ्यांत गायो, म्हशी, बैल हीं उपेगी जनावरांय आसतालीं. त्या गांवांतल्यान खंयूय दुसऱ्या गांवांत वतलो जाल्यार जलमार्गान व्हड्यांतल्यान होन्नावरा वचून थंयच्यान मागीर फुडें. हेगडेली स्वताची दोणी आनी ती तांडपी एक तांडेलूय आशिल्लो.

हेगडेलें कुटुंब व्हड. त्या एकवटीत कुटुंबांत व्यंकटरमण व्हडलो. घरांत ताचोच अधिकार चलतालो. ताणें सांगिल्लें वेदवाक्य. कुटुंबाचे व्हडविकायेक सोब सारकें दोन माळयांचें सोबीत आनी मजबूत अशें तांचें घर आशिल्लें. व्यंकटरमणान स्वताचे देखरेखींत मावीनकुर्वेंत बांदिल्लें. जमीनदारी आनी पटेलकी अशी दोनूय मार्गांनी ताणें कमयल्ली आस्पत सात पिळग्यांनी बसून खावं येत इतली आशिल्ली.

रेव्हेन्यू अधिकारी, पोलीस अधिकारी कामा निमतान मावीनकुर्वेंत आयल्यार वा खंयच्याय आशिकुशीच्या गांवांनी आयल्यार ते सगळे व्यंकटरमणागेर जेवणाखाणाक वा विसव घेवपाक येवन रावताले. तांची सगळी वेवस्था व्यंकटरमण करतालो. अशें आशिल्ल्यान जिल्हा कलेक्टर ऑफीस धरून डी. एस. पी. बंगल्या मेरेन ताका मान आशिल्लो. ते खातीर लोकूय ताचो मान राखून चलताले. ताका बागवून नमस्कार करताले.

त्या काळांत मावीनकुर्वेंत भुरग्यां खातीर शाळा नाशिल्ली. व्यंकटरमणान होन्नावरांत जागो घेवन घर बांदलें आनी दोगां भावांक शिक्षणा खातीर थंय दवरले. अशे तरेन कुटुंबांतल्या भुरग्यांच्या शिक्षणाची ताणें वेवस्था केल्ली. कांय काळा उपरांत तागेल्या भावांनी व्यापार उद्देग सुरू केलो. भात, गोड, लांकूड असल्या म्हालाचो ठोक व्यापार ते करताले. त्या धंद्यांतूय खूब कमाय जावंक लागली. दुडू आनी प्रतिशठा हातांत हात घालून येवंक लागली आनी कुटुंबियांनी व्हड नांव जोडलें.

एका वर्सा श्रावणांत कृष्णाश्टमी दिसा शरावती न्हंयेक हुंवार आयिल्लो. न्हंयेच्या दोनूय देगांचेर आशिल्ल्या गांवांनी उदक घुशिल्लें. शेतां बागायती

हुंवार

बुडून खूब लुकसाण जाल्लें. गरिबांल्यो खोंपी प्रवाहांत व्हांवून गेल्ल्यो. मनशां आनी जनावरां मेल्लीं.

मावीनकुर्वेतल्या हेगडेल्या घरांत वर्सुकी कृष्णाश्टमीचे पुजेक तुळशीदळां घालपाक कुटुंबांतले सगळे जाण जमिल्ले. कसलेंय देवकार्य आसतालें तेन्ना तेन्ना ते घरा येताले. त्या दिसा न्हंयेचें उदक तांच्या घरा आंगणांत पाविल्लें.

व्यंकटरमणालो व्हडलो पूत शशीभूषण तेन्ना बारा वर्सांचो आशिल्लो. तो होन्नावरांत बापोलयागेर रावून स्कुलाक वतालो. आतां नोकरेंतल्यान रिटायर जालो तरी फाटलो तो दीस घरा आंगणांत दोणीर येवन देंविल्लो तें विसरूंनाशिल्लो.

कृष्णाश्टमीचे पुजेक आयिल्लीं सगळीं कुटुंबांतलीं दादले बायलां पुजेचे तयारे परस घरांतलें सामान वयले माळयेर चडोवपाच्या कामांत घुस्पून उरलीं. पळयतां पळयतां तांचे नदरे मुखार उदक वयर वयर येत आशिल्लें. ताचो नेट वाडून भिरांकूळ परिस्थिती निर्माण जाल्ली. पुराय मावीनकुर्वा जुवें उदका पोंदा गेल्लें.

'अशे तरेचो हुंवार हे आदीं आमी केन्नाच पळोवंक नाशिल्लो.' अशें जाणटे लोक म्हणटाले. न्हंयेचे देगेर रावपी खारवी, अंबिये आनी ख्रिश्चन वाड्या वयल्या लोकांनी घरांत उदक घुसता तें पळोवन घरांतल्यान भायर सरून होसाड गांवांत वचून कपेलांत आसरो घेतिल्लो. कांय लोक वलकी, कवलक्की गांवां वटेन धांविल्ले. वचना आजून घरां सोडून वचुंनाशिल्ल्या लोकांक 'घरां खाली करात, सुरक्षीत जाग्यार वचात.' म्हण मोठ्यान आड्डून सांगताले.

व्यंकटरमण हेगडेले विस्वासी, प्रामाणीक चाकर अंकुश आनी ताची बायल गुलाबी आपणाली खोंप व्हांवून गेल्ल्याचें दुख्ख विसरून स्वामी भक्तीन सावकाराले आस्ती-पास्तीची राखण करपाक वावुरतालीं. तांचो आठ वर्सांचो पूत कन्हय्या लेगीत त्या कामाक आपले परीन मदत करतालो.

अंकुश सान धरून हेगडेच्या घरांत घोळटालो. तो तांचो घरचोच जाल्लो. आंगलोटान बरो आनी घटमूट आशिल्ल्यान चार जाणांचें काम तो एकलोच करतालो. कसलेंय काम करपाक तो भियेनाशिल्लो. गांवांत चोरी, मारामारी, खून अशे तरेचे अपराध जाताले तेन्ना पटेल म्हणून चवकशेक वतना व्यंकटरमण हेगडो अंकुशाक अंगरक्षक म्हूण वांगडा व्हरतालो. दुबावीत म्हूण जांकां धरताले ते अंकुशा कडच्यान पटेलान फर्मायल्लो वेताचो मार पडनाफुडें रोखडोच गुन्यांव कबूल करताले.

थांबनासतना घोग्यांनी पावस पडत आशिल्लो. न्हंयेचें उदक वाडत आशिल्लें आनी उदकाच्या भिरांकूळ नेटान व्हांवपी प्रवाहाक लागून हुमटल्ले माड, माडयो आनी हेर ल्हान व्हड झाडां हुंवारांतल्यान व्हांवून वतालीं. भायल्या काळखांत कांयच दिसनाशिल्लें. लोक घरां सोडून वतना बोबो, हुयेली मारताले त्यो कानार पडटाल्यो.

पटेलकीची जबाबदारी आशिल्ल्यान हेगडो भायर खंय कितें चल्लां तें पळोवपाक एका हातांत सांतें आनी दुसऱ्या हातांत बॅटरी घेवन आनी सांगाताक अंकुशाक घेवन गांवांत एक फेरी मारपाक भायर सरलो. चड फिरून पळोवपाक तांकां जमलें ना. वचत थंय उदक आनी उदक. वाट दिसनाशिल्ली. पांय खंय दवरचो तें कळनाशिल्लें. हुंवारांत व्हांवून विखाळे सोरोप व्हांवून येतात ह्या भंयान अंकुशान सावकाराक मुखार वचपाक दिलें ना. ताका घेवन तो फाटीं परतलो कारण मालकाच्या जिवाचो ताका हुस्को आशिल्लो.

भायलो आकांत चालू आसतनाच हेगडेल्या घरांतल्यांनी सांजच्या सात-साडे सात वरांचेर सहस्त्रनाम वाचून, कृष्णाश्टमीक तुळशी दळां घालून, अर्घ्य दिवन पुजा केली. प्रसाद वांटलो आनी अश्टमीचो उपास सोडलो.

जिवा वयल्या संकश्टाची परिस्थिती आशिल्ल्यान होन्नावरा साकून आयिल्ल्यांनी जाता तितले बेगीन परत वचपाचें थारायलें. होन्नावरा दोणीर

वचप शक्य जायना जाल्यार बेरवळ्ळी वचून थंयच्यान दोंगर चडून होन्नावर वचपाचें चिंतलें. सगळे लोक एके दोणीर वचप नाका अशें म्हणून मंजण्णाली आनीक एक दोणी मागयली. कोणेंय रावता म्हणलें तरी तांकां रावोवन घेनासतना व्यंकटरमणान सगळ्यांक धाडून दिले. अंकुशाल्या पुताकूय धाडलो. दोणी बेरवळ्ळी दिशेन सुरक्षीत पाविल्ली पळोवन व्यंकटरमण आनी अंकुश परत घरा आयले.

हेगडेल्या घराचे पडवेर खांब्याक तेंकून अंकुशाली बायल गुलाबी बशिल्ली. वयर हुमकळायल्ल्या लापयांवाचो उजवाड सारको तिच्या आंगार पडटालो. व्यंकटरमण थंय पडवेर आशिल्ल्या मंचकार बसलो. सुपारेचो कुडको तोंडांत उडोवन तो घोळयत आनी पानाक चुनो लायत तिरशे नदरेन तो गुलाबीक पळयतालो. तसले प्रलयकारी स्थितींत ताच्या मनांत दुश्ट कामूक विचार खांब्याक फेरे घाल्लेवरी घुंवताले.

गेल्ल्या साबार वर्सां साकून गुलाबीचेर ताची वायट नदर आशिल्ली. तिका लागीं करपाची तो संद सोदीत आशिल्लो. तोंडांत चुनो लायिल्लें पान आनी तंबाकू घालून चाबत तो एक फावट अंकुशाक आनी एक फावट गुलाबीक पळयत, कसलो तरी गूढ विचार करीत राविल्लो.

गुलाबीचें सोळा–सतरा वर्सांचेर लग्न जाल्लें. शरावतीचे पेले वटेन नगरे गांवांत तिचो जल्म जाल्लो. शूद्र जातींत जल्मल्ली आसुनूय ती रुपान सुंदर दिसताली. ब्राह्मण समाजांतल्या बायलांवरी न्हेसोवन गुलाबीक तांचे मर्दीं उबी केली जाल्यार कोणूच तिका शूद्र म्हणून वळखुचो नाशिल्लो. त्या काळांत तांचे जातींतलीं बायलां पोलको घालनाशिल्लीं. हातमागाचीं कापडां धोंपरां वयर कास मारून न्हेसतालीं आनी पालवान शरिराचो कमरा वयलो भाग धांपून घेतालीं.

गुलाबी त्या दिसा पावसांत चिप्प भिजिल्ली. दोन चार कडेन पिंजिल्ली पातळ साडी तिगेल्या आंगाक चिकटून बशिल्ली. तिका पळयल्यार अमर

शिल्पी जक्कणाचार्यान कोरांतून तयार केल्ले शिवबालिकेवरी ती दिसताली. तिगेली चोवीस-पंचवीस वर्सांची पिराय. मुग्ध स्त्री सौंदर्य पळयतल्यांची नदर आपले वटेन खेचून घेताली. तिका पळयत बशिल्ल्या व्यंकटरमणाली नियत दुश्ट विचारांनी भ्रश्ट जाल्ली. कामोद्वेगाच्या भारान ताची लज अब्रू ताका सोडून गेल्ली. वासनेन मन चाळवता तेन्ना बुद्दी कामा येना. वासने फाटोफाट मनीस फरफटत वता आनी मनांत येता तें करून मेकळो जाता.

व्यंकटरमणान तेंच केलें. ताणें आपणालो दुश्ट हेतू साध्य केलो. तें काम करतना ताका आनीक कोणालो भंय दिसलो ना तरी अंकुशाचो ताका भंय दिसतालो. तरणाटे पिरायेचो आनी आंगान तो बळिश्ट आशिल्लो. व्यंकटरमण भितरल्यान ताका भियेवन आशिल्लो पूण भायल्यान दाखोवन दिनाशिल्लो. त्या भंयान इतले दीस गुलाबीक हात लावपाक भियेवन तो फाटीं सरिल्लो. पूण 'कामातुराणाम् ना भयम् ना लज्जा.' म्हणिल्लेवरी त्या कृष्णाश्टमी दिसा तो भंय आनी लज्जा दोनूय विसरलो. मनोकामना पूर्ण करपाच्या पूर्ण निर्धारान तो उठलो. तोंडांतली पानाची पीक भायर थुकून आयलो. भितर वचून बायल कितें करता तें पळोवन आयलो.

हेगडेली बायल पद्मावती मायी देवाकुडींत तुपाचो दिवो लावन देवा लागीं 'सैमीक आपत्तींतल्यान सगल्यांक वाटाय देवा!' अशें म्हणून प्रार्थना करीत बशिल्ली. तिका बाबडेक ते सैमीक आपत्ती परस व्हड आपत्ती येवपाची आशिल्ली ते विशीं कल्पनाच नाशिल्ली.

व्यंकटरमण अंकुशाक घेवन माळयेर गेलो. माळये वयले एके कुडींत सरकारी अधिकारी येताले तेन्ना तांकां खोशी करपाक जाय पडटा म्हणून हाडून दवरिल्ल्यो सोऱ्याच्यो बाटल्यो आशिल्ल्यो. तातूंतली एक बाटली हेगडेन अंकुशाक दिली.

अंकुशाक तें नवें न्ही आशिल्लें. केन्ना केन्नाय व्यंकटरमण ताचेर खूश जातालो तेन्ना ताका सोरो पिवयतालो. पूण ताका केन्नाच अशी भरिल्ली

बाटली दिवंनाशिल्ली. त्या दिसा ताणें आनी तागेले बायलेन जिवाची पर्वा करिनासतना आपणाली खोंप व्हांवून गेली तरी पावसांत भिजत सावकाराली आस्ती-पास्ती वाटावपाचें काम केल्लें. तें पळोवन मालक खोशी जालो अशें अंकुशाक दिसलें. एक भरिल्ली बाटली पळोवन ताच्या तोंडाक उदक सुटलें आनी ताणें आंवडो गिळ्ळो.

अंकुश कसलींय कामां फटाफट घोड्यान लाथ मारिल्लेवरी करतालो. सोरो पिता आसतनाय तसोच गट गट करून पितालो. सोरो देशी उरू वा विदेशी. तातूंत कितेंय सोडा वा उदक मिक्स केले बगर तो पितालो. ताका तें जाय म्हण नाशिल्लें.

अंकुशाली ही नशेची दुर्बळकाय व्यंकटरमणाक खबर आशिल्ली. ती जाणां जावनच हेगडेन ताका भरिल्ली बाटली दिल्ली.

ताणें अंकुशाक सांगलें, 'आतां आमी हांगा उरल्यार वांचून उरचे नात. उदक वाडत आसा आनी प्रवाहाचो तितलोच नेट वाडपाक लागला. आमकां जलसमाधी मेळटली. ते खातीर कसलेय परिस्थितींत न्हंय हुपून पलतडेंत होसाड दिकेन वचपाकूच जाय आमकां.'

'तारी वयल्या रुजार तारयाक दोणी घेवन आपय कूय घालून. वच बेगीन. वेळ वगडावं नाका. वेळ जाता तितलो धोको वाडटलो.' रातचीं इकरा वरां जाल्लीं. भायर गुप्प काळोख आशिल्लो. पावस पडत आशिल्लो. वादळी वारोय नेटान व्हांवतालो. जिवा भंयान निशाचर मोनजातूय बी भायर दिसनाशिल्ली. अशे परिस्थितींत सावकाराचो आदेश मानून आनी ताणें दिल्ली चार सेलींची बॅटरी घेवन, आंगार कांबळ गुठलावन अंकुश भायर सरलो. कांबळींत ताणें सोऱ्याची बाटली लिपोवन व्हेली ती गुलाबीक दिसली ना.

व्यंकटरमणाले तकलेंत घुंवताले ते विचार कोणाक कळनाशिल्ले. पद्मावतीमाई घरांत नाशिल्ली जाल्यार तो गुलाबीक तेन्नाच आपणाली करून घेत आशिल्लो. तिणें विरोध केल्यार तिचेर बलात्कार करपाक तो फाटीं-फुडें

पळोवचो नाशिल्लो. बायलेक कितलेंय सांगलें तरी होन्नावरा वचनासतना ती घरांतूच देवा मुखार तुपा दिवो लावन बशिल्ली पळोवन ताका तिचो भयंकर राग आयलो कारण ताचे नदरेन वेळ कारणा शिवाय फुकट वतालो.

रुजारीक सोदपाक गेल्लो अंकुश सोऱ्या बाटली रिती करून आयलो. चार घोंट ताणें रुजारीकय पिवयले.

सोरो पिवपी बेवड्यांक वेळ काळ प्रसंगाची आनी विषम परिस्थितींतले जबाबदारेची पर्वा आसना. सोरो तकलेक चडिल्लो आसतना ते दोगूय रुजारीली दोणी नीट हेगडेल्या आंगणांत घेवन आयले.

गुलाबी गोठ्यांत गेली आनी गोरवांचीं दावीं सोडून परतली. व्यंकटरमणान भांगरा वस्ती आनी अळंकारांचो करण हाडून बायले कडेन दिलो. बायलेक आनी गुलाबीक दोणीत बसपाक सांगलें आनी दाराक कुलप लायलें.

हें सगळें काम चालू आसतना पद्मावतीमाईन घोवाक काकुळटेक येवन सांगलें, 'दोणी चलयतलो रुजार सोरो पिला. आमी ह्या हुंवारांत बुडून मरचे परस हांगा घरांतूच रावया. कितेंय घडपाचें आसा तें घरांतूच घडूं.'

मनशाल्या अंतस्कर्णांत अनेक पडडे आसतात. तांचे फाटल्यान अनेक रहस्यां लिपिल्लीं आसतात.

घरांत उरले जाल्यार सुरक्षीत उरतलीं हें व्यंकटरमणाक खबर आसता. पूण ताच्या मनांतले राक्षसी विचार हें करपाक ताका प्रवृत्त करतात.

बायलेचेर तो तापलो आनी भंय घालून सांगलें, 'पुराय गांवांत एक्क मनीस ना. वेळ करूं नाका. वच आनी दोणींत बस. भायर सरतना अपशकुनाचीं उतरां उलोवं नाका.'

पद्मावतीमाई घोवाक भियेली ना. तिणें म्हणलें, 'पंडिताल्या घरांतलो दिवो दिसता. हे दिशेक मठांतले दिवे दिसतात. अनंत भटाल्या घरांत दिवे दिसतात. तशे कांय सगळे लोक घरां सोडून गेले नात. तुमी हे असले मध्यानरातीर कित्याक म्हण अशें करतात कळना म्हाका.'

'कळना जाल्यार उलोवं नाका. सांगतां तें आयक. पंडितागेर दिवे दिसतात व्हंय. मनशां दिसतात तुका?' जबरदस्तेन ताणें तिका बचकुलाक धरून दोणीत बसयली आनी गुलाबीकय बचकुलाक धरून दोणीत चडोवन बसयली.

पद्मावतीमाई खूब भियेल्ली. तिका पळोवन दोणी धुकलून भायर घालतना रुजारीन तिका म्हणलें, 'अम्मा, भिये नाकाय. देवाचेर भार घाल. तेचें नांव घे.'

'भार देवाचेरूच घाला. तुजेर घालूं ना. म्हाका भियेवं नाका म्हणटा? तुका भंय दिसना रे?'

'पोटेलाले घोरचीं म्हूण येदे रातीर येयलों हांव. दुसऱ्या कोणेय आपोयल्यार येयनासलों. मोरों म्हुणटासलो मेल्यार. आमकांय जिवा आस आसा न्हू! बायल भुरगीं आसाय. येवपा पोयलीं कोपेलांत वोचोन देवाक वाती लावन येयलां. तुमीय तुमगेल्या देवाक सांगोन घेयाय. आंगवोण कोराय.'

'रुजार तूं पिला म्हूण म्हाका चड भंय दिसता.' पद्मावतीन ताका म्हणलें.

'आम्मा, चोड पिलों ना. फोकोत दोन पेग. पोयलें हांये अंकुशाक येयना म्हुणलें. एक पेग घेतलो आनी धिटाय येयली. मागीर आनीक एक पेग घेतलो. दोणी काडूं जाय म्हूण चोड पिल्ना हांव. तो म्हाका आनीक घे म्हुणटालो. नाका म्हुणलें. तूंच पिये म्हुणलें तेका.'

'हाय देवा.....! अंकुशय बी पिला?' तिणें भियेवन म्हणलें.

'ओगी राव गो. जीव सोडूं नाका असो.' व्यंकटरमणान बायलेचेर धेंगसो घालो.

पद्मावतीमाईन दोळे धांपून हात जोडले आनी ग्रामदेव गोपालकृष्णाक, भटाले आळींतले अंबाबाईक, गुंडबाळच्या मुख्यप्राणाक, इडगुंजीच्या गणपतीक, मुरुडेश्वराच्या म्हादेवाक अशा सगळ्या देवांक सांगणें करून आंगवण केली.

दोणी शरावतीच्या मुख्य प्रवाहांत पाविल्ली. सगळीं जाणां स्वास धरून

बशिल्लीं. मध्यानरात आनी काळ्या कुपांक लागून गाड काळोख पातळिल्लो. पावस पडत आशिल्लो. नेटान व्हांवपी वाऱ्याक लागून उदकाचोय नेट वाडिल्लो. उदकाची व्हांवती आडवी कातरून दोणी होसाडचे दिकेन व्हरपाक जाय आशिल्ली. उरफाटी ती प्रवाहा वांगडा बेरवळ्ळी दिशेन वचपाक लागली. ती रुजारील्या नियंत्रणांत नाशिल्ली. तातूंतलीं मनशां वांचतात काय मरतात कोण सांगपाक शकनाशिल्लो. सगल्यांची भंयान गुळी जाल्ली. तांचो जीव ताळ्यांत पाविल्लो.

तेन्नाच प्रवाहांतल्यान व्हांवन आयिल्लो लांकडा लोळगो धड्ड करून दोणीक पोंदाक आपटलो. दोणी गर्रर करून घुंवली आनी हेवटेन तेवटेन हालपाक लागली. व्हांवतें उदक उसळून दोणीत आयलें. त्याच वेळार व्यंकटरमणा कुशीक बशिल्लो अंकुश न्हंयेंत पडलो. पद्मावतीमाईन मोट्यान किळांच मारली. गुलाबी हड्डें बडोवन घेवन रडपाक लागली. हेगडेन उदकांत बॅटरी मारून पळयलें पूण प्रवाहांत व्हांवून गेल्लो अंकुश कोणाक दिसलो ना.

गुलाबील्या दुख्खाचो कोणाकूच अदमास येवप कठीण आशिल्लें. त्या दुख्खान तिवूय बी न्हंये उदकांत उडी मारपाक उठून उबी रावली. व्यंकटरमणान तिका वेंग मारून घट्ट धरली. तिणें सुटपाक खूब यत्न केले तरी हाणें तिका कशीच सोडली ना. सोडिल्ली जाल्यार तिवूय बी बुडून मरतली आशिल्ली.

हो सगलो रुद्रावतार चलता आसतना कोणाल्या नशिबान कोणाक खबर होसाडा वटेन ती दोणी अनंत कामतील्या घरा मुखा वयल्या अश्वत्थ रुखा कुशीक कांठाक येवन लागली. थंय तीं सगलीं देंवलीं. बॅटरीच्या उजवाडांत नागमाक्काल्या घरा वचून तांणी रात काडली. सकाळ जाली पूण कोणाकूच न्हीद लागली ना.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं व्यंकटरमणान धा-बारा मैल चलत होन्नावरा वचपाचें थारायलें. गुलाबी आपूण येना म्हणटाली तरी पूण एकलेक सोडून वचप समा न्हय म्हणून तिका पद्मावतीमाईन आनी नागमाक्कान परतू परतून

समजायली.

गुलाबीक एकलेक थंय सोडून गेल्यार ती आनी खंयूय जीव दीत म्हळ्ळ्या हुस्क्यान हेगडेन तिका म्हणलें, 'गुलाबी, हट्ट करूं नाका. म्हालगड्यांनी सांगिल्लें आयक. हांगा रडत बसल्यार तुजें दुख्ख कमी जावचें ना. तुगेलो पूत होन्नावरा आसा. ताका कोण समजायतलो? तुवेंच समजावपाक जाय. आजून ही खबर तांकां कळिल्ली ना. ते भायर पोलीस स्टेशनार वचून तुवें कागाळ करपाक जाय.'

पुताचो उगडास जालो तेन्ना गुलाबी सट्ट करून उठली आनी तांच्या सांगातान भायर सरली. चलून हडीनबाळ पावता म्हणल्यार सकाळचीं णव वरां जालीं. थंय गुंडबाळे न्हंयेक हुंवार आयिल्लो. तरी प्रवाहाचो वेग कमी आशिल्लो. लोक दोणीतल्यान पेले वटेन वताले. हिंवूय बी गेलीं. दनपरां जेवणा वेळार कवलक्की पावलीं. कृष्ण भटाले खाणावळींत जेवन होन्नावरा वटेन चलपाक लागलीं.

पावस झिरी झिरी उसार नासतना पडत आशिल्लो. रस्तो मातयेचो आनी मर्दीं मर्दीं चिखला उदकान भरिल्ले फोंडारे. अशें आशिल्ल्यान होन्नावरा पावतासर सांज जाली. हांकां पळोवन घरांतल्या सगळ्यांक खोस जाली. दीर्घ स्वास सोडून तांणी समाधान व्यक्त केलें. पूण रोखडीच अंकुशाल्या अपघाती मरणाची खबर आयकून शिंया दिसांनी कुडकुड्याचें शीं आसतना तकले वयल्यान थंड उदकाचो कळसो रकयल्लेवरी जालें. खिणा भितर घरांत सुतकी वातावरण पातळ्ळें.

'जनन मरण कोणाल्याच हातांत ना.' अशें सांगत, समजायत सगल्यांनी गुलाबीचें दुख्ख उणें करपाचो यत्न केलो. तरी पूण खरेपणीं तिगेलें दुख्ख उतरांनी आनी उपदेशांनी कमी जावपा सारकें नाशिल्लें.

दोन दिसांनी पावसाचो भार उणो जालो. शरावतीक आयिल्लो हुंवार देंवलो. देगे वयले गांव सामान्य स्थितींत येवपाक लागले. लोक पोटापाणयाचे

जाल्ले त्रास विसरून कामाक लागले. घरां व्हांवून गेल्ल्या लोकांनी हांगा थंय रिणां काडून खोंपी बांदल्यो आनी रावपाक लागले.

लुकसाण जाल्ल्याक सरकारान थोडी भोव मदत केली. समाजा खातीर वावुरपी सेवा संस्थांनी बी मदत केली. समाजांतले सगल्या थरांतले लोक ह्या समाजसेवेच्या कामा खातीर वावुरताले. लोकांनी सदळ हातान आनी एकवटान मदत कार्यांत वांटो घेतलो. उध्वस्त मावीनकुर्वे गांवांत नवनिर्माणाचें काम युद्धथरार सगल्यांनी मेळून केलें.

व्यंकटरमण हेगडेन पटेलकीचो वशिलो लावन गुलाबीक चडांत चड सरकारी अर्थीक आदार मेळपाची वेवस्था केली. तिगेली खोंप आशिल्ली त्या जाग्यार पक्कें नळ्यांचें घर बांदून दिलें.

सोबीतकाय आनी शील एकठांय उरप बी कठीण गजाल. तेच तरेन ऐश्वर्य आनी अधिकार आशिल्ले कडेन चारित्र्य उरप ही शक्यताय उणीच आसता. गुलाबीक बांदून दिल्ल्या नव्या घरांत व्यंकटरमणाचें गरज नासतना येवप-वचप वाडत गेलें. तांचे मदीं अनैतीक संबंध तयार जाले. गुलाबीक एक पक्को आनी घटमूट आदार मेळ्ळो. ती ताची दुसरी बायल जाली. हेगडेची सुप्त कामवासना तृप्त जाली.

कामवासना आशिल्ले कडेन धोकेबाजी आनी दुख्ख हीं दोनूय उरतात. ताचो त्रास फकत कामूक व्यक्तिकूच न्हीं तर ताच्या कुटुंबांतल्या मनशांकूय जाता.

पद्मावतीमाईन घोवाल्या अनैतीक संबंधाक विरोध व्यक्त केल्लो. ते खातीर ताचीं रागाचीं उतरांय आयकल्लीं. तापोवणी आनी मारय बी खाल्लो. तरी पूण ती ताका सांगत आसताली, 'पळया..ते शुद्र अस्तुरे वांगडा आनीक एक संवसार मांडून नरकांत वतात हय हो? गांवांत अन्याय जाल्यार न्याय दितल्यांनी अशे तरेन वर्तन करप समा दिसता?'

बायलेन कितलेंय सांगलें तरी हेगडे आपणालें वर्तन बदलपाक तयार

ाशिल्लो. आपणाली पुराय जीणभर ताणें गुलाबीक ऐशोआरामांत दवरली. गेगान सांबाळ्ळी. तिणेंय तागेली मनोकामना पूर्ण केली.

एक दीस घोवाले पांय धरून पद्मावतीमाईन सांगलें, 'गुलाबीक पयस इवरात. नाजाल्यार म्हजो गळो अंदून म्हाका मारून उडयात.'

त्या दिसा व्यंकटरमणान बायलेक खोंटांनी मार मार मारली. ताका आडावपी घरांत कोण नाशिल्लो. ती बेशुद्ध पडली तरी मारीत रावलो. तिका मारूमारून तो भिवयतालो. तिका ताणें बजावन सांगलें, 'ह्या घरांत तुका खावपाक पिवपाक कांयच कमी ना. तुगेलो अधिकार कोणें मागूंक ना. ते खातीर म्हजो आनी गुलाबीचो संबंद कसले तरेचो ताचो तुवें विचार करून तकली विरार करून घेवपाची कांयच गरज ना. तुका हांव स्पश्ट सांगतां, गुलाबी वांगडा हांव नरकांत वचपाक तयार आसां. तिका सोडून हांव तुजे वांगडा सर्गांत येवपाक तयार ना. ना म्हणल्यार ना.'

तेन्नाच्यान पद्मावतीमाईचें शापीत जीवन सुरू जालें. कुंवाळो भितरले भितर कुशिल्लेवरी तांचे घोवा-बायले मदले संबंद कुसपाक लागले. भायल्यान पळयतल्याक ते कळनाशिल्ले.

व्यंकटरमणाल्या लग्ना भायल्या संबंदांतल्यान गुलाबीक दोन भुरगे जाले. व्यंकटरमणागेर काम करीत ते व्हडले जाले. आतां हेगडेलो आनी गुलाबीलो संबंद दुबावाचो, विवादाचो वा चर्चेचो विशय उरूंक नाशिल्लो.

शिक्षण पूर्ण करून हेगडेलो पूत शशीभूषण गांवां आयिल्लो तेन्ना ताणें आवयक विचारलें, 'अम्मा, तुवें कशें सोंसून घेतलें हें सगळें?'

तिणें जाप दिली, 'आमकां बायलांक घोवां मुखार उलोवपा इतली मेकळीक खंय आसा रे पुता? दादलो म्हणटा तें आयकून तोंड धांपून रावपाचें. बायलेन फकत 'पतिदेवोभव' म्हणत ताची सेवा करीत ताचे भोंवतणी उपग्रहावरी फिरत रावप.'

त्या अनैतीक संबंदा विशीं चल्या कडेन चड कांय उलयनासतना तिणें

तो विशय तितल्यार बंद केलो आनी चलो मावीनकुर्वेंत आशिल्लो तितले दीस व्यंकटरमण हेगडो चडसो वेळ घरा कडेनूच भायर-भितर करून रावलो.

थोड्या दिसांनी शशीभूषणाक नोकरी मेळ्ळी. तो गांव सोडून गेलो. तेन्ना ताचें गांवां येवप कमी जालें.

थोड्या काळा उपरांत देश स्वतंत्र जालो. समाजीक बदल घडत गेले. गांव सुदारपाक लागले. शरावतीचेर सरकारान तीन-चार कडेन धरणां बांदून वीज निर्मिती करपा खातीर उदक आडायलें. अशें जाल्ल्यान भरतेच्या वेळार दर्यांतलें खारें उदक मावीनकुर्वे मेरेन येवपाक लागलें. बरी पिकाळ जमीन सत्वहीन जायत गेली आनी शेतांतलें उत्पन्न कमी जायत गेलें.

मावीनकुर्वेंत वीज पावली. थंय नळ्यांचे, काजू बियांचे कारखाने आयले. रस्ते जाले. शाळा सुरू जाल्यो. शरावतीचेर पूल बांदलो. पयलीं शेतकामाक येवपी लोक कारखान्यांनी कामाक वचपाक लागले. रस्त्या कामाक आनी नुस्तें मारपाक लाँचीचेर वचपाक लागले. स्कुलांत वचून शिकिल्ले नोकरी करपाक लागले. चार गांव फिरून ते बुदवंत जाले.

ह्या सामाजिक बदलांक लागून लोकांक तांचे अधिकार कळपाक लागले, हक्क कळपाक लागले. कूळ कायद्याक लागून जमीनदारांली स्वताची जमीन रैत लोकांच्या वांट्याक गेली. हेगडे कुटुंबाची बरीच व्हड जमीन रैताच्या वांट्याक गेली. व्यंकटरमणालो पटेलकीचो अधिकार गेलो. तो वार्धक्यान हैराण जाल्लो. डायबिटीस, ब्लड प्रेशरान त्रस्त जाल्लो.

मनान, शरिरान थकतात तेन्ना जाणट्याक स्थीरताय आनी धीर मेळपाची गरज आसता. पूण हेगडेच्या घरांत कुटुंब कलह सुरू जालो. रासवळ कुटुंबांत फूट पडली. तांचे वांटे जाले आनी व्यंकटरमण हेगडेले गिरेस्तकायेक ग्रहण लागलें.

घरांत हे वांटे जाले उपरांत दोन-चार म्हयन्यांनी व्यंकटरमणाली भलायकी इबाडली. घरांत ताची सेवा करपाक कोण ना जालीं. होन्नावरा आशिल्ल्या

ताच्या भावांक कळयलें तरी कोण आयलो ना कारण वांटे जाले तेन्ना तांचे पर्दी दुस्मानकाय उबजल्ली. पद्मावतीमाई घरांत एकलीच आशिल्ली पूण तिगेलीय पिराय जाल्ली. परिस्थितीची कल्पना दिवनूय बी कोणूच आयलीं नात. सगळ्यांनी दुर्लक्ष केलें.

गुलाबीक व्यंकटरमणाल्या घरांत कितें चल्लां ताची कल्पना आशिल्ली. तिणें आपणाल्या भुरग्यांक होन्नावरा धाडून पंडीत डॉक्टराक आपोवन हाडलो. तिगेले भुरगे म्हणल्यार व्यंकटरमण हेगडेल्या संबंदांतल्यान जल्माक आयिल्ली संतत. तांकां हेगडेन मावीनकुर्वेंत थोडी जमीन दिवन तांच्या पोटापाणयाची व्यवस्था केल्ली. ते खातीर ते त्याच गांवांत संवसार करून आशिल्ले. पूण अंकुशालो पूत कन्हैयाक हेगडेचेर जी भक्ती आशिल्ली तशी ह्या भुरग्यांक नाशिल्ली. शेवटा शेवटाक हेगडो तांकां भियेवनूच दीस सारतालो. हेगडेली अवस्था दांत काडिल्ल्या सोरपावरी जाल्ली.

पंडीत डॉक्टराल्या वखदान हेगडेले भलायकेंत कांयच फरक पडलो ना. मागीर शानभाग डॉक्टरालें वखद केलें पूण तो बरो जालोच ना. हांथरूणा वयलो उठलोच ना. निमाण्या वेळार पद्मावतीमाईनूच ताची रात दीस सेवा केली.

एक दीस राती कडेन ताका स्वास घेवपाक त्रास जावपाक लागले. सवकास ताचे हात पांय थंड जायत गेले. ताका मरण लागीं आयलां म्हण कळ्ळें.

हुसक्याचे परिस्थितींत इतल्या व्हडल्या घरांत पद्मावतीमाई सोडल्यार आनीक कोण नाशिल्लीं. एकली आसुनूय ती भियेनाशिल्ली.

'बापायली भलायकी हुसक्याची जाल्या. एक फावट येवन पळोवन वच.' अशें तिणें पूत शशीभूषणाक कळयलें. तो येवन पाव मेरेन स्वास उरल्यार पुरो अशें देवा सामकार मागत बसली.

पूण देवान तिचें मागणें आयकलें ना. एकदम दीन नदरेन बायलेचें तोंड

पळयत हेगडेन निमणो स्वास सोडलो. तिणें ताच्या तोंडांत घाल्लें गंगोदक ताच्यान गिळपाक जालें ना.

जितो आसतना सांगून धाडलें तरी येवंनाशिल्ले होन्नावरांतले नात्यांतले व्यंकटराय मेलो म्हूण कळ्ळें तेन्ना धांवून आयले. शशीभूषण टॅक्सी करून आयलो.

व्यंकटरमणान प्राण सोडलो तेन्ना घरांत पद्मावतीमाई एकलीच आशिल्ली. स्मशानांत ताका अग्नी दितासतना सगळे नात्यांतले आनी गांवांतले एक जाल्ले.

शशीभूषणान बापायल्या व्हडपणाक सोब सारखो बारावो केलो. मावीनकुर्वे, होसाड, बेरवळ्ळी, गुंडबाळ आनी पडकुळी अशा पंचग्रामाच्या ब्राह्मणांक आमंत्रण दिवन विधी पूर्ण केलो आनी तांकां पोटभर जेवण वाडलें.

त्या उपरांत शशीभूषणाचो परत कामाक वचपाचो दीस आयलो. ताणें सगळी तयारी केली पूण आवयक एकली सोडून वचपाक तो मातसो अनमनलो. पूण माई म्हालगड्यांच्या घराक कुलूप लावन वचपाक तयार नाशिल्ली. असले विशय दिसपाक सान आनी म्हत्वहीन दिसले तरी जिणेची दिशा बदलून सोडटात.

ह्या प्रसंगार गुलाबी आनी तिगेले पूत मुखार आयले आनी पद्मावतीमाईक आपूण सांबाळटात म्हण सांगून शशीभूषणाक खात्रेचें उतर दिलें. ताणें परत वतना नोकरेंतल्यान निवृत्त जावन रोखडोच गांवांत येवन रावतां अशें आवयक सांगलें आनी भायर सरलो. तो निवृत्त जावपाक आनीक चार-पांच वर्सां उरिल्लीं.

आपणालो पूत रिटायर्ड जावन गांवां येवन घरांत रावतलो म्हळ्ळीं पुताचीं उतरां आयकून पद्मावतीमाई खोशी जाल्ली. ते खोशयेन ती एकेक दीस काडटाली पूण मनीस विचार करता एक जाल्यार नशीब दुसरेंच थारायता.

रिटायरमेंटा उपरांत शशीभूषणाक दोन वर्सां एक्सटेन्शन मेळ्ळें. तो वयल्या

हुंवार

हुद्द्यार आशिल्लो. पगारय बी चड आशिल्लो. अशें आशिल्ल्यान ताणें सोपेपणी आयिल्ली संद सोडली ना.

मनशाचे आशेक सामान्यतायेन पूर्णविराम ना. शशीभूषणानय तें दाखोवन दिलें. पूण सोंपत वचपी आयुश्याक एक्सटेन्शन मेळना ही गजाल इतलें शिकिल्ल्या वाचिल्ल्या मनशाक कळ्ळी ना.

पुताक आनीक दोन वर्सां गांवघरा येवन रावपाक मेळचें ना ही खबर आयकून पद्मावतीमाई निराश जाली. आपणाल्या जिवीतकाळांत तो मावीनकुर्वें त येवन रावपाक पावना म्हणपाची तिका खात्री जाल्ली. म्हजो घोव, म्हजो पूत, म्हजे संबंदीत म्हळ्ळीं रगताचीं नातीं कितलीं फटकिरीं आनी कृत्रीम हें पद्मावतीमाईन म्हातारपणांत अणभवलें. ह्या दुख्खान तिची भलायकी इबाडली. ती हांथरूणार पडून उरली. डॉक्टराच्या वखदान गूण आयलो ना. गुलाबीले भुरगे शशीभूषणाक फोन करून तिगेले भलायकेची खबर कळयताले. ती आयकून तो रोखडोच पंदरा दिसांची रजा घेवन घरा आयलो.

होन्नावरा मेरेन येवपाक ताका कसलेच त्रास जाले नात. थंयच्यान मावीनकुर्वेंत पावपाक मात त्रास जाले. ताचें कारण जून म्हयन्यांत पावसान नेट धरिल्लो. शरावती न्हंयेचेर लिंगनमक्कींत बांदिल्ल्या धरणांत उदकान धोक्याची शीम हुपिल्ली. आपत्काल निर्माण जाल्ल्यान धरणाचे दरवटे उगडून उदक न्हंयेंत सोडिल्लें. ताका लागून शरावतीक हुंवार आयिल्लो. होसाडच्यान मावीनकुर्वेक वचपाक बांदिल्ल्या पुला वयल्यान उदक व्हांवतालें. कोणूच आलतडच्यान पलतडे वचपाचो धोको पत्करनाशिल्लो.

होन्नावरच्यान मावीनकुर्वे मेरेन वचपाक शशीभूषण टॅक्सी करून आयिल्लो. ड्रायव्हर पुला वयल्यान गाडी व्हरपाक तयार नाशिल्लो. तो हाका होसाडांत सोडून गेलो.

शशीभूषण सामान घेवन नरसिंह नायकाच्या दुकानार गेलो. थंयच्यान ताणें आपूण आयला म्हूण आवयक फोन केलो.

हुंवार

ती ताची वाट पळयत आशिल्ली. न्हंयेक हुंवार आयला म्हणून तिका हुस्को जाल्लो. आतां पुतान करना फुडें 'तूं थंयच राव. हांव हांगाच्यान मनशांक धाडटां. तुका हाताक धरून घेवन येतले.' अशें तिणें ताका सांगलें.

पुलाचेर दिमीभर उदक जाल्लें. प्रवाहाक जोर आसलो तरी उदकांतल्यान चलून वचपाक जातालें. तरी आसतना जतनाय घेवपाक जाय म्हूण कन्हैया आनीक दोगां मनशांक घेवन आयिल्लो. एकल्यान शशीभूषणालें सामान घेतलें. दुसऱ्या दोगांनी ताका उजव्या दाव्यान रावून हाताक धरून होसाडांतल्यान पूल हुपून मावीनकुर्वेंत पावयलो.

पुताक पळोवन पद्मावतीमाईच्या जिवांत जीव आयलो. ती खूब खोशी जाली. तेच खोशयेन ती हांथरूणार उठून बसली. तिच्या दोळ्यांतल्यान थांबनासतना व्हांवपाक लागिल्ल्या दुकां रुपान तिच्या काळजांतलो आनंदूच व्हांवूंक लागला अशें शशीभूषणाक दिसले बगर रावलें ना. आवयची ती गत पळोवन पुताचेंय काळीज हाललें आनी ताणेंय आपणाले दोळे पुसले. ताका आवयच्या काळजांतले मायेची जाणविकाय जाली.

पद्मावतीमाईक मदत करपा खातीर गुलाबी सतत हेगडेगेरच येवन वचून आसताली. सगळी सेवा करताली.

गुलाबीले जिणेंत व्यंकटरमण हेगडेन प्रवेश केले उपरांत पद्मावतीमाईन कशे तरेन यातना सोंशीत जीण सारिल्ली ताची गुलाबीक पुराय म्हायती आशिल्ली.

इतलें सगळें जावनूय बी पद्मावतीमाईन गुलाबीक दोश दिवंनाशिल्लो. ती स्वताच्या घोवाचे वासनेन भरिल्ले दुर्गूण जाणा आशिल्ली. ताका पुराय वळखल्ली. ताका सुधारपाचे तिणें खूब यत्न केल्ले. तिचे सगळे यत्न फुकट गेले.

'रावण केन्ना राम जायना.' अशें म्हणटात तें तिका स्वताच्या घोवानूच दाखोवन दिलें. दुख्ख विसरपाक ती देव-धर्म, व्रतां, उपास-तापास करीत

ोस काडटाली. घोव आसतनाच आपणाक मरण येवचें म्हण देवा कडेन ागताली. पूण देव तिच्या उल्याक पावलो ना. देवान दया दाखयली ना. रण मागतलेक आयु श्य दिलें आनी आयुश्य मागतल्याक ताणें मरण दिलें. कसले तरेचो हो न्याय तें तोच जाणां.

घोव मेले उपरांत इतल्या व्हडल्या घरांत पद्मावतीमाई एकटी जाल्ली. पूण ुलाबी आनी कन्हैयान तिका एकोडेपण जाणवुपाक दिलें ना. मानाभोवमानान तेका सांबाळ्ळी. स्वताचें काम कुशीक सारून तिचें काम पयलीं केलें. स्वताचो पूत शशी आसून पुतावरी सेवा कन्हैयान केली. खऱ्या पुताची जबाबदारी ताणें आपल्या खांदार घेवन पुताक मेकळीक दिली. ताचे हे सेवेंत कसलो स्वार्थ नाशिल्लो. निस्वार्थी सेवेची देख ताच्या कर्तुपांत आशिल्ली.

रात जाल्ली. शशीभूषण आसा म्हणून खूब दिसांनी गुलाबी आपणाल्या घरा गेल्ली. पावस पडत आशिल्लो. जगलावणें आनी गडगड थांबुनाशिल्लो. वांगडाच वादळी वारेंय सुरू जाल्लें.

टीव्हीचेर वादळा पावसाच्यो खबरो चालूच आशिल्ल्यो. खंय कितलो पावस पडलो, खंय हुंवार आयलो, खंय वादळान हानी जाली, धरणाचे कितले दरवटे उगडटात, लोकांनी खंयच्या खंयच्या गांवांत जागरूक रावचें असल्योच खबरो परतू परतून सांगत आशिल्ले. आनी इतल्यान वीज करंट गेलो. गुप्प काळखांत सगळें थप्प जालें.

देवाकुडींत नंदादीप पेट्टालो. ताच्या उजवाडांत मदले कुडींत न्हिदिल्ली पद्मावतीमाई दिसताली. तिगेल्या उश्या कडेन बॅटरी दिवो आशिल्लो. ताच्या उजवाडान शशीभूषणान केरोसीन दिवो पेटयलो. गुलाबीन तो तयार दवरिल्लो. पद्मावतीमाईन पुताक म्हणलें, 'शशी, न्हीद रे पुता. प्रवासान तुका पुरो जालां आसतलें मरे ...!'

'न्हिदल्यार न्हीद येवपाक जाय न्ही गे. आमकां शारांत इकरा साडे इकरा पयलीं न्हीद खंय येता? ओगी हांथरूणांत लोळत कितें रावतलों?'

'तशें न्ही रे. आतां आनी लायट येतली काय ना कोण जाणां! काळखांत बसून कितें करतलो म्हणून म्हणटां.' आवयन म्हणलें.

'आयचो हुंवार पळोवन बशिल्ले कडेन फाटली याद जाली. हांव होन्नावरा स्कुला वतालों तेन्ना कृष्णाश्टमी दिसा हाचेय परस व्हडलो हुंवार आयिल्लो. म्हाका सारकी याद आसा. अंकुश त्या हुंवारांत बुडून मेल्लो न्ही? काकुळट न्ही गे? मरतना कितलो वळवळ्ळो जातलो न्ही तो?'

खाटीर न्हिदिल्ली पद्मावतीमाई फकत आयकत राविल्ली. कांयच उलयली ना. तो म्हणटालो तें आयकताली.

'दोन दिसांनी हुंवार देंवलो. तेन्ना शरावती न्हंय अरबी दर्याक जंय मेळटा त्या जाग्यार मल्लुकर्वेंत लोकांनी अंकुशालें मडें सोदून काडलें. मडें मावीनकुर्वेंत हाडपा सारके स्थितींत नाशिल्लें. तें फुगून कुसपाक लागिल्लें. सरकारी डॉक्टरान डॅथ सर्टिफिकेट दिना फुडें थंयच त्या मड्याचेर अंत्यसंस्कार केल्ले.'

हें आयकतना पद्मावतीमाईक तीव्रतायेन मानसीक वेदना जाताली. भावनेच्या उद्वेगान ती न्हिदिल्ली थंयच्यान उठून बसली. तिगेल्या स्वासोस्वासाचो वेग वाडिल्लो.

दिव्याच्या मंद उजवाडांत शशीभूषणाच्या तें लक्षांत आयलें ना. तो आपणाल्या मनांतलें सांगत आशिल्लो. 'तुमी आमचे वांगडा होन्नावरा आयिल्लीं जाल्यार हो अपघात घडचो नाशिल्लो.'

पद्मावतीमाईच्यान आनी आनीक आयकून घेवं नजो जालें. तिणें इतलीं वर्सां लिपोवन दवरिल्लें गुपीत पुताक सांगून सोडलें.

'शशी, असो लागीं यो पुता. हांव सांगतां तें नीट आयकून घे. सरिल्ल्या आयुश्याच्या अणभवांनी उरिल्लें आयुश्य समाधानान काडपाक जाय. पूण म्हज्या सरिल्ल्या आयुश्याच्या अणभवांनी म्हाका अंतकाळार मरणा खातीर न्हिदायल्या मरे.'

'अंकुश बुडून मेलो. तुगेल्या बापायन गुलाबीक दवरून घेतली. तिचे

वांगडा संवसार केलो. तिका दोन भुरगीं जालीं. तेन्नाच्यान हांव विधवा जालीं. हांवें भोगिल्ले मनस्ताप कोणाक दिसले नात.'

'तूं ल्हान आशिल्लो. तुका तेन्ना कळनाशिल्लें. तूं व्हड जायना फुडें शिकपा खातीर पयस उरतालो. ते खातीर तुका घरांतलें कांय कळ्ळें ना. आतां तूं जाणां तें फकत अर्दसत्य. आतां तूं पूर्ण सत्य आयकून घे. जें सत्य हांव सांगतां तें आनीक कोणाक खबर ना.'

'जाणां शशी, अंकुश अपघातान प्रवाहांत पडलो ना. ताका तुगेल्या बापायन मुद्दम जाय म्हणून धुकळून उडयलो. जाय म्हणून, पूर्वतयारेन, कोणाक दुबाव येना तसो. एका प्रामाणीक, विस्वासू मनशालो खून केलो तुज्या बापायन...खून!'

हें आयकून शशीभूषणाक शॉक लागिल्लेवरी जालें. दुसऱ्या कोणेंय सांगिल्लें जाल्यार ताचो विस्वास बसचो नाशिल्लो कारण एकेक सत्य खूब कठोर आसता. तें मानून घेवपाक त्रास जाता.

'अम्मा, तो सोरो पिल्लो म्हणटाले न्हीं गे तेन्ना.' शशीभूषणान म्हणलें.

'तो आपूण जावन पिंवनाशिल्लो. तुगेल्या बापायन मुद्दम ताका केन्ना न्ही इतलो सोरो पिवयल्लो. कित्याक जाणां? तुगेल्या बापायक गुलाबी जाय आशिल्ली. अंकुश जितो आसतना तिका हात लावपाची हिम्मत नाशिल्ली ताच्या आंगांत. ते खातीर वेळ सादून फिशालकायेन ताणें तें काम केल्लें. उपरांत मेल्ल्याच्या नांवान कावळ्याक काकवळ दवरपाक कन्हैयाक गोकर्णा तीर्थार घेवन गेलो.' पद्मावतीमाईन पुताक सांगलें.

'बाप्पान गुलाबीक लागीं केली तेन्ना कोणाक दुबाव आयलो ना?' पुतान विचारलें.

'ना, कारण त्या काळांत गांवचे प्रतिशठीत व्यक्तीन कोणूय लग्ना भायली अस्तुरी दवरून घेतल्यार कोण काय म्हणनाशिल्ले.'

'अम्मा, अंकुशाक बाप्पान उदकांत धुकलून उडयतना गुलाबीन पळोवंक

नाशिल्लो?'

'ती कशी पळयतली? दोणीत ती म्हजे वटेन तोंड करून बशिल्ली. ताचे वटेन फाट आशिल्ली. तुगेल्या बापायन तिका मुद्दम तशी बसयल्ली. प्रवाहांतलो लांकडा मुंडो दोणीक आपटलो हें खरें. दोणी प्रवाहांत गिरगिरीत घुंवली हेंवूय खरें. हें घडटना तुगेल्या बापायन लार्गी बसोवन घेतिल्ल्या अंकुशाक धक्को मारून धुकळ्ळो हेंवूय खरें. हांवें सारकें बरें पळयल्लें.'

हें सगळें आयकून शशीभूषणान आवयक अखेरचो एक प्रस्न विचारलो, 'अम्मा, इतले दीस लिपोवन दवरिल्लें हें गुपीत तुवें आज म्हाका कित्याक सांगलें?'

'कित्याक जाणां, परिस्थिती बदलपाक जायना जाल्ल्यान हांवें मनस्थिती बदलली. आतां हांव चड दीस वांचून उरन शें दिसना. तूं म्हगेलो एकलोच पूत. आज हें कोडू सत्य तुका सांगून म्हजें मन ल्हव करून घेतलें.' तिणें म्हणलें.

हें आयकून शशीभूषणाल्या मनांत विचारांचें घर्शण सुरू जावन ताणें बाळगिल्लो कुटुंबाचो अभिमान लासून गोबोर जालो. इतले दीस कोणेय विचारल्यार तो मावीनकुर्वेचो पटेल व्यंकटरमण हेगडेलो आपूण चलो म्हूण व्हडा अभिमानान छाती फुलोवन सांगतालो. तो अभिमान कितलो पोकळ आशिल्लो हें ताका आज कळिल्लें.

मनांत उप्राशिल्ल्या विचारांच्या वादळाक लागून ते रार्ती ताका खूब अस्वस्थ केलो. कशीतरी रात सोपून दीस जालो. बापायन बांदिल्लें इतलें व्हडलें घर पापाचें एक कोठार कशेंच दिसपाक लागलें. आपणाली जल्मभूंय ही एके नरकभुंये सारकी दिसपाक लागली.

एका आतंकवादी, कामूक, खुनी मनशाचो आपूण पूत म्हूण गांवांतल्या लोकांक कळचे पयलींच सदां खातीर गांव सोडून वचपाचो ताणें विचार केलो.

पूत कांयच उलयनासतना मौन घेवन बशिल्लो पळोवन ताका न्हीद

हुंवार

आयल्या अशें पद्मावतीमाईक दिसलें. 'दिवो वाडोवन न्हीद रे पुता.' तिणें म्हणलें.

दिवो वाडोवन शशीभूषण हांथरूणार आड पडलो. पूण ताका न्हीद येना जाली. ताच्या चिंतनाचें चिंतेंत रुपांतर जाल्लें. चिंता हो एक उपाय नाशिल्लो असाध्य रोग. न्हिदिल्लीं थंयचो दिवो वाडयल्लो तरी देवाकुडींतलो नंदादीप पेट्टालो. तिगेली अखंड श्रद्धा भक्ती आशिल्ल्या देवान पुराय दुर्लक्ष केलें तरी कोणाक दोश दिनासतना आपणा कडच्यान खंयच्या तरी जल्मांत पातक घडलां आसतलें आनी ताचें प्रायश्चित आतां भोगतां अशें समजून ती तोंड धांपून त्रास सोंसताली.

दुसऱ्या दिसाची सकाळ जातासर विचारमंथनांतल्यान शशीभूषणाचो एक निर्णय पक्को जालो. परत वचपाक ताणें होन्नावरा फोन करून एक व्हडली भाड्याची कार आपयली. ताणें आवयक बी आपणा वांगडा घेवन वचपाचें थारायल्लें.

सांगिल्ल्या वेळार गाडी घरा मुखार येवन उबी रावली. शरावती न्हंयेक आयिल्लो हुंवार देंविल्लो. पुला वयल्यान वाहनां मावीनकुर्वेंत येतालीं.

कन्हैयान तांचें सामान गाडयेंत हाडून दवरलें. गुलाबीन पद्मावतीमाईक हाताक धरून गाडयेंत हाडून बसयली. शशीभूषणान गाडयेंत बसतना घराची चावी कन्हैयाक दिली आनी सांगलें, 'तुमी हें घर वापरात.'

गाडी पुला वयल्यान वता आसतना रावयली आनी फ्रेम केल्लो एक फोटो शशीभूषणान न्हंयेंत उडयलो. तो आरतो परतो गिरगिर घुंवत व्हांवून गेलो.

♦♦♦

07.

विस्वासघात

ह्या जगांत उपकार करपी आसात तशेच उपद्रव दिवपीय आसात. उपकार करपी उणे आनी उपद्रव दिवपी चड. उपकार करतां म्हणून उपद्रव दिवपी उणाक, ढोंगी आनी विस्वासघातकी अशेय मनीस आसात.

प्रभाकर हो एक अशे उणाक चलणुकेचो मनीस. जेविल्ल्या खाल्ल्या घराचेच वांशे मेजपी असो. दिसपाक भायल्यान एकदम सज्जन. भितरल्यान चलणूक उरफाटी. तागेलीं उतरां आयकल्यार म्होंवाची व्हांवती धार आनी ताचेर विस्वास दवरल्यार वीख प्राशन केल्लेवरीच. कोडू विखा गुळी साकरे पाकांत घोळोवन खावयल्लेवरीच. जिरोवन घेवपाक वेळ मेळप कठीण.

प्रभाकर चार्टर्ड एकावंटंट. पुराय शिक्षणीक कारकिर्द नितळ निवळ. केन्नाच नापास जालो ना. अशें आसलें तरी सुशिक्षीत लोक सदांच सुसंस्कृत आसतात म्हण सांगूं नजो कारण आजकालच्या शिक्षणान समाजांत स्वार्थी लोक चड दिसतात असोय अणभव येता. ते नवी समाजीक समस्या निर्माण करतात. समाजांतल्या घटकां मदले संबंध दुर्बळ करतात.

मध्यम वर्गांतल्या कुटुंबांत जल्माक आयिल्ल्यान प्रभाकराक केन्ना जेवणा खाणाचे त्रास जाले नात. पूण परगांवांत शिक्षण घेतना चार चौगांली मदत घेवची पडटाली. त्या चार चौगां मदीं अच्युतमामान चड मदत केल्ली.

कांय लोकांनी हजारांनी केल्ले अर्थीक मदतीचो हिशोब सी. ए. शिकतल्या प्रभाकरान सोपेपणी दवरूं येतालो. ताणें तो दवरपाचो विचारच

केलो ना. ताचें कारण पयशे दिवचो विचार ताणें केन्नाच केलो ना. फकत कांय व्यक्तींकच न्ही तर संस्थेक लेगीत ताणें फसयली. लोन स्कॉलरशीप म्हणून घेतिल्ले पयशे सी. ए. जावन कोट्यांनी कमयले तरी परत फारीक केले नात. अशें करतात तेन्ना शिकिल्ल्यो व्यक्ती सुसंस्कृत आसतात म्हूण विस्वास कसो दवरचो.

भुरगीं शिकून करून नोकरेक लागून पयसो जोडपाक लागले उपरांत तांच्या कुटुंबांतलीं वडील मनशां तांच्या लग्ना खातीर खटपट करपाक लागतात. प्रभाकराल्या जाणटेल्यांनी तेंच केलें. प्रभाकराक बेंगळुरांत नोकरी मेळिल्ली. पगार बरो आशिल्लो. कितल्यो तरी सोयरिको आयल्यो. जाता जाता म्हणटनाच मोडटाल्यो.

आमच्या समाजान हेर जायत्या मळांचेर उदरगत केली तरी सोयरिको जुळोवपाचे प्रक्रियेंत कसलीच उदरगत केल्ली ना. उरफाटी अवनती दिसून येता. फाटल्या काळांतल्यान 'हजार फटी मारून एक लग्न करपाचें' अशें म्हणटाले तेंच अजून चलत आयलां.

व्यक्तीची म्हायती दिता आसतना फसवणूक, जल्मकुंडली जुळोवपांतली अंधश्रद्धा दिवपा घेवपाच्या विशयांत निमाणे मेरेन चवकशी आदी नाका जाल्ली चर्चा जावन कितल्योश्योच सोयरिको जुळपा कडेन पावतां पावतां तुट्टात.

प्रभाकराले सोयरिकेच्या विशयांत तेंच जालें. ताका सोबीत चली जाय आशिल्ली. शिकिल्ली केल्ली, गुणांनी बरी आनी वरदक्षिणाय खूब मेळपाची अपेक्षा आशिल्ली. खूब म्हणल्यार तो आंकडो कितलो तें तो कोणाक सांगिनाशिल्लो. थोडे भितर सांगचें जाल्यार कितलेंय दिल्यार थोडेंच असो अर्थ.

अच्युतमामाली धूव सुनंदा लग्नाची जाल्ली. रुपान खरीच सोबीत आशिल्ली. तशीच ती गुणानूय बरी. ती बी. ए. जाल्ली. मुख्य म्हणल्यार

दोगांय एकामेकांक परिचयाचीं. अच्युतमाम म्हणल्यार कांयच दिनासतना लग्न करचो नाशिल्लो. दिलदार मनीस तो. प्रभाकराल्या घरच्यांक हो संबंद पसंत आशिल्लो. तांणी जल्मपत्रिका जुळटाल्यो तें पळोवन कुळदेवाचो प्रसाद घेवन प्रभाकराक कळयलें.

कितलोसोच पत्रवेव्हार केलो, फोनार उलयले तरी प्रभाकरान आपणालो निर्णय कळयलो ना. निमाणे अच्युतमाम स्वता ताका मेळपाक बंगळुरा गेलो.

लग्नां जुळोवपाच्या कामांत अच्युतमाम खूब अणभवी. प्रत्यक्ष प्रभाकराक मेळून उलयलो तेन्ना खरी आडखळ कितें आशिल्ली ती ताका कळपाक वेळ लागलो ना. ताणें ते सोयरिकेची आशा सोडली बंगळुरा गेल्लोच आसतना तो आनीक चार दीस रावलो आनी सुनंदाली सोयरीक दुसरे कडेन जुळोवन घरा परतलो.

कांय दिसांनी सुनंदा लग्न जावन बंगळुरा रावपाक गेली. तिगेलो घोव गोपाळ थंयच नोकरी करतालो. गोपाळ गुणान बरो आशिल्लो. कसलेंच व्यसन नाशिल्लें. लग्ना उपरांत तीं सुखान संवसार करपाक लागलीं. तांगेर दोन भुरगीं जालीं. पूण प्रभाकराली सोयरीक खंयच जमली ना.

तितल्या वर्सां भितर प्रभाकराली भयण लग्नाची जाली. घरचीं मनशां तिका सोयरीक सोदतालीं. अच्युतमामान एक चलो दाखयलो. पूण वरदक्षिणेच्या विशयांत तो मर्दी पडलो ना. तो आपूण पयस रावलो. चलयेचो भाव सी. ए. पास जावन बरी व्हड पगाराची नोकरी करता अशें कोणे तरी चलेकारांक सांगलें आनी खूब वरदक्षिणा मागपाक लायलें. कितलेय यत्न केले तरी तीं आयकनात जालीं. सोयरीक मोडली जाल्यारूय पर्वा ना म्हणपाक लागलीं. निमाणे कडेन प्रभाकराक भयणील्या लग्ना खातीर खूब खर्च करचो पडलो. गांवांत लग्न करून दिलें.

लग्नकार्य सोंपोवन परतून बंगळुरा बसींत बसून वतना ताणें भयणील्या लग्नाक आपणें केल्ल्या खर्चाचो कॅलक्युलेटराचेर हिशोब केलो. तो खर्च

आपणाल्या लग्नांत भरून काडटलों अशें तेन्नाच मनांत थारावन दवरलें.

मनशाच्या जिवितांत लग्नाचे ऐन पिरायेचो असो काळ आसता. त्या काळांत योग्य विचार करून परिस्थिती समजून घेवन धिटायेन लग्न जावपाचें साहस करपाक जाय. परिस्थिती अनुकूल ना म्हणून लग्न मुखार धुकलीत गेल्यार पिराय वाडत रावता. अर्थीक परिस्थिती कितलीय सुदारली तरी म्हारगाय त्याय परस वेगान वाडत रावता आनी अडचणी आपूण जावन पयस वचनात. त्यो आपणे स्वता पयस सारच्यो पडटात आनी मनशाचे आशेक शीम ना. आशे फाटल्यान पडून, विचित्र प्रसंग निर्माण करून तातूंत शिरकून उरूंक फावना. हें सगळें लग्नाची पिराय वाडून मुखार पावली तरी प्रभाकराक कळनाशिल्लें. व्हडली अपेक्षा धरून तो मांडे खायत रावलो. कोणेय सोयरिके खातीर चवकशी केली जाल्यार आपणे भयणील्या लग्नाक केल्लो खर्च आंकडे वाडोवन सांगतालो. आयिल्लो मनीस हो चलो भुरगो आपणाक म्हारग पडटलो असो निश्कर्श काडून आयिल्ले वाटेन फाट करून वतालो. कोण हाचे वटेन घुंवून पळयनाशिल्ले. अशे तरेन दीस वचत रावले आनी सोयरिको येवप कमी जालें. ताच्या तोंडार निराशेची सावळी दिसून येवपाक लागली.

सुनंदा बेंगळुरूंत रावतालें. ते खातीर खंय ना खंय तीं एकामेकांक मेळटालीं. तिगेलो सुखी संवसार पळोवन ताका भितरले भितर दुस्वास जातालो, चुटमुट्टालो. तिचे कडेन आपूण लग्न जालो ना ही व्हडली चूक केली अशें दिसून तो मनांतल्यान तडफडटालो, स्वताक दोश दितालो. तिगेल्या भुरग्यांनी हाका अंकल म्हूण उलो केलो जाल्यार हाका आवडनाशिल्लें तरी दाखोवन दिनाशिल्लो.

अशेंच एक फावट सारस्वत लोकांले एके भौशीक कार्यावळींत सुनंदा मेळ्ळें तेन्ना प्रभाकरान आपणाल्या मनांतली व्यथा अप्रत्यक्ष रितीन तिचे लागीं व्यक्त केली. तेन्ना तिगेल्या मनांत ताचे विशीं दया, करूणा आनी

सानुभुती निर्माण जाली आनी ताका मदत करची अशी भावना किल्लली.

अशें जावप ही एक सामान्य गजाल कारण असहाय परिस्थितींत शिरकल्ल्या दुर्बळ दादल्याक आदार दिवपाची बायलांक वेगळीच उमेद आसता.

स्वता सुनंदान प्रभाकराक सोयरीक जुळोवपाक खूब यत्न केले. बापायकूय तिणें पत्र बरोवन ते खातीर यत्न करपाक सांगलें. फोन करूनय ताका याद करीत रावलें.

अच्युतमामा खूब सज्जन मनीस आशिल्लो. दुसऱ्यांल्या दुख्खांत दुख्खी जावपी आनी तांच्या सुखांत सूख मानपी असो आशिल्लो. म्हणल्यार समर्थ रामदासान केल्लो उपदेश स्वताचे जिणेंच आचरणांत हाडपी अशी व्यक्ती. प्रभाकराची ताका ल्हानपणांतल्यान खाशेली ओड आशिल्ली. तो शिकपाक हुशार आशिल्लो. त्याच आदाराचेर हाणें ताका मुखा वयल्या शिक्षणाक मदत केल्ली. प्रभाकर सी. ए. पास जालो तेन्ना अच्युतमामान सगळ्यांत चड आनंद व्यक्त केल्लो. ताका त्याबद्दल खूब अभिमान दिसलो. प्रभाकर नोकरेक परगांवांत गेलो तेन्ना ताच्या कुटुंबाक ताणेच गरजेक आनी अडीअडचणी वेळार धांवून वचून मदत केल्ली. पूण नवे परिस्थितींत प्रभाकरा विशीं अच्युतमामाल्या मनांत आदलेवरी सानुभुती नाशिल्ली. तरी सुनंदान केल्ले विनवणेक लागून जाल्लें गेल्लें विसरून प्रभाकराले सोयरिकेचो विशय ताणें मनार घेतलो.

अच्युतमामालो एकटो पयसुल्लो संबंदी देशाचे सुटके पयलीं एके ब्रिटीश कंपनींत कामाक आशिल्लो. भारत स्वतंत्र जाले उपरांत ताणें तेच कंपनींत सिंगापूर शाखेंत बदली करून घेतली आनी थंयच स्थायीक जालो. ताका लग्नाचें वाडिल्लें एक चली आशिल्लें. अर्द शिक्षण भारतांत आनी अर्द शिक्षण विदेशांत करीत ओडून तांडून डिग्री मेरेन शिक्षण पुराय केल्लें. दिसपाक तशें सुंदर नाशिल्लें. पूण मेकअप करून इल्लें उठून दिसतालें. सुमार तीस–

ब्र्तीस वर्सां पिराय जाल्ली पूण लग्न जावंनाशिल्लें. ताचें कारण सिंगापुरांत तिका फावो सारके स्वजातीचे न्हवरे मेळनाशिल्ले. बापायन खूब यत्न करून दोन तीन सोदून काडिल्ले पूण ते तिका पसंत नाशिल्ले. तेच अडचणीक लागून तिगेलो बापूय खूब वर्सांनी गांवांत आयिल्लो.

गांवांत थोडी भोव सुधारणा जाल्ली तरी अच्युतमामालें घर आनी भोंवतणचो वाठार बदलूंक नाशिल्लो. सिंगापूरवालो सोयरो अच्युतमामाक येवन मेळ्ळो. कितेंय जालें तरी दोगूय नात्यांतले. ते भायर रगताचें नातें आशिल्लें. अच्युतमामाक अप्रूप शें दिसलें आनी ताणें सोयऱ्याक आग्रो करून दोन दीस रावोवन घेतलो. दोगांयनी आत्मीयतेन गजाली केल्यो. सूखदुख्खाच्या विशयांचेर उलयले. तेन्ना सोयऱ्याचे धुवेले सोयरिके संबंदान मदत करपाक अच्युतमामा मुखार सरलो.

व्हंकलेचो बापूय सोयरीक जमल्यार लग्नाक कितलोय पयसो मोडपाक तयार आशिल्लो. ताका जांवय खूब शिकिल्लो, शिक्षणांतली उंचेली डिग्री आशिल्लो. एम. एस., एम. डी., सी. ए. , आय. आय. टी. इंजिनियर असो कोणूय जाय आशिल्लो. तसोच तो लग्ना उपरांत सिंगापुरा येवन सॅटल जावपाक तयार आसपी जाय आशिल्लो कारण ताची धूव भारतांत येवन रावपाक तयार नाशिल्ली. सिंगापुरांत आशिल्लें सर्गीय सूख भारतांत ना अशी ती मानताली. तिगेली अपेक्षा पूर्ण करपी चलो मेळ्ळो जाल्यार लग्ना उपरांत ताका सिंगापुरा व्हरून कामाक लावन तांकां रावपाक फावो तशें घर मेळोवन दिवपाक तो तयार आशिल्लो.

अच्युतमामाक सट्ट करून प्रभाकराची याद जाली. तो दुसऱ्याच दिसा सिंगापुरी सोयऱ्याक घेवन बेंगळुरू गेलो. प्रभाकराक आपोवन घेवन ताची वळख करून दिली. ही सोयरीक जुळटली अशीं लक्षणां दिसलीं तेन्ना मुखा वयल्या उलोवण्यांक रावनासतना अर्जंट कामां आसात म्हूण सांगून अच्युतमामा फाटीं परतून गांवां आयलो.

जिणेंतले म्हत्वाचे निर्णय ताकतिकेन रोखड्यारोखडे घेवपाचे आसनात अशें दुसऱ्याक सांगपी प्रभाकर स्वता सिंगापूरवाल्याच्या उतरांक भुललो आनी चलयेचो फोटो पळोवन तिका पसंत केली जाल्यार ते चलयेन चल्याक पळयनासतना आपूण पसंत करना म्हणलें तेन्ना बापूय प्रभाकराक घेवन सिंगापुरा गेलो.

कर्मधर्मसंयोगान ही सोयरीक सोपेपणी जुळ्ळी. आठ–धा वर्सां यत्न करूनूय जुळून येनाशिल्लें लग्न दोन म्हयन्यां भितर जुळ्ळें आनी व्हडा दबाज्यान बेंगळुरूंतल्या आलिशान ए. सी. कल्याण मंटपांत शास्त्रशुद्ध पद्दतीन लग्ना सुवाळो मनयलो.

लग्ना उपरांत पयलीं थारायल्ले प्रमाण हनिमुनाक बँकॉक–पटाया गेलीं. थंयच्यान भायलेभायर सिंगापुरा गेलीं. हनिमुनाक गेल्ले कडेन प्रभाकराक बायलेचो अहंभाव स्पश्ट जाणवलो. प्रत्येक विशयांत ती हागेली फिरकी घेताली. शरीरसुखाची भूक भागोवपाक विकती घेतिल्ले वस्तूवरी ती हाका पळयताली आनी वापरताली.

सिंगापुरांत प्रभाकराक नोकरी रोखडीच मेळ्ळी. पूण घरजांवय म्हणून घरांतलीं मनशां हाका चाकरावरी लेखतालीं. ताची बायलूय नोकरी करताली. त्या निमतान दिसाचो चड वेळ ती घरा भायर उरताली. तिगेली दर एक चलणूक ताका दुबावीशी दिसपाक लागली. घोव–बायल संबंदाक दुबावाची कीड लागली जाल्यार झाडाक फळ येवचे पयलीं फुलाक कीड लागिल्लेवरीच. तिका विचारया म्हणल्यार हागेलो कांयच अधिकार थंय चलनाशिल्लो. उरफाटी तीच हाका गुलामावरी वागयताली. प्रभाकराक थंय आपणाल्या मना प्रमाण कांयच करपाक मेळनाशिल्ले. अशें जावन तांचे मदीं मतभेद आनी दुराय वाडत गेली.

वर्सा भितर मांवागेर शब्दयुद्ध वाडिल्ल्यान प्रभाकरान दुसरें बिराड केलें. तरीय बी ताची बायल दोन दीस घरा जाल्यार चार दीस कुळारा रावताली.

प्रभाकराली अवस्था उदारो पडिल्ल्या जल्ल्यावरी जाली.

तरी प्रभाकरान हार मानली ना. ताचे भितरल्या दादल्यान बायलेचो बदलो घेवपाक एक वेगळी वाट सोदून काडली. ताणें नायट क्लबांत वचपाक सुरवात केली. ताका लागून पयलीं तो सोरो पिवपाक आनी पत्त्यांनी खेळपाक लागलो. अशे तरेन तरेकवार व्यसनांनी बुडलो. बुद्दी, उंचेलें शिक्षण, सुखी जिणेक जाय आशिल्ल्यो सगळ्यो सुविधा आसून पिराय सरत आयिल्ली आसतना लग्न जाल्ले मायेमोगान एकामेकांक समजून घेवन दांपत्य जीण कित्याक जगनात काय? घडये अहंकाराचे भट्टेंत तांची विवेकबुद्दी करपून कोळसो जाता आसतली. विचार प्रदुशीत जातात आसतले! ते खातिरूच घडये म्हणटात 'दर एकलो आपापणाल्या कर्माचीं फळां भोगता!'

कोणालें सूख दुख्ख पळोवन काळ रावना. दीस येतात, दीस वतात. अशे दीस वतां वतां प्रभाकराक आनीक एका संकश्टाक फुडो करचो पडलो. तागेल्या आवयबापायची भलायकी बरी उरनाशिल्ल्यान परतून परतून ताका सिंगापूरच्यान गांवांत येवचें पडलें.

सिंगापूरच्यान विमानान बेंगळुरा येवन गांवांत वता आसतना तो सुनंदागेर येवन रावतालो. सुनंदा खातीर, तागेल्या भुरग्या खातीर खास कितें ना कितें वस्तू विसरनासतना हाडटालो. आस्ते आस्ते सुनंदा विशीं तागेल्या मनांत एक खाशेलें आकर्शण निर्माण जालें. त्या आकर्शणांत ताची कामवासना लिपून बशिल्ली.

दर खेपेक येतालो तेन्ना तागेलें सुनंदागेर येवप रावप वाडत गेलें कारण मनांतली इत्सा पूर्ण करपाक प्रभाकर संद पळयतालो. एका वर्सा भितर सुनंदाल्या घरांत एस. सी. डी. टीव्ही, वॉशिंग मशीन, ओव्हन, भुरग्यांक घडयाळी, मोबायल फोन, नवे नवे ड्रेस अश्यो अनेक वस्तू नाका नाका म्हणटा आसतनाय प्रभाकरान हाडून भरल्यो.

सुरवातीक एक दोन फावटी गोपाळ ओगी रावलो. उपरांत तें ताका

सोंसना जालें. ताणें रीण काडून त्या वस्तूंचें मोल प्रभाकराक फारीक केलें पूण सुनंदाल्या त्या लक्षांत आयलें ना आनी तें आयलें तरी तिणें तें गंभीरतायेन घेतलें ना.

'अती तिथे माती' अशी मराठींत एक म्हण आसा. त्या प्रमाण चड जायत रावलें तशें त्या विशयाचेर गोपाळ आनी सुनंदा मदीं वाद जावपाक लागलो. सुनंदाल्या तोंडांत सतत प्रभाकरालें नांव आयकून गोपाळाक संताप येतालो. इतले दीस सुखान दोन घांस खावन आशिल्लीं पूण आतां तो रिणांत पडिल्लो.

एक दीस सुनंदान म्हणलें, 'इतलीं वर्सां आमी काटकसरीन संवसार करीत रावलीं. तुमच्यान एकूय वस्त घरांत हाडपाक जाली ना. आतां प्रभाकरान आपलेपणान मायेन हाडून दिल्यार तुमी ताचेर बेजारून इतलो उजो कित्याक ओंकतात?'

गोपाळान स्पश्ट शब्दांनी बायलेक समजावन सांगलें, 'ताचें आपलेपण आनी माया कसले तरेचीं तीं मातशीं तपासून पळोवपाक शीक. आसुरी सुखाक हपापिल्लो मनीस तो. खरें न्हीं ताचें तें रुप. सोरपाच्या दांतांत वीख आसता, विंचवाचे शेंपडेंत वीख आसता. त्या प्रभाकराल्या सगळ्या शरिरांतूच वीख भरलां. तो केन्ना दंश करीत सांगूं नजो. पयसूच दवर ताका दोन हात. '

'दुबावाचें भूत बसलां तुमच्या माथ्यार. नाका जाल्ले अर्थहीन विचार येतात तुमचे तकलेंत. आमच्या लग्ना पयलीं साकून वळख्तां हांव प्रभाकराक. तसलो न्हीं तो. पुसून उडयात ते विचार तुमच्या मनांतले.' घोवाक तिरस्कारान पळयत सुनंदा उलयली.

एक फावट घोव आनी बायले मदलो विस्वास उडलो जाल्यार त्या घरांत स्वास घेवपाक कठीण जाता. जीव घुस्मट्टा.

गोपाळ सभावान जितलो सादो तितलोच मनान कठोर आशिल्लो. ताणें बायलेक ताकीद दिवन सांगलें, 'दुसऱ्याल्या संवसारांत तिसऱ्यान दखल दिली जाल्यार खंयचोच स्वाभिमानी मनीस सोंसून घेना. तूं म्हजे सहनशीलतेचो अंत

ळोवं नाका. बरे तरेन चलिल्ल्या आमच्या संवसारांत तो वीख कालोवंक लागला. तूं दोळे धांपून ताचेर विस्वास दवरूं नाका.'

गोपाळान सांगिल्ल्याचो कितेंच परिणाम जालो ना. त्या दोगांच्या संवसारांत पडिल्ली फूट पळोवन प्रभाकरान मना सारको फायदो घेतलो. गोपाळ घरा नासतना ताची टिंगल करीत सुनंदालें मन परिवर्तन करपांत तो जैतिवंत जालो. लग्न जावनूय शरीरसुखाची अतृप्त उरिल्ली वासना तिच्या सांगातांत ताणें भरून काडली.

खांक आनी व्यभिचार केन्ना लिपोवन दवरप साध्य जायना. घरांत कितें चल्लां तें कळपाक गोपाळाक वेळ लागलो ना. सुनंदाले आनी ताचे संबंध दिसानदीस गँगरीन जाल्लेवरी कुसपाक लागिल्ले. मानसीक ताण सोंसूं नजो जावन एक दीस ताणें लग्न संबंद तोडून वेगळो जावपाचो निर्णय घेतलो. दुसऱ्याच दिसा तो अच्युतमामाक मेळपाक गांवांत गेलो.

हालींसाराक प्रभाकर सिंगापूरच्यान आयल्यार स्टार हॉटेलांत रावतालो. सुनंदा ताका मेळपाक हॉटेलांत वतालें: मंत्र मारिल्लेवरी मुग्ध जावन तो सांगतालो तितलेंय आयकतालें. ताच्या मनांतली इत्सा पूर्ण करतालें.

गोपाळ घटस्फोट घेवपाच्या विचारान गांवांत वच्चे पयलीं दोन दीस प्रभाकर बेंगळुरा पाविल्लो. तोवूय बी गांवांत वचपाचो आशिल्लो. पूण गोपाळ गांवांत गेला म्हळ्ळी खबर कळना फुडें हें प्रकरण घुंवून आपणाल्या आंगार येत म्हणिल्ल्या भंयान कोणाक सांगनासतना तो आयिल्ले वाटेन परत गेलो. ताका बुदवंतकायेन तितलो तरी अर्थ काडपाक कळटालो. सुनंदाक तेंवूय कळ्ळें ना.

प्रभाकराचेर विस्वास दवरून ती धिटायेन राविल्ली. अनैतीक संबंध केन्ना मजबूत आसनात म्हळ्ळें तिका तेन्ना कळ्ळें ना. आतां ती एकटी पडिल्ली. निर्माण जाल्ली परिस्थिती येवजून तिचे हात पांय थरथरपाक लागले. तो फटींग म्हण कळ्ळें तेन्ना हिगेले निवळ लग्न संबंध पाड जाल्ले. मोहाचे भकीक

पडून तिणें घोवाचो विस्वासघात केल्लो. प्रभाकराल्या कपट नाटकांतली ती हिरोईन जाल्ली आनी तो स्वता हिरो पूण तोच व्हिलन म्हूण तिका कळ्ळें ना. कळ्ळें तेन्ना वेळ जाल्लो.

तांगेल्या भुरग्यांक कितेंच दादपत्तो लागुंनाशिल्लो. तीं आपणाल्या शिकपा खेळपांतच गुल्ल आसतालीं. बापूय गांवांत गेला म्हळ्ळेंय तीं नकळो आशिल्लीं. तिनसांज जाली तेन्ना आवय बुळूबुळू रडटाली तें पळोवन कारण कळ्ळें ना तरी कितेंय तरी वायट घडलां म्हण समजून तिंवूय बी रडपाक लागलीं. घरांतलीं सगळींच रडटालीं. तांकां थातारपी घरांत कोण नाशिल्लो.

गोपाळ तिचे सामकार आशिल्लो जाल्यार सुनंदा ताचे पांय धरून माफी मागतली आशिल्ली काय कितें कोणें सांगचें! पूण आतां वेळ गेल्लो. तिणें स्वता जावन संवसाराचें पाड घाल्लें. 'वाटे वयल्या वागा, म्हाका येवन खा गा.' म्हळ्ळेवरी तिची स्थिती एकदम काकुळटेची जाल्ली.

सुनंदाल्या संवसारांत धुसफूस चल्ल्या म्हळ्ळी गजाल अच्युतमामाल्या कानार पडिल्ली. घोवा-बायले मदले वाद चड दीस चलनात अशें ताणें लेखिल्लें आनी पयलीं भाशेन धांव धांव करपाक जायना म्हणून तो ओगी आशिल्लो. गोपाळ एकलोच अचकीत आयिल्लो पळोवन ताच्या हड्ड्यांत मातशें कच्च जालें. ताणें दाखोवन दिनासतना गोपाळाली पुराय खबर शांत रावून आयकून घेतली. कांय धान्यां कुकरांत घालून शिजयलीं तरी शिजनात. तेच तरेन कांय समस्या सोपेपणी सोडोवपाक येनात. 'जाल्लो अपमान सोंसून घेवन अपराधीक माफ कर.' अशें अच्युतमामा सांगपाक तयार नाशिल्लो कारण तो सत्यनिश्ठ मनीस आशिल्लो.

ताणें म्हणलें, 'म्हजी आतां पिराय जाल्या. म्हालगडो मनीस म्हण मान दिवन तूं म्हजे लागीं आयला पूण हांव तुका न्याय दिवपाक असमर्थ जाल्लो आसां. प्रभाकरान आनी सुनंदान तुगेलो विस्वासघात केल्लेवरीच म्हजोय बी केला. हांवें कोणालागीं न्याय मागचो? कांय लोक आपणाले आपुणूच शत्रू

आसतात. तांकां आमी कांय करपाक शकनात. तूं बायलेक सोडचीट दितां म्हणटा. ताका हांव आड येना. पूण हांगा प्रस्न म्हजे धुवेलो न्ही, नातरांल्या भविश्याचो आसा. तेन्ना तूं आज हांगा राव. रातचो शांत बसून समजिकायेन विचार करया. पूण अंतीम निर्णय तुजोच आसतलो.'

दुसऱ्या दिसा अच्युतमामा आनी गोपाळ स्पेशल गाडी करून बंगळुरा गेले. घरांत कसलोच वादविवाद जालो ना. फकत तोंडांतल्या उतरांनी परिस्थिती सुधारना म्हळ्ळी गजाल सगळींच जाणां आसतात. चार दिसां खातीर अशें म्हणून अच्युतमामा धुवेक आनी नातरांक घेवन गांवांत आयलो.

दीस रावनात. रेसीच्या घोड्यावरी धांवतात. सुनंदा कुळारा येवन चार वर्सां जालीं. ह्या चार वर्सां भितर ताणें घोवालें तोंड पळयलें ना. मदीं दोन चार पत्रां बरयलीं तरी घोवान जाप दिली ना. पूण दर म्हयन्याक अच्युतमामाल्या बँक एकावंटांत तो पयशे धाडटालो.

सुनंदा मात मनांत एक आस्त बाळगून रावलें, 'भुरग्याल्या मोगा खातीर एक ना एक दीस घोव येतलो आनी म्हाका माफ करतलो.'

◆◆◆

08.

चामटो शिन्नमाम

शिन्नमाम हो गिरेस्त घराण्यांतलो जाणटो मनीस. तो आपणाल्या मूळ सभावांतलें चामटेपण सोडिना जाल्ल्यान कुमटा गांवांत फकाणां आनी टिंगलीचो विशय जावन पडिल्लो. तागेलो बापूय किट्टमामूय बी तसोच चामटो आशिल्लो. 'चामटे' हें विशेशण तांच्या कुटुंबाक कायमचेंच लागिल्लें.

शिन्नमामान केन्ना कसल्याच कामाक हात उखलून चार पयशे दिल्ल्याची कोणाक याद ना. तशें ताणें मदत दिवपाक कोणाक 'ना' म्हणलें ना. दितां, दितां म्हणटालो आनी धा मनशां कडच्यानन तोच पयशे जमोवन घेतालो आनी गांवांतल्या धा प्रतिशठीत व्यक्तीं मदलो आपूण एक म्हणून मिरयतालो.

स्वता हातांतले पयशे मोडले नात तरी तो समाजकार्या खातीर वेळ मात खूब खर्चितालो. कुटुंबाचो व्यापार उद्देग भुरगे सांबाळटाले. शिन्नमाम कोणाले नदरेंत येनासतना कसो तरी चोर वाटेन स्वताचो फायदो करून घेतालो. ही हिकमत आनीक कोणाक जमनाशिल्ली. लोकांक दुबाव आयलो तरी विरोध करपाची धिटाय तांकां आसनाशिल्ली. कुमटा गांवांत कसलेंय रासवळ काम जावं तें धर्मीक, समाजीक वा राजकी थंय शिन्नमाम हाजीर आसतालोच. त्या गांवांत ताणें तशी परिस्थिती निर्माण करून दवरिल्ली.

लोकूय बी 'कामा पुरतो मामा' म्हणटात तशें काम आसतालें तेन्ना ताका लागीं करताले. हेर वेळार पयस दवरताले.

एका नामनेच्या नाट्यलेखकान ह्या चामट्या कुटुंबाचो अभ्यास करून

फकत नांव बदलून 'चामटो पुत्तमाम' नांव दिवन नाटक बरयलें. त्या नाटकाचो पयलो प्रयोग कुमटांत दवरिल्लो.

कुमटेकारांनी नाटकाच्या लेखकाचो शिन्नमामाल्या हातांतल्यान शाल, श्रीफळ दिवन, हार घालून सत्कार केलो. ते कार्यावळींत शिन्नमामान ल्हानशें भाशण केलें तेन्ना लेखकाले लेखनप्रतिभेचें कवतूक केलें. त्या नाटकाचे कुमटा, हेरवट्टा, हेगडे, कागाल आनी हळदीपुरांत कमीत कमी धा प्रयोग जावपाक जाय अशें म्हणून लेखक आनी रसीक प्रेक्षकां कडच्यान वा वा आनी ताळयो मेळटाल्यो.

शिन्नमामालो बापूय किट्टमाम. तो एक फस्क घेतलें जाल्यार तातूंतल्यो काडयो मेजून पळयतालो. भायर बॉक्साचेर बरयल्यात तितल्यो काडयो आसात काय ना त्यो पळोवन खात्री करून घेतालो. भाजयेच्या दुकानांत गेल्यार ओल्या मिरसांगेचे देंठ काडून दी म्हणटालो. कोणूय भिकारी लेगीत केन्ना तरी काकुळट दिसून कोणाकूय चार आणें भीक घालीत पूण किट्टमाम भिकारी लार्गी आयल्यार ताका पयस धांवडायतालो. लोक म्हणटाले, 'तो चामडी दीत पूण दमडी दिवचो ना.'

शिन्नमामाक पळयल्यार लोक 'किट्टमामाक दाखोवपाक नाका, शिन्नमामाक लिपोवपाक नाका.' अशें म्हणटाले. शिन्नमामालो सभावूय बी तांकां आवडनाशिल्लो. गांवच्या लोकांवरी घरच्यांकूय आवडनाशिल्लो. जाणटो मनीस, कुटुंब मुखेली म्हणून कोण कांय उलयनासतना समजून घेताले. घरांत कितेंय करपाचें आसल्यार वा कितेंय हाडपाचें आसल्यार ताका विचारूनच करचें पडटालें. घरची यजमानीण आसून ताचे बायलेक कांयच अधिकार नाशिल्लो. तिजोरेची चावी कायम तागेल्या जानव्याक बांदिल्ली आसताली. लग्ना पिरायेचे जाल्ले ताचे पूत दुकानांत बसून कमयताले. तरी खर्चाक पयशे जाय जाल्यार बापाय कडेन मागताले.

पूण कसलेय गजालीची अती जाता तेन्ना तिचो परिणाम वायट जाता.

शिन्नमामा संबंदान एक फावट तशेंच जालें. तो बरीच बुद्द शिकलो.

केशव हो शिन्नमामालो व्हडलो पूत. तागेलें लग्न थारिल्लें. चली येल्लापुरांतली, बऱ्या घराण्यांतली. गोपण्णाली धूव. कुटुंब प्रतिशठीत आनी अर्थीक नदरेन घटमूट.

सोयरीक जमयतना शिन्नमामान केल्ली चवकशी इतली आनी तितली न्हीं. लग्न कुंडली जुळटा म्हण कळोवपाक दोन म्हयने घेतले. पयलीं जाणट्यांनी चलयेक पळयली. मागीर कितल्याश्याच दिसांनी न्हवरो केशवान पळयली. सगळ्यांक चली पसंत आशिल्ली. पूण देवाक विचारपाचें आसा अशें म्हणून चलयेकारांक उत्कंठेंत दवरलीं. पसंत आसा म्हूण कळयले उपरांत देणें-घेणें विशयाचेर उलोवपाक हो म्हयनो बरो ना, तो दीस बरो ना अशें म्हणत आनीक थोडे दीस काडले. उलोवण्यांक बसलीं तेन्ना वरदक्षिणा इतली जाय, तितली जाय, लग्न अशेंच करपाक जाय, अशें म्हणत ओडत तांडत निमाणी एक तारीख थारायली आनी साकर वांटून तोंड गोड केलें.

गोपण्णान जल्मपत्रिका दिल्ली तेन्ना रोखडीच पत्रिका जुळटा म्हणून कळोवन लग न जाल्लें जाल्यार शिन्नमाम इतल्यान आजो जातलो आशिल्लो.

शिन्नमामाल्यो सगळ्यो अटी मान्य केलो तरी लग्न कुमटांत करपाचें मागणें गोपण्णान मान्य केलें ना. तेन्ना शिन्नमामान कुमटा सावन येल्लापुरा येवपा वचपाचो स्पेशल बसीचो खर्च गोपण्णा कडच्यान वसून केलो. सारको अर्द अर्द वांटून घेवया म्हणल्यार तें ताणें आयकलें ना. नक्षत्राक बरें पट्टालें. जोडें बरें आशिल्लें. ते खातीर चलयेकारांनी शिन्नमामान कितलेंय तांडून धरलें तरी सोयरीक मोडली ना.

लग्ना दिसा येल्लापुरा वचपी न्हवरेकारां मदीं न्हवऱ्या घरांतलींच सात आठ मनशां आशिल्लीं. सोयरे संबंदी, इश्ट परिवार, गांवांतले अशे धरून सगळ्यां खातीर एक बस नाजाल्यार दोन टेम्पो करया म्हण पुतान सांगल्यार शिन्नमाम आयकुपाक तयार ना जालो.

'हांगचे हांगा येल्लापूर वचपाक स्पेशल बस, टेम्पो कित्याक? नेल्लेकरी स्टॅण्डार गेल्यार जाय तितल्यो बसी मेळटात.' अशें म्हणून कोणाल्या उतराक किंमत दिनासतना आपणें सांगलां तशें जावपाक जाय म्हणून हट्टान रावलो.

'येतना न्हवरो-व्हंकलेक बसींतल्यान हाडपाचीं तर?' अशें बायलेन विचारलें जाल्यार 'येतना थंय कोणाली तरी कार मेळटली. तिचेर आयल्यार जालें.' ताणें जाप दिली.

हुबळीच्यान शिन्नमामाले वळखीचो बाब्बण्णा पैन येल्लापुरा लग्नाक येतना कार घेवन येतां म्हणिल्लें. हो ताच्या भरवंशार राविल्लो. प्रत्येक विशयांत तो आपणालें फुकट सादोवन घेवपाचोच विचार करतालो. लग्ना दिसा सारकी सकाळ जावचे आदींच न्हवरेकार कुमटा बसस्टॅण्डार पावले. अंकोला वटेन हुबळी वचपाचे बसीर सगळे लोक चडले. प्रत्येकाच्या हातांत सामानाचें बॅग आशिल्लें. चडटना धक्काबुक्की जाली. सगळ्यांक बसपाक सीट मेळ्ळें ना. सामान दवरपाक जागो ना जालो. कंडक्टरान सामाना ट्रंक बसीच्या टॉपार दवरपाक सांगलें. दोन ट्रंक वयर चडयले. एक ट्रंक वयर चडोवपाक शिन्नमाम कसोच तयार नाशिल्लो कारण त्या ट्रंकांत सगलें मोलादीक सामान - भांगरा वस्ती, दुडू, कपडे बी सगळें आशिल्लें. हें सगळें कंडक्टराक कशें सांगतलो आशिल्लो तो?

कंडक्टर आनी शिन्नमामा मदीं वाद जालो. आरे, तुरे जावन चार लोकां सामकार ताका आयकून घेवचें पडलें. शिन्नमाम आपणाली कागाळ घेवन कंट्रोलरा म्हऱ्यांत गेलो. थंय कंट्रोल रुमांत व्हडलो बोवाळ. हेवटेन बस सोडपाक वेळ जालो. ते खातीर हेर पॅसेंजर बोवाळ करपाक लागले. भायर सरतना अपशकून म्हणून लग्नाक वचपी आपले भितर कुसूकुसू करून शिन्नमामाल्या चामटेपणाक लागून इतलें सगळें भोगचें पडलें म्हणून आपले भितर चर्चा करपाक लागले.

क ंडक्टर, ड्रायव्हर, हमाल आनी कंट्रोलरा मुखार शिन्नमामालें कांयच

चल्लें ना. ताका ट्रंक बसीच्या टॉपार चडोवचो पडलो. हमालाक पयशे दितनाय बी तो चड पयशे मागता म्हणून ताचे कडेन वाद घालून कंडक्टरा वयलो राग ताचेर काडलो.

लग्नाक वचपी लोकांचें उलोवणें हमाल आयकतालो. वयर चडयल्ल्या ट्रंकांत कसल्यो तरी खाशेल्यो वस्तू आसपाक जाय असो ताका दुबाव आयलो. पयशे कमी दिल्ल्या शिन्नमामाक सारकी बुद्द शिकोवपाक जाय म्हण ताणें एक मांडणी केली.

सकाळीं कुमटे नेल्लिकेरी बसस्टॅण्डार पयस गांवांत वचपी बसींची लायन लागिल्ली आसता. स्टॅण्डार जागो कमी पडटा म्हणून एकाक लागून एक अश्यो लागीं लागीं बसी उब्यो करतात. एके बसीच्या टॉपार चडल्यार तसोच वयल्यान एकदम आरामांत हुपून दुसरे बसीच्या टॉपार वचपाक जाता.

हुब्बळी वचपी बसीक लागून हावेरी वचपी बस राविल्ली. शिन्नमामा सगळ्यांक तिकेटी काडटना निमाणो दिल्लो ट्रंक हमालान सट्ट करून वयल्यान निसरावन हावेरी बसी टॉपार दवरलो. ही गजाल कोणाच्याच लक्षांत आयली ना.

हुबळी बस गेली तेन्ना हमालान हावेरी बसी वयल्या ट्रंकाचें कुलूप फोडून तातूंतलें भांगर आनी पयशे काडून घेतले. घाम आयिल्लो तो पुसपाक एक तुवालोय काडलो. त्या तुवाल्यांत चोरिल्लें सामान बांदून ट्रंक मंगळुरा वटेन वचपी बसीच्या टॉपार व्हरून दवरलो. शिन्नमामाल्या पुताच्या लग्नाक वचपी लोक बशिल्ले ती बस येल्लापुरा पावली. बसी वयलें सामान सकयल देंवोवन घेतना एक ट्रंक ना जाला म्हण कळ्ळें. शिन्नमामाचेर आकांत आयलो. तो गडबडलो. सगळेच त्राण गेल्लेवरी तो दुख्खांत बुडलो. त्या ट्रंकांत सगळें व्हंकलेक घालपाचें भांगर, शालू, साडयो, हेर कपडे, वांटपाच्यो वस्तू, पयशे अशें सुमार सात आठ लाखांचें सामान आशिल्लें. इतलें सगळें चोरयेक गेल्लें.

ही खबर आयकून व्हंकलेचो बापूय गोपण्णा चार लोकांक घेवन

बसस्टॅण्डार धांवून आयलो. हीण नदरेन शिन्नमामाक पळयत 'स्पेशल बस करून येतात अशें सांगून आमचे कडल्यान येवचे वच्चे भाड्या पयशे घेवन हे सरकारी खटारे बसीर आयल्यात. ह्यो बसी टायमार येनात. मर्दीं घांट रस्तो! आतां वेळ कितलो जालो? इतलें न्ही वयर ट्रंक चोरये गेलो म्हणटात? एक नंबर फटींग तुमी. म्हाका कितल्याश्याच जाणांनी सांगिल्लें तरी मनीस सभावांत फरक आसता अशें म्हणून हांवें लोकांचें आयकून विस्वास दवरलो ना.' अशें म्हणून मनांतलो सगळो राग भायर घालो.

हो तमाशा पळोवपाक बसस्टॅण्डार खूब लोक जमिल्ले. न्हवरेकारांक लोकां मुखार लज जाल्ली. शिन्नमामा वटेन कोण कांयच उलयनाशिल्लो. ताणें केल्लें तें ताची बायल, भुरगे धरून सगळ्यांकूच चूक शेंच दिसतालें. सगळीं ताकाच दोश दितालीं.

चोरयेक गेल्लें सामान, चार चौगां मुखार जाल्ली लज आनी अपमान सोंसना जावन काकुळटेक येवन दोनूय हात जोडून शिन्नमामान गोपण्णाक म्हणलें, 'म्हारायाऽऽ तुमी अशे तरेन आमचो अपमान करूं नाकात.'

'आनी कसो करूं? तुमकां घेवन वचपाक वाजप घेवन येवं?' गोपण्णान रागान विचारलें.

'वाजप नाका हो! हांव सांगता तें आयकात मातशें! आयज कुमटे गांवांत इतले कडेन लग्नां की एक टेम्पो वा मिनी बस सोदल्यार लेगीत खंयच ना. बस जाय म्हण डेपो मॅनेजराक अर्ज केलो जाल्यार फाल्यां सांगतां, परां सांगतां म्हणून लग्नाक दोन दीस आसतना ना म्हणलें ताणें. हांवें कितें करपाचें तें तुमीच सांगात पळोवया.'

'तुमी कांयच करपाची गरज ना, आयिल्ले वाटेन परत वचात. हांव तुमकां चली दिना. तुमी फट उलयतात म्हळ्ळें हांगा आशिल्ल्या सगळ्या लोकांक कळ्ळें. तुमकां टेम्पो वा बस मेळ्ळी ना म्हण म्हाका कळयल्लें जाल्यार हांव हांगाच्यान धाडून दितलों आशिल्लों. आतां तुमी कितेंय सांगलें

म्हणून सत्य लिपोवपाक जावचें ना. तुमची पत किर्ते ती कळ्ळी म्हाका.'
इतलें सांगून गोपण्णा परत वचपाक घुंवलो.

तितल्यान शिन्नमामालो पुरोहीत अप्पा भटान ताका आडायलो. हो पुरोहीत बरो विद्वान आनी प्रतिशठीत म्हण गोपण्णाक खबर आशिल्लें. ते खातीर ताका मान दिवन ताणें सांगिल्लें आयकून घेतलें. म्हणलें, 'गोपण्णा, तूं उलयलो ताका विरोध करून हांव कांय उलयना. तो चुकला हें हांवूय बी जाणां. पूण हातूंत न्हवरो आनी हेर कोणाची कसलीच चूक ना. थारिल्लें लग्न मोडल्यार ताचो परिणाम लग्न जावपी तरणाट्या भुरग्यांचेर जाता. केशव हो एक गुणेस्त भुरगो. बापायचे चुकेक लागून पुताक ख्यास्त दिवंनाका. तुवें ताका जांवय म्हण मानून घेतला. तांणी पळयल्लें गोड सपन भंग करूं नाका. तुवें रागान ही सोयरीक मोडली जाल्यार परत दुसरी सोयरीक सोदपाक तुका खूब त्रास जातलो. आतां जाल्लें सगळें विसरून फुडें सरात. लग्ना म्हूर्त चुकोवं नाकात.'

गोपण्णालो राग रोखडो निवळिल्लो पळोवन शिन्नमामान दोनूय हात जोडून म्हणलें, 'हांव चुकलों. घेतिल्ली वरदक्षिणा परत दितां. चोरयेक गेलें तितलेंय भांगर परत करून घालतां.' अशे तरेन अप्पा भटान केल्ले मध्यस्तेन तापिल्लें वातावरण थंड जालें. थारायिल्ल्या म्हुर्तार गोपण्णान कन्यादान केलें. लग्नाक आयिल्ल्या लोकांक ही सोयरीक मोडटा काय किर्ते असो भंय दिशिल्लो. भटमामाले मध्यस्तेन विघ्न निवारण जालें. शुभकार्य उमेदीन घडून आयलें. सगळ्यांचो हुस्को पयस जालो.

हुबळीच्यान त्या लग्नाक कार घेवन येतां म्हण सांगिल्लें तो बाबण्ण पै आयलोच ना. नव्या जोडप्याक स्पेशल कार करून गोपण्णान कुमटा धाडून दिलीं. तेच गाडयेंतल्यान अप्पा भटाक मुखार बसोवन धाडलो. शिन्नमाम आनी बायल तोंड धांपून फाटल्या सिटार वचून बसलीं.

केशवाच्या मनांत हनिमुनाक वचपाची उमेद आशिल्ली तरी बापायक

्चारपाक तो भियेतालो. जाल्यार शिन्नमामान पुताक हात उखलून भरपूर यशे दिवन जोडप्यांक हनिमुनाक धाडलीं.

आतां खऱ्यांनी शिन्नमाम सुदारलो तरी लोकांनी ताका 'चामटो' म्हणपाचें ोडलें ना. त्याच नांवान ताची इतली नामना जाल्ली की पत्राचेरय पत्तो रयतना 'चामटो शिन्नमाम' पोस्ट कुमटा - 581343 इतलें बरयल्यार ागीत ताका तें पत्र पावतालें.

♦♦♦

09.

घर

शारांत वास्तव्याक एक घर करून रावचें पडल्यार इतले त्रास की तो त्रास पळयल्यार घर नाका, दार नाका एक संन्यासी जावन रावल्यार बरें अशें दिसता. अशें म्हणून आयुश्यभर संवसाराचो मोह सोडून, ब्रह्मचारी जावन रावन सामान्य मनशाक जमपाची गजाल न्ही. संन्याशी जाल्ल्या संतांनी सांगून दवरलां : ह्या संवसार म्हळ ळ्या भवसागरांत पेंवपाक शिकात आनी जैत जोडात.

हांव 1967 वर्सा नोकरेधंद्याक गरजेचें तितलें शिक्षण पूर्ण करून गांवांत आसपास खंय नोकरी मेळना म्हूण मुंबय आयलों. ह्या शारान म्हाका सोपेपणी आसरो दिलो ना. प्रत्येक गरजेच्या कामाक सतावन खालो. आजुनूय सतायत आसा. इतलें जालें तरी हांवें हें शार सोडलें ना. हांगाच राबितो करून आसां.

म्हज्या चवेचाळीस वर्सांच्या राबित्यांत म्हज्या सूख-दुख्खाचें बॅलन्सशीट काडलें जाल्यार दुख्खाची शिल्लक उरता. हाका थोड्या प्रमाणार म्हज्या कुटुंबाची गरिबी कारण थारल्या.

हांव मुंबय आयलों तेन्ना रिकाम्या हातान आयिल्लों आनी तेन्ना म्हज्या बॉडार व्हड व्हड जबाबदारी आशिल्ली. शेख महमदावरी गोड सपनां पळयत आयिल्लों. नोकरी मेळटा म्हणल्यार जीव अर्द जालो, सपनां पळोवप आपशींच बंद जालें, पिरायेच्या बाविसाव्या वर्साच जिवितांत निरूत्साह दिसपाक लागलो. म्हयन्याक 250 रुपया पगाराची नोकरी मेळना फुडें

मेळिल्ल्यांत तृप्त जावपाक जाय म्हळ व्या तत्वज्ञानाचें अनुकरण करपाक शिकलों.

नोकरी मेळ्ळी तेन्ना धा वर्सां प्रामाणीकपणान काम करुनूय एक पयसोय गरजे भायर खर्च करिनासतना पांच हजार रुपया बचत करपाक म्हज्यान जालें ना. हाचें कारण कुटुंबांत कमयतलो हांव एकलोंच. पिराय वाडत गेली आनी माथ्या वयले केंस एकेक करून पिकपाक लागले. तीस वर्सांची पिराय हुपली तरी एक सादें घर मेळोवन लग्न जावन संवसार मांडपाक म्हज्यान जालें ना म्हणना फुडें खंयच्या पुरुषार्थाक ह्यो मिशयो दवरपाच्यो अशें दिसून एक दीस खाड काडटना रागान मिशयो तासून उडयल्यो. आस्ते आस्ते 'हांव करतां, हांव धरतां' म्हळ्ळो म्हजो अहंकार पयस जावपाक लागलो. दीस जशे येतात तशे धुकलून व्हरपाक हांव शिकलों. मनशान थारायिल्ली मोख सोपेपणी हातासप शक्य जायना हें सत्य कळटा ते मेरेन हांवें बत्तीस वर्सां पिराय हुपिल्ली.

तसो आमच्या कुटुंबांतलो मुंबयंत हांव एकलोच नाशिल्लों. हेर जायते आशिल्ले. ते बऱ्या बऱ्या हुद्द्याचेर आसात आनी तेन्नाय आशिल्ले. पूण ह्या शारांतली जीण इतली वेगान धांवता की धांवतना फाटीं उरिल्ल्यांक वळून पळयल्यार खंयूय आपूण घुस्पून पडत म्हूण तांकां भंय दिसता. त्या भंयान कोण कोणाली चवकशी करपाक वचनात. आपलीं म्हळ्ळीं मनशां परकीं जावन उरतात. आमी तांचे मुखार धांवले जाल्यार तांचे नदरेंत येतात.

अशे परिस्थितींत हांव मुंबय आसुनूय बी आपणाले म्हळ्ळ्या सोयऱ्या संबंदितां मर्दी भरसून वचपाक शिकलों ना. म्हानगरांतल्या लाखांनी लोकां मर्दी उरून लेगीत एकलें एकसुरें जिवीत जगपाक शिकलों. एकली एकसुरी जीण सारतना तातूंतलें एकमुळेपण पयस करपा खातीर वाचन लेखनाचो छंद लावन घेतलो. म्हजे मातृभाशेंत कथा, कवन, नाटक असले लेखन प्रकार बरोवपाक सुरू केलें. जिणेंतले अणभव लेखनांत हाडपाचे यत्न केले. मनांतले

भावनेन निर्माण जाल्ली इत्साशक्त कसल्याच आड येवपी मारक परिस्थितींत नश्ट जावपाक दिली ना.

हांवें बरयल्लें पयलें कोंकणी नाटक 'थकिल्लो जीव' वडाळा गणेशोत्सवांत रंगमंचार करपाक घेतलें तेन्ना त्या जी. एस. बी. कला मंडळाचो हांवूय बी एक वांगडी जालों. कला रसीक आनी कलाकार म्हजे इश्ट जाले.

नाट्यकला म्हणल्यार ती एक नशा. ते नशेंत बुडिल्ल्यांनी सतत म्हगेल्या सहवासाचे सदिच्छेन आपूण रावताले थंय डोंबिवलींत म्हाकाय घेवन वचपाचो विचार केलो. तांचो विचार हांवें मान्य केलो. तांगेले मदतीन बांदकाम चालू आशिल्ले कडेन घराचो सोद घेवपाक सुरवात केली. बांदून तयार आशिल्लींय बी पळयलीं. कसलोय एक निर्णय घेवचो म्हणल्यार म्हाका धीर जायनाशिल्लो. तांणी म्हाका जाय आशिल्लो धीर दिलो आनी अखेरेक रेल्वे स्टेशना कडच्यान सात आठ मिणटांचे वाटेर आशिल्ले 'नीलकमल' नांवाचे चार माळयांचे बिल्डिंगेंत तिसरे माळयेर वन रूम किचन ब्लॉक बूक केलो. बऱ्या कामाक चार लोकांची मदत घेवची म्हणटात तें फट न्ही.

म्हाका सारकी याद आसा. त्या दिसा रामनमीची सुटी आशिल्ली. हांव डोंबिवली गेल्लों. सगळे दोस्त एकठांय मेळिल्ले. ब्लॉक बूक करतना इस्टेट एजंटा लागीं चवकशी केल्ली. कसलोच फायदो जालो ना. तागेलें मन पाशाणावरी पूण उतरां मोव लोणयावरी. ताणें सांगिल्लें पंचवीस हजार रुपया डिपोझिट आनी पांच हजार रुपया पागडी दिवची पडटाली. पयशे हप्त्यांनी दिवपाचें थारलें. कारण बांदकाम अजून थोडें जावचें आशिल्लें. दोन म्हयन्यां भितर ब्लॉक तयार जालो. आतां बुकींग करतना पागडी पांच हजार रुपया दिवपाची अशें ताणें सांगलें.

हांव केन्ना बोल्सांत चड पयशे दवरून भोंवना. त्या दिसा म्हज्या पाकिटांत मेजून पळयल्यार पन्नास रुपया बी नाशिल्ले. सांगपाक लेगीत लज म्हणून हांवें इस्टेट एजंटाक पयशे फाल्यां हाडून दितां म्हणलें.

घर

हें आयकून म्हजे वांगडा आयिल्ल्या श्रीनिवासान आपणाल्या पाकिटांतले शंबर रुपया काडून म्हज्या हातार दवरले आनी म्हणलें, 'हे शंबर रुपया घे आनी तुगेलो एक रुपया घाल. एकशे एक रुपया दी आनी पावती घे. उरिल्ले पयशे फाल्यां हाडून दी. आज रामनम, दीस बरो आसा.' सत्संगान खूबश्यो समस्या पयस करपाक जातात अशें म्हणटात ताचें हें एक बरें उदाहरण. अशे तरेन त्याच दिसा ब्लॉक बूक केलो.

मुंबयंत लोकसंख्या वाडत गेली आनी ते खातीर घराक मागणी वाडत गेली. मागणी वाडली तशे तांचे रेट वाडले. हे रेट सामान्य मनशांक परवडपा सारके न्ही. अशें जाल्ल्यान शारांत काम करपी लोक घर सोदीत पयस डोबिंवली, कल्याण, बदलापूर अश्या वाठारांनी वचपाक लागले. बोरीवली वटेन मीरा रोड, वसई, विरार सारक्या वाठारांनी वचपाक लागले. उपनगरांतूय बी घरांक मागणी वाडली आनी तेच वांगडा रेट वाडले. अशें जावन घरांचें बांदकाम बेभरवंशाचें जावपाक लागलें. ओनर, बिल्डर आनी इस्टेट एजंट मेळून लोकांक फसोवपाचो धंदोय वाडलो. जागो कोणालो, कोण घर बांदता आनी कोण विकता ह्या विखाळ वाटकुळांत घरां बूक केल्ल्यांक फसोवपाचीं प्रकरणां चड जालीं.

डोंबिवलींत त्या काळांत सरकारी नोंदी प्रमाण तीन हजार बिल्डिंगो अनधिकृत आसात अशें पेपरांत वाचिल्लें. तेन्नाच्यान म्हाका हुस्को लागिल्लो. 'म्हगेल्या घराचें काम केन्ना पूर्ण जातलें आनी केन्ना म्हाका तातूंत रावपाक मेळटलें काय!'

घर बूक करून दोन म्हयने जाल्ले. त्या उपरांत दोन हप्तेय बी दिल्ले. पयले आनी दुसरे माळयेर लोक रावपाक आयिल्ले. तिसरे माळयेचें काम पूर्ण जावंनाशिल्लें. चवथे माळयेचो स्लॅब बाकी आशिल्लो. दर आठवड्याक चवकशेक वचपाचें म्हाका एकूच काम.

अखेरेक दोन म्हयन्यांनी दितां म्हणिल्लें घर चार म्हयन्यांनी म्हज्या

ताब्यांत आयलें. आचार्यमामान म्हजी जल्मपत्रिका पळोवन गृहप्रवेशाचो म्हूर्त काडून दिलो. पौरोहित्याक हांवें ताकाच आपयलो.

आचार्यमामान म्हूर्त काडून दिल्लो तो म्हयन्याचो निमाणो दीस आशिल्लो. म्हज्या पगाराचो आंकडो ल्हान. हातांत येतालो त्या दिसा पुनवे चंद्रावरी. उपरांत दर दिसा भागत वतालो. म्हयन्या अखेरेक म्हाका कायम कडकी. असले अडचणी वेळार इश्टांची मदत घेवन तांच्या बोल्सांतले पयशे खर्च करपाची म्हाका संवय जाल्ली. बऱ्या नशिबान हे दोस्त म्हाका दिलदार मेळिल्ले. तेवूय बी गरिबींतल्यान वयर सरिल्ले. तेच म्हणटाले, 'गरिबांक आपले जिणेंत खूबश्यो अशक्य गजाली शक्य करून घेवच्यो पडटात.'

गृह प्रवेशा दिसा म्हजे परस म्हजे दोस्तूच चड उमेदीन धांवपळ करताले. हांवें चड इश्टां सोयऱ्यांक आमंत्रण दिवंनाशिल्लें. म्हाका मदत केल्ली त्या इश्टांक आनी एकदम वळखीच्या चार चौगांक सांगिल्लें. म्हूर्त चड सकाळचो आशिल्लो. णव वरां भितर सगळें काम करून आयिल्ल्यांक च्या, कॉफी, नाश्तो दिवन वयार करचें अशें थारायिल्लें आनी तितले पुरती तयारी केल्ली.

हळदीपूरच्या गौडान आंब्या पानांचें तोरण करून भायल्या दाराक लायलें. हेगडेल्या उमेशान दाराक नेमप्लेट करून लायली. भटकळाच्या श्रीनिवासान आयिल्ल्याक बसपाक जमखणां हाडून दवरलीं. बळकूरच्या भांडारकरान पुजेक जाय आशिल्लें सगळें साहित्य हाडून दिलें. होन्नावरचो बाबू कामत एक स्टोव्ह, बाथरूमांत उदक भरून दवरपाक दोन व्हड बालद्यो आनी मग घेवन आयलो.

गृहप्रवेशा दीस सकाळच्यान खूब पावस पडटालो. घरा कडेन येवपाच्या रस्त्यार दिमीभर उदक जमिल्लें. गटाराचें आनी पावसाचें उदक एक जाल्लें. पावसाचो आसोर जावपाची लक्षणां दिसनाशिल्लीं. करंट राती कडेनूच बंद जाल्लो. दाट मांडिल्ल्या कुपांक लागून भायर गुप्प काळोख आशिल्लो. लायट ना जाल्ल्यान भितर काळोख. पूण ह्या कसल्याच कारणाक लागून

घर

गृहप्रवेशाक आडखळ आयली ना.

आचार्यमाम सकाळींच आयिल्लो. ताणें त्याच दिसा आनी एके कडेन हाचे परस खूब व्हड काम घेतिल्लें. म्हजें काम सोंपोवन ताका थंय वचपाचें आशिल्लें. ताची गडबड म्हणल्यार इतली आनी तितली न्ही. ताणें म्हज्या हातापांयांक थरथरो हाडून सोडलो.

'आजून न्हालो ना रे तूं? न्हावन यो चल बेगीन.' ताणें भितर सरतनाच म्हणलें.

हांवें दोन तांबये उदक आंगार घेवन न्हावपाचें शास्त्र केलें. पुसून भायर येतनाच आचार्यमामान मंत्र म्हणपाक सुरू केलें. हांव संध्याबंधन करतना एकेकलो करून आमंत्रीत येताले. शांती उदक फाफुडटना तिशेक लोक जमले. तांचे सामकारूच द्वार पुजा करून गृहप्रवेश केलो. देवा पुजा केली. आयिल्ल्यांक च्या, कॉफी, नाश्ता दिलो.

कोडकणीच्या पै मामान घाटकोपरच्यान येतना उपीट करून हाडिल्लो. तो पावसांत भिजिल्लो पूण उपीट हून आशिल्लें. तेलंगान सोय कांतून फोव कालयले. श्रीनिवासान बारीक शेव हाडिल्लो. हांवें पयल्या दिसा म्हैसूरपाक हाडून दवरिल्ले. आर. एन. आनी एस. एन. नायक भावांनी आयिल्ल्यांक येवकार दिवन सरबराय केली.

खरें सांगतां, त्या दिसा हांवें कांयच केलें ना. सर्कशींतल्या माकडावरी आचार्यमामान सांगलें तसो नाचलों.

आचार्यमामाक दुसरे कडेन वचपाची गडबड. च्या पिलो तोच सामाना पोटली बांदून, न्हेशिल्लें धोतर वयर खोवन, दिल्ली दक्षिणा किरवंटीक लावन वचपाक गेलो.

देवादयेन आचार्यमामाक ट्रेनीर मुंबय वटेन वचपाक मेळ्ळें. त्या उपरांत थोड्या वेळान ट्रॅकार उदक भरलां म्हण ट्रेन सर्वीस बंद केली.

डोंबिवलीच्यान खंयूय वचपाचें आसल्यार ट्रेनिरूच वचप. रस्त्यान

वतलो जाल्यार बस सेवा सारकी ना. अशें जाल्ल्यान म्हगेल्या गृहप्रवेशाक आयिल्ले ते गजाली मारीत घरांत बसून उरले. इकरा वरां जालीं तरी पावस थारलो ना. म्हाका काळजी! आयिल्लो लोक असो उरलो जाल्यार दनपरां जेवणाचें कितें करचें?

हांव विचार करता आसतनाच बाबू कामतीन, पै मामान आयिल्ल्यांक जेवण करून वाडचें म्हणून थारोवन जाल्लें. असल्या कामांत ते फिशाल. तांकां जेवणां करपाचो अणभवूय आशिल्लो.

एकल्यान भाजयेचे जिनस हाडले आनी एकल्यान पत्रावळी हाडल्यो. सुमनआक्कान आपणाल्या घरा वचून सांबाराचें वांटप करून हाडलें. विजयान फटाफट भाजी चिरून दिली. दोन वरां भितर जेवण रांदून तयार. शीत, दाळीतोय, सांबार, मिरसांग आनी फ्लावराचीं भर्जीं, लोणचें, पापड, शाबूदाण्या पायस इतलें सगळें केल्लें. सावंत घरच्यान ताक घेवन आयलो. लक्ष्मण कामतीन बशिल्ले कडेन मसाला पान तयार केलें. दोन वरां भितर सगळ्यांचें जेवण जालें.

जेवणां जातात म्हणल्यार पावस थारिल्लो. परतून पावस सुरू जावचे पयलीं घरा पाविल्लें बरें म्हणून आयिल्ले इश्ट सोयरे परत वचपाक गेले.

इतले लोक जेवले तरी रांदिल्लें जेवण उरिल्लें. डोंबिवलीच्या इश्टांक रातचें हांगाच जेवन वचात म्हणलें. बाकी लोक गेले उपरांत आमी कडक च्या करून पिले आनी इस्पिकांनी खेळत बसले.

हो गृहप्रवेशाचो सुवाळो जावन सुमार तीस वर्सां जालीं. ते म्हजे इश्ट हांगा थंय शिंपडून आसात. पूण आमगेली इश्टागत आजून घटमूट आसा. परते परते प्रत्यक्ष मेळप शक्य नासलें तरी आमी फोनार उलयतात आनी एकामेकालें सूख-दुख्ख समजून घेतात.

अशे तरेन मुंबय येवन जाल्ल्या बारा वर्सांनी म्हगेलें अशें एक घर म्हज्या नांवार जालें. ह्या बारा वर्सांत कितले कडेन रावलों हांव - अग्रिपाडा,

घर

सांताक्रूझ, गोरेगांव, विलेपार्ले, जोगेश्वरी...

आरे..आरे...आरे...एक आनी दोन कडेन न्ही. निमाणे निमाणे कसो तरी रातीचो दीस करपाक शिकलों. आतां तें सगळें फाटीं पडून म्हजो एक कायमचो एड्रेस तयार जालो.

देवूळ बांदले उपरांत गर्भकुडींत देवाची मूर्त बसोवची पडटा. नाजाल्यार त्या जाग्या विशीं पवित्र भाव निर्माण जायना. तेच प्रमाण घर केले उपरांत घरांत गृहिणी आसची पडटा. नाजाल्यार घराक घरपण येना. म्हजीय लग्ना पिराय जावन गेल्ली. हांवें जाता तितले बेगीन लग्न करपाचें थारायलें.

चलयांचे पिताश्री सोयरिकेक म्हजी जल्मपत्रिका विचारपाक येताले. आयिल्ल्यांक हांव पत्रिकेची एक कॉपी काडून दितालों. कोणाक ना म्हणनाशिल्लों. (उरफाटी रीत आसली तरीय बी!) कारण म्हज्या नशिबांत खंयचे कडली चली बरयल्या म्हण कोणाक खबर! अशें चिंतून. दोन चार म्हयन्यां भितर म्हजे कडेन इतल्या चलयांचे फोटे आनी पत्रिका जमल्यो की तातूंतली एक वेंचून काडप म्हाका कठीण जालें.

लग्नाचे पिरायेर मनांत पाऊणशीं टक्के कामूक विचार भरिल्ले आसतात. ते विचार दुसऱ्या कडेन व्यक्त करपाक जमनात. तरेकवार रंगरंगयाळे वेश घालून ते आमच्या मनांत थै थै नाचतात. रातीं न्हिदल्यार न्हीद पडना. मर्दीच उठून लायट लावन ते चलयांचे फोटे हातांत धरून ओगीच कल्पना रंगयत रातीचो दीस करतालों. खऱ्यांनीच म्हाका दिसता जिणेंत कठिणांतलो कठीण प्रसंग म्हणल्यार जिणे सांगाती सोदून काडप होच आसतलो.

आज हाडिल्ली भाजी बरी ना जाल्यार फाल्यां दुसरी हाडूं येता. आज हाडिल्ले तांदूळ दाळ बी शिजले नात जाल्यार आठ दिसांनी दुसरे हाडपाक जातात. हाडिल्ले कपडे रंग वचून बुरशे दिसले जाल्यार दोन-चार म्हयन्यांनी ते उडोवन दुसरे बरे पळोवन हाडूं येतात. लग्नाची बायल दुसरी हाडपाक जाता? ती ह्या जल्मांत न्ही सात जल्मांत ती कायमचीच. अशे परिस्थितींत

फोटो पळोवन चली पसंत करची न्ही. फोट्यांत फकत भायलें रुप दिसता, गूण दिसनात. गुणांची बारीक चवकशी करपाक जाय. कित्याक काय म्हणल्यार उपरांत पश्चाताप करून उपेग ना.

ही नाका...ती नाका....अशें करून निमाणी हांवें एक चली पसंत केली आनी त्याच वर्सा डिसेंबरांत साकरपुडो केलो. फेब्रुवारींत लग्न जावन ब्रह्मचर्याक पूर्णविराम दिलो.

लग्ना उपरांत दोन वर्सां कशीं गेलीं कळ्ळेंच ना. तितल्या काळांत नीलकमल बिल्डिंगेंत चारूय माळयांचेर लोक रावपाक आयिल्ले. मालकाल्या मतान बिल्डिंगेचें काम पूर्ण जाल्लें. रयवाशां मतान आजून खूब काम जावपाचें आशिल्लें. बिल्डिंगेक भायल्यान प्लास्टरींग करपाचें उरिल्लें. पावसांत वणटींक भितरल्यान ओलसाण येताली. चवथे माळयेचो तेर्रास लीक जातालो. तेर्रासार उदका टांकी बांदता म्हणटालो ती बांदूक नाशिल्ली. तिसरे आनी चवथे माळये वयल्यांनी उदक सकयलच्यान बालदेंत भरून वयर व्हरपाक जाय आशिल्लें . म्युन्सिपालिटीन बिल्डिंगेचें काम पुराय जाल्लें ना म्हूण ऑक्युपन्सी सर्टिफिकेट दिवंनाशिल्लें. कायद्यान आमकां ते बिल्डिंगेंत रावपाक परवानगी नाशिल्ली. मालकान म्युन्सिपालिटींतल्या संबंदीत अधिकाऱ्यांक लांच खावोवन आमकां अधिकृत रितीन रावयल्ले. उदकाचें कनेक्शन बांदकामाक म्हूण घेतिल्लें. आजून भाडेकरूंक वापरपाक तेंच उदक दितालो तो. मालक आमचे कडल्यान हावस टॅक्स, वॉटर बील बी म्हणून दर म्हयन्याक वसूल करतालो. तातूंतले पन्नास टक्के लांच खावयतालो. वीज कनेक्शन दिल्लें तेंवूय बी अधिकृत न्ही. मालकान चोर बाजारांतल्यान मिटर हाडून बसयल्ले. त्या मिटरां प्रमाण आमचे कडल्यान बील वसूल करतालो. तातूंतले पन्नास टक्के डिपार्टमेंटाच्या मनशांक खावयतालो. पावसा दिसांनी तळमजल्यार रावतल्यांच्या बाथरूम आनी संडासांतल्यान भायल्या गटाराचें घाणयारें उदक भितर येतालें. कागाळ केली तरी मालक लक्ष दिनाशिल्लो.

घर

मालक लक्ष दिना जाल्यार भाडेकरू वा ब्लॉक मालक ओगी कशे रावतले? ते स्वताचे पयशे घालून म्युन्सिपालिटी कडच्यान गटार निवळ करून घेताले. अशें परतून परतून कित्याक जाता म्हूण चवकशी केली तेन्ना कळ्ळें की ती बिल्डींग म्युन्सिपालिटीच्या गटाराचेरच बांदिल्ली. गटार ताकतिकेन दुसरे वटेन घुंवडावन दिल्ले खातीर तो बुराक बारीक जावन ओव्हरफ्लो जातालो. ओव्हरफ्लो जाल्लें उदक रिव्हर्स फ्लो जावन तळमजल्यार रावपी लोकांक त्रास जातालो. तांकां नरकयातना भोगच्यो पडटाल्यो.

पावसा दिसांनी घराचीं दारां, जनेलांचीं दारां फुगून बंद करपाक जायनाशिल्लीं. जनेलांचीं दारां बंद करपाक जायनात जाल्यार कर्टन आड करूं येता, भायलें मुखेल दार बंद जायना जाल्यार कितें करपाचें?

असल्यो सगळ्यो कागाळी मालकाक सांगून फायदो नाशिल्लो. हांवें एका कार्पेंटराक आपोवन हाडलो आनी किसूळ मारून ताचे कडल्यान आमचें दार सारकें करून घेतलें. गर्मे दिसांनी दार सुकून तें बंद केल्यार खांची उरपाक लागल्यो. पेपरवालो दाराची बेल वाजयनासतना खांचींतल्यान पेपर शिरकावन वतालो.

म्हज्या शेजरा एक गुजराती फॅमिली रावताली. तांणी किचनांत लावपाक एक प्लायवूड कपाट करून हाडिल्लें. तें कपाट वणटीक खिळे मारून बसयतना एक वीट निखळून आमचे वटेन किचनांत पडली. वणटीक विटे आकाराचो व्हडलो बुराक जालो. कितले दीस जाले तरी तो गुजराती वीट लावन तो बुराक बंद करना जालो. तो बुराक बंद करिना जाल्यार आमकां आमगेल्या घरांत प्रायव्हसी ना. रातची आमी लायट बंद करून न्हिदल्यार तांगेल्या किचनांतलो लायटी उजवाड थेटरांतल्या प्रोजेक्टर रुमांतल्यान स्क्रिनार सोडिल्ल्या लायटीवरी आमगेल्या रुमांत येतालो. हांवें मालका कडेन कागाळ केली. भाडें वसुलीक आयिल्लो तेन्ना भितर आपोवन ताका दाखयलें. ताणें दुसऱ्या दिसा तो बुराक बंद करून दिलो आनी त्या गुजराती कडच्यान डबल

पयशे वसूल केले. तेन्नाच्यान तो शेजारी म्हजो दुस्मान जालो.

कांय दिसांनी कंपनीच्या कामा खातीर हांव दुबय गेल्लों. येतना मेड इन जपान सिको कंपनीचें वॉलक्लॉक घेवन आयिल्लों. घडयाळ खूब सुंदर आशिल्लें. तें वणटीक खंय लावचें म्हण आमचें दोगां मदीं बरो वाद जालो. स्टुलार रावून वणटीक तें घडयाळ अशें धरून तशें धरून पळयलें. अखेरेक बायलेन सांगिल्ले कडेन खिळो मारून लांबयलें. बायल खोशी जाली. पूण ती खोस एकूय दीस तिगली ना.

त्याच दिसा म्हाका सेकंड शिफ्टीक कामाक वचपाचें आशिल्लें. सारकी बारा जावन स मिणटांची ट्रेन म्हाका धरपाची आशिल्ली. हांव वचपाक भायर सरलों. बायलेक टाटा करून दार बंद करपाक भायल्यान ओणोव घेतलो. नायटलॅच सारकें बसना म्हणून मातशें फोर्सान ओडचें पडटालें. ते खातीर दार बंद करतना भुंयकांप जाल्लेवरी वणत हालताली. तशी वणत हाल्ली आनी खिळ्या सयत घडयाळ सकयल पडलें. ताचो हारसो फुटून बारीक बारीक कंवच्यो जाल्यो. गोलाकार घडयाळ अष्टवक्र जालें. सारकें बारा वरांचेर त्या घडयाळीचे बारा वाजले. तें पळोवन म्हाका जें दुख्ख जालें तें सांगपा भायलें. दुबयच्यान डोंबिवली मेरेन तें हांवें इतलें सांबाळून हाडिल्लें ताची ही अवस्था? वयल्यान उडी घेवन ताणें आत्महत्या केल्लेवरी तें जमनीर पडलें. त्या दुख्खान हांव कामार गेलोंच ना.

चार वर्सां भितर 'नीलकमल' बिल्डिंगेची अवस्था टी. बी. पेशंटावरी जाल्ली. स्लॅबाचे प्लास्टर निखळून सळयो दिसताल्यो. आमच्या ब्लॉका वयर चवथे माळयेर मुन्नू स्वामी नांवाचो मद्रासी रावतालो. तांगेर दिसाक तीन-चार फावटी रगड्याचेर इडली वा डोसा अशें कसलें तरी वांटप वाडटालीं. थंय वांट्टा आसतना आमगेल्या किचनांतल्या स्लॅबाचे कुडके निखळून पडटाले. तांच्या रगड्याचें गुडूगुडू सुरू जाताच म्हजी बायल किचनांतलीं सगळीं आयदनां धांपून भायल्या रुमांत येवन बसताली.

एक दीस वयर वचून हांवें मुन्नूस्वामीक सांगलें, 'तुमी अशे तरेन दिसाक तीन चार फावटी इडली डोसाचें पीठ करतात त्या गुड्गुड्‌ गुड्गुड्‌ आवाजान आमगेल्या किचन स्लॅबाचो प्लास्टर पुराय कोसळून पडटलो. आतां स्लॅबाचे स्टील रोड दिसपाक लागल्यात. आनीक थोड्या दिसांनी आमगेल्या किचनांतल्यान तुमी म्हाका दिसतलीं. हें सांगपाक वयर येवपाची गरज ना.'

इतले मजगतीं स्वामीली बायल गरम गरम कॉफी करून घेवन आयली. तिणें केल्ले कॉफीचो सुवादूच वेगळो. तसली कॉफी म्हगेले बायलेक करपाक कळना.

मुन्नूस्वामीली बायल म्हणपाक लागली, 'चवथे माळयेर कोण रावतात व्हय? ना न्ही? अशें आसतना आमगेल्या घराचो स्लॅब पळय. पावसा दिसांनी घरांत आमी रेनकोट घालून फिरचें पडटलें. ही बिल्डिंग नवी कोण म्हणत? शंबर वर्सां पयलींची दिसता.'

आस्ते आस्ते एकेक भाडेकार बदलत गेले. तशें जालें म्हूण मालकाक कांय लुकसाण नाशिल्लें. ताका उरफाटो फायदोच जातालो. सोडून वताले तांकां डिपोझिटाचे पयशे दितालो. पागडी मात दिनाशिल्लो कारण तो 'ब्लॅक मनी.' ते भायर नवे येवपी भाडेकारां कडल्यान चड डिपोझिट आनी चड पागडी घेतालो.

म्हजी बायल आमीय बी दुसरे कडेन घर पळोवया म्हणून सारकी फाटीक लागली.

हांवें तिका समजायली. 'त्रास खूब जातात हें कबूल पूण बटण तुटलो म्हूण कोण शर्ट काडून उडयता व्हय?'

त्या खिणाक तिणें म्हणलें, 'हो डायलॉग तुगेल्या नाटकांत घाल. पळोवपी 'वन्स मोर' म्हणटले. पूण तुमकां खरें सांगतां, ह्या घरांत रावपाक म्हाका भंय दिसता.'

हें सांगता आसतना खरेपणीं तिगेलो चेरो म्हाका भंयान बाविल्लो दिसलो.

तिका लागीं बसोवन हांवें विस्वासांत घेतली आनी सांगलें की आमी दुसरो फ्लॅट घेतलीं तो ओनरशीप फ्लॅट घेवया. तिचो बाविल्लो चेरो मातसो खुललो.

तें वर्स आशिल्लें 1983. डोंबिवलींत स्क्वेअर फुटाची रेट चलताली सवाय दोनशीं रुपया. ती रेट म्हज्या बजेटांत बसनाशिल्ली.

तेन्ना बायलेन म्हणलें, 'प्रयत्न केल्यार कितेंय साध्य करूं येता. प्रयत्न तरी सुरू करूया.'

केन्ना केन्ना बायलेन सांगिल्लें आयकुचें पडटा. लायफ पार्टनर न्हीं ती? ते खातीर हांवें दुसरे कडेन घर पळोवपाक सुरवात केली.

एक दीस म्हज्या काका आनी काकीक आमगेल्या घरा जेवणाक आपयलीं. ती डोंबिवली पूर्वेक रावतालीं. आजून थंयच रावतात. ही खबर, ती खबर, गांवची खबर उलयत जेवणाक बशिल्लीं तेन्ना त्याच वेळार मुन्नूस्वामी घरांतल्या रगड्याचो गुड्गुडू आवाज सुरू जालो. म्हगेले बायलेचें तोंड तेन्ना पळोवपाचें नाशिल्लें. तिणें म्हणलें, 'केन्ना तरी एक दीस वांटपाक बशिल्ली रगड्या सयत ह्या डायनिंग टेबलार येवन पडपाची आसा दिसता.'

काकाक परिस्थितीचो पूर्ण अंदाज आयलो. ताणें जाता तितले बेगीन घर बदलपाक सांगलें. आपणाल्या ब्लॉका कुशीक एक ब्लॉक खाली जाला. फाल्यां येवन पळयात, म्हणलें ताणें.

हांवें भीत भीत म्हगेली अर्थीक अडचण ताका सांगना फुडें ताणें म्हणलें, 'आयच्या काळांत पयशे कमोवन कितेंय करतलो म्हणल्यार तें जावपाचें ना. कितेंय करचें आसल्यार, घेवचें आसल्यार रीण काडले बगर जावपाचें ना. रीण पावयतना तसो थोडे त्रास जातले पूण मागीर तकली फोड ना.'

म्हगेलो काका जाण्टो मनीस इतलेंच न्हीं तर एक अणभवी प्रोफेसर तो. ताणें सांगिल्लें आमकां पटलें. प्रयत्ना शिवाय प्रारब्धाची चावी मेळना हें सत मतींत धरून दुसऱ्याच दिसा आमी दोगांय तें घर पळोवन आयलीं. आमकां तें घर आवडलें.

बिल्डिंग मजबूत आनी ते हावसिंग सोसायटींतले चडशे रयवाशी आमगेल्या गांवां वटेंतले सारस्वत कोंकणी लोक. आमी कसोय तरी करून तो ब्लॉक घेवपाचोच म्हूण थारोवन घरा आयिल्लीं. पयशे कमी पडल्यार एक मंगळसूत्र सोडून बाकी सगळें भांगर विकपाक म्हजी बायल तयार जाल्ली.

देवादयेन दागिने विकचे पडले नात. म्हज्या दोस्त पंगडान आपापणाले ताकती प्रमाण मदत केली. मे म्हयन्यांत आमी घर शिफ्ट केलें. डोंबिवली पूर्वेक काकाल्या शेजराक रावपाक गेलीं.

आमी सोडून आयिल्ल्या ब्लॉकांत पंचेचाळीस हजार रुपया डिपोझिट दिवन, धा हजार रुपया पागडी दिवन दुसरो एकलो कोण रावपाक आयलो. म्हणल्यार चार पांच वर्सां भितर घराचो रेट खंयच्यान खंय जंप जाला हाचो तुमी हिशोब करात.

त्या वर्सा मे म्हयन्यांतूच पावस पडपाक सुरू जाल्लो. जून म्हयन्यांत खूब पावस पडपाक लागलो. एक दीस अतिवृष्टी जावन डोंबिवलींतलें गटार भरून रस्त्यार कमरभर उदक जाल्लें. वाहनां धांवपाचीं बंद जाल्लीं. ट्रेन सर्विसूय बंद जाल्ली. खंय तरी शॉर्ट सर्कीट जावन शारांतली पुराय वीज गेल्ली. दूदवालो, पेपरवालो आयले नात म्हूण हांव बाल्कनींत रावन तांची वाट पळयतालों. ते म्हाका दिसले नात. पूण पयसुल्ल्यान म्हजे कंपनींत काम करपी कुलकर्णी आमगेल्याच घरा वटेन येतना दिसलो. तो डोंबिवलींत पश्चिमेक रावपी. इतलो सकाळीं हे अशे परिस्थितींत तो आमगेल्या घरा वटेन कित्याक येता? असो प्रस्न पडटनाच तो आयलो. घरांत यो म्हूण आपयल्यार तो येना जालो. तेन्ना तो कितेंय तरी वायट खबर सांगपाक आयला जातलो असो म्हाका दुबाव आयलो.

ताणें म्हाका म्हणलें, 'अहो नायक, चला लवकर चला. तुमची ती 'नीलकमल' बिल्डींग रात्री पावसाने कोसळून जमीनदोस्त झाली.' ताणें मुखार म्हणलें, 'कितलेशेच लोक मेले आनी कितल्याश्याच लोकांचे हात

पांय मोडून ते अपाहीज जाल्यात. मदत कार्य चालू आसा. ही बातमी तुमकां सांगपाक हांव आयलां. फोन करतलो म्हणल्यार फोन बी डॅड.' ही वायट खबर घेवन तो मुद्दम आयिल्लो.

ती खबर आयकून म्हज्या काळजांत कच्च जालें. कारण ते बिल्डिंगेंतल्या सगळ्यांक हांव वळखतालों.

हांव रोखडोच भायर सरलों. म्हजे बायलेन आपुणूय येतां म्हणलें. थंय गेल्यार कितें पळयतलो! सगळो खेळ खल्लास जाल्लो. पुराय बिल्डींग गटाराचे दिशेन कोसळून पडिल्ली. अपघात रातचो जाल्ल्यान लुकसाण चड जाल्लें. चवथे माळये वयलो एकटोय वांचुनाशिल्लो. मुत्तुस्वामी रातपाळयेक गेल्लो. ते खातीर तो वांचलो. ताचीं बायल आनी भुरगीं संवसार सोडून गेल्लीं.

तिसरे माळयेर बुराडे रावतालो. तागेले लग्नाचे चलयेन घरचो विरोध पत्करून दुसरे जातीच्या चल्या कडेन लग्न केल्लें. बुराडेली बायल हें येवजून सद्दां दोळ्यांत दुकां काडटाली. पळून वचून लग्न जाल्ली वांचली. दोळ्यांत दुकां काडटाली ती मेली.

दुसरे माळये वयल्या देशपांडेलो चलो स सात वर्सांच्या सतत परिश्रमान सी. ए. पास जाल्लो. ती खोशयेची खबर सांगपाक आमगेर पेडे घेवन आयिल्लो. उमेदीन फुलिल्लो तागेलो चेरो फ्रेमींत घालून दवरिल्लेवरी म्हाका दोळ्यां मुखार आजून दिसता. ह्या अपघातांत देशपांडेलें पुराय कुटुंब गेलें.

पयले माळये वयले गोडे, अमरडाय कंपनीचो जॉब बदलून पुण्या गेल्लो. दोन दिसां आदींच घर खाली करपाक डोंबिवली आयिल्लो. तें काम करून, सामान ट्रकार चडोवन पुण्या धाडून दिल्लें खंय. त्या दिसा मालकाच्या हातांत चावी दिवन, पयशांचो वेव्हार जाग्यार घालून परत पुण्या वचपाचो आशिल्लो. तो ह्या दुर्भागी अपघातांत मरणा तोंडांत पडलो.

मरण आयल्यार मासळी जशी धांवून येवन गळाक लागता तशे तरेन इतले सगळे यमाच्या गळाक लागले. अशें जाता तेन्ना वांचून उरपाक वाट नासता.

ग्रावंड फ्लोराचेर लोखंडे नांवाचो मनीस रावतालो. तो एकदम बेबदो. सदांच सोरो पिवन येतालो आनी घरांत झगडटालो. बायलेक भुरग्यांक मारतालो. बायलूय बी सोरो पियेल्लेवरी ताचे कडेन झगडटाली. एकेक फावटी झगडें मोठ्यार पडलें जाल्यार बायल आनी भुरगीं मेळून ताका बडयतालीं. पावसाचे राती कडेनूय खूब पिवन आयिल्लो म्हूण ताका घरांत घेवंनाशिल्लो. ताणें बायलेक रांड बी म्हणून गाळी संवल्यो आनी लकत पडत रेल्वे स्टेशनार वचून न्हिदलो खंय. तो वांचलो. ताका भायर घाल्लीं गेलीं. तोच लोखंडे म्हाका केन्नाय मेळ्ळो जाल्यार बायल आनी भुरग्यांची याद काडून बोब मारून रडटालो.

पोलीस तशेच फायरब्रिगेडीचे कर्मचारी मोठे संख्येन जमिल्ले. कॉंट्रेक्टर्सां कडल्यान जे. सी. बी. मशिनां मागोवन कोसळिल्ले 'नीलकमल' बिल्डिंगेच्या मोडिल्ल्या बांदकामाच्यो राशी निवळ करपाचें काम नेटान चालू जाल्लें. मेल्ल्या मनशांची वळख काडून मड्यांचो पंचनामो करपाचें कामय सुरू केल्लें.

इतले भितर एक धा-बारा वर्सांचो पोर पोलिसांक आनी फायर ब्रिगेडीच्या कर्मचाऱ्यांक गरम-गरम च्या घेवन आयलो. घर मालक, बिल्डिंग कॉंट्रेक्टर फरार जाल्ले. पोलीस तांकां सोदीत भोंवतात म्हूण खबर पातळिल्ली तरी हो च्या दिवन तांची सरबराय कोण करतालो हें उक्तें गुपीत कळपाक म्हाका वेळ लागलो ना.

म्युनिसिपालिटीच्या सिवील इंजिनियरींग डिपार्टमेंटाचे मनीस थंय भोंवताले. ताणी ते बिल्डिंगेक 'बांदकाम धोक्याचें' अशा अर्थाची सुचोवणी लायिल्ली खंय. डोंबिवलीचो आमदार आनी ठाणे जिल्ल्याचो खासदार येवन पुनर्वसन करपाचें काम पळोवन गेल्लें खंय. राज्याच्या मुख्यमंत्र्यान मेल्ल्यांच्या लागींच्यांक एकेक लाख रुपया आनी जखमी जाल्ल्यांक पंचवीस पंचवीस हजार रुपया दिवपाचें जाहीर केल्लें खंय. थंय जमिल्ले लोक हीच खबर उलयताले.

पावस थांबनासतना पडत आशिल्लो. थंय रावून आनी कितें पळोवपाचें उरलां अशें म्हणून म्हत्वाचे अशे दोन तीन पेपर विकते घेवन हांव आनी म्हजी बायल घरा आयलीं.

'नीलकमल' सोडून दुसरे कडेन जागो घेवपाक बायलेन सतत हट्ट धरिल्ल्यान हांवें ती सोडपाचो विचार केलो. नाजाल्यार आमच्या नांवानूय एक लाख रुपया डिक्लेर जातले आशिल्ले. पेपरांतूय नांव येतलें आशिल्लें. मेले उपरांत कोणा खातीर हें सगळें? त्या बदला सरकारान असले अपघात जायना जावपाक काळजी घेतल्यार चड बरें जातलें न्हीं?

♦♦♦

10.

प्रवासांत पळयल्लें एक सपन

म्हाका प्रवासाचें खूब पिशें. खंयच्याय खबरापत्रांत वा नेमाळ्यांत इतिहासीक वा सैमीक म्हत्वाच्या थळा विशीं म्हायती आयल्यार हांव ती कापून दवरता आनी शक्य आसल्यार पळोवन येतां.

एक फावट कन्नड 'तरंग' नेमाळ्यांत नामनेचे लेखक कृष्णानंद कामत हांणी मध्य प्रदेशांतल्या 'मांडू' च्या इतिहासाचेर बरयल्लो लेख छापून आयिल्लो. तो वाचून हांव आनी म्हगेली बायल 'मांडू' पळोवपाक गेलीं.

मुंबयच्यान मांडू 590 कि. मि. पयस आसा. आमी ट्रेनीचेर इंदूर मेरेन गेलीं. थंयच्यान बस धरून आमी 'मांडू' गेलीं. ट्रेन प्रवास जितलो आरामांत जालो तितलो बस प्रवास त्रासाचो जालो. रस्त्यार फोंड काय फो डांतल्यान रस्तो तेंच कळना जाल्लें. बसीची बॉडी नवी दिसताली पूण इंजीन पोरणें. ताचो फक्त आवाज येतालो. वेग नाशिल्लो. धुंवर सोडीत, खरस काडीत धुकळून व्हेल्लेवरी मर्दी मर्दी रावत वताली. णव्याण्णव कि. मि. प्रवास करपाक साडे आठ वरां घेतलीं म्हणना फुडें बसीचो वेग कितलो जालो? हांवें हो प्रस्न बस ड्रायव्हराक विचारलो. तो विडी ओडटालो. दोळे मोट्टे करून कांयच उलयनासतना नाकांतल्यान धुंवर सोडपाक लागलो.

एका काळार राजपाटण म्हण मिरोवपी हो गांव पयले नदरेक चलनांत नाशिल्ल्या दुडवांवरी दिसतालो. बसस्टॅण्डार आमी देंवताच थंयचो गायड वर्माजी आमचे फाटल्यान आयलो. आमी ताका वाटावन वचपाचे कितलेय

यत्न केले तरी ताणें आमची फाट सोडली ना. कारण त्या दिसा ताका आनीक दुसरें काम नाशिल्लें.

'पयलीं रावपाची वेवस्था करून घेतात. मागीर सायट सियिंगाचें उलोवया.' हांवें म्हणलें.

आमच्या बजेटांत बसताली तशी ताणेंच आमकां रावपाची वेवस्था करून दिली. 'आनीक एक वरान येवन मेळटां.' अशें म्हणून तो गेलो. आमी रोखड्यारोखडें न्हावन घेतलें. दनपरां जेवलीं नाशिल्ल्यान बरें पोटभर खावन घेतलें. इतलें करता म्हणल्यार सांजेचीं पांच वरां जालीं.

वर्माजी आयलो. जास्ती चवकशी करिनासतना आमी तागेली फी थारायली. ऑटो रिक्षा करून राणी रुपमती महाल दाखोवपाक आमकां तो घेवन गेलो.

राणी रुपमती महाल गांवच्यान चार पांच कि. मि. पयस मातसो उंचायेच्या प्रदेशांत आसा. रिक्षांतल्यान देंवून 15-20 मिणटां चलून वच्चें पडटा. वतना वेळ जाल्लो म्हणून आमी फटाफट दोन मजली महाल पळोवन वयर तेर्रासार गेलीं.

सांजचो वेळ, निशब्द वातावरण आनी निर्जन प्रदेश जाल्ल्यान मनांत थोडो भंय निर्माण जाल्लो. गायड आनी रिक्षावालो आशिल्ले तरी ते कितले भरवंशाचे हें सांगूं नजो जाल्ल्यान भंय वाडत गेलो. तसो मुळांत हांव इल्लो भित्रोच. मनांत आशिल्ल्या वायट विचारांची वाट बंद करपाक गेट ना. भरीक भर म्हणल्यार हे तरेचे परिस्थितींत असले विचार आयले बगर रावनात. नवो जागो पळोवपाक उमेदीन आयिल्लीं. पूण जशें पंक्चर जाल्ल्या टायरांतल्यान वारो वचपाक लागता तशे तरेन उमेदीच्या बोमाड्यांतल्यान वारो वचपाक सुरवात जाल्ली. तेन्ना हांवें मनांत पक्कें थारायलें की हाचे उपरांत खंयच्याच अपरिचीत जाग्यार अनवळखी मनशां सांगातान वतना वेळ काळ पळोवन वचपाचें. इतलो धोको पत्करप ना!

आमचो गायड पिरायेन जाणटो आनी सभावान प्रामाणीक आनी मॅच्युअर्ड दिसतालो. फक्त पयशां आशेचो नाशिल्लो. ताका इतिहासाचें ज्ञान आशिल्लें. साहित्यांत गोडी आशिल्ली. वाचनाची आवड आशिल्ली. इंग्लीश, हिन्दी, गुजराथी, बंगाली भाशा तो शिकिल्लो. आमचे कडेन तो हिन्दी आनी इंग्लिशींत उलयतालो. शेर-शायरींतल्यान इतिहास सांगतालो. हांव ताचे कडेन उलयत रावलों. मनांतलो भंय दाखोवन दिलो ना.

सूर्य अस्ताक वतालो. मंद उजवाडांत नर्मदेचो प्रवाह आनी भोंवतणचो विशाल वाठार अस्पश्ट सो दिसतालो. स्वेटर घालून लेगीत थंड वारो आंगाक जाणवतालो.

म्हजी बायल सीन सिनरी पळोवपाक दंग जाल्ली. हांव म्हजे आवडीचो मिनोल्टा कॅमेरा घेवन फोकस ॲडजस्ट करून फोटो काडटालों. वर्माजी त्या राणी महालांत घडिल्ल्लो इतिहास सांगतालो.

चारशीं साडेचारशीं वर्सां फाटीं विंध्य पर्वत प्रदेशांत नर्मदेचे देगेर खूब दाट जंगल आशिल्लें. शिकारेक राजा म्हाराजा येताले. आठ-धा दीस रानांत येवन रावताले. एक फावट वसंत रुतूंत मांडूचो राजा बाज बहादूर शिकारेक गेल्लो. वसंत रुतूंतल्या वनरायेर फुलांचो भार आयिल्लो. पर्वत प्रदेश आनी नर्मदेचो वाठार थंड वाऱ्यान मन प्रफुल्लीत करतालो. असल्या वातावरणांत पयसुल्ल्यान येवपी संगिताचे मनभुलोवणे, गोड सूर राजाल्या कानार पडले. तो स्वता संगीत प्रेमी आशिल्ल्यान त्या सुरांनी भारावन गेलो. त्याच खिणाक तो घोड्यार बसून सूर येताले ते दिशेन गेलो आनी काळोख पडलो तरी फाटीं परतलो ना.

कितें सांगचें? अजाप! व्हड अजाप! थंय आम' वनांत एके पर्णकुटींत, दिवलेच्या मंद उजवाडांत सोबीत कुंवरी रुपमती शास्त्रीय संगिताचो रियाज करताली. त्या संगिताचो राग, ताल, लय आयकून त्या रानांत शिकारेक आयिल्लो राजा स्वताच शिकार जालो. रुपमतील्या पयल्याच दर्शनान तो

तिच्या मोगांत पडलो. ते अमृत घटकेर, रोमांचक वातावरणांत जाल्लो त्या दोगांचो परिचय मोगांत रुपांतरीत जालो आनी तीं लग्न जालीं.

बाज बहादूर हो मुसलमान. रुपमती हिन्दू. तरी तांच्या लग्नाक धर्म आड आयलो ना. लग्ना उपरांत रुपमती राणी जाली. ती हिन्दू संस्कारां प्रमाण जगताली. राजान तिचे खातीर नवो महाल बांदलो. त्या महालाक लोक 'राणी रुपमती महाल' म्हणपाक लागले.

ऐश्वर्य कितलेंय आसलें तरी सूख कोणाल्या वांट्याक कायमचें येना. दीस केन्ना कशे बदलतात कोण सांगपाक शकना. बाज बहादुराल्या नशिबान तेंच ताच्या वांट्याक आयलें.

मुघल सम्राट अकबराल्या सेनापतीन बाज बहादुराक युद्धांत हारयलो. ताचे हात पांय बांदून ताका बंदखणींत घालो आनी दिल्ली घेवन गेले. त्या सेनापतीच्या दुश्ट कामूक नदरेंतल्यान सुटचे खातीर राणी रुपमतीन जीव दिलो. ही दुख्ख दिवपी घडणूक आयकून आमचीं मनां सुन्न जालीं.

सुर्यास्त जाल्लो. काळोख दाट जातालो. भित्र्यांक काळोख चड भिवयता. ते खातीर आमी सटसटीत सकयल देंवलीं आनी राणी महाला भायर आयलीं.

वर्माजीन म्हणलें, 'भिवपाची गरज ना. म्हजे कडेन टॉर्च आसा. ताणें तें सांगून धीर दिलो तरी आमी धांवत येवन रिक्षांत बसलीं. रिक्षा धांवतना म्हजी बायल म्हणपाक लागली, 'आत्महत्या करतात तीं भूत-पिशाच्च जातात खंय! कोणालेय फाटीक लागल्यार फाट सोडनात खंय!' वर्माजी आनी रिक्षावालो खो खो हांसपाक लागले. हांव मात हांसलो ना. घडये तेन्ना म्हाका तें खरें दिसलें आसत.

रातचो न्हिदता आसतना म्हाका डायरी बरोवपाची संवय. ते डायरेंत वर्माजीली शेर शायरी याद करीत हांवें म्हज्या शब्दांत चार ओळी बरयल्यो :

संगिताचें प्रेम खरें की....
प्रेमाक संगीत कारण जालें

कोण जाणा गुपीत भितरले ं!
पूण इतिहासांत तीं जालीं अमर
राणी रुपमती आनी बाज बहादूर
अंत जालो प्रेम विलास विरहांत
आत्महत्या राणी रुपमतील्या नशिबांत!

मुखार आनीक शब्द सुचनात जाले. बरयल्लें परतून गुणगुणत लायट वाडोवन हांव न्हिदलों. न्हिदेंत सपन पडलें. सपनांत केन्नाच पळोवंक नाशिल्ली सुंदर अस्तुरी दिसली. ती म्हजे पांय दामीत बशिल्ली.

म्हाका अजाप! आयज मेरेन कोणेच म्हजी अशे तरेन सेवा करूंनाशिल्ली. कोण रे बाबा ही? म्हगेली बायल जाल्यार न्हीच न्ही कारण असलें फालतू काम ती केन्ना करिना.

ते सपनसुंदरेक हांवें नियाळून पळयली. रंगान गोरी गोरीच. गुलगुलीत गाल. घारे दोळे. केंस काळे. विणी घालनासतना मेकळे सोडिल्ले. आंगार कसलेंच आभरण नाशिल्लें. हातमागाचें धवें महेश्वरी महाराष्ट्री कापड न्हेशिल्ली. स्त्री देहाच्या सौंदर्यावरी दुसरी सुंदर वस्तू ह्या जगांत ना म्हणटात. तिगेलें दोळ्यांत भरपी रुप पळोवन हाची म्हाका खात्री जाल्ली.

हांवें ते सपनसुंदरेक विचारलें, 'आगो बाये, कोण गो तूं?'

ह्या म्हज्या प्रस्नान तिगेलो चेरो दुख्खी जालो. ती खोळशांनी रडपाक लागली. तिगेल्या दोळ्यांतल्यान भळभळ देंवपी दुकां म्हज्यान पळोवं नजो जालीं. तिगेलेचे साडयेच्या पालवान हांवें तिर्ची दुकां पुसलीं. ती मातशी शांत जाली. म्हजे दोनूय हात हातांत घेवन आपणाल्या हड्ड्या कडेन व्हरून म्हणपाक लागली, 'राजा.....ऽऽ! तूं म्हाका विसरलो तरी हांव तुका विसरलीं ना रे!'

'हांव राजा? तशें जाल्यार तूं कोण?' तिका हांवें विचारलें.

'हांव तुगेली मोगाची राणी रुपमती. कितलीं वर्सां जालीं तुगेली वाट

पळयत ह्या राजवाड्यांत नर्मदेच्या वाठारांत भोंवतां. नर्मदेचें पात्र कमी जालें, उदकाचो प्रवाह कमी जालो, तरी म्हगेलो मोग कमी जालो ना. विंध्य पर्वताचे कुशींतलें रान नश्ट जालें पूण म्हजी आशा-आकांक्षा नश्ट जावंक ना. हांव विरहान भाजून करपून गेलीं तरी तुगेली वाट पळयत जीव धरून आसां. तूं मात हांगा सुस्त न्हिदून घोरेता? कसले जातीचे दादले तुमी? मागनासतना येवन मोग केलो आनी सांगनासतना सोडून गेलो?' इतलें सांगून तिरस्कारान तिणें मान फिरयली.

'येऽऽ बाये! राव, राव! ओगीच दादल्यांक दोश दिवंनाका. मोगांत बुडून तुजो बुद्दीभ्रंश जाला. तूं जो समजता तो बाज बहादूर हांव न्ही. तुगेल्या बाज बहादुराक धरून बंदी करून मुघल सेनापती दिल्लीक घेवन गेला. थंय भरिल्ल्या दरबारांत तुगेल्या राजान अकबर बादशाची माफी मागली. आतां थंयच तो एक संगीतकार जावन राजाली सेवा करीत रावला.' हांवें सांगलें.

म्हजेर तिचो विस्वास बसलो ना. 'तुका हें कोणें सांगलें?' दुबावान तिणें विचारलें.

'हांगाचो गायड वर्माजीन सांगलें.' हांवें जाप दिली.

'वर्माजीन म्हजे विशीं कितें सांगलें?' तिणें विचारलें.

'बाज बहादुराक धरून सेनापतीन ताका बांदून घालो. मागीर त्या दुश्ट सेनापतीन तुजेर बलात्कार करपाचो यत्न केलो खंय. पूण....'

'पूण? सांग, रावलो कित्याक? स्पश्ट सांग.' अशें म्हणून म्हज्या दोनूय भुजांक धरून ती म्हाका हालोवंक लागली.

हांवें तिका सांगलें, 'ताणें बलात्कार करचे पयलींच तुवें जीव दिलो खंय अशें वर्माजीन सांगलें, पूण तुका पळोवन म्हाका वर्माजीन सांगिल्लें खरें दिसलें ना.'

हें आयकून तिचें समाधान जालें. तिगेलो अवतार निवळ्ळो. म्हजे छातयेर वणखून ल्हवूच केंसाचेर हात फिरयत म्हज्या कानांत तिणें सांगलें, 'जीव

दिल्लो ही गजाल खरी पूण हांव मेलीं ना. खरे प्रेमी मरतात हय तर केन्ना?'

'हांवें तशें केन्ना कोणाचेर जिवापाड प्रेम केलें ना. ते खातीर तुज्या प्रस्नाक म्हजे कडेन जाप ना. हांवें प्रेमांत पडून लग्न करूंक ना. लग्ना उपरांत बायलेच्या प्रेमांत पडलों. ही....पळय म्हगेली बायल हांगा न्हिदल्या. ती हांगा बगलेक आसतना तूं म्हज्या आंगार पडूं नाका. वच तूं.'

तिका राग आयलो. रुपमती जावन आयिल्ली शूर्पणखा जाली. कुस्ती खेळटल्या खेळगड्यावरी म्हाका सकयल घालून म्हज्या पोटार बसली. तिगेलो आवाज बदल्लो. तो आयकून तिगेल्या गळ्यांत ब्रह्मराक्षस बशिल्ल्यावरी भास जातालो.

बाप....रे! त्या कर्णकठोर कर्कश आवाजान ती आड्डपाक लागली. 'तुमी राजा लोक मुळांत खूब कामूक आसतात. प्रेमाचें नाटक करून रुपान सोबीत आशिल्ल्या अस्तुऱ्यांक फसयतात. म्हातारे जावन मरपाक तेंकले तरी तुमकां तरणे पिरायेच्यो यौवना जाय दिसतात. तुमगेल्या आंगांत काम, क्रोध, मोह, मद, मत्सर हे दुर्गुण सोडल्यार दुसरे सदगूण नात. सगळे आसुरी दुर्गुण. राजा आशिल्ल्यान तुमचे सगळे गुन्यांव तुमकां माफ. एका जमान्यांत म्हज्या पांयां कडेन लोळटालो तूं. आतां वळख दाखयना? ही तुगेली नवी बायल तुकाच दवर पूण म्हाका पयस करूंनाका.'

आरे देवा! हो खंयचो ग्रहाचार आयलो म्हज्या वांट्याक! म्हगेली बायल जागी जाल्यार सगळें घर माथ्यार घेतली! ही गजाल लक्षांत घेवन जबरदस्तीन म्हज्या आंगार स्वार जाल्ली तिका सगळी ताकत लावन हांवें धुकळून दिली.

धब्ब करून खाटी वयल्यान सकयल पडिल्ल्याचो आवाज आयलो. फाटोफाट 'हाय...ऽऽ! अम्मा ऽऽऽ...!' असो रडिल्ल्याचो आवाज हांवें आयकलो. हांव सपनांतल्यान जागो जालों. लायट पेटोवन पळय जाल्यार म्हगेली बायल जमनीर पडून रडटाली. तिच्यान उठपाक जायनाशिल्लें.

◆◆◆

11.

भंगिल्लें सपन

लक्ष्मण शेणवी तालुक्याचे कचेरेंत कारकून आशिल्लो. निवृत्त जावपाक धा बारा वर्सां आसतना एक दीस ओंकारे आयले, संडास जावपाक लागलो आनी काळजाचो धपको बसून ताणें निमणो स्वास घेतलो. ताची बायल राधम्मा अकाली विधवा जाली.

मनीस परिस्थितीचो गुलाम आसता. अशे तरेचे परिस्थितींत रडत बसून कांय उपेग ना. उरफाटी ताका लागून अडचणींत भर पडटा. जाता तितले बेगीन ते कठीण परिस्थितींतल्यान भायर सरपाचे मनशान यत्न करपाक जाय.

राधम्मानूय तेंच केलें. घोव मरना फुडें पुताक घेवन ती गांवां गेली. गांवांत ताका तशी व्हडलीशी आस्पत नाशिल्ली. पूण रावपाक घर आशिल्लें आनी चार गुंटे बाग आशिल्ली.

मरचे पयलीं लक्ष्मण शेणवीन आपणाल्या दोनूय धुवांचीं लग्नां केल्लीं आनी बायलेक ते चिंतेंतल्यान मेकळी केल्ली. चलो ल्हान आशिल्लो. देव-देवस्पणां आनी मागण्यो, गाराणीं अशें सगळें करून खूब वर्सांनी तांगेर चलो जालो. बापूय मेलो तेन्ना ताचें माध्यमीक शिक्षण पूर्ण जावंनाशिल्लें. राधम्मान गांवांत रावून गरिबींत काटकसरीन संवसार चलोवन पुतालें शिक्षण पूर्ण केलें. ल्हानपणांतल्यान प्रकाशाक घरचे परिस्थितीची जाणीव आशिल्ल्यान तो मन लावन शिकलो आनी बरे मार्क घेवन बी. कॉम. पास जालो. शिक्षण आसलें तरी गांवचे गांवांत ताका नोकरी मेळ्ळी ना. ताचे सगळे यत्न फुकट गेले.

अशें जाल्ल्यान ताका गांव सोडून शारांत वच्चेंच पडलें. तो बंगळूर गेलो.

बंगळूर गेलो तरी कायमची मना सारकी नोकरी ताका रोखड्यारोखडी मेळ्ळी ना. देड दोन वर्सां टेंपररी नोकऱ्यो करून ताका दीस सारचे पडले.

त्या काळा भितर ताच्या गांवघरा प्रकाशाले ग्रह उरफाटे फिरले. ताचे विरूद्ध तांणी खेळ मांडलो. हट्टान ताच्या नशिबाक घेराव घालून ताका हारयलो.

एक दीस ताका गांवांतल्यान धक्को दिवपी एक खबर कळ्ळी. ती कळना फुडें तो बेचैन जालो आनी रोखड्यारोखडो गांवां धांवून आयलो. पूण ते मेरेन घडपाक नाका आशिल्लें तें घडिल्लें. प्रकाशाल्या भावी सपनांची समाधी जाल्ली. ते खातीर ते घडणुकेक कारण थारिल्ल्या व्यक्तीं पासून पयस उरपाचें चिंतून आयिल्लो ताच्या दुसऱ्याच दिसा प्रकाश बंगळूर परत वचपाचे तयारेक लागलो.

'मनशान भावनेचे भकीक पडूंक फावना. भावनेंत शिरकून उरल्यार मनीस खरी जीण जगपाक पावना. विवेकबुद्दीन घडिल्ले घडणुकेंतली वास्तविकताय जाणून घेवन भावना कुशीक सारून धिटायेन मुखार सरपाक जाय.' अशें राधम्मान पुताक बरें समजावन सांगलें तरी तो आयकून घेना जालो. मुखार अणभवान तो आपूण जावन शिकतलो अशें म्हणून ती दुख्ख गिळून ओगी रावली.

सकाळीं साडे सात वरांचेर हडिनबाळच्या बसस्टॉपार रावल्यार बंगळुरा वटेन वचपी बस मेळटा. ती धरून बंगळुरा वचपाचें थारावन प्रकाश होसाडच्यान सकाळीं स वरांचेर भायर सरलो. उणेंच पांच-स कि. मि. न्हंयेचे देगेन ताका चलत वच्चें पडटालें.

देवस्थानाच्या प्रांगणांत वामन भट सुप्रभात म्हणत देवपुजेक फुलां काडटालो. प्रकाशाक ताणें पळयलो. ताका पळयत तो सुप्रभात विसरलो. फुलां काडपाचें बंद करून तो गूढ विचारांत पडलो. 'गांवांत आयल्यार

प्रकाश देवळांत येवप, भटमामाक मेळून वचप केन्ना चुकय नाशिल्लो. हेच फावटी असो परस्पर कित्याक गेलो तो?' ह्या विचारान भटमान तो दिसं मेरेन प्रकाशाक पळयत उरलो.

तरणाटे पिरायेर दीस पटापट वतात तशे म्हातारपणांत दीस वचून वचनात.

बंगळूर गेल्लो प्रकाश चार वर्सां जालीं तरी गांवांत आयलोच ना. राधम्मालें दुख्ख सांगून उपेग ना. कांय विशय प्रयत्न केल्यार विसरपाक जातात. नाजाल्यार जाल्ल्या दुख्खाची तीव्रताय कमी करूं येता. पूण प्रकाश फाटीं घडिल्ली घडणूक विसरूंनाशिल्लो. ताका तें विसरपाचें नाशिल्लें. डायाबिटीज आसा म्हूण कळ्ळें तरी मुद्दम गोड वस्तू खाल्लेवरी बरो करून तो मनांत दुख्ख पोशीत रावलो.

इतले मजगतीं राधम्माली भलायकी बरी ना म्हूण कोणें तरी प्रकाशाक कळयलें तेन्ना तो थोड्या दिसांची रजा घेवन गांवांत आयलो.

होसाड गांव एकदम खेडें जालें तरी सैमीक नदरेन गिरेस्त. प्रकाश सैममोगी. ताका गांव खूब आवडटालो. एके दिकेक शरावती न्हंय, आनी एके दिकेक सह्याद्री पर्वताचे सान सान दोंगर. मदीं रुंद देंगणांत शेतां आनी माडा सुपारेची बाग. आंब्या पणसांच्या विशाल रुखांची वनराय. पळयतल्यांचेर हो पाचवो सैम मोनेळ घालतालो. दोंगरा वयल्यान तो गांव पळयल्यार कॅनव्हासार एका चित्रकारान रंगयल्लें सोबीत तैलचित्र कसो दिसतालो.

गांवांत फक्त तीस चाळीस घरां. एक बैलगाडी वचपा सारको रस्तोय नाशिल्लो. घरां मदीं बारीक पाळणी आशिल्ल्यो वा शेतांतल्या बांदा वयल्यान पांयवाटेन भोंवचें पडटालें.

गांवांतलो वेवसाय शेती. तें सोडल्यार दुसरें आनीक कांयच ना. तशे त्या गांवांतले शिकिल्ले पयस शारांनी वचून स्थायीक जातालें. प्रकाशूय बी त्याच कारणान बंगळुरा वचून स्थायीक जाल्लो.

राधम्मा भलायकी बरी ना जावन हांथरूणार पडून आशिल्ली. चार

वर्सांनी पूत घरा आयिल्लो म्हूण ती उमेदीन उठून घरांत वावराक लागली. रातचो करंट गेल्लो तेन्ना तिणें दिव्या उजवाडांत इडलें पीठ रगड्यार वांटून तयार करून दवरलें. सकाळीं मोव विरविरीत बऱ्यो इडल्यो करून सांबार आनी चटणी केली.

सकाळीं नाश्तो करून प्रकाश भायले पडवेर आरामखुर्चेंत बसून 'उदयवाणी' पेपर वाचतालो. पेपराचीं पानां परतितना ताची नदर घरा मुखा वयले पाळणींत सहज गेली. एक अस्तुरी सान भुरग्याक हांडीर घेवन सवकास चलत ताच्या घरा वटेन येताली ती ताणें पळयली. प्रकाशाक तिका वळखुपाक वेळ लागलो ना.

तो कदेला वयल्यान बेगिबेगीन उठलो. हातांतलो पेपर तशाक तसो थंयच उडयलो. लुंगी दिमयेर दोडून धोंपरा वयर काडून गांठ मारली आनी तिणें आंगणांत पांय दवरचे पयलींच भितर गेलो. तसोच नीट तो सोंपणां चडून माळयेर गेलो आनी थंय कॉटी वयल्या हांथरूणार माथ्या वयल्यान चादर घेवन आड पडलो.

गेल्ल्या चार वर्सां साकून आज मेरेन ताणें आपणाल्यो भावना अश्योच मनांत धांपून दवरिल्ल्यो. आज तिका पळयना फुडें न्हिवला म्हूण लेखिल्लो उजो परतून भग्ग जावन पेटिल्लेवरी ताच्यो न्हिदिल्ल्यो भावना जाग्यो जाल्यो आनी ताका परतून सतावंक लागल्यो.

कांय वर्सां आदीं हेंच कमल नदरेक पडल्यार माळये वयल्यान जिन्याच्या सोंपणाक पांय लागता लागना इतल्या वेगान तो धांवून सकयल येतालो. तोच प्रकाश आज तिच्या येवकाराक भायर येनासतना वयर वचून माथ्या वयल्यान पांगरूण घेवन न्हिदलो हाचे वयल्यान नशीब त्या दोगां मदीं कितलो क्रूर खेळ खेळ्ळें आसत हाची कल्पना करूं येता.

'राधम्मा....ऽऽ ' दार उगतें आशिल्लें तरी भायर रावन कमलान तिका उलो मारलो.

हो वळखीचो आवाज आयकून फाटल्या दारांत आयदनां घांसताली थंयच्यान राधम्मा गोबराचे हात धुयनासतनाच तुरतुरीत फुडल्या दारांत आयली.

'भायरूच कित्याक रावलां गो? भितर यो म्हूण तुका आपोवपाक जाय हांवें?' राधम्मान ताका भितर यो म्हणून वासरेर व्हेलें आनी एक स्टूल दिवन बस म्हणलें. भर म्हयने जावन पोट मुखार आयिल्लें तें नियाळून पळयत 'हे फावटी कमल बाळंटेराक कुळारा येवचें ना म्हूण तुगेली अम्मा म्हणटाली गो. आतां बाळंटेराक आयलां न्ही तूं?' तिणें विचारलें.

'हय गे, बाळंटेराक आयलां. कुळारा येवचें ना म्हूण थारावन हांवेंच अम्माक पत्र बरोवन कळयल्लें. तिच्यान जायना गे. तरी तिणें म्हजे दोन बाळंटेर काडले. आनी आनीक कितले करतली गे ती?'

'हय गो पुता. आतां तुगेले अम्माच्यान पयलींवरी जायना. म्हजे परस दोन वर्सांनी ती व्हड. ह्या दळिद्री होसाड गांवांत एक हॉस्पीटल ना, डॉक्टर ना, बाळंटेक, भुरग्याक तेल लावपाक, न्हाणोवपाक दिसाक दोनर्शी रुपया दितां म्हणलें तरी कोण मेळना. शी गो बाये, हो गांव आतां पयलीं भाशेन ना गो. हांगाच्या लोकांक आतां एक म्हण मोठेपण आयलां, शी! उलोवपाचें ना गो बाये!'

वासरेंतली भासाभास अस्पश्ट शी प्रकाशाल्या कानार पडटाली. तो कान दिवन आयकत राविल्लो. चार साडे चार वर्सां भितर कमलालो हो तिसरो बाळंटेर. प्रकाश मनांतल्या मनांत चिंततालो. 'अशीं भुरगीं जायत रावलीं जाल्यार तांकां पोसून व्हड करपाक त्रास जायनात? ते भायर अशे तरेन लोकसंख्या वाडयत गेल्यार देशाचो दुर्भिक्षांतल्यान बचाव कसो जातलो?' असले विचार ताच्या मनांत येताले.

'आमगेलो प्रकाश आयला गो.' राधम्मान कमलाक सांगलें.

बशिल्ले कडेन कमलाक घरा माळी माथ्यार कोसळिल्लेवरी जालें. ही

खबर ताका पयलीं कळिल्ली जाल्यार तें राधम्मागेर येवचेंच नाशिल्लें. आतां कितें? ल्हवूच भायर सरून वचपाची तें तयारी करपाक लागलें.

'आगो, चल्लें? येता थंय आसा, बस तरी मातशें. जिन्या कसाय हाडटां करून. घोंटभर पिवन वच.' राधम्मान ताका आग्रो करून हाताक धरून परत बसयलें.

कमल कुळारा आयल्यार पयलें धांवून राधम्मागेर येतालें. वरभर बसून पुराय गांवाच्यो चार खबरो उलोवन, राधम्मान केल्लो जिन्या कसाय पेलोभर पिवन, आपलेपणान प्रकाशाली खबर घेवन मागीर तें घरा वतालें. पूण आज तोच घरांत आसा म्हळ्ळें आयकून कमल ताका मेळपाचें चुकोवन वचपाक सोदतालें. हाचे वयल्यान विधीचो तांचे जिणेंतलो खेळ कितलो क्रूर आशिल्लो आसतलो ताची कल्पनाच करूं नजो.

प्रकाशाक ताची आवय आनी घरचीं मोगान 'पोक्का' म्हणून उलो मारतालीं.

भायर पडवेर पेपर वाचीत बशिल्लो 'पोक्का' खंय गेलो काय? माळयेर पिकत घाल्ले आंबे तपाशीत बसूंक ना मूं? अशें येवजीत राधम्मान जिन्या मुळांत रावून ताका उलो मारलो 'पोक्का, खंय आसा रे तूं?'

'हांगा माळयेर आस् गे.' वयल्यान प्रकाशान जाप दिली.

'सकयल यो रे, कमल आयलां. मात उलयत बस रे ताचे लागीं. हांव भितर वचून कसाय करून हाडटां.' इतलें सांगून राधम्मा भितर गेली.

प्रकाश जड पावलांनी सकयल देंवून आयलो. कुडींतल्या मंद उजवाडांत भर म्हयने पूर्ण जाल्लें गुरवार कमल भुरग्याक हांडीर घेवन उबें आशिल्लें.

दोगांली नदरेक नदर जाली. इतले दीस बळयां आडावन दवरिल्ल्या भावनांचो बांद फुटलो. ही भेट दोगांकय अनपेक्षीत आशिल्ली. दोगांलेय दोळे भरून आयले आनी भळभळ दुकां व्हांवलीं. कोणाल्याय ओंठार उतर आयलें ना. वेदना दुकां रुपान दोळ्यां मार्गान व्यक्त जाल्यो आनी तांच्यो

तांकां कळ्ळ्यो.

भुरग्याक घेवन राविल्ल्या कमलाचे हात नित्राण जाले. हांडी वयलें भुरगें निसरलें. आवयच्या पदराक घट्ट धरून पडपाच्या भंयान रडपाक लागलें.

भुरगें रडलें तरी कमल शुद्धीर आयलें ना. पालवा सयत तें निसरलें आनी सकयल पडटा म्हणटासर प्रकाशान हात मुखार काडून ताका धरलें. तेन्ना कमल शुद्धीर आयलें. पदर सारको करून खोयलो आनी भुरग्याक उखलून हांडीर घेतलें आनी थंयच्यान उठून तें भितर गेलें.

प्रकाश भायर पडवेंत आयलो आनी परतून वोल्तेरार बसलो. थंय आशिल्लो पेपर ताच्या लक्षांत आयलो ना. तसोच बसून ताणें दोळे धांपले आनी ध्यानमग्न जालो.

ते स्थितींत ताचें विचारचक्र सुरू जालें. पांच स वर्सां पयलींचें कमल ताचे नदरे सामकार दिसपाक लागलें. कितलें सुंदर रुप ताचें, नाजूक मुलायम कात आनी आतांचें विद्रूप जाल्लें कमल, अशक्त शरीर, सुकून गेल्ली, तेज ना जाल्ली कात अशें चित्र ताका मनाच्या पड्ड्यार दिसलें. तेन्नाचे गुलगुलीत गाल, वाटकुळो चेरो, चकचकीत उदकाळ दोळे, कमळाच्या देंठावरी बारीक नाजूक आंगलोट आनी आतांचे चिंवून काडिल्ल्यावरी सुकून गेल्ले पोले, अशक्त जाल्ल्यान भितर खोल गेल्ले, पुराय तेज शेणून गेल्ले दोळे, रक्तहीण हळडुवें जाल्लें दुर्बळ शरीर हें सगळें येवजलें आनी प्रकाशाक खूब दुख्ख जालें.

कमल दुसऱ्याली धर्मपत्नी जालें तरी तांचो दोगांचो पूर्वसंबंध कितलेय यत्न करूनय प्रकाश विसरूंक शकनाशिल्लो. ते आदले संबंध याद करीत रावप योग्य काय अयोग्य हें थारावप कठीण जाल्लें. ताचें कारण विचारांनी बुडून गेल्ल्या मनाक शीमरेशा नासता. अशें जावन प्रकाशाले विचार भुरगेपणांतल्या यादीं भितर घुस्पले.

चैत्र सोंपत आयलो तरी शिंयाळो कमी जावंनाशिल्लो. गांवांत सुरू

आशिल्ले वयवाटे प्रमाण होसाड गांवांतल्या लोकांनी वर्गणी काडून लंकादहन, यक्षगान, बयलाटा अशे तरेची लोककलेची कार्यावळ घडोवन हाडपा खातीर कला पंगडाक आमंत्रण दिल्लें. प्रकाश आनी कमल तेन्ना तो खेळ पळोवपाक चुकनाशिल्लीं. दिवे लागणेर पिंजिल्लो एक साक घेवन वतालीं आनी रंगमाचये कडेन एकदम मुखार पातलावन जागो आडावन दवरतालीं.

ते सान पिरायेर भागवतांतली कवनरुपान आशिल्ली कथा आनी पात्रांचे संवाद हें सगळें सारकें कळ्ळें ना तरी रंगमाचयेर नाचपी पात्र खंयचें तें पळयनाफुडें तांकां कळटालें.

हातांत धोणू बाण आसल्यार राम, गदा धरल्यार भीम, चक्र धरल्यार विष्णू, किरिटाक मोरपांख खोयिल्लें आसल्यार कृष्ण, गळ्यांत तंबुरो आसल्यार नारद, शिंवासनार बशिल्लो राजा कुड्डो आसल्यार धृतराष्ट्र, शेंपडी आशिल्लो माकडा तोंडाचो तो मारुती इतलें त्या भुरग्यांक कळटालें.

त्या दिसा रंगमाचयेर एक स्त्रीपात्र आयिल्लें.

प्रकाशान म्हणलें, 'ही पळय, सीता आयली.'

कमलान म्हणलें, 'ही सीता न्ही रे! कांयच कळना तुका, पिसो!'

'हांव पिसो जाल्यार तूं सांग ही कोण ती?'

'सूर्पणखी!' कमलान हांसत जाप दिली.

प्रकाशान हांसत म्हणलें, 'हॅं! सूर्पणखी खंय! ती एक राक्षीण! तिचीं नाखटां इतलीं लांब आसतात. दांत भायर आसतात. केंस मेकळे आसतात. तिगेलो भेस सारको दोळे उगडून पळय मुगो. दिसपाक सुंदर आसा पळय ती. तुका न्हीद आयल्या. तूं झेमता.' प्रकाशान कमलाक समजावन सांगलें.

कमलान उरफाटें प्रकाशाक समजावन सांगलें, 'सूर्पणखी कोणाली भयण सांग? रावणाली मरे? तिका मायावी विद्या कळटाली. राम-लक्ष्मणाक फसोवपाक इतली सुंदर स्त्री जावन आयल्या ती. कांय कळना तुका!'

प्रकाशान म्हणलें, 'तुकाच कळना तें.'

कमलान म्हणलें, ‘हांव जाणां. तुकाच कळना सारकें.’

दोगांय तुका ..तुका करीत वाद घालीत रावलीं.

प्रकाशान म्हणलें, ‘सूर्पणखी ती न्ही, तूं!’

‘तूं कुंभकर्ण!’ कमलान जाप दिली.

अशे तरेन तांचो बोवाळ वाडलो. दुसऱ्या भुरग्यांनी तांचेर केळ्यासाली, कागदा गुठले, भिकणां कल्लां मारपाक सुरवात केली. माचये मुखार भुरग्यांचो बोवाळ वाडलो. तेन्ना रंगमाचये वयल्या एका नटान तांकां धेंगसो घालून भंय घालो. प्रकाशाक ती याद जाली.

रंगमाचयेर हनुमान लंका प्रवेश करचे पयलीं बशिल्ले कडेन प्रकाश आनी कमल झेमेन लकपाक लागलीं. शिंयाचो कुडकुडो आनी पांगरूपाक कांय नासतना पिंजिल्ल्या साका भितर वचून थंय न्हिदिल्लो ती प्रकाशाक याद जाली.

घरचीं कोणूय जाणटीं मनशां यक्षगान पळोवपाक गेल्लीं आसल्यार खेळ (बयलाटा) जायना फुडें भुरग्यांक न्हिदिल्लीं उठोवन हाताक धरून घरा व्हरतालीं नाजाल्यार आठ णव वरां मेरेन वत बरें तोंडार पडटा ते मेरेन थंयच लोळत उरतालीं. जाग येना फुडें जांबयो काडीत, आंग मोडीत भांग पिल्लेवरी लकत लकत घरा वतालीं.

ही खबर व्हड जाले उपरांत प्रकाशान कमलाक सांगली तेन्ना

‘शी....ऽऽ! साकांत भितर वचून न्हिदलो म्हणटा? लज दिसना तुका सांगपाक?’ अशें म्हणटना ताची हांसूहांसून गुळी जाली.

आनीक एक फावट खूब पावस पडटालो. आंगणांत खेळपाक मेळनाशिल्लें. पांच-स भुरगीं प्रकाशाल्या घराचे पडवेर ‘आट्टू मुट्टू’ खेळ खेळटालीं. सगळीं एके पिरायेचीं भुरगीं. वाटकुळीं चक्राकार करून आसनमांडी घालून बशिल्लीं. प्रकाशाल्या उजव्यान कमल बशिल्लें. प्रकाशान खेळ सुरू केलो :

‘आट्टू मुट्टू तन्नादेवी
निन्ना गंडा येल्लिगे होदा?
एन तंदा? गिण्या तंदा?
मक्कळिगे कोट्टा? तान विंदा?
ओंदकालू चक्रसाल्यो ....ऽऽऽ !’

आवट जाल्ल्या कमलाच्या दाव्या पांयांचे जांगेर प्रकाशान खोशी जावन जोरान मारिल्लो हाताचो तळवो उदेवन आयलो. कमलाची गोरी जांग तांबडी जाल्ली. प्रकाशालीं हाताचीं बोटां ताचे जांगेर उदेल्लीं.

कमलाक खूब दुखलें. तो जागो चुरचुरपाक लागलो. ताणें भेंऽऽऽ करून रडपाक सुरू केलें. एक प्रकाश सोडून हेर सगळीं भुरगीं पावसांत भिजत धांवून पसार जालीं. थंय रावल्यार राधम्मालीं तापोवणी आनी मार खावचो पडटलो आशिल्लो तांकां.

प्रकाशाक आपणाली चूक कळिल्ली. कमलाली तांबडी जाल्ली जांग पळोवन तो पोटांतल्यान कळवळ्ळो. ताका कमलाची काकुळट दिसली. पश्चात्तापाचें पानवळ घेवपाक तो थंयच राविल्लो.

कोण तरी रडिल्ल्याचो आवाज आयकून राधम्मा भायर आयली. कितें जालें म्हूण तिणें चवकशी केली. वेताची बडी घेवन ताच्या पांयार बऱ्यो चार मारल्यो. प्रकाशाले दोळे दुकांनी भरले. नाका गे अम्मा म्हणून तो रडपाक लागलो. ताका पळोवन कमला रडपाचें बंद जालें. तें दुसरे वटेन तोंड करून हांसपाक लागलें.

ही भुरगेपणांतली घडणूक प्रकाशान कमलाक याद करून दिली. तें लजेन मान सकयल घालून तिरशे नदरेन ताका पळयतालें.

प्रकाश शिकपाक हुशार आशिल्लो. कमला परस दोन वर्सांनी मुखार आशिल्लो. कसलोय विशय कळना जाल्यार तें पुस्तक चोपडी घेवन प्रकाशागेर येतालें. समजनाशिल्लो भाग ल्हानसो आसलो तरी प्रकाश ताका

बसोवन वरभर लावन शिकयतालो.

आपूण हुशार म्हूण दाखोवपाक तो शिकयतालो काय तें जाय म्हणून कळनाशिल्लेवरी करून दाखयतालें ती गजाल तांची तांकांच खबर. उठून घरा वतना 'तुवें शिकयल्यार टीचरीन शिकयल्ले परस बेगीन समजता.' घरा वतना तें म्हणटालें.

'तुमी कित्याक गो इतले त्रास घेवन शिकपाक जाय? आमकां आनीक उपाय ना. भविश्यांत पोट भरपाक शिक्षण जाय. तुमी लग्न जावन घोवागेर वतलीं. मागीर रांदचेकुडींत हे फिजिक्स, कॅमिस्ट्री, मॅथ्स खंय उपेग पडटात?' प्रकाशान तिडयल्यार व्हंकलेवरी लजेवन कमल मान सकयल घालून रावतालें बावडें.

दीस, वर्सां गेलीं. तांचें भुरगेपण सोंपलें. तरणाटे पिरायेंत पावलीं. प्रकाश कॉलेजीक पावलो. कमलाक मॅट्रीके उपरांत कॉलेजीक धाडलें ना. एकाच गांवांत आशिल्लीं पूण एकामेकांक मेळपाचें कमी जालें. मेळपाची आस आसताली पूण लज आड येताली. तें आसून ते भायर होसाड गांवांत लोकांची वांकडी नदर आनी समाजीक बंधनांक लागून भियेवन रावचें पडटालें.

एका वर्सा एप्रील मे म्हयन्यांत होसाड गांवांत पिवपाच्या उदकाची समस्या सुरू जाली. कमलाघरा बांयचें उदक आटून कळसो बुडनाशिल्लो. प्रकाशागेर बांयंत उदक आशिल्लें. कमल उदक व्हरपाक सकाळचें सांजचें प्रकाशागेर येतालें. प्रकाशाली फायनल परिक्षा जाल्ली. रिजल्ट जावंनाशिल्लो. वेळ घालपाक तो वाचन करतालो. प्रकाश माळयेर बसून, आड पडून कपाटांतलीं पुस्तकां काडून वाचतालो.

'राधम्मा .....!' बांय कडेन रावून आवयक उलो केल्लो प्रकाशान वयल्यान आयकलो. कोण उलो मारता तें कळपाक ताका वेळ लागलो ना. रोखडोच तो तुरतुरीत सकयल देंवून बांय कडेन गेलो.

प्रकाशाक पळोवन एकदम काकुळटेक येवन कमलान ताका सांगलें,

'कळसो बांयंत पडलो मरे.'

'कळसो बांयंत पडल्यार इतलें भिता कित्याक तूं?'

'घरा कळ्ळ्यार अम्मा तापयतली. आमगेर आनीक कळसो ना. तसो आनीक ना म्हळ्यार आसा पूण तो फुटला आनी पोंवता. हांगा भरून आमगेल्या घरा पावता म्हणल्यार तो रितो जातलो.'

'तूं घरा वचुंनाका. आमगेरच राव. हांगा तुवें कळसोच न्ही भाण व्हरून बांयंत घालें तरी तुका कोण उलोवचो ना. जाता तुज्यान?' प्रकाशान ताका तिडावपाक म्हणलें.

'म्हाका तुमगेर राव म्हणटा? कितें म्हणून रावूं हांव? कोण म्हूण रावूं?'

विचारपाक विचारलें कमलान पूण त्याच खिणाक जीब चाबून लजेवन तकली सकयल घालून रावलें बावडें.

कमलाली जाल्ली अडचण पळोवन प्रकाशान बानयान लुंगी काडून दवरली आनी अंडरवियरीचेर बांयंत देंवपाक लागलो.

कमलाक अजाप जालें आनी भंय दिसलो.

'तूं बांयंत देंवता?' ताणें विचारलें.

'तुजे खातीर देंवतां. तो कळसो पाताळांत पावला आसत जाल्यारय सोदून हाडटां.' इतलें सांगून कमलाक एक फावट दोळे भरून पळोवन तो बांयंत देंवलो.

भाणा रांदनींत उजो पेटोवपाक सुक्या सोण्णाचेर एक पेटिल्लो इंगळो घेवन राधम्मा भायर वताली तेन्ना प्रकाश बांयंत देंवतालो तो तिणें पळयलो.

'पोक्का, आरे तूं कित्याक बांयंत देंवता?' तिणें मोठ्यान विचारलें.

प्रकाशान जाप दिली ना. तो बांयंत देंवत रावलो. हांचे वटेन पळयच नाशिल्लो तो.

'कळसो बांयंत पडला गे.' कमलान राधम्माक सांगलें.

'तुमगेलो कळसो बांयंत पडला जाल्यार तो काडपाक दुसरो कोण

मेळ्ळो ना तुका? तूं म्हगेल्या पोक्काक बांयंत देंवयता? पांय निसरल्या
हात पांय मोडल्यार ताका पळोवपाक कोण येतलो?'

राधम्मा मोठ्यामोठ्यान उलयत बांयंत ओणवून पळोवंक लागली. बांय
उदक खूब खोल गेल्लें. प्रकाश बुडी मारपाचे तयारेंत आशिल्लो.

'ये, राव रे, बांयंत बुडून उदक खदूळ करचे पयलीं दोन चार कळ
भरून घेतां.' राधम्मान पुताक सांगलें.

हें आयकून कमल बेगिबेगीन भितर वचून कळसो घेवन आयलें आ
राधम्माक चार कळशे उदक काडून दिलें.

उदक व्हरतना राधम्मान दोळे मोटे करून कमलाक पळोवन म्हणलें, 'ह
गो....तुमगेलो कळसो आमगेले बांयंत पडल्यार आमी काडून दिवपाचो
हो खंयचो न्याय? त्या मंजाक नाजाल्यार नारायणाक पांच रुपया दिल्य
ते काडून दिवचे नाशिल्ले कळसो?' अशें म्हणून फडफडत ती भितर गेल

'हांवें ताका देंव म्हणूंक ना गे.' बारीक आवाजान कमलान सांगलें प
तिणें तें आयकलेंच ना.

थोडो वेळ जालो तरी उदकांत बुडी मारिल्लो हिरो वयर आयलोच न
कमला ओणोव घेवन बांयंत पळयतना ताचें काळीज धडधडूंक लागलें. प
थरथरपाक लागले. तें भियेलें. 'प्रकाश...प्रकाश'. म्हणून किळच्यो मारल्य

त्यो किळच्यो आयकून भाणाक उजो घालपाक गेल्ली राधम्मा 'अय
....ऽऽऽ! पोक्का' म्हणत भायर आयली. कुलदेवाक, इश्ट देवाक सांग
करून 'पोक्का...पोक्का' म्हणून बांयंत ओणोव घेवन पळोवंक लाग
आनी तेच वांगडा 'पोक्का' म्हणत आड्डूंक लागली.

तिगेली बोब आयकून पाळणींतल्यान येतले वतले लोक, आशिकुशीच
घरांतले अशे पांच स लोक जमले. तांचे मदीं बांयंत देंवतले कोण नाशिल
सगले वयल्यान नियाळपीच आशिल्ले. तांणी प्रकाशाच्या जिवाची आ
सोडिल्ली.

पूण खरेपणीं कमलाक भियेवपा खातीर प्रकाश मुद्दम स्वास धरून उदकांत बुडून राविल्लो. हें कोणाक खबर नाशिल्लें. स्वास धरून आनीक चड वेळ रावूं नजो जालें तेन्ना तो कळसो घेवन वयर आयलो. तो वयर आयिल्लो पळोवन सगळ्यांनी सुटकेचो स्वास घेतलो. राधम्माल्या जिवांत जीव आयलो. 'देवा, तुवेंच राखलें रे म्हाका.' अशें म्हणत प्रकाशाक तिणें वेंगेंत घेतलो आनी आपणाल्या पालवान ताचें ओलें आंग पुसलें.

प्रकाशाक आपणें केल्लें नाटक अती जालें म्हूण कळ्ळें. आवय आंग पुसताली तेन्ना तो चोरून कमलाक पळयतालो. तेंवूय बी दोळ्यांतलीं दुकां पुसतालें. ताचेंय आंग थंड पडिल्लें. भंयाच्या धपक्यांतल्यान तें पुराय भायर येवंक नाशिल्लें.

बांयंतलें उदक खदूळ जाल्लें. कमळान हाडिल्लो कळसो रितोच आशिल्लो. तें रितो कळसो हांडीर घेवन उबें आशिल्लें. कितें करूं, कितें उलोवं म्हूण ताका कळना जावन मुके बावलेवरी तें उबें आशिल्लें.

जमिल्ले लोक आयिल्ले वटेन परत गेले. 'भितर वचून सुक्या तुवाल्यान आंग पुसून घे रे ऽऽ.' अशें सांगून राधम्मा न्हावपाक गेली.

अंडरवेराक ॲडवर्टायजमेंटाक पॉज दिवन उबो राविल्लेवरी प्रकाश कमला मुखार उबो आशिल्लो.

ताका पळयत कमलान म्हणलें, 'तूं उदकांत बुडिल्लो पळोवन म्हजी भियेवन गुळी जाली. म्हजो जीव गळ्यांत आयलो. तूं आनीक एक दोन सेकंद दिसना जाल्यार हांवूंच बांयंत उडी घेतलें आशिल्लें.' ताणें सांगिल्ल्यांत अतिताय ना शिल्ली. कारण ताका खूश करपाक जीव धोक्यांत घालून तो बांयंत देंविल्लो इतलें कळना जावपाक भोळें नाशिल्लें तें.

कमलाक पळोवन प्रकाशाक ताची काकुळट दिसली. ताणें खरी गजाल ताका सांगली, 'कमल, प्लीज म्हाका माफ कर, तुका मातशें भियेवन तुजो म्हजेर कितलो मोग आसा तो पळोवपाक थोडो चडूच वेळ हांव उदकांत

बुडून रावलों. तसो गळ्याक फातोर बांदून बुडयलो तरी हांव बुडचों ना. होसाडच्यान माविनकुर्वा मेरेन शरावतींत बुडून उदका पोंदच्यान पेंवत वतां हांव.'

'आरे ऽऽ देवा! हांगा जमिल्ल्या इतल्या लोकांक फसयलें तुवें?' अशें म्हणत हांडी वयलो रितो कळसो घेवन तें ताका मारपाक धांवलें. ताचो हात धरून 'आनीक केन्ना घालता गो कळसो बांयंत?' हांसत एक दोळो मारून प्रकाशान ताका विचारलें.

'शशी..ऽऽ ! प्रकाश, एक नंबर बदमाश तूं! जाय म्हणून कोण कळसो बांयंत उडयता रे?' ताका पळयत लजेत मान सकयल घालून तें उबें राविल्लें.

भितर वचून सुक्या तुवाल्यान आंग पुसून तोच तुवालो कमराक गुठलावन प्रकाश भायर बांय कडेन आयलो.

राधम्मा न्हावन भायर आयली. तिणें बांय कडेन उबें आशिल्ल्या कमलाक दुबावान पळयलें. 'हांगाच आसा गो तूं आजून? घरा कडेन काम ना तुका?' अशें तिणें कमलाक विचारलें.

कितें सांगचें तें कळना जावन कमल गडबडलें. तें घरा वचपाक घुंवलें. तितले भितर प्रकाश 'अम्मा, तें पिवपाक उदक जाय म्हूण आयिल्लें. ताणें हाडिल्लो कळसो रितोच आसा. तुवें भरिल्लें उदक आसा न्हीं, तातूंतलो एक कळसो ताका दी. काकुळट ताची. रितो कळसो घेवन वचपाचें ताणें घरा?'

राधम्मान कमलाक रांदचेकुडींत आपोवन व्हेलें. ताचो कळसो भरून दिलो. तो हांडीर घेवन गोयंडो हुपून पाळणींतल्यान वतना कमलान घुंवून प्रकाशाल्या घरा वटेन पळयलें. प्रकाश आंगणांत रावून ताकाच पळयतालो तो कमलाक दिसलो.

गांवांत वा गांवच्या आसपासच्या गांवांनी नोकरी मेळपाची प्रकाशाक आस्त दिसनाशिल्ली. खंय तरी पयस वचून नोकरी मेळोवन थोडे पयशे कमोवन संवसार मांडचो म्हूण प्रकाश खूब यत्न करतालो. तो हेतू बाळगून

गांव सोडून वचपाचो ताणें विचार केलो.

राधम्माच्या मनांत ताका पयस धाडपाचें नाशिल्लें. पूण ताका गांवांत रावोवन घेवन ताचो फुडार पाड करपा खातीर ती तयार नाशिल्ली. खूब विचार करून अखेरेक आपणें स्वताच बंगळुराक आशिल्ले व्हडले धुवेक पत्र बरोवन प्रकाशाक नोकरे खातीर खटपट करपाक सांगलें. तिगेले धुवेची भावाक दोन सप्तकांनी बंगळुरा धाडून दी म्हूण जाप आयली.

प्रकाशान बंगळुरा वचपाची तयारी नेटान सुरू केली. पयलीं देवळांत वचून भटाक सांगणें करपाक सांगून देवाक नमस्कार केलो. फंड पेटयेंत काणूक घाली. भटाक दक्षणा दिली. त्या उपरांत तो इश्ट सोयऱ्यांक मेळून आयलो. इतल्या सगळ्यांक मेळून जालें पूण एकलें जें ताका मना काळजांतल्यान मेळपाक जाय आशिल्लें तें ताका मेळपाचें उरिल्लें. उमळशिकेन तो ताची वाट पळयतालो.

कमल सांजे दिवे लागणेर उदक व्हरपाक हांडीर कळसो घेवन गोयंडो हुपून आयलें. कमलाक पळोवन प्रकाश खूश जालो. ताचे कडेन ताका एकांतांत उलोवपाचें आशिल्लें. ते खातीर ताणें एक मांडणी केली.

कमल बांयचे वटेन गेल्लें पळोवन हातांत बॅटरी घेवन तो घरांतल्यान पुट्ट करून भायर सरलो.

कमलाल्या घरा कडेन वचपाची वाट मातशी अडचणीची आशिल्ली. पाळणींतल्यान शेतांत देंवून शेतांतल्या बांदा वयल्यान चलत वच्चें पडटालें. मर्दी एक नागाकट्टो आशिल्लो. पाळणींतल्यान शेतांत देंवचे कडेन गोरवां वचनात तशी कांट्याबडयो पुरून वंय केल्ली. फक्त एकटोच मनीस हुपून वच सारको गोयंडो दवरिल्लो.

तो गोयंडो हुपून शेता वटेंतल्यान पांय दवरचे कडेन प्रकाशान एक कांट्याबडी दवरली. ती ताणें अशे तरेन दवरली की कमल तो गोयंडो हुपतना पांय खंयूय पडलो तरी ताका कांटो तोपपाचो. हें सगलें करता आसतना

कमल येतालें तें ताका दिसलें. तिगेले नदरेक पडचो ना अशें तं
लिपून बसलो.

कळसो हांडीर घेवन कमल गोयंड्या लागीं पावलें. ताणें एक पा
आयले वटेन दवरलो. प्रकाशाल्या स्वासोस्वासाचो वेग वाडत
सवकास तोल सांबाळीत कमलान दुसरोय पांय आयले वटेन द
पांय सारको जमनीर तेंकचे पयलींच 'अय्योऽऽ अम्माऽऽ!' म्हणत
पडलें. सट्ट करून ताच्यान उठून उबें रावपाक जालें ना.

खूब दुखिल्ल्यान कमलाचो जो आवाज आयिल्लो ताचे वयल
बरो भितर तोपला हाचो प्रकाशाक अदमास आयलो. कांयच खब
भासयत तो कमल पडिल्ले कडेन गेलो.

'कोण? कमल गो ऽऽ? कितें जालें गो तुका?' भियेल्लेवर
प्रकाशान विचारलें.

काकुळट! दूख सोंसूं नजो जावन तें रडटालें.

'कितें चाबलें गो तुका?' ताका लागीं वचून ताणें विचारलें.

'पांयाक कांटो तोपला.' अशें म्हणत कांटो तोपिल्लो दावो
प्रकाशाक दाखयलो.

प्रकाश तागेल्या पांया वटेन उकडयां बसलो. कमलाचें दावें पा
घेतलें आनी बॅटरीचो उजवाड घालून कांटो खंय तोपला तो पळ

'दुखल्यार सांग.' अशें म्हणत झुप्प करून ताणें कांटो का
हातांत दिलो. 'अय्यो य्यो ऽऽ! कितलो व्हडलो आसा पळय.'
म्हणलें.

सूर्य अस्ताक गेल्लो. उजवाड कमी जाल्लो. रस्त्यार लायटी
गांवांत सगळ्या घरांनी लायट येवंनाशिल्ली. कालमानाप्रमाणे होस
नवे बदल जावंनाशिल्ले.

प्रकाशान कमलाक हाताक धरून उबें केलें. सवकास सट्ट कर

भंगि... अपन

चें ना तशें नागाकट्ट्यार व्हरून ताका बसयलें. कमल कुटत कुटत कितेंच
ारिनासतना ताणें व्हेल्ले कडेन गेलें आनी बस म्हळ्ळे कडेन बसलें.
मनीस त्रासांत पडिल्लो आसता तेन्ना मोग माया फुलता म्हणटात तें
न्ही.

नागाकट्ट्यार प्रकाश कमलाक तेंकून बशिल्लो. ताचो हात ताणें हातांत
नो. थोडो वेळ कोण कांयच उलयलीं नात. पूण तांचीं मनां शांत नाशिल्लीं.
ांतिल्यान तांच्यो मूक भावना व्यक्त जाताल्यो.

मदींच कमलाक कळशाची याद जाली. 'कळसो' म्हणत तें बेगिबेगीन
ाक लागलें. प्रकाशान ताका हाताक धरून 'राव गो थोडो वेळ' म्हणत
यलें.

'काळोख जालो. वतां रे हांव. अम्मा वाट पळयता आसतली.'

'आमी आनीक इतलीं बेगीन मेळपाक शकनात गो. वचूं येत, बस थोडो
ळ!' प्रकाशान ताका आग्रो करीत म्हणलें.

'कित्याक रे मेळचीं नात?' निराशेन शें कमलान विचारलें.

'फाल्यां सकाळीं बसार हांव बंगळूर वतां. परत केन्ना येतलो सांगपाक
यना.'

'फाल्यांच वता तूं?'

'हय गो. फाल्यां वता. हांगा रावल्यार नोकरी खंय मेळटली म्हाका?
ा वचून सोदतां. नोकरी मेळ्ळे उपरांत बिराड करतां. बिराड करून मागीर
..' तो अर्दार रावलो.

'बिराड करून मागीर कितें?' कमलान ताचे नदरेक नदर मेळोवन
चारलें.

'मागीर.....तुका हांगाच्यान बंगळूर व्हरतां.' अशें म्हणून तो हांसलो.

'म्हाका बंगळूर व्हरता?' कमल भितरले भितर खोशी जाल्लें. काळखाचो
ायदो घेवन तें ताका चडूच चिकटून बसलें.

भिल्लें सपन

'हय, तुजे कडेन लग न जावन आमचो संवसार मांडपाक तुका व्हरतां. लग्नाक तूं तयार आसा मुगो?'

कमल कांयच उलयलें ना. प्रकाशान ताका मोगान वेंगेंत घेतलें. पूर्ण भरवंशान कमलान ताच्या भुजार मान तेंकयली.

इतल्या दिसा साकून मनांत आशिल्ली सुप्त भावना नकळटना फुलून आयली आनी मोगाचो प्रत्यय कमलाक त्या दिसा त्या नागाकट्ट्यार आयलो. पूण कितें उपेग? तांगेल्या कुटुंबांत चली भुरग्यांली पसंती विचारून लग्न थारोवपाची पद्‌दत नाशिल्ली. ते खातीर तें कांयच उलयलें ना.

काळखांत कांयच दिसनाशिल्लें. आसपास खंयच उजवाड नाशिल्लो. प्रकाशान कमलाक आनीक लागीं ओडून घेतलें. एक हात फाटल्यांतल्यान ताच्या खांदार दवरलो. दुसऱ्या हातान ताचे खाडकेक धरून मान वयर काडून ताचो उमो घेतलो. 'म्हाका तूं जाप दिना जाल्यार तुका सोडना.' प्रकाशान म्हणलें.

बायलांक जशी आकर्शण शक्त आसता तशीच तांकां विचारशक्तूय आसता. कमल विचारांत मग्न जाल्लें. ताणें जापूच दिली ना. प्रकाशाक तें सहन जालें ना.

'इतलें गंभीर जावन तूं कसलो विचार करता? घरच्या जाणट्यांचो भंय दिसता तुका? तांचो हुस्को तूं करूं नाका. तुगेलो विचार म्हाका सांग. ताचो विचार करपाक मुखार खूब दीस आसात. कसलीच आडखळ येवची ना आनी योग्य रितीन आमचें लग्न जुळून येवपाची वेवस्था हांव करतां.' प्रकाशान ताका तरेतरेन समजावपाचो यत्न केलो.

कमलान ताका जापूच दिली ना. 'काळोख जालो, हांव वतां.' अशें म्हणून तें उठलें.

अखेरचो यत्न म्हणून प्रकाशान ताका एकदम विस्वासान घेवन सांगलें, 'म्हाका वरदक्षिणेची आशा ना. हांव भांगर मागचों ना. लग्न व्हडल्या

दबाज्यान खूब खर्च करून करपाक नाका. तुमी कितें म्हणटात तें हांव हां म्हणटां. कसलेच गजालीचेर अडून बसना. अशें आसतना तुगेले घरचीं कित्याक नाका म्हणटलीं? खोशयेन हां म्हणटलीं तीं.'

कमलाक मनांतल्यान प्रकाशालें म्हणणें मान्य आशिल्लें. पूण तोंडान ताणें कांयच सांगलें ना. ताचो आदार घेवन तें उठून उबें रावलें. कांटो तोपिल्लो पांय ताच्यान सारको जमनीक तेंकोवंक जायनाशिल्लो. काळखांत वाट सारकी दिसनाशिल्ली. ते खातीर प्रकाश ताका पावोवपाक गेलो.

वतना कमल कळसो उखलून घेवपाक विसरलें ना. त्या कळशाक चेप पडिल्लें. गळो भितर गेल्लो. बॅटरीच्या उजवाडांत कळसो पळोवन दोगांय हांसपाक लागलीं. चली अजून आयली ना कित्याक म्हूण हुस्क्यान कमलाली आवय हातांत लाटण घेवन आपणाल्या घरच्या गोयंड्यार येवन राविल्ली. लाटणाच्या उजवाडांत सारकें दिसना जालें तरी प्रकाशाल्या बॅटरी उजवाडांत चली लंगडत येतालें तें तिका दिसलें. तें पळोवन चलयेक कितें जालें गे बाये...अशें भियेवन तिणें आपले भितर म्हणलें.

लागीं येना फुडें लंगडपाचें कारण कळ्ळें आनी तांतले तातूंत तिणें सुटकेचो स्वास घेतलो. कमलाल्या पांयांक कांटो तोपिल्ले परस कळशाक चेप पडलां तें पळोवन तिका चड दुख्ख जालां अशें प्रकाशाक दिसलें.

त्या दिसा शेख महम्मदावरी सपनां पळयत प्रकाशान रात जागयली. सकाळीं हडिनबाळच्यान बस धरून तो बंगळूर गेलो.

खेडेगांवांतल्यान गेल्ल्या प्रकाशाक त्या शाराचो परिचय करून घेवपाक दोन चार म्हयने लागले. सान शी नोकरी मेळ्ळी पूण ती अस्थायी आशिल्ली. रावपाक स्वताचो जागो नाशिल्लो. अशे तरेन दिसान दीस खटपट करून तो निराश जालो.

शिक्षणाच्या प्रभावान नोकरेंतली सर्त वाडिल्ली. शिक्षणा वांगडा अणभवूय बी विचारताले. अशें जावन प्रकाशाक दोन तीन वर्सां जालीं कायमची नोकरी

मेळ्ळी ना.

ताणें आनी कमलान गांवांत नागाकट्ट्यार तिनसनां दिवे लागणेर एकामेका वयलो मोग आनी विस्वास व्यक्त करीत पळयल्लें भावी जिविताचें सोबीत सपन आजून अपूर्णच आशिल्लें. सध्याक तें पूर्ण जावपाचें लक्षण दिसून येनाशिल्लें तरी सपन पळोवपाचें ताणें सोडूंक दिवंनाशिल्लें. तांचो दोगांचो पत्रवेव्हार चलतालो. तांच्या मोगा विशीं घरांतल्यांकूच न्हीं तर गांवांतल्यांकूय बरे भाशेन कळिल्लें.

आनी आनीक कितले दीस वाट पळोवपाची अशें म्हणून कमलालो बापूय एक दीस राधम्मा कडेन येवन प्रकाशाली जल्म पत्रिका घेवन गेलो. 'बावीस गूण पडटात. एकदम बऱ्यो जुळटात अशें हांव म्हणचों ना पूण प्रकाश आनी कमला हांचीं दोगांयचीं मनां जुळ्ळ्यांत. तांकां तूं फाटीं ओडूं नाका.' असो अभिप्राय वामन भटान बापायक दिलो.

ह्या संबंदान कमलाल्या बापायन राधम्माक कळयलें. प्रकाशाकूय बी पत्र बरोवन कळयलें. पत्रांत ताणें 'तूं तयार आसा जाल्यार अंदू आमी लग्न करून दिवपाक तयार आसात.' अशेंय बी बरयलें.

राधम्मालो तांच्या संबंदाक विरोध नाशिल्लो. चली परिचयांतलें आशिल्लें. तेन्ना पत्रिका उत्तम रितीन जुळून येनात म्हणलें म्हणून तिच्या मतान ते गजालीक तितलें म्हत्व नाशिल्लें. ताचें कारण पत्रिका बऱ्यो जुळटात म्हूण तिचें लग्न थारायल्लें. पूण मागीर जिणेंत कसले तरेचे दीस अणभवले ते तिणें नियाळून पळयले. नशिबांत बरयल्लें जल्मकुंडलेंत बरयल्लें आसना म्हळ्ळें तिचें मन तिका सांगतालें. घडपाचें आसता तें कोणाच्यान चुकोवपाक जायना अशें म्हणून तिणें आपणालें समाधान करून घेतलें.

दीस वचत रावून म्हयनो सोंपलो तरी प्रकाशाली पत्राक जाप आयली ना. रावपाक स्वतंत्र घर नाशिल्लें. पर्मननंट नोकरी नाशिल्ली. तो कितें म्हणून जाप दितलो बावडो? जाप बरयनासतनाय रावप शक्य नाशिल्लें.

भंगिल्लें सपन

विचार करून निमाणें ताणें ‘लग्न अंदूं नाका. मुखार पळोवया.’ अशें थोडे भितर बरोवन कळयलें.

पत्र आयिल्ल्या दिसा कमलाल्या घरांत रागा भरशीं वाद सुरू जालो. कमलाचो बापूय तापलो आनी धुवेक म्हणलें, ‘आयच्यान पत्रवेव्हार बंद.’ प्रकाशाकूय बी पत्र बरोवन कळयलें. ‘लग्न करून संवसार करपाची धिटाय ना जाल्यार तीं सपनां पळोवपाचें बंद कर. हाचे उपरांत कमलाक तुगेलें एक जरी पत्र आयलें जाल्यार परिणाम वायट जातलो. आमी ताका दुसरे कडेन सोयरीक पळोवंक लागल्यात. तूं ताच्या भविश्या आड येवं नाका. आयल्यार परिणामाक तूं जबाबदार. जाल्लें गेल्लें विसर इतलेंच सांगतां.’

पत्र पोस्ट केलें आनी कमलाच्या बापायन ताका सोयरीक सोदपाक सुरू केलें. गांवचे लोक इतल्यारूच कमलाच्या चारित्र्याचेर दुबावान उलोवंक लागिल्ले. कुंवाळो कुसपाक आयला म्हणटाले.

सिद्धापूरांत एक गरीब भट आशिल्लो. ताका पिराय इल्ली चड आशिल्ली. गांवांत हांगा थंय भटपण करून पोट भरतालो. गरीब आनी वैदिकाचेर जगप आशिल्ल्यान ताका सोयरीक येनाशिल्ली. वामन भटान मध्यस्ती करून, बत्तीस गुणांनी पत्रिका जुळटात अशें सांगून कमलाली सोयरीक त्या गरीब सुदामा कडेन गांठायली.

जशें कीड लागिल्लें फळ खपना तशेंच बदनाम जाल्ल्या चलयांची सोयरीक जावप कठीण जाता अशें वामन भटान सांगिल्लें येवजून कमलाल्या बापायन चार कडेन चवकशी करचे पयलींच गडबडीन लग्न थारोवन सोडलें.

नोकरी आनी सोयरीक नशिबान मेळटात. प्रकाशाक नोकरी मेळ्ळी पूण तितली बरी नाशिल्ली. बरी नोकरी जाय म्हूण आनीक वाट पळयत बसल्यार मनपसंत सोयरीक मोडटा. कितें करचें तें कळनासून तो तळमळटालो. ही समस्या हून दुदाचो घोंट जाल्लो ताका.

गांवांत कितें चल्लां तें राधम्माक कळटालें. ती खबर प्रकाशाक ती कशी

बरोवन कळयतली? कळयनासतना रावपाकय जायनाशिल्लें. ते खातीर तिणें व्हडले धुवेक पत्र बरोवन कळयलें.

इतलो गंभीर प्रसंग आयिल्लो पळोवन प्रकाशाली व्हडली भयण भावाक मदत करपाक फुडें सरली. दोगांयनी हेवटेन तेवटेन धांव धांव करून एक भाड्याचें घर सोदलें. संवसाराक गरजेचें आशिल्लें सामान हाडलें.

ही तयारी चलिल्ली आसतना गांवच्यान राधम्मालें धक्को दिवपी खबर घेवन प्रकाशाक पत्र आयलें. खूब ताकतीक करून कमलालें आवयबापायन लग्न थारायलां म्हूण तिणें पत्रांत बरयल्लें. लग्न थारायतात ही खबर कळ्ळी तेन्ना एक अखेरचो यत्न करपा खातीर आपणें कमलागेर वचून खटपट केली आनी ती निर्फळ जाली म्हळ्ळी गजालय तिणें पत्रांत बरयल्ली आनी दुख्ख व्यक्त केल्लें. तिका कमलाक मेळपाकय दिलें ना इतलेंच न्ही तर परतून आनी आपणाल्या घरांत पांय दवरूं नाका म्हूण शिटकावणी दिली अशेंय बी तिणें बरयल्लें.

तें पत्र वाचून प्रकाशाक आपणाल्या माथ्यार वीज कोसळिल्लेवरी जालें. वर्सांचीं वर्सां सजयल्लें सुंदर सपन पळयत यत्न करतना नशिबान लाथ मारिल्ली येवजून ताका पिशें लागिल्लेवरी जालें. शरिरांत भूत पिशाच्च संचारिल्लेवरी तो चाळवलो.

दुसऱ्याच दिसा इमर्जन्सी रजा घेवन तो होसाडा आयलो. कमलाली जमिल्ली सोयरीक मोडपाचे ताणें जाता तितले यत्न केले. तशें करप सारकें न्ही म्हूण होसाड गांवच्या म्हालगड्यांनी ताका समजायलो. त्या म्हालगड्यां कडेन वाद घालून तो एकलो झगडलो.

‘हांव आनी कमल गेल्ल्या अनेक वर्सां साकून प्रेम करतात. लग्न जावपाचें आमी एकामेकांक उतर दिलां. तुमी तागेल्या मनाविरूद्ध लग्न करतात. तशें करून पाप करतात तुमी, पाप.’ प्रकाशान आवाज वाडोवन आड्डून सांगलें. पोलीस कंप्लेट करतां म्हूण शिटकायलें. पूण कितेंच परिणाम जालो ना.

ताचें कारण प्रत्येक गांवांत थोडे विघ्नसंतोषी लोक आसतात. हे लोक पाप पुण्य म्हळ्ळे शब्द आपापणाल्या स्वार्था खातीर वापरतात. प्रकाशान पोलीस कंप्लेट करतां म्हळें तरी कोण भिले नात कारण तांणी पयलींच प्रकाशा विरूद्ध कागाळ करून पयशे खावोवन बंदोबस्त केल्लो.

राधम्मानय बी गांवांतल्या म्हालगड्यांक हात जोडून विनवणी केली, 'म्हगेल्या पुतालें भविश्य पाड करूं नाकात. तागेलो प्रेमभंग करूं नाकात. कमलाक घरांत बंद करून दवरलां. ताका आपोवन विचारात.'

इतलेंय सगलें करून कितेंच फरक पडलो ना. गांवांतल्या कांय व्हड म्हणोवन घेवपी व्यक्तींक आपणाल्या व्हडपणाचें प्रदर्शन करपाचें आसता. तेच आड येताले. थारायल्लें लग्न मोडल्यार गांवचें नांव बदनाम जातले म्हणटाले. प्रकाशाक हाचेय परस बरी सोयरीक सोदून दिवया अशें म्हणून राधम्माक भुलोवपाचो यत्न केलो.

हुंवार आयिल्लो आसतना प्रवाहांत पाविल्ली दोणी धडेक लागनासतना उमथून पडिल्लेवरी प्रकाशाली गत जाल्ली. घोर निराशा जाल्ली आसतना ताका फाटबळ दिवपाक कोणूच आयलो ना. ते स्थितींत गांवांत उरिल्ल्यान ताका बंदखणींत आशिल्लेवरी जाल्लें. इतलो जीव लावन मोग करतल्याक कसल्या कारणा खातीर विरोध जालो तेंच कळना जालें. हे एकामेकांक लावन घालपी, मनीसपण नाशिल्ले लोक समाज सुधारक म्हूण नाटक करताले तें पळोवन प्रकाशाक भिरभिरी मारताली. ह्या असल्या बुरशा वातावरणांतल्यान मुक्त जावपाक तो दुसऱ्याच दिसा परत बंगळूर गेलो.

ही ताचे जिणेंतली दुखदिणी घडणूक जावन कितलीं वर्सां जालीं तीं प्रकाशान मेजूंक नाशिल्लीं तरी राधम्मान 'चार वर्सांनी आमगेलो पोक्का आयला गो.' अशें कमलाक सांगतना प्रकाशान आयकल्लें.

इतल्या दीर्घ काळा उपरांत प्रकाशान कमलाक आज पळयल्लें. लग्न जावन तें सुखी नाशिल्लें. एका फाटोफाट एक बाळंटेर येवन तें निस्तेज

जाल्लें. ताचें शरीर थकिल्लें. परतून आनीक आयिल्ल्या गुरवारपणान तें रोगी शें दिसतालें. ह्या जगांत जी कोण व्यक्ती स्वताचें रक्षण करून घेवंक शकना ती व्यक्ती कायम अन्याय करपी लोकांची शिकार जावन पडटा. हाची जिती जिवी देख म्हळ्यार कमल.

'राधम्मा, हांव येतां गे, म्हाका वेळ जालो.' कमल वचपाक भायर सरलें.

'देवाकुडींत कुकूम आसा. लावन घे गो. आमच्या झाडार फुलिल्लो गुलाब काडून दवरला. माळून घे.' अशें सांगत राधम्मा ताचे फाटोफाट आयली.

कमल कुकूम लावन घेतालें तेन्ना तिणें ल्हवू सांगलें, 'आमगेल्या पोक्काक आतां बरी नोकरी मेळ्ळ्या गो. मल्लेश्वरमांत बरें व्हड घर घेतलां ताणें. दोन रूम, किचन, हॉल. ऑफिसाक वचपाक येवपाक कार घेतल्या ताणें. तो स्वता कार चलयता. पूण कितें सांगचें आनी कितें करचें? कितल्यो बऱ्यो बऱ्यो सोयरिको आयल्यो तरी लग्न जायना म्हणटा. लग्ना विशय काडल्यार म्हजेर बेजार जाता. देवान बरी बुद्द दिल्यार पुरो ताका.'

कमल देवाक पांयां पडून राधम्माक पांयां पडटना ती पालवान दोळे पुसताली. अशीं कोणूय अप्रूप आयल्यार ती आपणालें सूख दुख्ख व्यक्त करून मन ल्हव करताली.

कमल वचपाक भायर सरलां तें पळोवन 'आगो, राव मातशें, वचुंनाका. माळयेर आंबे पिकत घाल्यात. चार दितां, घेवन वच.' अशें म्हणून राधम्मा माळयेर गेली.

'प्रकाश...ऽऽ !' वोल्तेरा फाटल्यांतल्यान कमलान उलो केलो.

'आतां आनी प्रकाश खंयचो गो?' निरशेल्ले मनस्थितींतल्यान प्रकाश उठून उबो रावलो. 'आतां खंय पळयता थंय काळोख.' ताणें म्हणलें.

'उपकार करून तशें म्हणूं नाका रे. घडपाचें आसता तें कोणाच्यान बदलपाक जायना. जें घडलें तातूंत आमची कांय चूक ना. हे सगले नशिबाचे

खेळ.'

'ना...ना....ना...! नशिबाक दोश दिवं नाका. आमगेली दुर्बळकाय आमचे हारीक कारण. दुसरीं कोण न्हीं. दुश्टबुद्दीच्या, गुंडप्रवृत्तीच्या ह्या गांवांतल्या दोन चार लोकांक मस्तून मारपाक म्हजी ताकत कमी पडली.' प्रकाशान सांगलें.

'हांवें तुका सोडून दुसऱ्या कडेन लग्न जायना म्हणलें तरी हट्टान म्हजेर सूड घेतलो. जल्माक घाल्लीं आवयबापूय म्हजीं वैरी जालीं. लग्नाक उबो केल्लो कोण तो दाखयनासतना म्हाका ओडून व्हेलें आनी कन्यादान करून दिलें. तशेंच धुकलून घोवा घरा धाडून दिलें. गोपाळकृष्ण देवळांत जाल्ल्या लग्नाक सगले मेळून पन्नास साठ लोक आशिल्ले.' कमलान लग्ना दिसा घडिल्लें सांगलें.

'लग्नाक कितलो लोक आयिल्लो तो आंकडो मुख्य न्ही. जमिल्ल्या लोकां मदीं शंबर प्रतिशें कुतंत्री मनीस आशिल्ले. सगले राक्षसी सभावाचे. म्हजी अवस्था पाखटे कापिल्ल्या जटायूवरी जाल्ली. जटायून पुण्य केल्लें. ताका मरण आयलें.' कमलान सट्ट करून आपणालो हात ताच्या तोंडा मुखार धरलो. ताका आनीक चड उलोवंक दिलें ना. तितल्याचेर रावयलो. पूण चड वेळ मौन ताका सोंसना जालें.

इतले दीस आपलेपणान दुख्ख व्यक्त करून मन ल्हव करपाक कमलाक कोण मेळुंनाशिल्लो. आज अचकीत ती संद मेळिल्ली.

ताणें प्रकाशाक सांगलें, 'तुवें म्हाका बरयल्लीं पत्रां बाप्पान भांडा रांदनीक घालून लासलीं. पत्रां लासतना म्हाकाय बी लाशिल्लें जाल्यार आज हांव भोगतां त्या यमयातनांतल्यान मुक्त जातलें आशिल्लें. कितें करपाचें? नशिबांत बरयल्ले भोग रबर घेवन पुसपाक येनात न्हीं?'

कमलान हांडी वयल्या भुरग्याक सकयल देंवोवन पालवान तोंड पुसून घेतलें.

ह्या दोगांलें उलोवणें त्या सवाय वर्साच्या भुरग्याक समजना जालें तरी तें भुरगें हेवटेन तेवटेन मान वळोवन दोगांयकूय तुकूतुकू करून पळयतालें. आपणाक उखलून घे म्हणून हात वयर करून पिरंगतालें.

भुरग्याक उखलून घेत तें परतून उलोवंक लागलें, 'म्हज्या घोवाक टी. बी. रोग आसा हें म्हाका लग्ना उपरांत कळ्ळें. रोगी जालो तरी अतीकामी तो. मरण लागीं आयलां म्हूण लेखून एकाच दिसांत पूर्ण उपभोग घेवपाक पळयता. ताची पिडापीड हांव भोगतां. हीं भुरगीं भोगतात. घरा कडेन एक, हांगा हांडीर एक आनी पोटांत एक.' कमल तिरस्काराच्या सुरान उलयतालें.

कमलालीं उतरां आयकतना प्रकाशाक सुयो तोपिल्ल्याच्यो यातना जाताल्यो. ताका सानुभुतीन शांत करपाक तो लागीं गेलो. तें स्वताच फाटीं सरलें. ताणें प्रकाशाक म्हणलें, 'राव, कमल आतां दुसऱ्याचें जालां. तें भशटलां, बावलां, सुकून गेलां. प्रकाश नासतना तें आतां केन्नाच फुलचें ना. केन्नाच फुलचें ना..'

राधम्मा सकयल देंवताली ती पळोवन दोगांय सांवरून रावलीं. ती बरी धा पंदरा आंब्याची पोटली घेवन आयिल्ली. ती जड आशिल्ली. प्रकाशान ती पिशवी घेतली. 'ये थंय चार पावलां पावोवन येतां गे.' अशें आवयक सांगून तो फुडें सरलो.

पाळणींतल्यान वतना ल्हवू आवाजान ताणें कमलाक सांगलें, 'गोयंडो हुपतना सांबाळून. पांयाक कांटो बी लागत. तूं आजून चप्पल वापरना.' तें आयकून कमल लाजून हांसलें.

प्रकाश शेतांतल्यान मुखार गेलो ना. आंब्या पिशवी कमलाच्या हातांत दिली. गोयंड्या पेल्यान तें आनी गोयंड्या आयल्यान हो. आतां आनीक केन्ना मेळटलीं! आनी मेळटलीं काय ना! दोगांयच्या मनांत प्रस्न.

तांच्या वियोगाचो मूक साक्षीदार जावन दाव्यान नागाकट्टो आशिल्लो. चारूय दिकांनी उजवाड आशिल्लो. त्या उजवाडांत प्रकाश आनी कमलाक

आपणालें भविश्य काळखाचे वाटेर चलत वतना दिसतालें. तांगेल्यो मनाखोलांतल्यो भावना लोहचुंबकावरी एकामेकां वटेन ओडटाल्यो. दोन आत्म्यां मदली ओड क्षीण जावंनाशिल्ली.

'म्हाका माफ कर कमल. त्या दिसा कांट्याबडी हांवें हाडून दवरिल्ली.' इतलें सांगून दुख्ख सोंसूं नजो जावन प्रकाश फाटीं परतून घरचे वाटेक लागलो. तो दोळ्यां आड जाय मेरेन कमल ताकाच पळयत उबें राविल्लें. तोंडार पालव धरून दुख्खाचो हुडको भितर चेपीत तें आपले वाटेक लागलें.

♦♦♦

12.

जीवन सांगाती

सांतप्पा नायकालीं भुरगीं आंगणांत खेळटालीं. तांचे परिक्षेचो रिजल्ट जाल्लो. सगलीं पास जाल्लीं. स्कुलाक सुटी पडिल्ली. अभ्यासाची कटकट नाशिल्ली. तो आनंद तांच्या खेळांत दिसतालो. एप्रील-मे म्हयन्याची सुटी सोडल्यार हेर सुटयेच्या दिसांनी तीं इतलीं मेकळीं आसनाशिल्लीं. त्या दिसांनी तांकां होमवर्क बी आसतालो. ती ख्यास्त हे सुटयेंत आसनाशिल्ली. तांचो खेळ रंगांत आयिल्लो.

गेटी भायर एक ट्रक येवन रावलो. तातूंत एका कुटुंबाचें सगलें घरसंवसाराचें सामान आशिल्लें. सांतप्पा नायकाल्या भाड्या घरांत एक कुटुंब रावपाक आयिल्लें.

आंगणांत त्या भुरग्यांक त्या घरांत कोण येतात, त्या कुटुंबांत भुरगीं कितलीं आसात तें पळोवपाची उमळशीक लागिल्ली. भुरगीं चड तितली ताका खोस चड.

आदल्या काळार कुटुंबांत भुरगीं खूब आसतालीं. आतां वरी एक वा दोन न्हीं. कुटुंब नियोजन हें लोकांक खबर नाशिल्लें.

सांतप्पा नायकाक दोन चलयो आनी चार चले. सुमती सगल्यांत व्हडलें. तागेलें शिक्षण मॅट्रीक मेरेन जाल्लें. होन्नावरांत कॉलेज नाशिल्ल्यान ताका मुखार शिकपाक मेळ्ळें ना. तें घरकामांत आवयक मदत करतालें. व्हडलो चलो शिवानंद चवथी पास जावन पांचवेक हायस्कुलांत वचपाक लागिल्लो.

बाकीचीं भुरगीं तांचे फाटलीं. तीं ल्हान. तांचे पिरायेंत देड दोन वर्सांचो फरक आशिल्लो. पूण खेळटा आसतना तीं भुरगीं पिराय विसरतालीं.

आयच्यान तांच्या खेळांत आनीक तीन वांगडी भरती जाल्ले. भाड्या घरांत रमाकांत देसायालें कुटुंब रावपाक आयिल्लें. देसायाक दोन चलयां उपरांत एक चलो आशिल्लो. चलो जावचे खातीर जायत्या देवांक सांगून घेतिल्लें खंय. सांगणें फेडपाक देसायालो एका म्हयन्याचो सगलो पगार खर्च जाल्लो खंय.

देसायालें व्हडलें चली नेत्रा आनी सांतप्पा नायकालो व्हडलो चलो शिवानंद एकेच पिरायेचीं आशिल्लीं. त्या काळांत माध्यमीक शाळांनी सहशिक्षण आशिल्लें तरी वर्गांत चले आनी चलयो वेगळीं बसतालीं. रस्त्यार येतना वतना चले रस्त्याचे दावे वटेन गेल्यार चलयो उजवे वटेन वताल्यो.

घरांतल्यान भायर सरले उपरांत घरा पाव मेरेन नेत्रा आनी शिवानंद एकामेकां कडेन उलयनाशिल्लीं. तशें आसलें तरी घरा पावले उपरांत आंगणांत एकठांय खेळटालीं, एकठांय बसून होमवर्क करतालीं. शिकपाक दोगांय हुशार आशिल्लीं. वर्गांत पयलो दुसरो नंबर घेतालीं.

सुमती आनी नेत्राची बरी इश्टागत जमिल्ली. घरच्या कसल्याय कामा खातीर दुकानार वा बाजारांत वचपाचें आसल्यार दोगांय सांगातान वतालीं, येतालीं.

गांवांत एक सिनेमा थिएटर आशिल्लें. भोवतेक थंय कन्नड पिक्चरां लागतालीं. हिन्दी सिनेमा म्हणल्यार अप्रूप! बरें पिक्चर लागलें जाल्यार देसाय आपणाल्या कुटुंबाक घेवन वतालो. आपणाल्या भुरग्यां वांगडा सांतप्पाल्या भुरग्यांकूय व्हरतालो.

सांतप्पा नायकान दुकान आनी धंदो सोडून खंयूय वचप एकदम कमी आशिल्लें. सिनेमा, नाटकाक गेलो ना तरी तो देवधर्माचे उत्सव चुकयनाशिल्लो. देवळांत भजनां सप्ता वेळार रातचो धा ते बारा वरां मदीं

वचून बसतालो. तेन्ना मुद्दम भुरग्यांक घेवन वतालो. येतात म्हणल्यार देसायाल्या भुरग्यांकूय व्हरतालो. दसऱ्या वेळार अम्मा देवळांतल्या पालखी उत्सवाक तांकां व्हरतालो. रथसप्तमी दिसा स्पेशल दोणी करून तो सहकुटुंब इडगुंजी रथोत्सवाक दर वर्सा वतालो तेन्ना देसायालें कुटुंबय बी तागेल्या सांगातान वतालें.

कार्तिकांत वनभोजना वेळार होन्नावरांतले पांच देव पालखेंत बसून रामतीर्थार वतात. रामतीर्थ गांवा भायर दोन तीन किलोमिटर पयस आसा. तें सुंदर वनराये मदीं आसा. समाज बांधव स्थान मान विसरून थंय भक्तीभावान एकरूप जाताले. थंय न्हाताले, थंय रांदताले, थंय देवापुजा करून सावळेंत बसून जेवताले.

सांतप्पा नायकालें सुमती, शिवानंद जेवणाक बशिल्ल्यांक वाडपाचें काम करतालीं. देसायालें नेत्राय बी लोणचें, मीठ असलें कितेंय वाडपाक वतालें. इतलेंच न्हीं तर लोकांचीं जेवणां जाले उपरांत उश्टीं पानांय तें काडटालें. कामां करतना हांव मुखार, तूं मुखार म्हण तांचे मदीं सर्त जाताली.

स्कुलांत दर एके सांस्कृतीक कार्यावळींत शिवानंद, नेत्रा वांटो घेतालीं. एक फावट शिवानंदान नाटकांत स्त्री पात्राचें काम केल्लें. आपणाक ड्रेस ताणें नेत्रा कडच्यान मागून व्हेल्लो.

दोनूय कुटुंबां नाटकाक गेल्लीं. शिवानंदान एकदम बरो अभिनय केल्लो. नेत्रा ताणें घाल्लो आपणालो ड्रेस पळयतना ताचो अभिनय पळोवपाक विसरलें.

त्या वर्सा स्कुलाच्या वर्सुकी उत्सवांत बऱ्या अभिनयाचें इनाम शिवानंदाक फावो जालें. ताणें स्टेजीर इनाम स्विकारतना चड मोट्यान ताळयो नेत्रान वाजयल्यो. तागेले गोरे नाजूक हात त्या वेळार तांबडे जाल्ले.

वर्सुकी दबाजो जालो. वर्सुकी परिक्षाय जाली. धावी पास जावन तीं इकरावेंत गेलीं. माध्यमीक शाळेचें निमणें वर्स तें. मुखा वयल्या शिक्षणाचे

नदरेन तें म्हत्वाचें. ते खातीर एप्रील मे म्हयन्यांत सुटयेच्या दिसांनी सुमती तांकां आलजेब्रा, ज्योमेट्री शिकयतालें. एक दीस तांकां गणितां सोडोवपाक दिवन सुमती कसल्या तरी कामाक म्हूण भितर गेलें. तेन्ना नेत्रान शिवानंदाक म्हणलें, 'तुवें नाटकांत काम करतना घाल्लो तो म्हजो ड्रेस अजून दिवंक ना.'

'ना, हांव दिना. म्हाका जाय तो.' शिवानंदान जाप दिली.

तें आयकून नेत्रा लजेवन, फाटीन बागवून वांकडें जावन बसतालें. तेन्ना तें चडूच सोबीत दिसतालें.

शिवानंद ताका मुद्दम तिडायतालो, 'तो ड्रेस हांव म्हाकाच दवरतलों. त्या बदलाक म्हाका मेळिल्लो भोवमान हांव तुका दितां. जाता?'

'भोवमान तुका मेळ्ळा. म्हाका नाका तो.' नेत्रान ताका जाप दिली.

'म्हाका मेळूंक ना तो. तुगेल्या ड्रेसाक मेळ्ळा.' अशें म्हणून तो हांसलो.

तो भोवमान रोख रकमेन मेळिल्लो. ताणें तो पुस्तकाच्या कपाटांत दवरिल्लो.

'घे. हातूंत कॅश पयशे आसात. तुगेलो पोरणो ड्रेस हांव दवरतां. उगडासा खातीर. तूं नवो ड्रेस घे.' ताणें सांगलें.

नेत्रान कवर उगडून पळयलें. तातूंत पयशे नाशिल्ले. पयशे कितें जाले. ते खंय गेले म्हूण शिवानंदान घरांत सगल्यांक विचारलें. विद्यार्थी जिणेंत पयले फावट मेळिल्लो कॅश भोवमान दवरिल्ले कडेन ना जाल्लो पळोवन शिवानंद खूब दुख्खी जालो. ताचे दोळे भरून दुकां गळपाक लागलीं. तें पळोवन नेत्राकूय वायट दिसलें.

भोवमान मेळिल्ल्या दिसाच सांतप्पा नायकान कवरांतले पयशे काडिल्ले. घरांत कोणाक खबर नाशिल्लें. बापायक विचारपाची धिटाय पुताक नाशिल्ली.

राती कडेन सांतप्पाले बायलेन घोवाक विचारलें. ताणें म्हणलें, 'हय गो, हांवें काडल्यात. भुरग्यांल्या हातांत केन्ना गरजे भायर पयशे दिवंक फावनात. ताका तशीच कितें गरज पडटली तेन्ना हांव दितां.'

बापायन आवयक दिल्ली जाप शिवानंदान आड रावून आयकली. ताणें रागान खाली कवर पिंजून उडयलें.

ही गजाल नेत्राक कळ्ळी. ताणें म्हणलें, 'बरें जालें, तुवें कवर पिंजून उडयलें. म्हजो ड्रेस पिंजून उडयलो ना.'

ताणें परतून आपणालो ड्रेस मागलो. हाणें दिना म्हणलें. दोगांय वाद घालतालीं तेन्ना सुमती थंय पावलें. भावान तिगेलो ड्रेस दिवंक ना म्हूण तिका कळ्ळें. तिणें आवयक सांगलें, 'ड्रेस दवरून कितें करतलो खंय तो?' अशें म्हणत आवय भायर येता आसतनाच शिवानंदान थंयच्यान धांव मारली.

'हांव तुजो ड्रेस उमळून सुकोवन फाल्यां दितां आं!' अशें सुमतीन सांगलें तेन्ना नेत्रा समाधानान उठून घरा गेलें.

सुटी आशिल्ल्यान घरांत भुरगीं खेळून, झगडून, मस्ती करून आवयांक नाकापुरो करून सोडटालीं. ल्हान भुरगीं व्हडल्यांनी मारलें, चाळयलें जाल्यार आवय कडेन कागाळी घेवन रडत येतालीं. आवयांक मागीर तांकां समजावन, हातार कितेंय खावपाचें दिवन शांत करून भायर धाडचीं पडटालीं. तें खायत तीं भायर वचून व्हडल्यांक दाखोवन तांकां चाळोवन खातालीं.

तें पळोवन व्हडलीं खेळ सोडून भितर वासरेंत धांवून येतालीं. थोडें दिवन तांचें समाधान जायनाशिल्लें. ते खातीर घरांत लाडू, चक्र्यो, कोडबाळीं, सांडगे असलीं सुकीं खाणां करून दवरचीं पडटालीं. तिंवूय चड दीस खंय उरतालीं?

केन्नाकेन्नाय भुरगीं जमो करून रामतीर्थ दोंगरार काजू, जांबळां, घोंटां बी खावपाक वतालीं. मल्लिकुर्वे दिशेन बोरां खावपाक वतालीं. स्कुलाच्या ग्रावंडार सायकल चलोवपाक वतालीं. भाड्याच्यो सायकली घेवन थंय चलयतालीं. शरावती न्हंयेचे देगेर पेंवपाक वतालीं.

त्या भुरग्यां वांगडा एकेक फावट नेत्राय बी वतालें. आवयन ताका नाका म्हणल्यारय तें आयकनाशिल्लें. कितेंय सांगून समजायल्यार आयकून घेनाशिल्लें. हट्ट करतालें. अशें हट्टान वचून तें पेंवपाक आनी सायकल

चलोवपाक शिकलें.

नेत्रान आयकूं वा ना आयकूं, आवय सांगपाचें सोडिनाशिल्ली. सांजच्या वेळार घोव घरा आयले उपरांत ताच्या कानार घालताली.

'आमगेल्या शेजारी भुरग्यां सांगातान वता न्हय तें? वचूं ताका. आनीक कितले दीस नाचतलें?' तो म्हणटालो.

'तुमी ताका आजून ल्हानूच समजतात. वयार आयलां तें म्हळ्ळें विसरतात.' ती घोवा कडेन नाराजी व्यक्त करताली.

नेत्राक सोळावें वर्स लागिल्लें. तें आतां म्हयन्याक भायर बसतालें.

एक जूनाक शाळा सुरू जाल्यो. मॅट्रिकेच्या विद्यार्थ्यांक शिक्षकांनी पयल्या दिसाच्यान शिकोवपाक सुरू केल्लें.

सुमती शिवानंदाक अभ्यासांत मदत करतालें तेन्ना गणीत, सायन्स शिकयतालें. नेत्राय बी येवन बसतालें. आतां तें आदले वरी शिवानंदाक तेंकून बसनाशिल्लें. सुमतीक तेंकून बसतालें. आतां ताका दादलो बायल हो फरक सारको कळपाक लागिल्लो. लजेचो प्रभाव तागेल्या नाजूक शरिरांत प्रकट जाल्लो. ताचें जुवानपण फुलपाक लागिल्लें. ताचें रुप पळयतल्याची नदर धरून दवरतालें.

तें मुखार बशिल्लें आसतना शिवानंदालें अभ्यासा कडेन मन लागनाशिल्लें. गणितां सोडयतना तो चुको करतालो. सुमती ताका तापयतालें. ख्यास्तूय करतालें.

त्या वर्सा इंटर स्कूल क्रिकेट मॅचींत शिवानंदान हाफ सेंच्युरी केली. तांचें स्कूल जिखलें. मॅन ऑफ द मॅच अॅवार्ड शिवानंदाक मेळ्ळो.

इतलीं वर्सा स्कुलांत घडिल्ली प्रत्येक गजाल नेत्रा येवन सगल्यांक सांगतालें. ह्या वर्सा तें धांवत आयलें ना. शिवानंदाक ताणें स्कुलाच्या ग्रावंडारच विश केलें. तो सगल्या इतल्या विद्यार्थ्यां मदीं हिरो जाल्लो. नरी कॉंट्रेक्टर, पतौडी हांचे सारक्या टेस्ट क्रिकेटरांवरी ताणें बावंड्री मारली

जाल्यार नेत्रा खोशी जातालें.

त्या वर्सा नेत्रान स्पोर्टसांत वांटो घेतलो ना. घरचीं ताका अभ्यासाचेर लक्ष दी म्हणटालीं. ताणें कितलोय अभ्यास केल्यार उणोच म्हणटालीं.

मार्च म्हयन्यांत मॅट्रीक परिक्षा जाली. लास्ट पेपर जालो. त्या दिसा सांजचो शिवानंद इश्टां वांगडा पिक्चराक वचपाक भायर सरलो. नेत्राय वचपाक सोदतालें. आवयक विचारल्यार ती वचपाक दिवची ना म्हण तें जाणां आशिल्लें. ताणें सुमतीक वचपाक तयार केलें. ताच्या आग्राक लागून सुमती तयार जालें.

होन्नावरांत त्या काळार थेटरांत दादले आनी बायलांक बसपाक वेगळे वेगळे सीट आशिल्ले. तशें जाल्ल्यान सुमती आनी नेत्रा बायलां बसचे कडेन बशिल्लीं.

राज कपूरालो संगम सिनेमा सगल्या भारतांत हीट जाल्लो. राज कपूर, वैजयंती माला आनी राजेंद्र कुमार हांच्या अप्रतिम अभिनयान, सुंदर गितां आनी गोड संगीत, उत्तम फोटोग्राफी अशा सगल्याक लागून सिनेमा हावसफूल चलतालो. सिनमांतलीं गितां, बिनाका गीत माला कार्यक्रमांत सुपरहीट जाल्लीं. लोकांक तीं तोंडपाठ जाल्लीं.

पिक्चर पळोवन आयलो त्या दिसा रातची शिवानंदाक न्हीद पडना जाली. ताका कोणाचेर तरी मोग करचो शें दिसतालें. प्रेमपत्र बरोवचें अशें दिसतालें. पिक्चरांत राजेंद्रकुमार प्रेमांत पडून तडफडटालो आनी हांगा शिवानंद प्रेमांत पडचे पयलींच वळवळटालो. ताका मिशयो फुटपाक निकतीच सुरवात जाल्ली.

मॅट्रिकेचो रिजल्ट येवचे पयलीं एक ध्यानीमनी नाशिल्ली धक्को दिवपी खबर आयली. रमाकांत देसायाची हावेरी बदली जाली. सरकारी नोकरी म्हळ्यार तशेंच. एक कडेन सेट जाता म्हणल्यार दुसरे कडेन ट्रान्सफर करतात.

बिराडाचें सामान बांदून दवरपाक सांगून देसाय पयलीं हावेरी वचून हजर

जालो.

शिवानंदालें आनी नेत्राले इश्टागतीचें कळत नकळत मोगांत परिवर्तन जालें. पूण तो व्यक्त करपाक जायना जाल्ल्यान दोगांय योग्य संदीची वाट पळयतालीं. संद मेळटाली तेन्ना कसो व्यक्त करचो म्हळ्ळ्या भंयान फाटीं सरतालीं.

शिवानंद रातची न्हीद पडना जावन हांथरूणांत तळमळत रात सारतालो. दिसाचो न्हिदतालो आनी तेंच सपन पळयतालो.

नेत्रा गांवांतल्या सगल्या देवळांनी वचून देवाक प्रदक्षिणा घालून मनांतली इत्सा पूर्ण कर म्हूण देवा कडेन मागतालें.

मॅट्रिकेचो रिजल्ट आयलो. दोगांय फर्स्ट क्लासींत पास जालीं. नेत्रा स्कुलांत पयलें आयिल्लें. शिवानंदालो नंबर सकयल गेल्लो. बिराडाचें सामान बांदपाचे गडबडींत रिजल्टाचो आनंद घेवपाक नेत्राक जमलें ना. शिवानंदाक दुख्खूय जालें ना. पूण त्या दिसा गोडशें करून सगल्यांक खावयलें.

एका आयतारा देसाय हावेरीच्यान ट्रक घेवन आयलो. बिराडाचें सामान ताचेर चडोवन तो त्या ट्रकांत बसून गेलो. तागेलीं बायल-भुरगीं त्याच दिसा बसींतल्यान गेलीं.

चार वर्सां शेजराक आयिल्लीं, पूण एकाच कुटुंबांतलीं कशीं जावन रावलीं, सांगातान वावुरलीं. आतां पयस गेलीं. परतून आनी तांची भेट जायत वा ना कोण जाणां.

तशें पळयल्यार हावेरी चड पयस न्हीं. होन्नावरच्यान पांच स वरांची वाट. करावळी प्रदेशांतल्यान घांटार वचप. मर्दी सिर्शी देंवून बस बदलपाची.

सांतप्पा नायकाच्या कुटुंबियांनी सिर्शी लेगीत पळोवंक नाशिल्लें. दोन वर्सांनी एक फावट येवपी सिर्शीचे मारिकांबा देवीचे जात्रेक वचपाक जाय... वचपाक जाय म्हणत तें मुखार धुकलत उरलें.

देसायालें कुटुंब वचपाक भायर सरलें त्या दिसा सुमतीले आवयन

भुरग्यांक खावपाक काजूबियो, लाडू, पणसाचे तळिल्ले घरे अशें सगलें डब्यांत भरून दिलें. सुमती, शिवानंद आनी बाकी सगलीं भुरगीं तांकां पावोवपाक बसस्टॅण्डार गेल्लीं. नेत्रा बसींत चडटालें तेन्ना बाकी लोकांली नदर चुकोवन शिवानंदान ताच्या हातांत एक कवर दिलें. तें दिता आसतना ताचो हात थरथरतालो.

आपूण करतलों तें कृत्य सारकें काय चूक हे विशीं विचार करून करून एक निर्णय जायना जालो तेन्ना निमण्या खिणा मेरेन तो संयम राखून रावलो आनी निमण्या खिणार 'देवा, तूंच म्हाका राख!' अशी प्रार्थना करून लिपोवन तें कवर ताणें नेत्राल्या हातांत दिलें.

जें तोंडान सांगपाक जायनाशिल्लें तें ताणें त्या पत्रांत बरयिल्लें.

कवर हातांत धरलें तेन्नाच नेत्राक प्रेमाचो परमळ आयिल्लो. सिटार बसून बस सुरू जाय मेरेन तें फक्त एकल्याकूच पळयतालें. शिवानंदय बी नदर काडिनासतना ताकाच पळयतालो. ते नदरेंतल्यान तांचे भावनेचें मिलन जाल्लें. मनांतलें सांगपाक शब्दांची गरज नाशिल्ली.

जशी बस होन्नावर गांवची शीम हुपून मुखार गेली तशें शिवानंदाले आनी नेत्राले जिणेंतलें एक पर्व फाटीं पडलें.

शिवानंदाक मुखार शिकोवपाचो काय ना म्हळ्ळ्या विशयाचेर तागेल्या आवयबापायन खूब चर्चा केली. सांतप्पा नायकाक म्हालगड्यांल्या धंद्यांत पुताक ओडपाचें आशिल्लें. चलो शिकपाक हुशार आसा तेन्ना आनीक चार वर्सां कॉलेजींत शिकता जाल्यार शिकूं म्हणून आवय सांगताली.

घोवा बायलेन कसल्याय विशयाचेर चर्चा केल्यार बायलेन म्हणिल्लें खरें जाता. सांतप्पा नायकाकूय तोच अणभव आयलो. शिवानंदाक मुखार शिकपाक ताणें मान्यताय दिली.

होन्नावरांत कॉलेज नाशिल्ली. ते खातीर शिवानंदान कुमठा कॅनरा कॉलेजींत ॲडमिशन घेतलें. होन्नावनरच्यान कुमठा वीस किलोमिटर अंतर.

कॉलेज विद्यार्थ्यां खातीर स्पेशल सरकारी बस चलताली. कॉलेज सुटले उपरांत सांजवेळा परत होन्नावरा येताली.

कुमटा वचनाफुडें शिवानंदाक नवे इश्ट मेळ्ळे. ताचें सामान्यज्ञान वाडलें. भविश्याची दिका ताणें थारायली. ताणें ते दिकेन योग्य श्रम घेतले आनी ताच्या श्रमाक फळूय बी मेळ्ळें.

इंटर सायन्स परिक्षेंत ताका बरे मार्क मेळ्ळे आनी हुबळी इंजिनियरींग कॉलेजींत ताका सोपेपणी सीट मेळ्ळें. डोनेशन दिवपाची गरज पडली ना. कोणालें इन्फ्लुयेन्सय लावचें पडलें ना.

अॅडमिशन घेतना एक फावट शिवानंदा सांगाता सांतप्पा हुबळी आयिल्लो. चक्क धवें पुडवें न्हेसून, धव्या फुल्ल शर्टार काळो कोट आनी माथ्यार काळी तोपी घालून तो रुबाबदार दिसतालो. लग्ना वेळार शिंविल्लो कोट कितल्याश्याच वर्सांनी ताणें घाल्लो. आपणालो चलो इंजिनियर जातलो, नांव कमयतलो म्हळ्ळी ताका खात्री आशिल्ली. तागेल्या कुटुंबांत आजून कोण इंजिनियर जावंनाशिल्लो. आतां वरी तेन्ना इंजिनियर, मेडिकल कॉलेजी नाशिल्ल्यो. उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतले हुबळी, धारवाड अशा शारांनी वताले. दक्षिण कन्नड जिल्ल्यांतले म्हैसूर, मद्रास सारक्या शिक्षणीक केंद्रांनी वताले,

हुबळी वचनाफुडें शिवानंदाले जिणेंत अकस्मात एक अनपेक्षित घडणूक घडली. शेणिल्ली एक मोलादीक वस्तू परत मेळटा आनी जी खोस जाता तितली खोस ताका जाल्ली.

कॉलेज क्रिकेट टिमींत तो बॅट्समन म्हूण खेळटालो. कर्नाटक युनिव्हर्सिटीच्या क्रिकेट टुर्नामेंटांत ताचे कॉलेजीनूय भाग घेतिल्लो. फायनलींत ते जिखले. शिवानंदान हायेस्ट रन्स काडिल्ले. स्लिपांत फिल्डींग करतना दोन कॅची धरिल्ल्यो. मॅन ऑफ द मॅच अॅवार्ड ताका मेळिल्लो.

त्या जैताच्या दबाज्याचे धुंदींत हुबळी वचपाक सिटी बस धरतना फाटल्यान कोणें तरी ताचो शर्ट ओडिल्लेवरी जालें. ताणें फाटल्यान वळून

पळयलें जाल्यार मंद हांसत ताकाच पळयत उबें राविल्ल्या नेत्राचेर ताची नदर पडली. ताका एक गोड धक्को बसलो. सर्रर करून ताच्या आंगांतल्यान एक विजेचो प्रवाह गेल्लेवरी जालो.

सट्ट करून तो सकयल देंवलो आनी तसोच ताका घेवन बसस्टॅण्डा भायर आयलो. टीममेटांक तांचे मदलो एकटो ना जालो तो कळ्ळोच ना. बस सुटून अर्द वाटेर पावली तेन्ना तांच्या लक्षांत आयलें. ऐन हिरोच तांचे मदल्यान ना जाल्लो.

नेत्रा धारवाडांत बी. एस. सी. करतालें. तागेले कॉलेजीची टीम फायनलीक पाविल्ली. फायनल मॅच तांचे कॉलेजीच्या ग्रावंडार आशिल्ली ती पळोवपाक तें आयिल्लें. थंय आपणाक शिवानंद मेळटलो अशें ताका सपनांतूय दिसुंनाशिल्लें. तो हुबळींत इंजिनियरींग करता हें ताका खबर नाशिल्लें.

तो बॅट घेवन मैदानार वतालो तो ताणें पळयलो आनी तें इतलें खोशी जालें की तें सांगपाक शब्द नात. मॅच सोंपले उपरांत ताका एकांतांत मेळपाची तें संद सोदतालें. बसस्टॅण्डा वयले गर्देचो ताणें फायदो घेतलो आनी तीं दोगांय थंयच्यान फरार जालीं.

शिवानंदाक मॅन ऑफ द मॅच ॲवार्डा परस व्हडलें ॲवार्ड मेळिल्लें. ताच्या टीममेटांक तें कळ्ळेंच ना.

दुसऱ्या दिसा कॉलेजींत शिवानंद अचकीत ना जालो ह्या विशयाचेर चर्चा जाली. कॅप्टनान म्हणलें, ‘हाचे उपरांत खंयूय मॅच खेळपाक वतना आमी सेक्युरिटी गार्ड घेवन वचपाक जाय.’

टिमींतल्या फास्ट बॉलरान म्हणलें, ‘शिवानंद मॅच खेळून जाले उपरांत ना जालो. पयलींच ना जाल्लो जाल्यार?’

‘हय मरे!’ दोगां-तिगांनी एकाच सुरांत म्हणलें आनी सगले एकदम खो खो करून हांसले. विकेटकिपरान विचारलें, ‘शिवानंद, तूं आपूण जावन ना

जाल्लो काय तुका कोणें किडनॅप केल्लो?'

अशें करून एकेकटो ताची फिरकी घेवपाक लागले. पूण शिवानंद एका स्टॅडी बॅट्समनावरी विकेट सांबाळून रावलो. पूण तें सस्पेन्स चड दीस तिगलें ना. एक दीस तो 'स्नीक' लागून कॅच आवट जालो.

'अयोध्या' हॉटेलाच्या फॅमिली रुमांतल्यान तो आनी नेत्रा भायर येता आसतना ताच्या कॉलेजमेटांनी ताका घेराव घालो. तांचो ताळो ओलो केले बगर ताका सुटका नाशिल्ली. सगल्यांनी ताचे कडल्यान इन्स्टंट मिनी पार्टी घेतली आनी ताचे गोड दोस्तीक मान्यताय दिली.

क्रिसमस ब्रेकांत होन्नावर गेलो तेन्ना सुमतीली सोयरीक जाल्ल्याची खबर शिवानंदाक कळ्ळी. लग्न मे म्हयन्यांत करपाचें थारायल्लें पूण तयारी तेन्नाच्यानूच सुरू केल्ली. सगली वेवस्था, हाडपाच्यो वस्तू, हॉल आदी सगलें चिंतून लिस्ट तयार केलें.

सुमतीक तांच्या भाड्याच्या घरांत राविल्ल्या देसाय कुटुंबाची याद जाली. रमाकांत देसायाचो ॲड्रेस तांकां खबर नाशिल्लो. तेन्ना फट् करून थंय आशिल्ल्या शिवानंदान सांगून सोडलें, 'नेत्रा धारवाड कॉलेजींत शिकता.'

सांगपाक सांगलें आनी त्याच खिणाक जीब चाबली. सुमतीन त्याच खिणाक हेरलें. सगल्यां मुखार नाका म्हूण उपरांत चवकशी केली. ताणें सगली खबर सांगली ना. तिणेंय बी चड बारीकसारीक गजाली विचारल्यो नात. 'तुगेल्या लग्नाचे सगले खरेदीक हुबळीक यो. अम्माकूय घेवन यो. हांव नेत्राक आपयतां.' शिवानंदान भयणीक सांगलें.

सुमतीक आनंद जालो कारण जाणटेले आवयक घेवन गेल्यार आपणाले पसंतीच्यो साडयो सिलेक्ट करपाक ताका मातशें कठीण जावपाचें. नेत्रा आसल्यार तो प्रस्न आपशींच सुटपाचो.

तशेंच जालें. 'जवळी' खरेदी करपाक सुमती, सुमतीली आवयबापूय हुबळी गेलीं. धारवाडच्यान नेत्रा आनी ताची इश्टीण आयलीं. सुमतील्या

मनपसंत साडयांच्या सिलेक्शनाक खूब वेळ लागलो. सांतप्पा आनी शिवानंदान दादल्यांक दिवपाचे पॅण्ट पीस-शर्ट पीस, पुडवें आदी वस्तू घेतल्यो. सुमती आनी नेत्राची पसंती पळोवन न्हवऱ्याक सुटाचो कपडो घेतलो. तांचो पुराय दीस लग्ना खरेदीकूच गेलो.

परत फार्टी होन्नावरा येतना सुमतीन नेत्राक आनी तागेले इ श्टिणीक लग्नाक येवपाचो आग्रो केलो. सांतप्पान नेत्रा कडल्यान तिगेल्या बापायचो सारको ॲड्रेस बरोवन घेतलो आनी आमंत्रण पत्रिका पोस्ट करतां म्हणलें.

सांतप्पा नायकाल्या घरांत कोणाक फुरसतच नाशिल्ली. म्हयनोभर आर्दी आंगणांत माटोव घाल्लो. आयिल्ल्यांक रावपाक कामत हॉटेलांत रुम बूक केल्ले. भाड्याक दिल्लें घर दोन म्हयने आर्दींच रिकामें केल्लें आनी निवळ करून रंगोवन बी दवरिल्लें. न्हवरेकारांक त्या घरांत रावपाची वेवस्था केल्ली. तांच्या लोकांची चोख ऊठ बस जावची आनी कोणाक कसलोच उणाव दाखोवन दोश दिवपाची संद मेळची न्हीं हे खातीर सांतप्पान खूब आर्दीं तयारी केल्ली. रांदपी, तांकां मजत करपी मानाय, कामेरी तशेंच वाजंत्री बी अशा सगल्यांचीच ताणें बारीकसाणेन येवजण केल्ली. नेत्रा आनी तिगेली इश्टीण लग्ना पयल्या दिसा आयलीं. तांकां रावपाची वेवस्था घरांतूच केल्ली. नेत्राले इश्टिणीक मेंदी लावप, तरेतरेन साडी न्हेसोवप, व्हंकलेक सजोवप हीं कामां करपाची फिशालकाय आशिल्ली. देसाय कुटुंब लग्ना दिसाच आयलें आनी त्याच दिसा परत गेलें. वतना नेत्रा आनी तिचे इश्टिणीक घरा घेवन गेलीं.

शिवानंदान तांकां दोन दीस रावपाक सांगून होन्नावराचे आशिकुशीन आशिल्लीं टुरिस्ट नदरेन म्हत्वाचीं सैम सोबीत थळां दाखोवपाचें मनांत येवजून दवरिल्लें. पूण ताच्या दुर्दैवान ताची उमेद भितरले भितर जिरली. ते उमेदीची समाधी जाली. तीं येवचीं येवन अशीं रोखड्यारोखडीं वतलीं म्हूण ताणें कल्पनाच करूंनाशिल्ली.

शिवानंदान हुबळींत एक कॅमेरा घेतिल्लो. ताका थोडें फोटोग्राफीचें

पिशें आशिल्लें. सुटये दिसांनी होन्नावरा गेल्लो तेन्ना याण, बनवासी, जोग फॉल्स, मुरूडेश्वर, अप्सरको ंडा वटेन बी वचून तो फोटोग्राफी करतालो.

सुमतील्या लग्ना वेळार ताणें खूब फोटे काडिल्ले. वेगवेगळ्या अँगलांतल्यान काडिल्ले. घरचो मनीस जाल्ल्यान ताका थोडी मेकळीक मेळिल्ली. प्रायव्हसीची आडखळ नाशिल्ली. ताचे फ़ोटे बरे आयिल्ले. सगल्या लोकांक ते आवडिल्ले. पूण फोटो आल्बम पळोवन सांतप्पा नायकाक पुता विशीं थोडो दुबाव आयलो. ताचें कारण भोवतेक फोटो भितर नेत्रा चुकनासतना दिसतालें. कुटुंबांतल्या हेर मनशां परस ताचेर फोकस चड जाल्लो. ही गजाल सहज कोणाल्याय लक्षांत येताली.

शिवानंद आनी नेत्रा हांचे दोगांले संबंद सादे इश्टागतीचे नात. तातूंत सुप्त मोग लिपिल्लो आसा. आतांच ताचो सोक्षमोक्ष लावपाक जाय अशें चिंतून शिवानंद हुबळी वच्चे आदल्या दिसा सांतप्पान ताका ते विशीं विचारलें. एकदम त्या ग्रहीत संबंदांचेर बोट दवरून प्रस्न विचारपाक जायना अशें म्हणून ताणें घुंवडाघुंवडावन विचारलें.

'आज काल तुगेलें लक्ष अभ्यासा कडेन उणें जालां.' ताणें म्हणलें.

'ना. अभ्यासा कडेन हांवें केन्नाच दुर्लक्ष केल्लें ना.' शिवानंदान जाप दिली.

'फक्त पास जावपाक पुरो इतले मार्क घेवन पास जावचे परस तुवें आमगेल्या दुकानार येवन बसल्यार म्हाका आधार जातलो आशिल्लो.' सांतप्पान म्हणलें.

'तूं आज अशें कित्याक उलयता तेंच कळना म्हाका. दोन वर्सां जालीं, दोन वर्सां उरलीं. म्हजो दोन वर्सांचो रिपोर्ट तुवें पळयला?' बेजारिल्ल्या शिवानंदान बापायक विचारलें.

'सारकें मन लावन अभ्यास केल्यार आनीक बरे मार्क घेवपा सारकी बुद्दीची तांक तुका आसा. पूण तुजें मन थीर ना. हुबळींत तुजेर नदर दवरतले

कोण नात. तुका विचारतले कोण नात. तुगेलें राज्य, तुगेलो दरबार. कमी पडल्यार ती एकली गांठल्या तुवें.' सांतप्पा मूळ मुद्द्यार आयलो.

'ती म्हणल्यार कोण?' शिवानंदान मोट्यान विचारलें.

'ती म्हणल्यार कोण हें हांवें विस्कावन सांगपाक जाय?' सांतप्पान आल्बम काडून ताचे कडेन शेंवटून उडयलो.

भासाभास तापली आनी शीम हुपून वचपाक लागल्या अशें दिशिल्ल्यान शिवानंदाली आवय वासरेंतल्यान भायर धांवून गेली. 'कितें जालां तुमचें? अशे तरेन झगडलेले केन्नाच पळोवंक ना हांवें.'

'तुगेल्या पुताक सांग. त्या नेत्रा फाटल्यान पडल्यार हाचें इंजिनियरींग जाल्लेवरीच! विद्यार्थी जिणेंत मोगांत पडिल्ल्याची बुद्द पाड जाता. हे पिरायेर तांकां समजना. उपरांत पश्चात्ताप करून उपेग ना.'

आवय मुखार सरिल्ली पळोवन शिवानंदाक धीर आयलो. ताणें बापायक विचारलें, 'नेत्रा धारवाडांत आसा म्हणून हांव हुबळी गेल्लो काय कितें? एक दीस अचकीत मेळ्ळें म्हाका तें. वळख आशिल्ल्यान उलयलीं जाल्यार पाप घडलें? उलयनासतना रावपाक जाता? आनी नेत्राक लग्नाक यो म्हण आमंत्रण दिल्लें कोणें?'

आवयन ताका सांगलें, 'तूं आतां भायर वच. असो मातसो फिरून यो. जाणट्यां कडेन अशें आवाज वाडोवन उलोवंक फावना. जाणटीं केन्ना भुरग्यांलें वायट येवजिनात.' 'हांव खंय तो वायट येवजिता म्हणटां? ताका म्हजेर विस्वास ना. फक्त दुबाव. ताका आनीक दुबाव घेवपाक कारण नाका. हांव हुबळी वचच ना.' इतलें उलोवन रागान धुसफुसत तो भायर सरून गेलो.

सांतप्पा नायक बी खुंटये वयली तोपी माथ्यार दवरून दुकान उगडपाक गेलो.

कॉलेज सुरू जावन आठ दीस जाले तरी शिवानंदान हुबळी वचपाची

खबर काडली ना. खाड केंस वाडोवन कामधंदो नाशिल्ल्या पोरां वांगडा गांवभर हेडपाक लागलो.

एक दीस सांतप्पान बायलेक विचारलें, 'तुगेल्या पुतान कितें थारायलां?' 'म्हाका कित्याक विचारतात? म्हाका मदीं घालूं नाकात. तुमीच विचारात.' तिणें स्पश्टच सांगलें आनी वयल्यान आदेश केलो, 'कसलीय गजाल तुटपा इतली ताणूंक फावना.'

तेच रातीं सांतप्पान शिवानंदाक आपयलो आनी पांचशीं रुपया ताच्या हातार दवरून ताका सांगलें, 'रागान शिक्षण अर्दार सोडूं नाका. तुगेल्या भविश्याचो तूंच शिल्पकार. तुवें बरो करून शिकचें आनी तुगेलें बरें जावचें हीच आमची अपेक्षा.' इतलें सांगून तो न्हिदपाक गेलो. पूत कितें म्हणटा तें आयकुपाक तो आनीक रावलो ना.

खराब हवामानाक लागून अडून उरिल्ली क्रिकेट मॅच परतून सुरू जावन जी खोस जाता तितली खोस शिवानंदाक जाली. ताकाय बी बापाय कडेन वाद करून चूक जाली अशें दिशिल्लें. पूण ती पिराय तशीच आसता. हार मानपाक तयार आसना. तो सकाळीं पांचांक उठलो आनी पयली बस धरून हुबळी गेलो.

श्रावणांत सुतां पुनवेक धूव-जावंय होन्नावरा आयिल्लीं. तीं परत वच्चे पयलीं आवयन शिवानंदालें प्रकरण धुवेल्या कानार घालें. बापूय आनी पुता मदीं त्या कारणान जाल्ले वादावादीची खबरूय सांगली. शिवानंदाक पत्र बरोवन समजाय म्हणुनूय तिणें सुमतीक सांगलें.

सुमतीन म्हणलें, 'ताका एकल्याक समजावन कांय उपेग जावचो ना. नेत्राकय समजावपाक जाय. हांव पयलीं नेत्राक पत्र बरयतां. ते उपरांत त्या आदारान शिवानंदाक पत्र बरयतां.'

मुंबय वचून सुमतीन पयलीं नेत्राक पत्र बरयलें. होन्नावरांत शिवानंद आनी बापाय मदीं जाल्ल्या वादाचो उल्लेख केलो. 'तुमी हुबळी आनी धारवाडांत

एकामेकांक मेळत आसतात म्हळ्ळी गजाल घरांत कळ्ळी. ताका लागून तुमच्या अभ्यासाचेर विपरीत परिणाम जाता म्हणपाचें शिवानंदालें मार्कशीट पळोवन कळटा आनी एक मुखेल गजाल म्हणल्यार तूं एक कुलीन कुटुंबांतली चली. तुगेल्या चारित्र्याचेर दाग पडलो जाल्यार तो पुसपाक जावचो ना. हांव तुमचे परस व्हड ह्या नात्यान तुका समजावन सांगपाक पळयतां. तूं म्हजें आयकतलें म्हळ ळी म्हाका खात्री आसा. मुजरत पत्राक जाप बरय.'

नेत्राक तिगेल्या आवयबापायनूय बी धारवाडा वतना जाय तो उपदेश केल्लो. फक्त अभ्यासाचेर चड लक्ष दी म्हूण सांगिल्लें कारण ताचे सेकंड इयर परिक्षेंत ताका फावो तशे बरे मार्क पडुंनाशिल्ले.

शिवानंद ताका पयले वरी मेळनाशिल्लो. ताचें कारण ताका सुमतीलें पत्र वाचून कळ्ळें. आपणा मदल्या संबंदांक खंय ना खंय पूर्णविराम दिवपाक जाय म्हूण तें आपूण जावन शिवानंदाक मेळपाक गेलें.

खूब दिसांनी नेत्राक पळोवन शिवानंद खोशी जालो. 'खंयच्याय पिक्चराक वचुया.' ताणें म्हणलें.

'आज नाका. म्हाका रोखडेंच धारवाडा परत वचपाक जाय.' ताणें जाप दिली.

अयोध्या हॉटेलांत फॅमिली रुमांत तीं उलोवपाक बसलीं. शिवानंदान मसाला डोसाची ऑर्डर दिली.

विशय कसो सुरू करचो तें नेत्राक सुचना जालें. पयलीं ताका विशय जाय म्हूण नाशिल्लो. वराचीं वरां तीं उलयत बसतालीं.

आज तें कसलो तरी गंभीर विशय घेवन आयलां म्हूण शिवानंदाक कळ्ळें. ताणें विचारलें, 'आज तूं इतलें सिरियस कित्याक?'

'शिवूऽऽ.' तिणें मोगान ह्या नांवान ताका उलो मारलो. 'आतां हांवें आमगेल्या दोगांयल्या भविश्या विशीं सिरियसली विचार करपाक सुरू केलां. आज आमकां आवयबापायलो आधार आसा. तो जायच. शिक्षण पूर्ण जाले

उपरांत आमी स्वताच्या पांयार उबे रावपाचे दीस येतले. ते मेरेन ह्या विद्यार्थी जिणेंत तांणी सांगिल्लें आयकुया. लक्ष दिवन अभ्यास करया.'

'नेत्रा...हे तुगेले विचार काय कोणें आमचो दुबाव घेवन तुका केल्लो उपदेश?' शिवानंदान ताका विचारलें.

'आतां हो प्रस्न मुख्य न्ही.' नेत्रा ताका समजावपाचो निर्धार करून तयारेन आयिल्लें. नेत्रान सांगलें, 'आमच्या जाण्टयांक दुबाव आयला. तुगेल्या घरच्यांक आयला तसोच म्हगेल्या घरच्यांक आयला. आतां हे परिस्थिती कडेन तांचे कडेन वाद घालून बसप समा न्ही.'

'नेत्रा...म्हज्यान तुका विसरपाक जावचें ना.' नेत्राचो हात हातांत घेवन ताणें म्हणलें.

'हांव तुका विसर म्हणना. म्हज्यानूय तुका विसरपाक जावचें ना. मनां एक जाले उपरांत विचार बदलनात. शिवू, हें जीवनूय बी आमची सत्वपरिक्षा घेता. हे परिक्षेंत फर्स्ट क्लासांत पास जावपाक जाय जाल्यार तिचें सिलेबस आमी बारीकसाणेन पाळपाक जाय.'

मसाला डोसा खायत शिवानंदान म्हणलें, 'आमी अशें करया. मेळपाचें कमी करया. दर सप्तकाक एक पत्र बरोवया.'

नेत्रा हांसलें. 'प्रेमपत्र बरोवप तितलें सोपें न्हीं. वरांचीं वरां विचार करीत बसचें पडटा. बरोवन वाचतना समाधान जायना जाल्यार तें पिंजून दुसरें बरोवचें पडटा. प्रियकराक प्रभावीत करपाक कृत्रिम भास वापरची पडटा. आमचेर आरोप करतल्यांच्या हाताक एकाद्रें पत्र लागल्यार कितें जायत हाचो विचार कर.' नेत्रान म्हणलें.

कॉफी पिवन, बिल दिवन तीं भायर आयलीं. बसस्टॅण्डार वतना नेत्रान शिवानंदालो हात हातांत घट्ट धरिल्लो. जी भावना शब्द सांगपाक शकनात तें स्पर्शान व्यक्त केल्लें.

हें सुरू जाल्लें प्रकरण इतले बेगीन शांत जायत म्हूण कोणाक

दिसुंनाशिल्लें. तुर्ताक शांत जालें शें दिसलें तरी केन्ना परत उप्रासत हो सगल्यांक हुस्को आशिल्लो.

पूण तांणी केल्लो निर्धार सोडलो ना. तांचो एकामेकां वयलो विस्वास कमी जालो ना. दोगांयनी पयले श्रेणींत पास जावन शिक्षण पूर्ण केलें. नेत्रान एम. एस. सी. पदवी घेतली आनी शिवानंद बी. ई. जालो. आपापणाल्या घरा वच्चे पयलीं तीं मेळ्ळीं. सांगातान जेवलीं आनी जेम्स बॉण्डाचें इंग्लीश पिक्चर पळयलें. उपरांत बसस्टॅण्डार वचून तांणी खूब जड मनान पयसाव्याच्यो वेदना सोंशीत, दुकां पुशीत एकामेकांचो निरोप घेतलो. नशीब तांकां खंयचे दिकेक घेवन वचत कोणाच्यान सांगपाक जायनाशिल्लें.

नेत्राक त्याच वर्सा सांगलींत इंग्लीश मिडियम स्कुलांत सायन्स टिचर म्हणून नोकरी मेळ्ळी. तें खोशी जालें. शिवानंद नोकरे खातीर यत्न करीत होन्नावराच आशिल्लो. नामनेच्या कंपन्यांनी ताणें इंटरव्ह्यू दिले आनी वर्सभर वाट पळयली. तरी ताका नोकरी मेळ्ळी ना.

इतले मजगतीं बापायक सुमतीलें एक पत्र आयलें. अमेरिकेंत आशिल्ल्या एका चल्या कडेन नेत्रालें लग्न जालें अशें तिणें बरयल्लें. चलो ताच्या संबंदितांचोच आनी चार पांच वर्सा साकून अमेरिकेंत आसता. ताचीं आवयबापूय मुंबयंत आशिल्ल्यान लग्न मुंबयंत जालें. सुमती आनी तिचो घोव लग्नाक गेल्लीं खंय.

सांतप्पा नायकान घरांत सगल्यां मुखार तें पत्र मुद्दम व्हडल्यान वाचून दाखयलें. शिवानंदाक अचकीत आंगार वीज कोसळिल्लेवरी जालें. हो संवसार अर्थहीन कसो दिसपाक लागलो. ताचो देवा वयलो विस्वास उडलो. ताणें तें आयकलें पूण आयकनाशिल्लेवरी करून थंयच्यान उठून गेलो.

सांतप्पा नायकान पत्र वाचून पुताच्या मनाच्या घाव्यार मीठ चोळ्ळें तरी शिवानंदाची आवय ताका दुख्खी पळोवन भितरले भितर घुस्मट्टाली. स्वता तिका संवसाराचो घश्टो काडीत मन मारून जगचें पडलें तरी आपणाल्या

भुरग्यांक तांचे इत्से प्रमाण जीवन साथी मेळचें आनी तीं सुखान उरचीं अशें ती सपन पळयताली.

एक वर्स बेकार आशिल्ल्या शिवानंदाक भद्रावती पॉलिटेक्नीक कॉलेजींत लेक्चरर पोस्ट मेळ्ळो. हें ताचें मना सारकें काम न्ही. तरी ताका गांव सोडून वचपाक कारण मेळ्ळें. तो भद्रावती गेलो.

नेत्रा हनिमुनाक काश्मीराक वचून आयलें. घोव ताका विमानान घेवन गेलो. परत येतना दिल्ली देंवून आग्रा वचून ताजमहाल पळयलो. मागीर तीं ट्रेनीन मुंबय आयलीं. तागेलो पासपोर्ट जावंनाशिल्लो. घोव अमेरिकेक गेलो. तें मुंबय मांय मांवा कडेन उरलें. ताणें नोकरेचो राजिनामो दिवंनाशिल्लो.

थोड्या दिसांनी नेत्राचो पासपोर्ट तयार जालो. ताणें घोवाक कळयलें. दोन चार पत्रां बरयलीं तरी तो घेवन वचपाची खबर करिनाशिल्लो. डिसेंबरांत येतां, जानेवारींत येतां अशें करून एकेक म्हयनो फुडें धुकळटालो.

इतले मजगतीं नेत्राक दीस गेले. मांय मांवान बाळंतपण हांगाच करून वच म्हणलें. तें बाळंत जालें. भुरग्याचो बारसो जालो. उपरांत मांयन सांगलें, 'भुरगें ल्हान आसा. आनीक दोन चार म्हयन्यांनी वचुंयेता. एकाद्रें पुताक येवपाक मेळना जाल्यार आमी तुका पावोवन येतात.' भुरग्याचें नांव पासपोर्टाचेर घालपाक आनीक एक म्हयनो गेलो. अशें करून एक ना एक कारणान नेत्राचें अमेरिकेक वचप आडखळत उरलें.

खरें कारण वेगळेंच आशिल्लें. तिगेल्या मांय मांवाक सगलें खबर आशिल्लें तरी तांणी सत्य लिपयलें. नेत्राल्या घोवान अमेरिकेंत चीनी चलये कडेन पयलीं लग्न केल्लें. तांची दिवोर्स केस कोर्टांत चालू आशिल्ली. ती भानगड लिपोवन भारतांत येवन नेत्रा कडेन दुसरें लग्न केलं.

चलो अमेरिकेक आसा इतल्याचेर नेत्राचीं आवयबापूय भुल्लीं. सारकी चवकशी केली ना. हांगा आशिल्ल्यांचीय चवकशी काडप एकेक फावट शक्य जायना. थंय आशिल्ल्यांची आनीक कशी काडटली? भटान पत्रिका

बरी जुळटा म्हूण सांगलें. इतल्याचेर कन्यादान करून सोडलें आनी नेत्राची आहुती दिली.

हें सगलें लफडें स्वता तिकेट काडून नेत्रा अमेरिकेक वचनाफुडें कळ्ळें. हेवटेन होन्नावरांत शिवानंद भद्रावतीक वचनाफुडें सांतप्पा नायकाली भलायकी इबाडत गेली. दुकानांत बशिल्ले कडेन पांय सुजपाक लागले. मुतपाक त्रास जावंक लागले. होन्नावरांतल्या सरकारी हॉस्पिटलांत डॉक्टरान किडणी प्रॉब्लेम म्हूण सांगलें. किडणी तपासतना हाय डायबिटीस, हाय बी. पी. आसा म्हूण कळ्ळें.

सांतप्पान सुरवातेक घरच्यांक सांगलें ना. तो सरकारी डॉक्टर बरो न्हीं म्हणून पंडितालें आयुर्वेदीक वखद करपाक लागलो. अशे तरेन मरणाक आपोवणें दिलें.

दुसऱ्या चल्याक मदींच कॉलेज चुकोवन दुकानांत बसयलो. ताका धंदो करपाक शिकयलो. सांतप्पा थोडे दीस घरांत हांथरूणांत उरलो. एक दीस परिस्थिती गंभीर जाली म्हूण मणिपाला व्हेलो.

भद्रावतीच्यान शिवानंद आयलो. मुंबयच्यान सुमती आयलें. कोण येवपाचीं तीं आयलीं पूण यमदूत तांचे परस पयलीं थंय पाविल्ले. बापायचें निमणें दर्शन घेवपाक तीं आयिल्लेवरी जालें.

बापायलें क्रियाकर्म जाले उपरांत मुंबय वच्चे पयलीं भावाक आवय मुखार बसोवन सुमतीन ताका सांगलें, 'तुवें अंदू लग्न जावपाक जाय.'

तेन्ना शिवानंदान स्पश्ट सांगून सोडलें, 'म्हजे सबंद आतां आसात तशेच तुमकां सांबाळपाचे आसात जाल्यार तुमी म्हज्या लग्नाचो विशय काडूं नाकात.'

भद्रावतींत चार वर्सां नोकरी केले उपरांत त्या अणभवाच्या आदारान शिवानंदाक म्हैसूरांत आदले परस बरी नोकरी मेळ्ळी. थंय तो रामकृष्ण मिशनाच्या संपर्कांत आयलो. लौकीक जिणेंतल्यान परान्मूख जावन

अध्यात्मीक जिणे कडेन आसक्त जालो.

अमेरिकेक गेल्ल्या नेत्राक आपल्या घोवालें सत्य स्वरूप कळ्ळें. तागेले पयले बायलेन घटस्फोट घेतना घोवाक पुराय लुबाडलें. ताचे कडेन आशिल्लें सगलें ओरबाडून घेवन गेल्ली. दोन ल्हान भुरग्यांची जबाबदारी ताच्या माथ्यार घालून गेल्ली. हाका लागून घरसंवसार चलोवप ताका कठीण जाल्लें.

असल्या कठीण प्रसंगार नेत्राक आपणालें अस्तित्व राखून दवरपाक शिक्षण उपेगाक आयलें. ताणें नोकरी सोदली. घर सांबाळ्ळें. घोवाले पयले बायलेच्या भुरग्यांकूय सांबाळ्ळीं. ताका दिसलें, 'काकुळट त्या भुरग्यांची! तांची बाबड्यांची कितें चूक?'

घोवाक मात ताणें पयस दवरलो. ताणें जायते यत्न केले पूण ताणें ताका लागीं केलो ना. मार्फी मागली, जीव दितां म्हणलें तरी पर्वा केली ना. ताचेर पुरायपणी दुर्लक्ष केलें.

कांय काळा उपरांत नेत्रा अमेरिकन जालें. ताका अमेरिकन सिटीझनशीप मेळ्ळी. भुरगीं व्हड जालीं. तीं आपल्या पांयार उबीं रावलीं. सगले तरेचे जबाबदारेंतल्यान नेत्रा मुक्त जालें.

अमेरिकेक गेले उपरांत तें एकदांय भारतांत येवंनाशिल्लें. समाजांत व्हडविकायेचें प्रदर्शन करपाक वचून, तागेल्या मना विरूद्ध वचून एका नीच घातकी मनशा कडेन तागेलें लग्न केल्लें. थोड्या दिसां भितर फसलीं म्हूण कळ्ळें तरी तातूंतल्यान ताका भायर काडपा खातीर कोणूच मुखार आयलीं नात. एकामेकांचेर आरोप करीत रावलीं. खरो गुन्यांवकार अमेरिकेंतल्या कामूक प्रपंचांत काल्पनीक सुखाचो फाटलाव करीत गोडाक चिकटल्ले मुयेवरी दीस सारतालो.

तागेल्या भुरग्यांनीय बी ताका पयस केलो. तीं नेत्राचेर खूश आशिल्लीं. तागेली काळजी घेतालीं.

आतां ताचे जिणेचो दुसरो अध्याय सोंपिल्लो आनी तिसरो अध्याय

सुरू जाल्लो. हे परिस्थितींत ताका मायभुंयेची याद जाली. सरिल्ले जिणेचीं दृश्यां दोळ्यां मुखार दिसतालीं. एक फावट प्रवासी म्हूण भारतांत येवपाचो ताणें निर्णय घेतलो.

थारायल्ले प्रमाण आठ दिसां भितर तें मुंबय आयलें. सोयरीं संबंदितांगेर रावलें ना. हॉटेलांत रुम करून रावलें. दोन दीस मनमेकळें मुंबयंत भोंवलें. एकलेंच भोंवतना ताका आनीक कोणूय साथी आसल्यार बरें आसलें अशें दिसलें. विचार करून तें सुमतीक मेळपाक गेलें.

नेत्राक पळोवन सुमती खूब खूश जालें. ताका अजापूय जालें कारण गेल्ल्या तिशेक वर्सां भितर ताची कसलीच खबर नाशिल्ली. अचकीत म्हऱ्यांत येवन हाजीर जाल्लें पळोवन तें गोंदळ्ळें. ताका कसो येवकार दिवचो तें ताका सुचना जालें. तें कित्याक आयलां आसतलें असोय एक प्रस्न ताच्या मनांत उबो जालो.

दोगांय ओगी बसून आशिल्लीं पूण मनांत तीं अशांत आशिल्लीं. तांच्या नात्यांत भरून येवची ना इतली खोल खळी पडिल्ली.

नेत्रान उलोवंक सुरू केलें. आपणाल्या अमेरिकेंतल्या राबित्याची थोडी म्हायती दिली. आतां भोंवपा खातीर आपूण आयलां तरी एक इश्टीण ह्या नात्यान दोन दीस आपणाक कंपनी दिवची म्हूण ताणें सुमतीक विनवणी केली.

सुमतीन खूब आनंदान ती मानून घेतली. नेत्राक आपणागेर येवन राव म्हणलें. दोगांयकूय कितल्याश्याच वर्सां उपरांत मना खोलांत लिपून उरिल्ल्या विशयांचेर उलोवपाचें आशिल्लें.

दुसऱ्या दिसा तीं माथेराना गेलीं. भारतांतलें सगल्यांत ल्हान हिलस्टेशन तें. वाहनांचें प्रदूशण ना. ध्वनी प्रदूशण ना. लोकांची गर्दी ना. शांतपणान विसव घेवपाक येवपाचो जागो तो.

त्या सैमाच्या सांगातान सुमतीलें मनूय प्रसन्न जालें. तीस पस्तीस वर्सां मुंबयंत रावून दोन-चार वरांचे वाटेर, इतले लागीं आशिल्लें ताणें पळोवंक

नाशिल्लें. मन रिजवणे खातीर प्रवास करपाची संस्कृती तेन्ना भारतांत लोकांक नवीच आशिल्ली. हिलस्टेशनां हीं गिरेस्त आनी उच्च वर्गांतल्या लोकां खातीर आसतात अशी चुकीची कल्पना रूढ जाल्ली.

दोन दिसांत सुमतीन आनी नेत्रान आपापणाल्या जिणेंतल्या घडामोडींच्यो घडणुको रामायण कथेचें पारायण केल्लेवरी एकामेकांक सांगल्यो. तातूंत रोमान्स आशिल्लो, सस्पेन्स आशिल्लें, रिवेंज आशिल्लो आनी मुख्य म्हणल्यार चॅलेंजूय बी आशिल्लें. ह्या संवादान तांगेले संबंद सुदारले. माथेरानच्या प्रसन्न परिसराच्या संपर्कान मनाक नवी पालवी फुटली.

सुमती कडल्यान नेत्राक शिवानंद म्हैसूरांत आसा म्हूण कळ्ळें. नेत्राक थंय वचून शिवानंदाक मेळचें शें दिसलें. ताची कसलीच चूक नासतना तो ख्यास्त भोगतालो.

आपणाल्या मनांतली ही इत्सा तें सुमतीक सांगपाक शकलें ना. ताणें म्हणलें, 'म्हाका दक्षिण भारतांत भोंवपाचें आसा. बेंगळूर, म्हैसूर, उटी सारकीं थळां म्हाका पळोवपाक जाय. तुंवूय बी यो. म्हाका कंपनी दी.'

सुमतीन ना म्हणलें. नेत्राक ते जापेची कल्पना आशिल्ली. ताका सांगनासतना गेलें जाल्यार ताचो गैरसमज जावन वायट दिसतलें अशें म्हणून ताणें ताकाय सांगलें.

अमेरिकेच्यान येतना तें तशें कांय थारोवन येवंनाशिल्लें. मुक्त मनान मुक्त वातावरणांत फिरपाक आयिल्लें. हांगा येनाफुडें कळत नकळत तागेलें नशीब ताका गत जिणेंतले तुटिल्ले धागे परत जोडपाक ओडून व्हरतालें.

मुंबयच्यान बंगळूर तें विमानान गेलें. बंगळूरा रावनासतना बस प्रवास करून म्हैसूरा पावलें. आतां तागेलें मन दुसरो कसलोच विचार करनाशिल्लें. फक्त शिवानंदाक मेळपाक तडफडटालें.

शिवानंदालो अ‍ॅड्रेस आनी फोन नंबर नेत्रा कडेन आशिल्लो. तरीय बी कळयले बगर तें ताका मेळपाक गेलें. तो दीस आयतार आशिल्लो. शिवानंद

आपणाल्या भाड्या घरांत आशिल्लो.

नेत्रा मुंबय आयलां म्हळ्ळी खबर सुमतीन भावाक फोनार कळयल्ली. ताचे अमेरिकेंतले कुटुंबीक जिणे विशींय बी सादारण कल्पना दिल्ली. पूण तें जाणून घेवपांत शिवानंदाक रस नाशिल्लो. ताणें कसलीच प्रतिक्रिया उक्तायली ना.

वयलेचाराक रस ना म्हणलें तरी म्होंवा माल्याक फातर मारिल्लेवरी मनांतले विचार ताचेर वार करपाक लागले.

अचकीत आनी अनपेक्षीत दारांत येवन उबें राविल्ल्या नेत्राक पळोवन 'तूं केन्ना आयलें? खंय रावलां? यो, यो, भितर यो.' अशें म्हणून ताका येवकार दिलो. तागेल्या उतरांनी कसल्याच भावनांची उचांबळाय नाशिल्ली. आश्रमांतल्या अध्यात्मीक पठणान भावनेक लगाम घालपाक तो शिकिल्लो.

शिवानंद आपणाल्या सूखदुख्खाक दुसऱ्यांक दोश दिनाशिल्लो. तशें आशिल्ल्यान नेत्राक आदल्यो मोगाच्यो यादी काडून दुकां गळोवचीं पडलीं नात. तरी पूण ताणें तेन्नाचे आपले असहायते विशीं ताचे कडेन मन मेकळें केलें. आपणाक उटी, म्हैसूर सारकीं थळां पळोवपाचीं आसात, तेन्ना तुंवूय बी आपणाक कंपनी दी म्हण ताणें शिवानंदाक सांगलें.

शिवानंदान विशय बदलपा खातीर म्हणलें, 'तूं आतांच आयलां. मातसो विसव घे. हांव च्या, टिफिनाची वेवस्था करतां.'

'हांव मातशें फ्रेश जातां. आमी ब्रेकफास्ट घेवपाक भायर वचुया.' नेत्रान म्हणलें.

घरांतल्यान भायर सरतना 'म्हजी सुटकेस हांगा दवरूं न्हीं? हांव हांगा रावल्यार तुका कांय अडचण ना न्हीं?' ताणें सहज विचारलें.

'तूं अमेरिकेक वचून खूब सुदारलां.' शिवानंद ताका पळोवन हांसलो.

'सुदारपाक हांव खंय बिगडिल्लें तर? म्हज्या विचारांत तेन्ना पाप नाशिल्लें. आतांय बी ना. जर तुगेल्या स्थानमानाक दाग लागता तर हांव

भायर रुम करून रावतां.' अशें म्हणून तें सुटकेस उखलपाक गेलें.

तागेली स्पश्टोक्ती आयकून शिवानंदान तागेल्या हातांतली सुटकेस काडून दवरली आनी म्हणलें, 'पयलीं ब्रेकफास्ट करून येवया. त्या उपरांत विचार करया.'

'ब्रेकफास्ट करून हांगा येवपाचें ना. म्हाका ह्या रुमांत कोंडून बसपाक नाका. म्हैसूर पॅलेस, वृंदावन गार्डन, चामुंडी हिल हें सगलें पळोवपाचें आसा. जमल्यार सोमनाथ मंदिराचें गत शिल्प वैभव पळोवपाक जाय आनी.....'

'आरे बाबा ....! येतना तूं इतलो सगलो कार्यक्रम थारावन आयलां म्हणपाचें.' दाराक चावी करीत शिवानंदान म्हणलें.

'अमेरिकेक गेले उपरांत शिकलें हांव. कार्यक्रम थारावन करपाचे आसतात. नाजाल्यार काळ जें थारायता तेंच आमकां करचें पडटा. केल्ल्याचो परिणाम नशिबाचो खेळ म्हणून भोगचो पडटा.'

नेत्राल्या रोखठोक उलोवण्यान शिवानंदाक अजाप जालें. तागेल्या इतल्या दिसांचे अध्यात्मीक साधनेन मन नियंत्रणांत दवरपाक शिकलो पूण जिणेंत साध्य आशिल्ले उपभोग घेवपाक तो विसरिल्लो. नेत्राल्या पंदरा वीस मिणटांतल्या सहवासांत ताका नवे एक आशेचें किरण दिसलें. त्या किरणाच्या प्रकाशान नवी दिका दाखयली.

त्या दिसा तांकां म्हैसूर पळयतना वेळ कमी पडलो. वृंदावन गार्डनांत लायट शो पळोवन रातीं हॉटेलांत जेवन घरा येतना तीं थकिल्लीं पूण तरी मनान तरतरीत जाल्लीं.

दुसऱ्या दिसा टुरिस्ट बसीन ती उटी गेलीं. इतलीं वर्सां म्हैसूरांत आशिल्लो पूण तो केन्ना उटी पावुंनाशिल्लो. बॉटेनिकल गार्डनांत फ्लावर शो चलतालो.

शिवानंद नेत्राक 'ये ऽऽ हांगा पळय कितलीं सुंदर फुलां. तीं थंय पळय तांचे परस सुंदर. हो रंग पळय! त्या फुलाचेर तो फुलपाकोळ पळय कितलो सोबीत दिसता.' अशें म्हणत नेत्राक ओडून व्हरतालो.

'फूल सुंदर दिसता काय फुलपाकोळ सुंदर दिसता?' नेत्रान हांसत विचारलें.

'फुलाचेर फुलपाकोळ बशिल्लो तेन्ना झाड आनंदान धोलतालें तें सुंदर दिसतालें.' शिवानंदान बरें चिंतून जाप दिली.

'दोड्डबेट्टा' चेर आंगाक स्पर्श करून उबून वचपी धव्या पिंजारिल्ल्या कापसाचो भास निर्माण करपी कुपां पळोवन शिवानंद भावनाविवश जालो. हें जग इतलें सुंदर आसा हाचो ताणें हाचे पयलीं केन्ना अणभव घेवंनाशिल्लो. समाधी लागिल्लेवरी थंय बसून आशिल्ल्या शिवानंदाक नेत्रान 'आनी हाचे परस बऱ्या सोबीत अशा सैमाचें दर्शन घेवपाचें उरलां, ऊठ.' अशें म्हणून उठयलो.

'उटी' लेकाचे देगेर दोगांयनी सायकलींग केलें. फर्स्ट क्लास गरम कॉफी पिवन दोगांयनी बोटींग केलें.

जिणे प्रवाहांत हुंवार आयिल्लो तेन्ना दोन वेगळ्या दिकांनी व्हांवत गेल्लीं तीं, तो प्रवाह दर्याक मेळचे पयलीं संगमा लागीं परत एकठांय आयलीं. पिरायेचे नदरेन शरिराचें आकर्शण कमी जाल्लें तरी आंतरीक आकर्शण मात पसून कमी जावंनाशिल्लें.

आतां उरिल्ली जीण तरी समाधानान जगपाक शिवानंदाल्या सांगाताची नेत्राक गरज आशिल्ली. नेत्राली मुग्धताय आनी जिवीत जगपाचो उत्साह पळोवन शिवानंदूय बी प्रभावीत जाल्लो.

रातचीं रुमार पावलीं तेन्ना नेत्रान म्हणलें, 'एक म्हत्वाचो निर्णय घेवपाक जाय. तो आमी दोगांयनी मेळून घेवपाचो.'

'आतां आनी आमी दोगांयनी मेळून घेवपाचो निर्णय कसलो उरला?' शिवानंदान नेत्राक विचारलें.

'सांगतां, आयकून घे. जिणेंत कितलींय निराश जालीं तरी आशा आमगेली फाट सोडिना. ते खातीर आमी इतल्या दिसांचें दुख्ख विसरून

उरिल्ली जीण आनंदी करया. आनंद मेळोवप होच जिणेचो निमणो उद्देश आसता.'

तें मुखार कितें सांगतलें म्हूण उमळशिकेन शिवानंद आयकत राविल्लो.

'शिवानंद तूं म्हगेलो जीवन सांगाती म्हूण अमेरिकेक यो.' नेत्रान ताचो हात हातांत घेवन कळकळीन ताका विनवणी केली.

'शे...शे... अमेरिका? आतां आनीक खंय वचपाचें ना. गेल्यार वृद्धाश्रमांत वचप. थंयच निमणो स्वास सोडप.' ताणें म्हणलें.

'असलें अशुभ उलोवं नाका. हांव तुका वृद्धाश्रमांत वचपाक दिना. अमेरिकेंत हांव कोणाल्याच बंधनांत ना. एकटेंच आसां. आजून कमयतां. थंय तूं म्हज्या सांगातान रावलो म्हूण कोण दुबावान पळयना. थंयची जीवन पद्दत वेगळी. आमच्या खाजगी विशयांत कोणूच पडना. आनी एक सांगतां, मनशांक हताश जाल्लीं आसतना बदल घडून येवपाची गरज आसता.' नेत्रान ताका समजावपाक पूर्ण बुद्दिचातुर्य वापरलें.

'तूं आजून सपनां पळयत आसा. सपनां पळोवप मनशाचो सभाव म्हणुया! पूण तें हातासपाक वचून खतखतत आशिल्ले कायलींतल्यान भगभगपी रांदनींत पडिल्लेवरी जायत मुगो.' शिवानंदान म्हणलें.

'भियेवं नाका. तशें जावचें ना. तूं तुळा करून बेश्टो निराशावाद घेवन बसुंनाका. फाटीं जें घडलें तेन्ना आमी परावलंबी आशिल्लीं. आतां स्वावलंबी आसात. अतूट सहवासान अंतरंगांत सहज किल्लुन आयिल्लो निर्मळ मोग खतखतपी कायलींत पडलो तरी मरना. ही परिक्षाय दिवन आमी पास जाल्यांत. आमकां हे खातीर कोणाली शाबासकी नाका. गरज ना तिची. तूं आतां विवेकबुद्दीन मनांतले नकारात्मक विचार पुसून उडय.' अर्द रात जाली तरी तांची चर्चा सोंपली ना.

शिवानंद कांय उलयनासतना मोन्यांनी बसून आशिल्लो. ताका पळोवन नेत्रान म्हणलें, 'आतां विचार करपा सारकें कांयच बाकी उरिल्लें ना. फाल्यां

आमी बंगळूर वचुया. अर्जंट पासपोर्टाक अर्ज करुया.'

'तूं खूब ताकतीक करता गो.' शिवानंदान ताका 'हां' म्हणपाक जायना जावन थांबोवपाचो यत्न केलो.

'हय. खरें आसा. हांव ताकतीक करतांच कारण तुका हांव हांगा सोडून वचपाक तयार ना. आनी म्हाका हांगा चड दीस रावपाक वेळ ना.' ताणें कारण सांगलें.

शिवानंदा परस नेत्राली भावना चड बळिश्ट आशिल्ली. ताची विचारशक्तूय बळिश्ट आशिल्ली. ताच्या नितळ, निवळ आनी प्रामाणीक मोग आनी विस्वासा मुखार शिवानंदालो हट्ट खंयचे खंय विरगळ्ळो.

दुसऱ्या दिसा तीं बंगळूर गेलीं. एका एजंटाक धरून तत्काल पासपोर्टाक अर्ज दिलो. पासपोर्ट आनी व्हिसाचो विधी पूर्ण जाता म्हणल्यार शिवानंद इंजिनियरींग इन्स्टिट्युटाची परिक्षाजावन तो जबाबदारेंतल्यान मुक्त जाल्लो. अमेरिकेक वचपाची तिकेट बूक करचे पयलीं ताणें नोकरेचो राजिनामो दिलो.

तीं बंगळूरच्यान मुंबय आयलीं. अमेरिकेक वचपी विमान मुंबयंत धरचें पडटा. इंटरनॅशनल विमानतळार तांकां शुभेत्सा व्यक्त करपाक सुमती, सुमतीलो घोव फुलांतुरो घेवन आयिल्ली. ॲरपोर्टा वयल्या फोटोग्राफरा कडल्यान तांणी ग्रूप फोटो काडून घेतलो.

विमानांत बसपाक़ वतना सुमतीन नेत्राक म्हणलें, 'आतां म्हाका कळ्ळें तूं इंडियेक कित्याक आयिल्लें तें?'

'कळ्ळें न्हीं? हांव म्हज्या जीवन सांगात्याक घेवन वचपाक आयिल्लें.' सगलीं खोशयेन हांसलीं. फोटोग्राफराक 'स्मायल प्लीज' म्हणपाची गरज पडली ना.

♦♦♦

पद्मनाभ नायक

भौ. पद्मनाभ नायक हे उत्तर कन्नड जिल्ल्यांतल्या भटकळ गावांतले .फाटलीं सुमार पन्नास वर्सां साकून तांणीं कोंकणीतल्यान कथा, कविता, नाटकां प्रवास वर्णन अशे तरेचें साहित्य बरयलां. मासिकां, दिवाळी अंक तशेंच दिसाळ्यांतल्यान तांचें सृजनशील साहित्य प्रकाशीत जालां. अणभवांक कल्पकतायेची जोड दिवन ते आपणालो लेखन प्रकार समर्पक रितीन मांडटात.

समाजांतले बरे वायट विशय कथा कवितेच्या माध्यमावरवी सरळ सोपे कोंकणीतल्यान ते फुलयतात. साहित्यांतल्यान समाजाचो विकास जावचो अशें तांकां दिसता. तेच प्रेरणेन ते साहित्य हाताळटात अशें तांच्या उलवण्यातल्यान जाणवता.

- रमेश लाड

सृजना पब्लिकेशन्स